अनन्य

गोवा कोंकणी अकादेमीची स म्हयन्याळी साहित्य पत्रिका

अंक : 8–9
जानेवारी ते डिसेंबर 2018

हांकां आमचीं आर्गां



रमेश वेळुस्कार

(जेश्ठ कोंकणी कवी आनी समिक्षक

मर्ण : 21 ऑक्टोबर 2018

मोगाळ भेट
गोवा कोंकणी अकादेमी
243, पाटो कॉलनी,
पणजी, गोंय - 403001

वर्स : 4-5; अंक : 8-9
(जानेवारी ते जून 2018, जुलै-डिसेंबर 2018)
(जोड अंक)

अनन्य

गोवा कोंकणी अकादेमीची स म्हयन्याळी साहित्य पत्रिका

संपादक
डॉ. जयंती नायक

संपादक मंडळ
स्नेहा मोरजकार, अध्यक्ष
उपासना माजगांवकार, सचिव

स म्हयन्याळी साहित्य पत्रिका

अनन्य

वर्स : 4-5; अंक : 8-9
(जानेवारी-जून 2018, जुलै-डिसेंबर 2018)

प्रकाशक : सचिव, गोवा कोंकणी अकादेमी

संपादकीय कार्यालय :
गोवा कोंकणी अकादेमी,
243, पाटो कॉलनी,
पणजी - गोंय - 403001
फोन नं. : 0832-2437385/87
ईमेल : konkaniakademi@gmail.com

© सर्वाधिकार सुरक्षीत

संपादक : डॉ. जयंती नायक

मुखचित्र आनी फाटल्या चित्राखातीर फोटो : सुफला गायतोंडे

रेखाचित्रां : सिया पंडित, आकांक्षा गांवकार

टायपसेटर : रिया ग्राफिक्स, ओल्ड गोवा

छापणावळ : लोकमान्य प्रोसेस, खोर्ली, तिसवाडी

मोल : ₹70/-

ANANYA :
(A Six Monthly Literary Journal in Konkani)
Vol : 4-5, No. : 8-9
(January-June 2018, July-December 2018)
Goa Konkani Akadami, 243, Patto Colony, Panaji - Goa - 403 001
Ph. No. : 0832-2437385/87

(अंकांतलीं मतां त्या त्या लेखकांचीं, त्या मतां कडेन गोवा कोंकणी अकादेमी सहमत आसाच अशें ना.)

अनन्य

गोवा कोंकणी अकादेमीची स म्हयन्याळी साहित्य पत्रिका

वर्स : 4-5; अंक : 8-9

(जानेवारी-जून 2018, जुलै-डिसेंबर 2018

मांडावळ

5 संपादकीय..

चौकेर

7 **डॉ. हनुमंत चोपडेकार :** कोंकणी रंगमाचयेर क्रांती घडोवपी नाटककार : पुंडलीक ना. नायक

मोगाळ भेट
गोवा कोंकणी अकादेमी
243, पाटो कॉलनी,
पणजी, गोंय - 403001

कथामंच

19 **गजानन जोग :** मॅनेजराची माण्णी

28 **नयना आडारकार :** पॉज

भाशाभावकी

33 **सुधा मुर्ती :** : तीन हजार टांके (मूळ कन्नड कथा) अणकार : **सुनेत्रा जोग**

44 **एमिली डिकिन्सन :** वसंतांतलें काव्य / सूर / हिमालय आनी फूल (मूळ इंग्लीश कविता) अणकार : **माधव बोरकार**

45 **गीतेश शिंद :** घोव मरतकच/ पतंग / सपन/ झाडांची फोटोबायोग्राफी / देवत्व (मूळ मराठी कविता) अणकार : **डॉ. जयंती नायक**

51 **आंटनी चेकोव :** सयरीक (मूळ रशियन नाटक) अणकार : **वल्ली क्वाड्रस**

काव्यमंच

65 **परेश नरेंद्र कामत :** आतां / तरंग

66 **आर. रामनाथ :** हांव मात नखशिखांत / आमेन / उलो

68 **अतुल र. पंडित :** जीण / सुपुल्ल्या सुकण्या

नाट्यमंच

72 **डॉ. जयंती नायक** : नवें किरण

84 **महेश नायक** : आतां म्हजें कितें चुकलें?

101 **श्रीधर कामत बांबोळकार** : सूड जागोर

ललीत

160 **महाबळेश्वर सैल** : म्हजी प्रतिभा : म्हजे अणभव

164 **कृ. म. सुखटणकार** : अर्थाचो अनर्थ

171 **अरुण काकोडकार** : जीण-मर्णाची लडाय

लोकवेद

175 **अशोक नेने** : श्री महालक्ष्मी व्रत : एक आढावो

179 **जस्मीता फेर्नांडीस** : संस्कृताय आनी चालीरितींच्या संदर्भातलें मौखीक साहित्य

187 संकलन आनी शब्दांकन : **डॉ. जयंती नायक** : कुमारीचें रणमालें

मंथन

214 **सखाराम शेणवी बोरकार** : कोंकणी विनोदी निबंद : सर्जन आनी मुल्यांकन

223 **डॉ. हनुमंत चोपडेकार** : गोंयच्या कोंकणी-मराठी नाटकांतली मिथकसृश्टी

234 **जॉन ए. पेर्मन्नूर** : मंगळूरचे कोंकणी नाटक : एक विचार

संपादकीय...

अनन्याचो हो अंक, जोड अंक म्हण उजवाडाक येता. हो अंक जानेवारी ते जून 2018 आनी जुलै ते डिसेंबर 2018 अशा दोन काळाचो अंक (8-9) म्हण आमी उजवाडायतात. कायं तंत्रीक आनी प्रसाशकीय अडचणीक लागून अनन्याच्या प्रसिध्दी काळांत मदीं खंड पडलो, तो खंडकाळ भरून काडपाचो उद्देस ह्या जोड अंका फाटल्यान आसा.

अनन्यान आतां पाचव्या वर्सांत पावल घातलां. मर्यादीत मनीसबळ आनी मर्यादीत सुविधांचेर मात करून अनन्य आपली वाटचाल करता. अनन्य ही एक साहित्याची पत्रिका, तिचें रूप मुख्यतः साहित्यीक ही गजाल लक्षांत घेवन आजवेर आमी अंक सजयल्यात. तरीपूण अंकांत सर्जनशील साहित्या वांगडाच शोध निबंध, वैचारीक निबंध, तशेंच समिक्षणात्मक लेखनय आमी उजवाडायलां. पुस्तक परिक्षणां वा पुस्तक समिक्षणां हांचेरुय आमी भर दिल्या. लोकसंस्कृतीच्या संशोधनाचें मुळावें साधन आशिल्ली माहितीय अनन्यांतल्यान आमी प्रसिध्द केल्या. अनन्याचे फक्त दोन अंक सोडल्यार दरेक अंकांत एका जेश्ठ साहित्यीकाची आमी मुलाखत उजवाडायल्या. ही मुलाखत म्हणजे त्या साहित्यीकांक प्रोजेक्ट करपाची निकटी माहिती न्ही तर, तर ती एके तरेन कोंकणीचो आनी गोंयचो इतिहासच आसा. ज्या काळार ह्या लेखकांनी कोंकणींतल्यान बरोवपाक सुरवात केली त्या काळार कितें सामाजिक स्थिती आशिल्ली? गोंयचे वातावरण कशें आशिल्लें, कोंकणी भाशेची कितें अवस्था आशिल्ली? राजकी मळार कसलीं स्थित्यंतरां घडटालीं? ह्या लेखकांक कोंकणींत लेखन करतना कसलीं अग्नीदिव्यां करचीं पडलीं? आदी माहिती अभ्यासाकां खातीर, तशेंच नवे पिळगेच्या बरोवप्यां खातीर दस्तावेजीत करून दवरपाचो ते फाटल्यान हेतू आसा. एक-दोन आडवाद सोडल्यार कोंकणी साहित्यीकाचे जीवनपट (चित्रपट) आजून तयार जाल्ले नात. अनन्यांतल्या मुलाखतींच्या रुपान तांच्या जीवनाचे शब्दरुप लघुजीवनपट तयार करप, हो हेतू ह्या मुलाखती फाटल्यान आसा.

ह्या अंकांत आमी नाटकाचेर भर दिल्या. जागतीक मळाचेर नाटक हें अभिव्यक्तीचें प्रभावी माध्यम मानलां. गोवा कोंकणी अकादेमीनय नाटक हें अभिव्यक्तीचें प्रभावी माध्यम मानपा वांगडाच, कोंकणी भाशेची चळवळ गोंयच्या तळागाळांत पावोवपाचें महत्वपूर्ण साधन मानलां. आनी हेच जाणिवेंतल्यान 1993 वर्सा सावन अकादेमीन कोंकणी नाट्य महोत्सवाचो उपक्रम सुरू केलो. अंदू अकादेमी ह्या उपक्रमाचो रुप्या उत्सव मनयता. कोंकणी नाटक हें फक्त उत्सवी स्थराचेरूच न उरता ताच्या विगंड विगंड आंगाची बौध्दीक स्थराचेरूय चिकित्सा जावची ह्या हेतून अकादेमीन 2014 वर्सा फर्मागुडी-फोंडें हांगा अंत्रूज लळीतक हे संस्थेच्या पालवान पयलें नाट्यसंमेलन घडोवन हाडलें. आतां येता त्या 2-3 मार्चाक अकादेमी कुडचडेच्या कोंकणी कला साहित्य केंद्राच्या जोडपालवान दुसरें कोंकणी नाट्यसंमेलन घडोवन हाडटा. कोंकणींत नाट्य लेखनाक उर्बा मेळची हे हेतून अकादमीन कोंकणी नाटक - मांड नांवाची नाट्यपुस्तक प्रकाशनाची येवजण चालीक लायिल्ली आसा. हे सगळे फाटभूंयेचेर अनन्याचेय योगदान नाट्यमळाक आसचें म्हण हो अंक आमी नाट्य विशेशांक म्हण उजवाडायतात.

ह्या अंकांत कोंकणींतले जेश्ठ नाटककार आनी गोवा कोंकणी अकादेमीचे तीन कार्याकाळा खातीर अध्यक्ष म्हण वावुरिल्ले पुंडलीक नायक हांची मुलाखत उजवाडायल्या. तरणाटे लेखक आनी समिक्षक डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांणीं ती घेतल्या. नाट्यविशेशांका खातीर एका नाटककाराची मुलाखत म्हणजे, सोबीत अस्तुरेच्या निंदलार कुकमा तिळो .

इंग्लीश नाटककार विलियम शेक्सपियर हांकां संवसारीक मळाचेर नाटकाचे प्रणेते मानतात. तांच्यो

नाट्यकृती जगभरच्या मुखेल भाशांनी अणकारीत जाल्ल्यो आसात. कोंकणींत मात आडवादानच तांच्यो नाट्यकृती दिसतल्यो. 'हॅम्लेट' ही तांची अज्रंवर नाटकृती. ह्या अंकांत नामनेचे रंगकर्मी श्री. श्रीधर कामत बांबोळकार हांणी अनुसर्जीत केल्ली ही नाट्यकृती 'सूडजागोर' ह्या नांवान आमी उजवाडायल्या. ह्या शिवाय आंतोन चेकोव ह्या ख्यातनाम रशीयन नाटककाराची, वल्ली क्राड्रस हांणी अनुवादीत केल्ली 'सयरीक' ही नाट्यकृती आमी उजवाडायल्या.

आधुनीक नाटकाचें मुळावण, लोकनाट्याचे बसकेर पडिल्लें आसा. कोंकणी नाटकय हाका आडवाद ना. जागोर, रणमालें, कालो, खेळ ह्या लोकनाट्य प्रकारांनी कोंकणी नाटकाचें बीं रुजयलें, किल्लयलें. हें प्रकार आज मूळ मातयेंतल्यान हुमटत चल्ल्योत. अभ्यास आनी कलात्मक अभिव्यक्ती हे दोनय नदरेन ह्या प्रकारांचें शब्दांकन जावप गरजेचें. ते नदरेंतल्यान सुमार पंचवीस वर्सा आदी दस्तावेजीत केल्ल्या कुमारी -सांगें हांगाच्या रणमाल्यांतलो, अरण्यकांडाचो एक भाग आमी ह्या अंकात प्रसिध्द केला.

ह्या शिवाय कविता, कथा, अनुवाद, लेख, निबंध हेवय सदचे प्रकार ह्या अंकांत आसात. मुजरत उल्लेख करूंक जाय, नामनेची इंग्लीश लेखिका आनी समाजवावुरपी, तशेंच इन्फोसिस फाऊंडेशनाची अध्यक्ष सुधामुर्ती हांची, सुनेत्रा जोग हिणें अणकारीत केल्ली 'तीन हजार टांके' ही मनीसपणाक जाग हाडपी कथा ह्या अंकांत आसा. ही कथा छापपाक तांणी दिल्ले मान्यताये तांकां काळजासावन दिनवास. महाराष्ट्रांतलो तरणाटो कवी गीतेश शिंदे हांच्यो मन अंतर्मूख करपी पाच कविता ह्या अंकांत आस्पावल्यात. नव्यो पिळगेच्यो संवेदनां व्यक्त करपी आनी आधुनीक कवितेचो उत्कृश्ठ नमुनो आशिल्ल्यो ह्यो कविता अनन्यांत उजवाडायतना खोस भोगता.

1 जानेवारी ते 31 डिसेंबर 2018 हो काळ कोंकणी भास आनी साहित्या खातीर खूब लुकसाणेचो थारला. ह्या काळांत कोंकणी भाशा आनी साहित्याचे चार शिलेदार हो संवसार सोडून गेले. ते साहित्यीक म्हळ्यार , रमेश वेळुस्कार (गोंय), श्रीमती एल. सुनिताबाय (केरळ), एन. एन. आनन्दन (केरळ) आनी आनंदी कामत मुंबै (मुंबय) .

श्री. वेळुस्कार हे जेश्ठ कोंकणी कवी आनी समिक्षक. कोंकणी खातीर तांचे योगदान खूब मोठे आसा. 25 वयर पुस्तकांचें तांणी लेखन केलां . तांची लेखणी अखंडपणान प्रसवपी. साहित्य अकादेमी पुरस्कारा बरोबर जायत्या प्रतिश्ठेच्या पुरस्कारान सन्मानीत ह्या लेखकान दुर्धर दुयेंसान तळमळत आसतनाय अनन्याखातीर साहित्य धाडलां, हें मुजरत सांगूंक जाय.

एल. सुनिताबाय ह्यो भासशास्त्री. शिवाय समिक्षा, व्याकरण, अनुवाद अशा प्रकारांतल्यान तांणी कोकंणीचो खूब मोठो वावर केला. साहित्य अकादेमीच्या अणकार पुरस्कारान त्यो सन्मानीत आसात. एन. एन. आनन्दन हे कवी आनी अनुवादक, तशेच केरळच्या कोंकणी चळवळींतले एक खांपे वावुरपी. सुमार तीन दसकां वयर काळ तांणी कोंकणी मायेची सेवा केल्या. आनंदी कामत (मुंबै) ह्यो मूळ केरळच्यो, पूण मुंबय रावन साहित्य रचनेवरवीं कोंकणीची सेवा केल्या. 'अयोध्या' सारखी कोंकणी कादंबरी रचून तिणें कोंकणी संस्कृतायेची वळख वाचकांक घडयल्या.

रमेश वेळुस्कार हे 21 ऑक्टोबर 2018 दिसा, एल. सुनिताबाय 25 नोव्हेंबर 2018, एन. एन. आनन्दन 29 जानेवारी 2018 आनी आनंदी मुंबै (कामत) 8 नोव्हेंबर 2018 दिसा अंतरली. ह्या चौगांच्या एकाच वर्सांत ह्या संवसारांतल्यान वचपान, कोंकणी भाशेचें केन्नाच न भरून येवपा सारखें लुकसाण जाल्लें आसा. तांकां सगळ्यांक आमचीं मनाकाळजा सावन आगीं.

जयंती नायक
संपादक

चौकेर

(सुसंवाद)

डॉ. हनुमंत चोपडेकार

कोंकणी रंगमाचयेर क्रांती घडोवपी नाटककार : पुंडलीक ना. नायक



कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृतायेच्या मळाचेर पुंडलीकबाब नायक फाटलीं चाळीस-पन्नास वर्सां वावुरतात, खासा कोंकणी चळवळींत तांचें व्हड योगदान आसा. कोंकणी साहित्यांत तांणी तोलामोलाची भर घाल्या. कोंकणी कविता, कथा, नाटक, कांदबरी ह्या प्रकारांत तांचें कार्य भोव तोखणायेचें. एक कवी, कथाकार, नाटककार, एकांकीकार, निबंदकार, कादंबरीकार, पटकथाकार म्हूण ते फामाद आसात. 'गा आमी राखणे', 'नवचेतना' हे काव्य/गीत झेले, 'दायज', 'वसंतोत्सव', 'बांबर', 'गुणाजी' आनी 'अच्छेव' ह्यो नवलिका/कादंबऱ्यो, 'पिशांतूर', 'मुठय', 'अर्दूक' हे कथाझेले, 'आकाशमंच', 'दिगंत', 'चौरंग' सारके एकांकी झेले, 'छप्पन थिगळी यशवंत', 'रानसुंदरी', 'गांवधनी गांवकार', 'आळशाक वाग खातलो', 'मनू', 'गोंयचो पावस', 'शिंवाचो बळी', 'गौरी आनी कल्परुख', 'बेकार भोंवडेकार', 'छुम छुम घुंगरी' हीं

डॉ. हनुमंत चोपडेकार : जल्म : 1973, कवी, नाटककार, समीक्षक, बालसाहित्यकार. *'आतां केन्ना फांतोड जातली'*, हो कविता संग्रह आनी *'हम होंगे कामयाब'*, *'कैदी नंबर 001'*, *'हरी आमचो टेंपररी'*, *'दम दमा दम,' 'कुवाडी'* हीं नाटकाचीं पुस्तकां, तर *'अस्तुरी प्रतिमा'*, हें संशोधनात्मक प्रकाराचें आनी *'रायटर आनी फायटर - रवीन्द्र केळेकार'*, हें संपादीत पुस्तक प्रकाशीत. बालसाहित्याचीं पांच पुस्तकां प्रकाशीत. गोवा कोंकणी अकादेमीचो उत्कृश्ठ साहित्य पुरस्कार (2010, नाट्य विभाग) तशेंच हेर प्रतिश्ठेच्या साहित्य पुरस्कारांनी सन्मानीत. संपर्क : बी-1, श्रीराम पर्णकुटी, यशवंतनगर, तिस्क, फोंडें, गोंय - 403401. मो. 8805152539.

बालसाहित्याचीं पुस्तकां तशेंच 'पाजण' (निबंदसंग्रह), 'रंगपाट' (नाट्यशास्त्र) हे निबंदात्मक गद्य लेखसंग्रह आनी सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हणल्यार, पन्नासां परस चड कोंकणी मराठी नाटकां रचून कोंकणी साहित्यांत अक्षरक्रांती घडोवन तांणी एकंदर कोंकणी रंगमाचयेर नवें चैतन्य पातळायलां.

तांच्या मुखेल नाटकांचो आसपाव आशिल्ले तीन खंड प्रकाशीत जाल्यात. ते म्हणल्यार – रंगशिल्प, रंगकाव्य आनी रंगरंजन. तातूंत – खणखण माती, रक्तखेव, राखण, सुरींग, सुर्यसांवट, देमांद, मुक्तताय, शबै शबै भौजनसमाज, पिंपळ पेटला, श्री विचित्राची जात्रा, चैतन्याक मठ ना, आत्मवंचना, प्रेमजागोर, प्रेमयुध्द, सांगोड, कथा अस्तुरी, दिव्या दिव्या दिपत्कार, तिरंगी चक्राचक्री, शिरी रे शिरे अधांतरी, काळजाची काणी, अंता घरा भगवंता, धनया देंवचारा, दिश्टदौलत, चित्रस्वयंवर, चतुरंग, परिक्रमा, कांसुलो, फिरंगी फटास आनी हेर नाटकांचो आसपाव जाला.

पुंडलीक नायक हांणी 'काझी नझरूल इस्लाम' (चरित्र), 'नानालाल' (चरित्र) ह्यो साहित्यकृती कोंकणींत अणकारीत केल्यात. जाल्यार तांच्या संपादीत साहित्यां मदीं 'वेंचीक कोंकणी एकांकी', 'समकालीन कोंकणी लघुकथा', 'कोंकणी नाट्यस्पर्धेचीं पंचवीस वर्सां' (सर्तीचो नियाळ) आनी 2014 वर्सा साहित्य अकादेमी प्रकाशीत 'समकालीन कोंकणी एकांकी' (एकांकी झेलो) हांचो आसपाव जाता. तांचें साहित्य देशी आनी विदेशी भासांनी अणकारीत जालां. पुंडलीकबाबाक तांच्या साहित्यीक योगदाना खातीर कोंकणी भाशा मंडळ, गोवा कला अकादमी, साहित्य अकादेमी, संगीत नाटक अकादेमी. ऑस्ट्रेलियन ऍकेडेमी ऑफ आर्टस ऍण्ड सायन्स अश्या विंगड विंगड संस्थेचे पुरस्कार फाव जाल्यात. ते भायर गोवा कोंकणी अकादेमी तशेंच साहित्य अकादेमीचे तांणी कोंकणीचें प्रतिनिधीत्व केलां.

'अनन्य' पत्रिकेच्या आयच्या ह्या अंकांत ज्येश्ठ भारतीय नाटककार पुंडलीक नायक हांची समिक्षक डॉ. हनुमंत चोपडेकार हांणी घेतिल्ली मुलाखत –

प्रस्न : पुंडलीकबाब नमस्कार, 'चौकेर' तुमकां येवकार. तुमी कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृतायेचे चळवळीत सेगीतपणान वावर केला. कोंकणी चळवळीचीं चडशीं जैतां तुमी प्रत्यक्ष पळयल्यांत. तुमकां आमकां कोंकणी चळवळ खबर आसा, पूण नवे पिळगेक तुमी कोंकणी चळवळीची कशी वळख करून दियशात? म्हणजे तुमचे नदरेन कोंकणी चळवळ म्हणल्यार नक्की कितें?

जाप : कोंकणी चळवळ ही कोंकणी मनशाक मानसन्मान मेळोवन दिवपी चळवळ. ती साहित्यीक, विचारवंत, कलाकार, तियत्रिस्त आनी कोंकणी भौसान

पुंडलीक नायक हांचेकडेन वार्तालाप करतना डॉ. हनुमंत चोपडेकार.

चलयली. म्हज्या सारक्यांक तिचें नेतृत्व करपाची संद मेळ्ळी, आमचें भाग्य. तशें पळयल्यार संवसारांतल्या दर एका मनशान आपले भाशे वरवीं आपलो फुडार घडोवचेलो प्रयत्न केला. आमी कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृतायेचो आदार घेवन कोंकणी मनशाचो फुडार सुगूर करपाचो यत्न केला.

प्रस्न : तुमी हे कोंकणी चळवळी कडेन कशे लागीं आयले?

जाप : कोंकणींतल्यान लेखन करता करतांच म्हाका कोंकणी चळवळीची वळख जाली. बाकीबाब, रवीन्द्रबाब, नागेश करमली, उदय भेंब्रे, फेलिसियु कार्दोज सारक्या फुडाऱ्यांच्या मार्गदर्शनान म्हज्या सारके कार्यकर्ते कोंकणीच्या मळार घडले. हांव तातूंतलो एक.

प्रस्न : म्हणजे, रवीन्द्र केळेकारावरींच तुमी लेगीत स्वताक रायटर आनी फायटर मानतात तर?

जाप : दुबावूच ना. कोंकणी रायटर फायटर जावनूच कोंकणी चळवळींत वावुरला. कांय जाण नाट्यकलेंतल्यान फायटर जाल्यात, कांय जाण चित्रकलेंतल्यान फायटर जाल्यात तर कांय जाण कोंकणीचे भक्तींतल्यान फायटर जाल्यात. कशें आसा जाणा, फायटींग वा संघर्श हो कोंकणी मनशाचो स्थायीभाव जावन पडला. शणै गोंयबाब आमचे मानगुटीचेर बसून हीं बरीं कार्यां करून घेयत आसा. आमी फक्त निमित्त. आमचो कारवारचो माधव मंजुनाथ श्यानभाग जांणी 1939 वर्सा अखील भारतीय कोंकणी परिशदेची म्हुर्तमेड रोयली तो लेगीत कोंकणी भक्त आसलो. ती सुस्वभावी आनी शांतचित्ताची व्यक्ती पूण भाशीक संघर्शाची बुन्याद घालून तांणी आमकां फायटींग स्पिरीट दिली.

प्रस्न : म्हणटकच तुमी पयलीं रायटर आनी उपरांत फायटर काय पयलीं फायटर

आनी उपरांत रायटर?

जाप : जाप स्पश्ट आसा. म्हज्यांतल्या फायटरान म्हजे भितरल्या रायटराक जागो केला.

प्रस्न : पुंडलीकबाब, कोंकणी चळवळीचेर उपरांत उलोवया. म्हाका पयलीं सांगात - सगळ्यांत पयलीं तुमी कितें बरयलें? कविता काय कथा?

जाप : सगळ्यांत पयलीं हांवें कविता बरयली. कुळागरांतले वाडटे माडयेचेर ती बरयिल्ली. सादारण हांव तेन्ना सातवेक वा आठवेक आसतलों. उपरांत बालनाटिका, कथा, एकांकी, नाटकां, नवलिका, कांदबरी अशे साहित्य प्रकार बरोवंक लागलों.

प्रस्न : 'गा आमी राखणे' हो तुमचो कविता झेलो चिड्डल्ल्या माड्डल्ल्यांचें सुख-दुख्ख घेवन येता. ताचें कारण किते?

जाप : कारण सोपें आसा. हांव स्वता तांचो प्रतिनिधी. हांवें स्वता तें भोगलां. हांव शेतां - भाटांत - रानांत वावुरलां, राखणो म्हूण रानान रान भोंवलां. आमी शेतां रोयल्यांत, गोरवां राखल्यांत आनी भोंवतणच्या गरीब दुबळ्या भौसाचें अंतर्मन बारीकसाणेन नियाळ्ळां. देखून तांचे प्रस्न आनी घुस्मटमार गा आमी राखणे कविता झेल्यांतल्यान अभिव्यक्त जाल्यात. ते भायर तांचो विद्रोह ते कवितेंतल्यान जापसाल दारकेन विस्फोटीत जायत गेला.

प्रस्न : तुमी नाटकां चड बरयल्यांत. तुमच्या नाट्यलेखनाची सुरवात 'खण खण माती' ह्या नाटकांतल्यान जाली. ह्या नाटकाचेर अश्लील म्हूण आरोप जाताले. ते विशीं तुमचें मत कितें?

जाप : तें नाटक गोंयचे तेदेवेळचे समाजीक जिणेचेर आदारीत आसलें. प्रत्यक्ष खण वाठारांतले जिणेचें तें वास्तवदर्शनूच म्हणात. कशें आसा जाणा हनुमंत... वास्तवता थोडी कोडूच आसता. तें नाटक गोंयांत साबार कडेन जालें. मायनींग वाठारांतूय जालें. थंयूय ताका बरो प्रतिसाद मेळ्ळो. अश्लील बी म्हणटा पळय हो विचार तेन्नाच्या समाजीक वातारवणाक धरून उप्राशिल्लो. कारण दादलो मनीस तें नाटक आपणायतालो... ऍन्जॉय करतालो. पूण आपले बायलेन तें पळोवचें न्हय असो सोयिस्कर विचित्र विचार तो करतालो. प्रत्यक्षांत तें सगळें तेन्नाचे समाजीक परिस्थितीक लागून जातालें.

प्रस्न : त्या नाटका उपरांत तुमी तुमचे नाट्यसाधनेंतल्यान कोंकणी नाटकाक राष्ट्रीय पांवड्यार व्हरून बसयलें. 'राखण', 'सुरींग', 'श्री विचित्राची जात्रा', 'शबै शबै भौजन समाज', 'चैतन्याक मठ ना', परिक्रमा', 'प्रेमजागर', 'सांगोड' सारक्या नाट्यलेखनांतल्यान तुमी आंतरराष्ट्रीय पातळेर जैत जोडलें. हें लेखनांतलें अधिश्ठान तुमी कशें जोडलें?

जाप : कोंकणी नाटकां विशीं आमचे विचार स्पश्ट आसले. रवीन्द्रबाब सदांच म्हणटाले, कोंकणी नाटककारांनी मराठी नाटकां पळोवचीं न्हय. कोंकणी नाटकांत कोंकणी मनशाचें जिवीत येवपाक जाय. वोगीच ओडून ताणून बरयिल्लें कृत्रीम जिवीत येवचें न्हय. गोंयच्या मराठी

घरकान्न साहित्यीका हेमा नायक आनी पूत युगांक नायक हांचे वांगडा पुंडलीकबाब.

नाटककारांनी मराठींतल्या मध्यवर्ती नाटकांतली लेखन संकल्पना उखलून गोंयचें नाटक उबें केल्लें. तें वास्तवतेक धरून नासलें. हांवें नाटक बरयतना ते गजालीची जतनाय घेतली. आमचे भोंवतणचें जिवीत ताच्या धोंगां-पोंगां सयत चित्रीत करतना सर्वसामान्य कोंकणी मनशाक हांवें हिरो म्हूण स्विकारलो. शेतांतलो मानाय, रानांतलो राखणो, दर्यादेगे वयलो रांपणकार, कुळागरांतलो पाडेली, मायनिंग वाठारांतले ड्रायव्हर, क्लिनर, वावराडी हीं सगळीं म्हजीं पात्रां जावन म्हज्या नाटकांत अधिकारान आयलीं.

हांवें म्हजे प्रतिभेचो आनी कल्पनेचो साज चडोवन तरेकवार प्रयोग कोंकणी नाटकांत केले. सर्वसामान्य नाटक ते मोब प्ले मेरेनचे प्रयोग करतना कोंकणी नाटकाची खेरीत वळख जावची हो ध्यास ते नाट्यसाधने फाटल्यान आसलो. तातूंत 'शबै शबै...' हें एक राजकी निसंतान आसलें जाल्यार 'श्री विचित्राची जात्रा' मनशाचे वृत्ती प्रवृत्तीचो समाचार घेवपी आसलें. हे पंगतीक 'चैतन्या मठ ना' हें नाटक आपलें वेगळें स्थान निर्माण करून गेलें. रसीक प्रेक्षकांनी म्हजीं नाटकां उबारून धरलींच पूण रवीन्द्रबाब, सुमंतबाब केळेकार, नागेशबाब सारक्यांनी तांची अपुरबाय केली.

प्रस्न : कोंकणी नाटक इतलें वयर व्हरून तुमी निमणें उत्सवी रंगमाचये खातीर खेरीत तशेंच यशस्वी नाटकां बरयलीं. तो अणभव कसो आशिल्लो?

जाप : काळाची गरज आशिल्ली म्हूण हांवें उत्सवी रंगमाचये खातीर नाटकां बरोवपाक सुरवात केली. आमी जायते

फावटीं सर्ती खातीर नाटकां बरयताले. तीं कला अकादेमींत वा हेर एक दोन सर्तींनी सादर जातालीं. पूण तीं नाटकां गोंयच्या खांचीकोनशांनी पावच नासलीं. तीं कोंकणी नाटकां सामान्य मनशां मेरेन पावचीं हो हावेस आसलो. उत्सवी रंगमाचयेर कोंकणी नाटक व्हडा प्रमाणांत सादर जावचीं ह्या हावेसान आमी अकादेमी वतीन कांय चर्चासत्रां बी आयोजीत केलीं. श्रीधर कामत सारक्या रंगकर्मी कडच्यान मार्गदर्शन घेतलें. विचारमंथन जालें आनी कशे तेरन उत्सवी रंगमाचयेर नाटक येवची ताचो ब्ल्यूप्रिन्ट तयार जालो.

हे संबंदी राजदीप नायकान आपले कला चेतना हे नाट्यसंस्थे खातीर म्हजे कडल्यान एक नाटक मागलें. योग जुळून आयलो आनी अशे तरेन 'तिरंगी चक्राचक्री', 'शिरी रे शिरे अधांतरी', 'दिव्या दिव्या दिपत्कार', 'काळजाची काणी', 'अंता घरा भगवंता', 'धनया देंवचारा', 'कांसुलो', 'फिरंगी फटास' अशीं एक परस एक नाटकां रचून जालीं.

प्रस्न : तुमच्यो एकांकी आशय विशय आनी अभिव्यक्तीचे नदरेन भोव प्रयोगशील आनी परिपक्व. 'दिगंत' आनी 'चौरंग' ह्या एकांकी झेल्यांतल्यो एकांकी जाल्यार वैश्वीक विशय मांडटना दिसतात. तांचे रचना प्रक्रिये विशीं सांगशात.

जाप : म्हज्यो एकांकी ह्यो म्हज्या वैचारीक आनी समाजीक दस्तावेजाचे घटक. एकांकी नाटकां परस वेगळ्यो आसतात. तातूंतलो संघर्श भोव म्हत्वाचो. विशयाच्या गाब्याक हात घालून अतिशय सुक्ष्म पातळेचेर एकांकीचो आशय व्हरपाची कळाशी एकांकीकारा कडेन आसची पडटा. 'महासागरांतलें तारूं', 'खाटकागेर एक रात', 'पाडे बांयंत भांगर पिकलां', 'मर्णकटो' आनी 'एक पोर नागडेंच उरता', 'पावणी' सारक्यो एकांकी ताची देख आसा. सामान्य विशय लेगीत संवसारांतल्या दर एका सामान्य मनशाचे आसतात. ह्या परिवेशांत बरयिल्ल्यो त्यो एकांकी रसिकांनी माथ्यार घेतल्यो.

प्रस्न : प्रयोगशील अशीं यशस्वी नाटकां बरोवन तशेंच इतली व्हड नामना मेळुनूय नवलिका आनी कादंबरी बरोवचें अशें तुमकां कित्याक दिसलें? तशेंच 'अच्छेव' ही गाजिल्ली कादंबरी बरोवन उपरांत तशी दर्जेदार कलाकृती पुंडलीक नायक हांचे कडल्यान कित्याक बरोवन जाली ना?

जाप : नाटकाक स्वताची अशी एक व्यक्तिरेखा आसा. नाटक निव्वळ साहित्यकृती न्हय तर ती एक प्रयोगक्षम कलाकृती. नाटकांत दृकश्राव्य तत्व जरी आसलें तरीय एक विशिश्ट मर्यादाय आसा. रंगमंचाचे चौकटींत रावुनूच तुका नाट्यलेखन करचें पडटा. नवलिका आनी कांदबरींत ती मर्यादा नासता. देखून ते प्रकार हाताळप जाले. नवलिका आनी कादंबरी बरोवप्याक एक आख्खें मळब भेटयता. त्या अथांग मळबाचेर तुजें इंद्रधोणू चितारपाची आनी कल्पकताय दाखोवपाची संद दिता. तेपासत हो प्रकार निवडप जालें. 'बांबर', 'दायज', 'वसंतोत्सव', 'गुणाजी' ह्यो

'तियात्राची शंभरी' हे कार्यावळीचो उक्तावण प्रसंग. दिवली पेंटयतना त्या वेळावयले कायदा मंत्री लुईझीन फालेरो, अकादेमीचे त्यावेळावेले अध्यक्ष पुरुषोत्तम काकोडकार आनी सचिव वि. म. घुमे हांचे वांगडा पुंडलीकबाब (1993)

नवलिका खेरीत विशयांक धरून घडल्यो.

'अच्छेव' हो म्हजे लेखनप्रक्रियेचो आत्मसोद कसो. मिनाचो धंदो आमच्या गोंयांत आनी म्हज्या गांवांत पावलो आनी आमचीं शेता-भाटां पडींग पडपाक लागलीं. दिसवड्या मुखार वा दुडवां मुखार मनीसपण शेणपाक लागलें. तें पळोवन अस्वस्थ मनान बरयिल्ली ती कादंबरी. ती कांदबरी बरयतना मिनाचे खणीर कामाक वचपी म्हजे इश्ट महादेव नायक आनी सांगात्यांचो व्हड आदार म्हाका लाबलो.

प्रस्न : हय, पूण ती जैतिवंत कादबरी बरोवन पुंडलीक नायक हांची कादंबरी लेखनाची प्रतिभा खंय आटली?

जाप : हनुमंत, प्रतिभा ही ईश्वरी देणगी. ती आटूंक शकना. ती आटूंक ना. ती कोंकणीच्या हेर कार्यांत घालोवची पडली. 1985 वर्सा कोंकणीचें राजभास आंदोलन सुरू जालें. कोंकणी प्रजेचो आवाज हे संघटणेचो म्हाका निमंत्रक म्हूण वावर करचो पडलो. तें आंदोलन 555 दीस चल्लें आनी उपरांत गोवा कोंकणी अकादेमी, साहित्य अकादेमी सल्लागार मंडळा वयली आनी हेर जायत्यो जापसालदारक्यो स्विकारिल्ल्यान अच्छेवा उपरांत तसली दुसरी कादंबरी आयली ना. पूण लेखन चालू आसा. खासा करून चळवळींतल्या अणभवांचेर चिंतन, मंथन आनी लेखन चल्लां.

प्रस्न : पुंडलीकबाब, हांव त्याच विशया कडेन येवपाचो आसलों. म्हाका सांगात हें 555 दिसांचें राजभास आंदोलनांत तुमचो कसो संबंद आयलो. म्हणजे तुमी तातूंत

कशे वांटेकार जाले?

जाप : कोंकणी प्रजेचो आवाज म्हणल्यारूच के.पी.ए. 19 जुलय 1985 ह्या दिसा गोंय, दमण आनी दिवचे विधानसभेंत पावसाळी अधिवेशनांत लुईझीन फालेरो ह्या आमदारान कोंकणीक राजभास करची हें जें खाजगी बील विधानसभेंत मांडिल्लें ताचो अपमान करून तत्कालीन प्रतापसिंग राणे सरकारान भायर मारलें. ताचो निशेध करपाच्या हेतून 29 जुलय 1985 साकून के.पी.ए.न वावर केलो. ताचो निमंत्रक म्हूण भोव तोलामोलाचें कार्य आमकां करचें पडलें. नवे पिळगेक अजाप दिसतलें, वट्ट 555 दीस चलिल्ल्या ह्या आंदोलनांत आख्खें गोंय पेटून उठिल्लें. रवीन्द्र केळेकार सारके आमचे म्हालगडे नेते त्या आंदोलनाक मार्गदर्शन करताले. ह्या आंदोलनांत राजकी फुडारी, पत्रकार, लेखक, तियात्रिस्त, विद्यार्थी, साहित्यीक संस्था, दादले, बायलो, तरनाटे, चले चलयो अशे साबार लोक वांटेकार जाल्ले.

प्रस्न : पुंडलीकबाब, प्रत्यक्षांत हो कोंकणी-मराठी राजभाशेचो प्रस्न गोंयचे विधानसभेंत समाजीक आनी धर्मीक पांवड्यार कसो देंवलो?

जाप : हें आमचें दुर्दैव. 19 डिसेंबर 1961 ह्या दिसा गोंय मेकळें जालें खरें पूण आमच्याच कांय गोंयकार भावांनी तें महाराष्ट्राक जोडपाचें कारस्थान शिजयलें. 1967 वर्सा आमी जनमत कौलांतल्यान तें कारस्थान निस्तरलें. रोखडेंच साहित्य अकादेमीचे मान्यतायेची प्रक्रिया आरंभ जाली. 1975 वर्सा कोंकणीक साहित्य अकादेमीची मान्यताय मेळ्ळी तेन्नाय

अकादेमीचे अध्यक्ष आसतना आंतरराष्ट्रीय किर्तीचे न्युरोसर्जन डॉ. प्रेमानंद रामाणी हांच्या 'ताठकणो' ह्या आत्मचरीत्राचो हेमा नायक हिणें केल्लो कोंकणी अनुवाद अकादेमीन प्रकाशीत केलो. ताच्या विमोचन प्रसंगार डॉ. रामाणी हांचो भोवमान करतना पुंडलीकबाब. वांगडा त्या वेळावेले गोंय राज्याचे मुखेलमंत्री दिगंबर कामत आनी हेर मानेस्त.

त्या वेळावयले भारताचे राष्ट्रपती भौ. प्रणव मुखर्जी हांचे हस्तुकीं संगीत-नाटक अकादमीचो पुरस्कार स्विकारताना पुंडलीकबाब. (2014)

साहित्य अकादेमींतल्या मराठी प्रतिनिधींनी तिका आजनेर केली. 1976 वर्सा ती निस्तारता थंय आसा 1985 वर्सा राजभास आंदोलन सुरू जालें. जें सुमार 555 दीस चल्लें. हनुमंत, तूं म्हणटा तसो हो राजकी विशय. तो समाजीक पांवड्यार देंवप सभावीक आसलें. पूण दुर्दैवान तो धर्मीक आनी जातीय पांवड्यार देंवलो. ताका लागून त्या 555 दिसांनी गोंयांत कायदो आनी सुवेवस्था हाल्ली. समाजीक, सांस्कृतीक, राजकी, प्रशासकीय, शिक्षणीक आनी असल्या म्हत्वाच्या मळांचेर आकांत पातळ्ळो. सांगपाचें म्हणल्यार, रातयां धर्मीक आनी जातीय समिकरणां बदलपाक लागलीं. भौजन समाजाक प्रतिनिधीत्व करपी म्हूण म्हजी निवड जाल्ली आनी तोच मोठो चर्चेचो विशय आसलो.

प्रस्न : के. पी. ए. चें फुडारपण करतना कसले कोडू-गोड अणभव मेळ्ळे?

जाप : अणभव खूब आसात. गोड अणभवा परस कोडूच चड आसात. त्या 555 दिसांनी सभेचें आयोजन करप, धरणें धरप, पत्रकां काडप, पत्रकार परिशद घेवप, शिश्टमंडळां धाडप, प्रत्यक्ष आंदोलनाचें नियोजन करप, कार्यकर्त्यांत मार्गदर्शन करप अश्यो जायत्यो गजाली करच्यो पडटाल्यो. जायते कडेन परिस्थिती हाताभायर वताली. जायते कडेन झगडीं, मारामारी जातालीं. एक निवळटा म्हणसर दुसरें प्रकरण उप्रासतालें. रस्ते आडोवप, सरकारी मालमत्तेचो लासून गोबोर करप, कदंबाच्यो बशी लासप अशे प्रकार गोंयभर जावंक लागिल्ले. तातूंत के.

पी.ए.चो फुडारी म्हूण दबाव येतालो.

त्या आंदोलनांत वैयक्तीक पांवड्यार पत्रां बरोवन वा पत्रकां काडून कांय तथाकथीत विरोधक मनाचें खच्चीकरण करताले. तुका सांगतां, आमच्या सावयवेरेंच्या छापखान्यार हल्लो जालो. घरार फातर शेंवटप जालें. म्हाका आनी हेमाक भायर सरपाक मेळचें न्हय म्हूण प्रयत्न जाले. आमकां घरांतूच रावचें पडलें. हांवें फाटीं सरचें म्हूण सगळे वटेनच्यान म्हजी गोची करपाचे यत्न जाले. पूण हांव फाटीं सरलों ना. खरें सांगचें म्हणल्यार... फाटीं सरचे पासत तें पेंगट बांदूंक नासलें. कोंकणी भाशेक राजभास करून तिका तिच्या हक्काच्या पाटार व्हरून बरोवपाच्या हावेसान तें अधिश्ठान आरंभ केलें. ते घरबंदीच्या प्रसंगार दत्ता श्री नायक सारक्या आमच्या निश्ठावंत कोंकणी कार्यकर्त्यान तेन्ना आमकां पुलीस प्रॉटेक्शनान पणजे व्हेले.

प्रस्न : हांवें वाचिल्ले प्रमाण त्या आंदोलनांत केप्यां जाल्ले एके सभेंत लिपीचो प्रस्न उप्राशिल्लो. म्हाका सांगात, तेन्ना नक्की कितें जाल्लें?

जाप : हें आंदोलन सुरू करचे पयलीच आमकां खबर आशिल्लें : एक ना एक दीस हो लिपीचो प्रस्न केन्ना तरी तकली वयर काडटलो. आमकां क्रिस्तांव समाजाचें शंबर टक्के समर्थन आशिल्ल्यान विरोधक तो दाव खेळटले हें आमी गृहीत धरिल्लें. हे संबंदी आमच्यो पांच स तरी मिटींगो जाल्यो. लिपीचो प्रस्न हो कोंकणी समाजाचो आंतरीक प्रस्न, तो आमी आमच्या वेदीचेर सोडोवचो असो निर्णय आमी सगळ्यांनी घेतिल्लो.

नामनेचे तियात्रीस्त एम्. बोयर हांकां पद्मश्री फावो जाल्लेखातीर तेन्ना अकादेमीचे वतीन तांचो भोवमान करतना पुंडलीकबाब. वांगडा जॉन क्लार फेर्नांडीस. (2005)

रवींद्र केळेकार हांकां भारतीय ज्ञानपीठ पुरस्कार फावो जाल्ले खातीर अकादेमीचे वतीन तांचो भोवमान करतना पुंडलीकबाब. (2010)

पूण केप्यां एका गांवांतले जाहीर सभे वेळार कोणें तरी बोवाळ घालो आनी प्रस्न उपस्थीत केलो. 'आरे, तुमी कोंकणी कोंकणी म्हणटात, पूण पोयलीं सांगात के. पी.ए.ची लिपी खोंयची?' तेन्ना कोता नांवाचो मात्सो जाणटो कार्यकर्तो उठलो आनी ताणें प्रस्न विचारप्याक प्रतिप्रस्न करतानाच जाप दिली ती अशी : 'आरे सभाग्या, के.पी.ए. म्हणल्यार कोंकणी प्रजेचो आवाज... आनी आवाजाक लिपी लागता व्हय रे?' तुका सांगता हनुमंत, त्या दिसा सावन के.पी.ए.चें कार्य ह्या असल्या वावुरप्यांक लागुनूच तडीक पावलें आनी आमकां जैत मेळ्ळें.

प्रस्न : *555 दिसांच्या आंदोलनांतलो सगळ्यांत व्हड प्रसंग खंयचो अशें तुमकां दिसता?*

जाप : तशे खूब प्रसंग आसात. खासा करून सांगचें जाल्यार फ्लावियान वाज ह्या तरनाट्याक फारपेट जातकच आनी उपरांत मंडूर डोंगरेर बळी पडिल्ल्या स जाणांच्या मरणान उप्राशिल्ली परिस्थिती हे सगळ्यांत जड प्रसंग आमकां झेलचे पडले. आमचेर वैयक्तीक आरोप प्रत्यारोप जाले, ते आमी सहन केले पूण तरनाट्या वावुरप्यांचीं रगता व्हांवलीं तेन्नाचो तो प्रसंग आनी आमच्या भांगराळ्या गोंयांत धर्मीक आनी जातीय एकचाराचेर जाल्लो आघात हे प्रसंग म्हज्या सारक्यांक हालोवन गेले.

प्रस्न : के.पी.ए.च्यो सगळ्यो मागण्यो पुराय जातकच तुमकां आंदोलनाचे फुडारी आनी एक कोंकणी लेखक म्हूण नक्की कशें दिसलें? तुमी भितरल्यान नक्की कितें अणभवलें?

जाप : खरें सांगचें जाल्यार 04 फेब्रुवारी 1987 ह्या दिसा कोंकणी ही गोंय, दमण आनी दिव संघप्रदेशाची राजभास जाली. तो दीस, उपरांत 30 मे 1987 दिसा कोंकणी वरवीं गोंयाक मेळिल्लो घटक राज्याचो दर्जो आनी 20 ऑगस्ट 1992 ह्या दिसा कोंकणीचो संविधानाचे आठवे अनसुचीत जाल्लो आसपाव ह्यो कें.पी.ए.च्यो सगळ्यो मागण्यो पुराय जातकच एक आत्मीक समाधान मेळ्ळें. आमी आमचे आवयभाशे खातीर झगडिल्ले. तिका मानाच्या पाटार बशिल्ली पळोवन जीण धन्य जाली. तिच्या जैताच्या अग्नीकांडात म्हज्या सारक्याची ल्हानशी समिधा पडली म्हूण काळीज भरून आयलें. तुका सांगतां हनुमंत, अमेरिकेंत सी. एन. पारेख शिश्यवृत्ती घेवंक पावलो तेन्ना थंय आपले आवयभाशेक सर्वोच्च पदार व्हरून सोडपी लँग्वेज एक्टिविस्ट म्हूण लोकां कडल्यान म्हाका खूब मानसन्मान मेळ्ळो. तूं तुजे भाशे खातीर झगडला देखून आमकां तुजो अभिमान दिसता अशें ते म्हणटाले. येद्या व्हडल्या देशांतले ते अभ्यासक म्हज्या कार्याचो गौरव करताले. भाशीक एक्टिविस्ट म्हूण मेळिल्लो मान होच म्हजो सगळ्यांत व्हडलो पुरस्कार अशें म्हाका दिसता.

प्रस्न : पुंडलीकबाब, मुलाखतीच्या निमण्या पांवड्यार आमी पावल्यात. आयज कोंकणी चळवळीक मरगळ आयल्या अशें जाणकार म्हणटात. कोंकणी चळवळीक चैतन्य हाडटलो जाल्यार कितें करपाक जाय अशें तुमकां दिसता?

जाप : अखील भारतीय कोंकणी परिशद ही आमची पेरन्ट बॉडी. तिणें हेर म्हालगड्या संस्थांक आनी व्यक्तींक एकठांय हाडून नव्यान संघटण बांदून कोंकणी भास आनी कोंकणी भौसाच्या फुडल्या 100 वर्सांचो मास्टरप्लॅन तयार करून तो अंमलांत हाडचे पासत तरनाट्यांची फौज प्रत्यक्ष कामाक लावपाक जाय अशें म्हाका प्रामाणीकपणान दिसता.

प्रस्न : पुंडलीकबाब, तुमच्या ह्या उतराक 'आमेन' अशें म्हणून हांव हे मुलाखतीक आमी पुर्णविराम दिवया. अनन्याच्या संपादक मंडळाचे वतीन तुमकां दिनवास. 000



कथामंच

(कथा)

गजानन जोग

मॅनेजराची माण्णी

दिवचल तालुक्यांतल्या एके नावाजते खण कंपनींत उण्या अणभवाचो शंकू ड्रायव्हर म्हूण लागलो तेन्ना हेर ड्रायव्हरांक अजाप दिसलें. पूण मॅनेजरान कंपनीच्या विशेक ड्रायव्हरांतल्यान शंकूक आपणालो ड्रायव्हर म्हूण घेवपाक थोडीं कारणां आसलीं.

कंपनीच्या मॅनेजराक ड्रायव्हर जाय आसलो. केन्ना जीप, केन्ना धाकटी गाडी आनी प्रसंगाक ट्रकूय चलोवचो पडटलो अशी ती शिर्विस. सकाळीं येवपाचें टायमार, घरा वचपाचो टायम थल्लेलो नासतालो. मॅनेजराक कशें काम आसत ते प्रमाण तें थरतालें. मॅनेजराक तरनाटो ड्रायव्हर जाय आसलो देखून तो सोताच त्या दिसा मुलाखती घेतालो. मुलाखतीक आयिल्ल्या ड्रायव्हरांत सगल्यांत ल्हान आनी हेरांच्या मानान अणभवानूय उणो. दिसपाक गांवठी आनी उलोवपाक फार्टी. मॅनेजरान ताका मूळ गांव कितें, बापूय कितें करता असले दोन तीन प्रस्न विचारले. शंकू तितले पुरतेंच उलयलो. मागीर मॅनेजरान विचाल्लें,

'तुका हांवें कित्याक म्हजी गाडी चलोवंक घेवचो?' जाल्यार शंकून सांगलें, 'मियां लायसन काडून फकस्त पांचूच वर्सां जालीं पूण मी धाकलो टरक, व्हडलो डंपर, धाकटी गाडी, झीप, व्हाळपै-पणजे बस, डिलायवरी टेम्पू, शेवाळें आनी ट्रयाक्टरूय चलयला. मी सोरो खायना. बायल रांदून दिता तितक्यांच मी खातंय, भायलीं खाणा माका नाका.'

'केन्ना केन्ना हांव जाम जातां तेन्ना हांव बियर मारतां. तूं म्हाका वांगड म्हूण इल्ली घेतलो मरे?'

गजानन जोग : जल्म : 1952, कथाकार, अनुवादक, *'रूद्र'*, *'सोद'* आनी *'खांद आनी हेर कथा'* हे कथासंग्रह तशेंच *'गोपी'* आनी *'वर्स फुकट वचूंक ना'* ह्यो बालनवलिका प्रकाशीत. गोवा कोंकणी अकादेमीचो साहित्य पुरस्कार, साहित्य अकादेमीचो साहित्य पुरस्कार, साहित्य अकादेमीचो बालसाहित्य पुरस्कार अशा पुरस्कारांनी सन्मानीत. संपर्क : मुक्ता कामत पायग्रोव इस्टेट, आयडियल हायस्कुला लागीं, ताळगांव, गोंय - 403002, मो. : 9421246655.

'ना धनया, जमाचां नाय.'

'कित्याक, हांवें सांगल्यारूय जमाचां नाय?' मॅनेजरान हांसत विचाल्लें. जाल्यार शंकून सांगलें, 'मगे काय करतलों मी, सोडटलों शिर्वीस तुमची, दुसरो उपाव नाच.'

'खंयच्या काळाची भास उलयता रे तूं? आतां पियेना असो कोण उरला तर?'

'उरल्यात तर लोक, आमचां धोंडाचांच बगात, जे लईराईचो कडक उपास पाळून धोंड म्हणान जात्रेक वयतत, ते कन्नाच सोरो खावचे नात.'

'चल, ह्यां जमलां तर!' मॅनेजरान ताचे भाशेंत सांगलें आनी हांसलो. 'शंकू, फाल्यांच्यान सकाळीं आठांक पांच आसतना येवपाक लाग माज्या बंगल्यार... कितें, जमतलें मा?'

'हय धनयां, येतां' म्हणत नमस्कार करून शंकू गेलो.

सांखळेच कंपनीन बांदून दिल्ल्या बिराडांत शंकू रावपाक लागलो. मूळ कंपनी भायली आशिल्ल्यान हांगा ती हेरां परस पगार बरो आनी त्या भायर कांय बऱ्यो सवलतीय कामदारांक दिताली. काम चोख आनी पगार चोख ही ते कंपनीची मोख आसली. वर्साक हजारभर कोटी रुपया फायदो करपी कंपनी त्या मानान कांयच व्हडलो खर्च कामदारांचेर करी नासली. पूण पावसांत कामाचे गरजे प्रमाण कोणाक रेनकोट, कोणाक सत्री, कोणाक गमबूट अश्यो गरजेच्यो वस्तू आपणाल्या कोंतार दिताली. त्या भायर त्या त्या हुद्द्या प्रमाण कामदारांचो आयुर्विमोय कंपनी घेताली.

आपणालें काम बरें आनी आपूण बरो असो शंकूचो सभाव. तो एका पैशिल्ल्या गांवचो जाल्ल्यान ह्या कामाक लागलो तेन्ना थंय कोणूच ताचे वळखीचो नासलो देखून तो आपले भितर रावतालो. तीच ताका संवय लागली आनी तो चड उलयना म्हणटकीच जेन्ना कॅण्टिनात बिन मेळटाले तेन्ना हेर ड्रायव्हर क्लिनरूय ताचे कडेन चड उलयनासले. नाय जाल्यार तो मॅनेजराचो ड्रायव्हर जाल्ल्यान लोक ताका इल्लो मान दिताले. तो शांतपणान कुशीच्या मेजार बसून आपणालो डबो उगडटालो आनी जेवतालो. तो भायर सरतना ताची बायल शशी चुकनासतना जेवणाचो डबो, उदकाची बाटली दिताली. सकाळीं बेगीन कितेंय तरी खावन फुटी च्या मारून तो भायर सरतालो. मदीं केन्नाय गरज लागल्यार कॅण्टीन आसलेंच. थंय सगलें खाण आनी जेवणूय तांकां सवाय मेळटालें, पूण शंकू थंयचें खाण चड करून खायनासलो.

शंकू, शशी आनी तांचें अपुरबायेचें बाय सुगंधा असो तिगांचो घराबो बरो हांसतो खेळटो आनी हेर बिराडांतल्या लोकांक तांची व्हडवीक दिसची. कामारसून सुटून पुरो जावन चडशा बायलांचे घोव ताव्हेर्नां, बारांनी बसताले तेन्ना शंकून घरा येवन पाणी न्हावचें आनी देवाची पटी वाचून मागीर बाये वांगडा वांकुळचें.

वर्सां वतालीं. रांदपाक वचून, फॉल बिडींग करून, बारीक सारीक शिवण करून दिवन शशीय चार पयशे जोडटालें. शंकून ताका शिंवपाचें, लायटीर चलपी मशिनूय

घेवन दिल्लें. पूण शशीची चड जोड घरा रांदप करून जेवण दिवन जाताली. तें बरें रांदता आनी कामाक चोख, हात मारिना ही गजाल लक्षांत येतरीत आशिकुशीच्या गांवांनी ताकाच जेवणाक आपोवपाक लागले. अशे तरेन शंकू शिर्विशेर आनी शशी रांदप, शिवणीचेर अर्शी दोगांय बरीं जोडटालीं. थोडे पयशे गांठीक उरपाक लागले तेन्ना दोगांयनी फुडलो विचार करून एक ल्हानसो फ्लॅट बूक केलो आनी ताचे त्या त्या वेळार थरिल्ले प्रमाण बिल्डराक पयशे पावते करपाक लागलीं. बिल्डरान मॅनेजराक लागून सरकारी येवजणेचो लाव करून घेवन तांकां थोडो आवसूल जोडून दिलो. ल्हवू ल्हवू ती बिल्डींग वयर सरपाक लागली. मागीर शेनवारचीं सांजवेळार तीं तिगांय स्कूटरीन बांदकामाच्या जाग्यार पावपाक लागलीं. आपणालें सोताचें घर तयार जातना एक कृतार्थतायेची भावना आपसूक तांच्या मनांत येताली. सुगंधा शाळेंत कागदाचीं फुलां करपाक शिकिल्लें. तिनांय कुडींनी आपणें केल्ल्या फुलांच्यो फुलदाणयो दवरपाची तयारी करतालें. दीस उमेदीन उजवाडटाले आनी फायचे उत्सुकतायेन सोंपताले. पूण दैवाचे खेळ कशे आसतात तें आदीं कोणाकूच कळना हेंच खरें.

अशेंच एके कडेन भौशीक कार्यावळी खातीर दोनेकशीं लोकांचें जेवण रांदपाक शशी गेल्लें. रांदप चालू आसतना दोनांतल्या एका सिलिंडराचो स्फोट जालो आनी तातूंत शशी आनी शिनून-कांतून दिवप्यांतली एक बायल खुबूच भाजली. रोखडीच तांकां हॉस्पिटलांत व्हरपाची वेवस्था जाली पूण चडूच हुलपल्लें शशी दोन दीसांनी सोपलें. तेन्ना चौदा वर्सांचें सुगंधा सामकेंच कोसळळें. शंकूक आपणालें दुख्ख भितल्ले भितरलेरूच बांदून दवरचें पडलें कारण बापूय खचला हें समजल्यार सुगंधा सामकेंच गळसणपाचें. शशीच्या निमाण्या खिणाक शंकून ताच्या कानात सांगलें, 'तूं कांयच भियेवं नाका, हांव बायक म्हाज्या जिवापाश्ट सांबाळटलों, प्रसंगाक म्हजो प्राण दितलों पूण ताका साल्वार करतलों.'

फ्लॅटांत रावपाचो दाखलो मेळ्ळो खरो पुण घरची घरकान्नूच सोंपली आनी नव्या घराची सगली मजाच गेली. थंय शशी बगर रावपाक वचपाचो विचारूच शंकू जाव सुगंधा करूंक शकनासलीं. सुगंधान आपणें केल्लीं फुलां शशी गेलें त्याच दिसा रडत रडत पिसडून पिसडून उडयल्लीं.

सुगंधा दुसरो उपाय ना जावन शाळेक वतालें. जमता तसो अभ्यास करतालें पूण तें आतां उदकाक आशेल्ल्या रोंपल्या भशेन सुकपाक लागिल्लें. धड जेवण-खाण ना, घराची धड नितळसाण ना अशें सगलें चलतालें. एकली बायल येवन जेवण रांदून दिताली पूण तें जेवण सुगंधाक कशेंच चलनासलें. आवय ना ही गजाल सुगंधाक चांटेपावलाक रडोवपाक लागली.

मागीर थोडे दीस शंकून आपणाले आवयक हाडून दवरली. तितले थोडे दीस तातूंतल्या तातूंत बरे गेले. पूण आवय चड दीस रावूंक शकनासली. वतना तिणें शंकूक

आनी सुगंधाक मुखार बसोवन सांगलें,

'आतां चड विचार करून तुमच्या जिवांची वाट लावन घेवं नाकात. शंकुल्या, तूं आतां बेगिनांत बेगीन परत लग्न जा. बायल मनशेचो घोळटो हात घराक ना जाल्यार घराची भंगसाळ जाता. बाय, सुगंधा, तूंय आतां ल्हान ना. इल्लें इल्लें काम करपाक लाग, निवळसाण कर. जंय नितळसाण आसता थंयच लक्ष्मी रावता हें लक्षांत दवर. आनी बाबा तुका नवी आवय हाडटलो, तिका तूंच सांबाळून घे. ती तुका सांबाळीत ना सांबाळीत. तें कितें तें फुडेंच समात्तलें. तिका सगलेंच नवें हांगा. तूंच तिका सांग, बाबाक जेवणाक कितें आवाडटा, तुका कितें आवाडटा... अशें सगलें सगलें..प्रेमान प्रेम वाडटा... कितें रे शंकू..' शंकून मान हालयली.

परत लग्न जावपाचे बाबतींत शंकूचें हय ना हय ना अशें चलतालें. एक दीस मॅनेजराक घेवन तिनय घांटांतले एके मायनीर तो गेल्लो. त्या दिसा मॅनेजर बरोच रंगार आसलो. खबरी सांगतां सांगतां मॅनेजरान ताका मदींच विचाल्लें, 'शंकू, आरे तूं परत लग्न कित्याक जायना?... तूं अजून तरणो आसा, पदराक वाडटी चली आसा. फाटलें विसरून तूं लग्न जाल्यार बरो.' शंकून फकत मान हालयली.

कोणें घाली खबर ना पूण शंकू दुसरे फावट लग्नाक तयार आसा अशी वदंता रोखडीच खंय खंय पावपाक जाय थंय पावली. बरी शिर्वींस करपी, बऱ्या गुणाचो, सिगार-सोरो कांय लागना तसलो नीट उब्या रस्त्यान चलपी शंकूक दुसरेपणाच्यो सोयरिको आयल्योच, त्या भायर दोन कुंवार चलयांच्योय सोयरिको आयल्यो. आरोंदेची एक विजू नांवाची चली शंकू इश्टा वांगडा वचोन पळोवन येयलो. तेका ती मानवल्ली. इश्ट म्हण्टालो, तें तीख, तारवटी मिसांग शें दिसलें रे... पूण शंकूक ती चली मानवल्ली. तिचो फोटू सुगंधाक दाखोवन ताणें विचाल्लें, 'सुगंधा, हें तुका कशें दिसता गो?' सुगंधा कांय उलयनासतना वगीच रावलें.

विजूचो- ते चलयेचो बापूय हयात नासलो आनी तिचे दोन भाव कांयच जोडिनासले. आवय आठवडी बाजाराक आरोस, वाडी-बिडीक वचून रस्त्याकुशीक मेणकापड हांथरून लिगां, तिकल्यो, फणयो असलें वतारी सामान विकून दोन पयशे जोडटाली. गोंधळीक म्हूर्त धरून चलयेगेर सामक्या सादेपणान लग्न जालें. तांची सामकी गरीब परिस्थिती पळोवन शंकून रजिस्टर लग्नूच करचें अशें थारायल्लें. पूण विजूच्या आवयक धर्मीक पद्धतीन लग्न जाल्लें जाय आसलें. जो कितें इल्लो जालो तो खर्च शंकूनूच केलो.

शंकू कामा वेल्यान येतकीच मोगान धुवेक लागीं धरतालो, अपुरबाय करतालो. विजूक दिसतालें, आपूण नवी व्हंकल, ताणें आपणाल्या फाटीं फुडें रावचें, मोगान विचारपूस करची. दोन दीस रावून शंकूची आवय मूळ घरा वचपाक भायर सरली तेन्ना विजून ती गजाल सासुमांयक सांगली. जांव गो, चार राती वचूं दी आपशींच जाग्यार

येतलो अशें म्हणलें आनी फकत हांसली.

आदीं सुगंधा आनी शंकू कुडींत न्हिदतालीं. ह्या लग्ना उपरांत सुगंधाचें हांथरूण भायर ऊठ-बस करपाचे सुवातेर पावलें. ताका थंय कशीच न्हीद लागनासली. दोन दीस गेले आनी तिसरे राती मदींच सुगंधान बापायचे कुडीचें दार वाजयलें तेन्ना इतले दीस तोंड धांपून राविल्लें विजू तापलें. ताणें शंकूक सांगलें, 'ह्या चेडवाक सिस्त म्हून्तत ती कुस्कूटाची ना. सिस्त म्हन्तत ती काय ह्यां मी तुज्या चेडवाक दाकयतलींच. रव, रव गो तूं भिरमुटे, बगीत रव....'

तीं उतरां आयकून शंकूक घाम फुटलो जाल्यार सुगंधा रडपाक लागलें. मागीर भायर येवन शंकू सुगंधासरींच भायर खाचकटेंतूच आड पडलो. पूण तेका न्हीद लागली ना. ताका दिसलें, झक माल्ली आनी हे मिरसांगेक घरांत घेतली.

ते रातीच्यान प्रकरण बिनसळपाक लागलें तें लागलेंच. विजू मुळचेंच झगडाळ, फटकिरें आनी आळशी. ताणें आपणालें भितल्लें रूप दाखोवपाक सुरवात केली आनी सुगंधाक एके वावराडे परस चड कामां दिवपाक सुरवात केली. कितेंय चुकलें जाल्यार ताका हातबोट लावप, गरम कायलाथो लावप असल्योय ख्यास्ती दिवपाक लागलें.

शंकू सोता चवथी नापास जाल्यार सुगंधा सातवी पास आसलें. सटासट उलयतालें आनी शंकूक फुडें उतर फुटना अशी अवस्था करून सोडटालें. फुडें फुडें कितें वाडून दवरलां काय अशे विचार मनांत येवन शंकू सामको निर्शेतालो आनी तितलो तितलो चड चड खंती जायत वतालो. सुगंधान बापायक नवे आवयची कागाळ सांगूक ना असो एक्क दीस वचनासलो. आतां सुगंधा एसएससीक पाविल्लें आनी ताचो अभ्यास वाडिल्लो. पूण विजून ताचेर घाल्लीं घरांतलीं कामां उणीं करूंक नासलीं. आवयचें पळोवन सुगंधा चार नग रांदपाक शिकिल्लें आनी सुरवातीक हे आवयचें बरेपण घेवपा खातीर तें कितेंय रांदपाक लागलें आनी तीच गजाल चुकली. फांतोडेर उठून दोन नग करून मागीरूच सुगंधान शाळेक वचपाचें असो कायदो नवे आवयन केलो. बावडें पोर झक मारीत उठ्ठालें आनी गडबडींत कितेंय तरी रांदून दवरतालें. दनपरां शाळेंतल्यान आयले उपरांत आयदना घांसप, कपडे उमळप असलीं कामांय ताका करचीं पडटालीं. बावड्या शंकूक हें सगलें कळटालें, शेजारी बायलोय सांगताल्यो पूण फातरा पोंदा हात सांपडिल्ल्यान तो तोंड धांपून वग्गी रावतालो. एक दीस मॅनेजराक ताणें ही गजाल सांगली तेन्ना तें आयकून तो सामको तापलो. आपूण येवन तिका बुद्द शिकोवं काय विचारपाक लागलो. शंकून ती गजाल परत मॅनेजरा कडेन काडली ना.

मॅनेजराक घेवन आनिक एक फावट तिनय घांटांत गेल्ले कडेन एका वोल्तार जीप देंवता आसतना, एका चडटी चडपी ट्रकाक फाटीं घालतना, एक व्हडली कार सामकी जिपीच्या आंगार आयली. पात्रांव पात्रांव सांबाळ अशें शंकू आड्डलो. मॅनेजरान भायर हुडकी मारली आनी खिणा भितर

ट्रक, कार आनी जीप अशा तीन वाहनांचो अपघात जावन शंकू आनी कारीचो ड्रायव्हर आक्ताक सोंपले. मॅनेजराचे हात आनी धोंपरां धाडावलीं पूण तो जिवानशीं सुटलो. क्रेन, पुलीस, पंचनामो अशें सगलें जाय मेरेन चार वरां गेली. तिनसांजच्या वेळार मॅनेजर एके व्हॅनींत शंकूची कूड घालून घेवन सांखळे पावलो. सुगंधाक ती खबर सांगप हें ताच्या जल्मांतलें सगल्यांक गटखळ, दुखदिणें काम ताणे निभोवन व्हेलें. सुगंधा भितल्ले भितर रडटालें जाल्यार विजू हालेटी मारून 'सोंपलें रे सोंपलें, दुसरेपणाक लग्न जावन त्रासांत पडलें रे पडलें!' अशें म्हणत हड्ड्यार मारून घेतालें. मॅनेजरान दोगांकूय धीर दिलो आनी फुडें सगलें आपणाले नदरे खाला करून घेतलें. ताणें शंकूचे आवयक हाडून सुगंधा वांगडा दवरली. दिसाक एक फावट तरी वचून तो खबर घेवपाक लागलो. सुगंधाची एसएससी आशिल्ल्यान ताचे शिकवणीची वेवस्था मॅनेजरान केल्ली. पुण तें एसएससीक बसलेंच ना. आवयचे फाटोफाट बापायच्या मरणाच्या दुख्खान सुगंधा सामकें बावून, सुकून गेल्लें. जाणटेलो आजयेचो आनी मॅनेजराचोच ताका इल्लो आधार आसलो. शंकूल्या मरणान विजूय हालून गेल्लें खरें, पूण सुगंधाक छळपाचें मात तें सोडिनासलें. मॅनेजरान ताका ते खातीर दोन-तीन फावटी धमकायल्लें, पूण ताचो सभाव आपणालेंच तेंच खरें म्हणपी.

मॅनेजर फकत शंकूचे दीस करून तितल्यारूच वगी रावूंक ना. विमो कंपनीच्या एजंटाक आपोवन ताणें शंकूच्या विम्याची खबर काडली. शंकूचो धा लाखांचो विमो कंपनीन घेतिल्लो हें मॅनेजराक अर्थांतूच खबर आसलें. ताका नॉमिनी कोण हें पळोवपाचें आसलें. सुगंधाचें नांव थंय आसा हें पळोवन तो धादोशी जालो. त्या भायर शंकून शशी आनी सुगंधाच्याय नांवार विम्याच्यो पॉलिसी घेतिल्ल्यो हें ताका एजंटा कडल्यान समजलें. एजंट शंकूक बरो वळखतालो आनी ताणेंच त्यो कांय पॉलिसी आपणालें टार्गेट पुरें करपाक शंकूच्या गळ्यांत बांदिल्ल्यो. स स म्हयन्यांनी शंकूच्या बँक खात्यांतल्यान विम्याचे हप्ते वताले. शशीच्या विम्याची क्लेम केस कित्याक अजून तशीच उल्ल्या अशें मॅनेजरान एजंटाक तापोवन विचाल्लें आनी शंकूचे सगले क्लेम थल्लेले मुजतींत जर जाग्यार पडनात तर आपूण सगल्याच स्टाफाचो विमो दुसरे कंपनी कडल्यान घेतलों अशीय धमकी दिली. धमकी आयकना फुडें तो एजंट सामको लायनीर आयलो आनी येस सर येस सर म्हणपाक लागलो. थोड्याच दिसां भितर तिसेक लाखांचे क्लेम सुगंधाच्या नांवार सेटल करपाचे नदरेन पेपर घेवन मॅनेजराक येवन मेळ्ळो.

तो आंकडो पळोवन मॅनेजर हांसलो. दोळे बंद करून तो कितें तरी चिंतपाक लागलो. मागीर ताच्या दोळ्यांत दुकां जमलीं. ताका दिसलें.. आपणें शंकूक दुसरें लग्न कर म्हणिल्लें. बावडो त्या दुसऱ्या लग्नाक लागून आनिक त्रासांत पडलो. पूण एक खरें, एका खिणांत मरून गेल्लो शंकू आपणाले धुवेचो फुडार सुगूर करून गेल्लो.

निमाण्या खिणाक पात्रांव पात्रांव, भायर हुडकी मार अशें आड्डून ताणें म्हजो जीव वाटायल्लो...इतलीं वर्सां जीप चलयतना शंकूक केन्ना कसलोच अक्सिडेंड जावक नासलो. ताका शिरगांवचे जात्रे वेळार आठ-धा दीस सोडले जाल्यार केन्ना लीव लेगीत लागनासताली.... मॅनेजराक पुरायपणान समजलें, ताचे चलयेचें सगलें हांवेंच चालीक लावन दिवपाक जाय, तिचो फुडार बरो जावपाक जाय. ताणें सुगंधाची पॉलिसी डॉक्युमेंटांत नोंद जाल्ली जल्म तारीख पळयली. तें रोखडेंच अठरा वर्सांचें जावपाचें आसलें.

विम्याचे पयशे बँकेंत दवरून सुगंधाचो फुडार सुगूर करूं येतालो. विचार करतां करतां मॅनेजराक शंकूचे दुसरे बायलेचो फुडार कितें हो प्रस्न पडलो. ताणें एक खास मनीस धाडून शंकूच्या गोयांत पयल्या आनी दुसऱ्या लग्नांची आनी सिंधुदुर्गांत दुसऱ्या लग्नाची नोंद जाल्या काय कितें ही खबर काडली. म्हायती मेळ्ळी ते प्रमाण शंकूच्या दुसऱ्या लग्नाची खंयच नोंद जांवक नासली.

शंकूचो फ्लॅट तयार आसलो. कंपनीकूय कांय फ्लॅट भाड्यान घेवपाची गरज आसलीच. तो फ्लॅट कंपनी खातीर भाड्यान घेवपाचो आनी ताचें भाडें सुगंधाच्या खात्यार घालपाचें असो विचार मॅनेजरान केलो. त्या भायर सुगंधाचो छळूय थांबोवपाक जाय आसलो. सवती मांयच्या सगल्या छळांतल्यान वेळ काडून सुगंधा ऑक्टोबराक परिक्षेक बसून त्या मानान बऱ्या मार्कांनी एसएससी पास जाल्लें.

सुगंधाक विचारून तें तयार आसत जाल्यार ताका लेडीज हॉस्टेल आशिल्ले हायर सेकंडरींत घालपाक येतालें. सगलो विचार करून मॅनेजरान एक माण्णी केली.

एके सांजवेळा वांगडा पीएसआय आनी एक पुलीस आनी एक लेडी पुलीस घेवन कंपनीच्या त्या बिराडांचे सुवातेर पावलो. भुरगीं कंपनीच्या गार्डनांत खेळटालीं. पुलिसांची जीप पळोवन बोवाळ जालो. बायलो भुरग्यांक घेवन बिराडांनी गेल्यो. सुगंधान दार काडलें आनी मॅनेजराक पळोवन हांसलें, 'सर, सर, कितें जालें... येयात, ती घरांत ना सर.'

'खंय गेल्या गो ती?'

'पिक्चराक गेल्या सर, दनपरां गेल्या, जाली येवपाची. बसात सर.'

म्हणसर विजू पावलें आनी मॅनेजराक, पुलिसांक पळोवन चपापलें. मॅनेजरान तिका सांगलें, 'तूं उदक बीन पितली जाल्यार पिवून यो. म्हत्वाचें उलोवपाचें आसा.'

ती भितर वचून दोन मिणटानी भायर येवन उबी रावली.

पीएसआय पुलिसी आवाजांत उलोवपाक लागलो. 'तुजें नांव कितें गे? तूं हांगा कोण म्हणोन रावता?'

'मी हेची आई..' सुगंधा कडेन बोट दाखोवन विजू उलयलें.

'फटी मारूं नाका. तेची आई ह्या संवसारांत आतां ना. तूं खंयची कोण तर?'

'हांव हेच्या बापायची दुसरी बायल सर.'

'कित्या वेल्यान सांगता तूं हें? तुमचें

लग्न जालां? तें कायद्या प्रमाण रजिस्टर जालां?'

'आमचां लगीन गांवाक जालां. कायद्याचां काय म्हन्तत तां माका ठाव नाय.'

'ठाव ना जाल्यार हांव सांगतां. तुजें लग्न गोंयांत जावं म्हाराश्ट्रांत खंयच रजिस्टर जावक ना. तुज्या लग्नाचो पुरावो कितें आसा? आसा कितें निदान फोटू बिटू?'

'फोटू काडूंक ना सायबा. तवां गडबडीत थोडे भुतूर लगीन जालां. लगीन जालां ह्या सत्य.'

मागीर लेडी पुलिसान तिचे भाशेंत तिका समजायलें.

.'आगे, सायब म्हन्तत, तुमच्या लग्नाचां प्रूफ वांयच व्हयां होतां.'

लेडी पुलिसाक हातान थांबोवन पीएसआय परत कडक आवाजान उलयलो,

'हांव कितें सांगतां ते लक्षांत घे. कायद्याचे नदरेन तूं शंकूची कोणूच न्हू. आं? धेणात येता? तुका मॅनेजर सायबान कितें सांगलेले गे? बिराडाक येवन परतें परतें कितें सांगलेले गे? आं?'

'सांगलेलां.' अशें एक उतर तिच्या तोंडांतल्यान भायर सरलें.

'हय मगे, ह्या चेडवाक तूं तरास दिवची ना, तेका तूं मारची ना म्हूण सांगलेले मगे? पूण तूं काय सुदारपाक तयार ना. तूं शंकूचे कायदेशीर चलयेक कायलाथे लायताय, खोंटो घालताय आनी हांव वगी रावनशें दिसलें तुका. बाय सुगंधा, दाखय गो तुज्या हातांक जाल्ल्यो भाजिल्ल्याच्यो खुणो. हवालदार शांतीबाय, तुवें ह्यो खुणो पळयल्यो मूं, आतां कोणाची वाट पळयताय, तिका अरेस्ट कित्याक करिना तूं?'

'करतां करतां सर, वट्ट साताठ कडेन भाजलां. तितूंतल्यो दोन खुणो ताज्यो आसात.'

'पैरूच लायला तिणें म्हाका गरम कायलाथो. हांगा पळयात.' सुगंधान दावे पोवटेवेलो स्कर्ट मात्सो कुशीक करून ती खूण दाखयली.

विजून पीएसआयच्या पांयार घालून घेतलें. 'सायब, चुकी जाली, एकदां माका मापी दियात मी तुमी सांगशात तां आयकन. माका तुरुंगात घालूं नाकात.'

'तुजी माका कसलीच गॅरण्टी ना. इतले फावटी सांगलें हांव सांगता तशें तुज्या हातान बरोवन दी. हाड व्हडलो पेपर, पेन आनी लाग बरोवपाक.. मी तुजें आदलें पुराय नांव, गांव बरय. लिहून देते की...' तिचो स्टेटमेंट घेवन, तिका तें बिराड दोन दिसां भितर खाली करपाची ताकीद दिवन पुलीस जीप गेलें. त्या दिसा सावन विजू सुगंधाक शाण्या गुण्या करपाक लागलें आनी चडशीं सगलीं कामां आपुणूच करपाक लागलें. कारण सगलीं कामां करून सुगंधाची वावराडी कशें आपूण रावतलें अशें ताणें बरोवन दिल्लें. सुगंधान फकत पुलिसांक रकाद दिल्यार पुरो, तें भितर पावतलें अशें सब-इन्स्पेक्टरान वतना ताका हातांतलो दांडो हालोवन सांगिल्लें.

मॅनेजर आपणाक ड्रायव्हरान वाटायला हें केन्नाच विसरलो ना. ताणे विजूक सुता

भशेन सरळ हाडलें. आतां तें सुगंधाची वावराडी कशें वावुरपाक लागलें. मदीं मदीं येवन मॅनेजर कशें चल्लां तें पळयतालो तेन्ना विजू सुगंधाचें जें मीठ-मसालो लावन गुणगान करतालें तें आयकून मॅनेजराचें बरें मनोरंजन जातालें.

शिक्षण पुरें जातकीत ताणें सुगंधाक आपणाल्या ऑफिसांत नोकरी दिली. एका काळार दुसरे आवयची वावराडी जाल्लें सुगंधा धनीण जालें आनी दुसरी आवय आपूण सुगंधाचे आवय परस ताचेर चड मोग करतां हें दाखोवपाक लागली. विजूक रांदपीण आनी वावराडेचें पद मेळ्ळें, न्हय, ताणेंच तें मॅनेजरा कडल्यान मागून घेतलें. कारण मॅनेजरान कंपनीचे सुवातेंत रावपाक तिका कसलोच अधिकार ना अशें बरोवन ती सुवात बेगोबेग सोडपाक सांगिल्लें.

मागीर मॅनेजरान सुगंधाचें आपणाल्या हातान लग्न लावन दिलें तेन्ना ताच्या दोळ्यांत समाधानाचीं दुकां आसलीं...

त्याय मॅनेजराच्यो माण्ण्यो केन्ना केन्ना इतल्यो जंयचे थंय आसतात, अशें घडलां हें खरेंच दिसना.

000

कथामंच

(कथा)

नयना आडारकार

पॉज

'श्रद्धा, ही फायल आयचे आयज कंप्लीट करूंक लायल्या सरान.' देविदासान फायल ताच्या टेबलार आपटीत म्हणलें. श्रद्धान फायल हातांत घेतली आनी ती पळोवन ताची तकलीच सणकली. 'ही फायल काल तुका दिल्ली न्हय रे सरान कंप्लीट करपाक? तुवें हात पसून लावंक ना मरे तिका.' श्रद्धान तिडकीन म्हणलें.

'आयज तुका सांगलां मगो? मागीर तूं कर.' बेफिकिरीन देविदास उलयलो.

'तुका दिल्लें मरे. तें कामय तुज्यान जालें ना?' श्रद्धाय हट्टाक पेटिल्लें.

'तुका सांगलां तितलेंच कर गो. चड सुबेजपणां नाकात.'

देविदासाचीं उतरां आयकून श्रद्धाक भिरभिरी मारली. स्वताक कोण समजता हो. पिरायेचो मानूय राखूंक जायना ताच्यान. तशेंच उठून ती फायल बॉसाक परत दिवची अशें ताका दिसलें. इतल्यांन देविदासान झुप्प करून फायल उखल्ली आनी बॉसाच्या कॅबिना कडेन गेलो.

'जालें, गेलो चाडयाळो बॉसा कडेन. दोगांयलें जमता सूत आनी म्हाका म्हणटात मूत. मालक्रियाद खंयचे!' श्रद्धा चडफडलें आनी जालेंय तशेंच. श्रद्धाक बॉसाच्या कॅबिनांतल्यान आपोवणें आयलें.

'हें पळय ही फायल तुका आयज कंप्लीट करपाक जाय म्हूण सांगलां मगो?' बॉसान वक्लांतल्यान आपल्या दोळ्यांचीं गुळमां बिळीबिळी हालयत ताका विचारलें.

'सर, तुमी काल देविदासाक दिल्ली ती फायल. पूण

नयना आडारकार : जल्म : 1959, कवयित्री, बालसाहित्यकार, निबंदकार. सतरा वयर पुस्तकां प्रकाशीत. *'मनसांवार'* (कविता), *'स्पंदन'* (कथा) आनी *'पोवनां'* आनी *'चांफो'* (निबंद) हीं म्हत्वाचीं प्रकाशनां. डॉ. टी. एम्. ए. पै फावंडेशनाचो प्रशस्ती पुरस्कार, अखिल भारतीय कवयित्री संमेलनाचो डॉ. चंपाप्रसाद पुरस्कार, गोवा कोंकणी अकादेमीचो उत्कृश्ठ साहित्य पुरस्कार अशा पुरस्कारांनी सन्मानीत. संपर्क : मो. : 9823537563.

ताणें तिका हातूच लावंक ना.' सांगून कांयच फायदो जावचो ना हें खबर आसुनय श्रद्धान आपलो कागाळीचो सूर लायलोच. 'म्हाका त्यो गजाली नाकात. हें कंपनीचें काम आनी तूं कंपनीचें नोकर हें तुवें लक्षांत दवरूंक जाय. म्हाका सबबी नाकात.' बॉसान उतरां शेंवटिलीं तसो देविदासाच्या तोंडार मुमुरखो हांसो फुल्लो. तें पळोवन श्रद्धाचे तकलेक ताप मारिल्लेवरी जालो. 'देविदासाक दिल्लें तेन्ना तें कंपनीचें काम ना दिसता.' ताणें रागान म्हणलें.

'हें पळय. तूं स्ट्रीट टॉक कशें उलयता मगो? एक सांगतां. तो तुजो सिनीयर. तो तुका कितें सांगता तें तुका करचेंच पडटलें.' बॉसाचीं उतरां श्रद्धाच्या काळजाक उजो पेटयत गेलीं. मनांत खूब कितें कितें आयलें. पूण ओंठ मात मर्यादेचे शिमे भितर बंद उरले.

श्रद्धा परत आपल्या कॅबिनांत परतलें. ताची तकली भेरेल्लेवरी जाल्ली. 'मॅर्द! सिनियराचीं फितां लावन म्हजेरूच सगळें काम धुकळटा आनी म्हजो कांडटा कुंडो.' चिंतूनच तकली तापली ताची. हड्ड्यांत धडधडपाक लागलें. ओंठांतल्यान, कानांतल्यान हुनहून वाफ भायर सरता कशें दिसपाक लागलें. 'पाडपडू. परत सुरू जाली ही पिडा.' मेजाक दोनूय हातांनी घट्ट धरून श्रद्धा कदेलार बसलें. हालींसरा आंतऱ्यापयऱ्यान हें अशेंच जाता.' 'मॅनोपॉज येतकच जाता केन्ना केन्ना अशें.' दोतोर ब्रॅण्डान सांगिल्लें आनी वखदांय बरोवन दिल्लीं.

'मॅनोपॉज – डॉ. ब्रॅण्डान फोडणिशी केल्ली. मॅन ओ पॉज. दादल्यांनो, आतां थांबात.' सांगतना खुसूखुसू हांसली दोतोर. पूण श्रद्धाचें काळीज मात अनामीक भिरांतेन भरून गेल्लें. आतां जाणटेपणाची सुरवात जातली. कुडीचो धर्म सोंपलो म्हणल्यार कूड जाण्टी जाता काय? आनी मन? मनाचो आनी तनाचो कांयच संबंद नासता? विचारांचे घुंवळेंत देविदास कितें सांगता तें ताच्या लक्षांतच आयलें ना.

'फायल' ह्या ड्रॉवरांत दवर. न्हय जाणटेपणांत मनशां विसरपाक लागतात.' कुच्छित्री हांसत देविदासान म्हणलें. उठचें आनी देविदासाच्या पोल्यार एक फुलोवचें अशें दिसलें ताका. पूण तें ओगीच रावलें. दुखाविल्लेवरी. 'देख नाशिल्लो. पिरायेचो मान लेगीत दवरूंक नकळो. उतरा-उतराक अपमानीत करता. ताका सामील बिळबिळ्या दोळ्यांचो बॉस.' अकस्मात ताका सकाळीं बॉसान म्हणिल्लीं उतरां याद जालीं. 'स्ट्रीट टॉक करता गो तूं'. 'तेन्ना ताची नदर देविदासा कडेन गेली. कोणा कडेन तरी मोबायलाचेर लागोळ्यांनी उलयतालो... 'स्ट्रीट टॉक...' दांत किल्लून श्रद्धा तोंडांतल्या तोंडांत फुतफुतलें.

'कितलीं वर्सां ह्या दोगांयनी दिल्लो मानसीक त्रास सोंसलो. पूण हालीं मात तो सोंसूंक जायना. सामकें उसळटां आनी केन्ना केन्ना असहाय्य जावन दुकांनी रडटां...' येवजितनाच ताच्या पोटांतल्यान कुलकुलो येवपाक लागलो. एसीचें कुलिंगूय खूब जाल्लें. एसीचें बटण देविदासाच्या हाता

कडेनूच आसलें. 'मातशी एसी बंद करता रे?' ताणें देविदासाक रिक्वॅस्ट केली.

'बाये, ही एसी तुजे खातीर दवरूंक ना. कंप्युटराच्या सर्व्हरा खातीर. कळ्ळें?' ताणें दांत किल्लयले.

'जाणां सर्व्हरा खातीर दवरल्या ती. तुका सादी शींक पसून आयल्यार बंद जाता मरे ती.' खरमरीत उलयलें खरें. पूण नाका नाका म्हणटा आसतना दोळ्यांतल्यान दुकांनी उडी घेतलीच. आपले अगतिकपणाची तिडक मारली श्रद्धाक. हाय-नजं करीत ताणें फायलीचें काम सोंपयलें. ऑफीस सुट्टकच पांय ओडीत तें बसस्टॅण्डार आयलें. सामकें थकिल्लेवरी जाल्ले ताका. घरा वचून मातशें आड पडपाक मेळटलें म्हणपाचोय दुबाव. विनोदान नुस्तें दवरलांच आसतलें सदचे भशेन... बस आयली, तशें तें बशींत चडलें. बस धांवताली तशीं चिंतनांय ताचे तकलेंत धांवपाक लागलीं. 'इतलें इमोशनल जावप बरें न्हय. खिणांत तापतां कितें, खिणांत रडटा कितें. विनोद तर म्हणीय हालीं. 'आगो, जाण्टे जातां जातां नेर्वांय हालतात काय कितें गो?'

ऑफिसांतलें रडगाणें सांगल्यार म्हणटलो, 'मागीर घे मगो वॉलंटरी रिटायरमेंट...'

श्रद्धान दोळे धांपले तशी डॉ. ब्रँडाचीं उतरां ताचे तकलेंत घुंवपाक लागलीं. मॅनोपॉज आयलां. मॅनोपॉज.'

अकांवन्टसांतलें रमितानूय सांगिल्लें, 'आगो, धोंपरां धरतात, कमर, धरता. सगळे जिणेकूच पॉज आयिल्लेवरी जाता.' 'जाण्टें जालां तूं अशेंच सांगता गो हो मॅनोपॉज'. विद्यान म्हणिल्लें.

ताच्या दोळ्या मुखार सुधा आयलें. 'आगो म्हाका तर हालीं हांव सगळ्याक उकत्याच आंगान भोंवता अशीं सपनां पडटात. पूण कोण मस्णोय नदर मारिना कुडीचेर.' ताच्या ह्या उतरार सगळीं हांशिल्लीं. म्हातारचळ म्हणून ताचीं फकांडांय केल्लीं. विद्यान तर ताका तिडायत म्हणिल्लें, 'आगो, कित्याक नदर मारतले कुडीचेर? रखरखीत वतांतली पडंग जमीन कशी जाल्या ती.'

श्रद्धाच्या दोळ्यां मुखार ताची कूड आयली. हालीं हालीं. ताच्याय पोटाचो - कमरेचो घेरूय बरोच वाडिल्लो. कुल्याचेरूय चरब दाटून आयिल्ली. थानांय देंवून आयिल्लीं. रातचो विनोद तर फकांडांनी ताका म्हणटालोय बी. 'जाणटी जाल्या तुजी कूड. ॲन अनग्रिप्पड बकल...' विचारांचे तंद्रेंत बस निमाण्या स्टॉपार पावली. तशें जीव मेंगो जाल्लेवरी तें घरची वाट चलपाक लागलें. आपूण चेपणाक दवरिल्ली एक आंबली आनी सगळो खळ सुकून आपूण आंवळून आयलां अशें ताका दिसपाक लागलें.

दारांतूच विनोद मेळ्ळो. क्लबांत वचपाचे तयारेंत आसलो.

श्रद्धाक पळोवन ताणें ओर्द सोडली. 'बरे सणसणीत बांगडे हाडल्यात. उड्डामेथी कर.'

खरें म्हणल्यार केन्ना एकदां जीव हांतरुणार घालीन जाल्लें ताका पूण...

'करतां...' उतरांत जीव नाशिल्लो ताच्या.

'जीव नाशिल्लेवरी कितें उलयता' - विनोद

'ना रे जिवाक बरें दिसना.' - श्रद्धा

'तुजी सदची रड ती. भायर उडय ते बांगडे.' म्हणत तो स्कुटर स्टार्ट करून गेलो. आतां गेला तो बद्द धांक उदेवपाचो. ताणें आयज आपले खातीर घराच रावपाचें. आपल्याक थातारपाचें. मागीर आपूण ताच्या खांद्यार तकली दवरून मन मातशें हलकें करपाचें. पूण ताका घडये ताचें पडून वचुंकूच नासलें. ताका आपले धुवेची याद आयली. तें हांगा आशिल्लें जाल्यार घडये आपल्याक समजुपाचें. एके बायलेची व्यथा दुसरे बायलेकूच समजता. पूण तें थंय पुण्याक हॉस्टेलांत आनी आशिल्लेंय जाल्यार खरेंच समजुपाचें काय बापाय भशेन 'जाणटी जाल्या गे तूं माँ' म्हूण फोकावपाचें.

विनोदाची कटकट नाका म्हूण श्रद्धान नजो हय करून उड्डमेथी केली. विनोद येतकच ताका ती येथिश्ठ खावयली. पूण ताका मात भुकूच नासली. ताणें सगळें आवरून घेतलें आनी हांतरुणार येवन फाट तेंकयली. विनोदान लागीं ओडटकच नाकाऽऽ म्हूण ताणें कूस परतिली. तसो तो पिरंजळ्ळोच... 'ओगीच न्हय ते पयलींचे राजा दोन बायलो करताले.'

सहज उलोवन गेलो आनी केन्नाच घोरेवंकूय लागलो विनोद. पूण ताच्या उतरांनी श्रद्धाक परत जाणटेपणाची जाणविकाय करून दिल्ली. ताका परतीं परतीं डॉ. ब्रॅण्डाचीं उतरां याद जावपाक लागलीं... 'मॅनोपॉज तो', 'ही स्टेज म्हणल्यार जाणटेपणाचें पयलें सोंपण', 'जाणटीं जालीं गो आमी', 'मॅनोपॉज म्हणल्यार जिणेक पॉज', 'आगो आतां कुडीचें नेणटेंपण सोंपलें. आतां सगळो सुको सडो... सगळ्यांचीं उतरां आतां चक्राकार घुंवपाक लागलीं. 'जाणटीं... जाणटीं...' उतरांचो एक लोळ कसो आयलो आनी ताच्या काळजाक भग्ग उजो पेटोवन गेलो. हुलपलें श्रद्धा. ताचें काळीज धडधडपाक लागलें. कानां-तोंडांतल्यान हुनहून वाफो भायर सरपाक लागल्यो. भियेवन ताणें विनोदाचेर एक हात उडयलो. तशी ताणें कूस परतिली आनी तो पर्थून गाढ न्हिदेंत घोरेवपाक लागलो. आतां श्रद्धाचें काळीजूय फुटलें. ताच्या घाव्याचीं असंख्य दुकां ताच्या दोळ्यांतल्यान व्हांवपाक लागलीं. कितलोसोच वेळ. मागीर फांतोडेर केन्ना तरी ताका दोळो लागलो.

न्हिदेंत तें सपनेलें. तें, सुधा, रमिता आनी विद्या एका व्हडल्या मळार उक्तींच भोंवतात. डॉ. ब्रॅण्डा गळ्यांत स्टेथोस्कोप घालून एका हातांत बडी घेवन उबी आसा. आशिकुशीक कितलेशेच लोक उबे आसात. डॉ. ब्रॅण्डा ल्हवू आवाजांत तांकां सांगता, 'तांकां मॅनोपॉज आयला... मॅनोपॉज...' तशे आशिकुशीकचे लोक तांकां बोट दाखोवन फुतफुततात. मागीर तांचें फुतफुतप व्हडल्यान जावंक लागता. ... जाणटीं ... जाणटी ... जाणटीं ... त्या फुतफुतपाचें रुपांतर व्हडल्या आड्ड्यांनी जाता. तशी

तीं सगळीं भियेतात. काचाबूल जावन हांगा-थंय धांवतात. अकस्मात श्रद्धाक कितें जालां तेंच कळना. तें झुप्प करून धांवता आनी डॉ. ब्रॅण्डाच्या हातांतली बडी घेवन तें मेकळे सुवातेर अक्षरां कोरातूंक लागता. 'Me no pause. हांव थांबचें ना.' हातांतली बडी गरगर भोंवडायत तें लोकां मुखार येता आनी व्हडल्यान आड्डता. 'हांव थांबचें ना. म्हजे कुडीचो धर्म थांबला जायत. ताका पॉज आयला जायत. पूण मन! मनांत इतलो तेंप सगळीं सपनां, सगळे हावेस दामून चेपून दवरले. ते मन आयज मुक्त जालां. कुडीच्या धर्मांतल्यान, संवसाराच्या कर्मांतल्यान मुक्त. आतां म्हाका म्हजें जग निर्मुवपाक जाय. म्हज्या मुक्त विचारांक निर्भय मनान मळबाच्या कॅनव्हासार पितारूंक जाय.' ताणें बडी धरिल्लो हात वयर काडीत घोशणा केली. 'Me no pause... Me no pause... Me no pause.'

मागीर ते रमिता, विद्या आनी सुधा वटेन गेलें. तीं तिगांय ताका आबूज जावन पळयतालीं. 'चलात, येयात आमी सगळीं मेळून मळबझेप घेवया.' ताणें कुरू केली तशीं सगळीं एकठांय आयलीं. हातांत हात गुंतून तांणी सवण्यावरी मळबांत झेंप घेतली. मुक्तपणान मळबांत उडपाक लागलीं. येदोवेळ तांकां पळोवन फुतफुतपी लोक आतां तांकां पळोवन ताळ्यांचो कडकड करपाक लागले. फांत्या पारार उषा आपल्या पिशोलान मळबांत मुक्तरंग उधळूंक लागिल्ली आनी साकरन्हिदेंत आशिल्ल्या श्रद्धाच्या मुखामळार प्रसन्न हांसो पातळिल्लो. 000

भाशाभावकी

(मूळ कन्नड कथा : सुधा मुर्ती)

अणकार : सुनेत्रा जोग

तीन हजार टांके

सुधा मुर्ती : जल्मः 1950, नामनेची भारतीय साहित्यीक आनी सामाजिक कार्यकर्ती. इंग्लीश आनी कन्नड भाशेंत लेखन. सर्जनशील तशेंच तांत्रिकी साहित्याची निर्मणी. देशांतल्या ख्यातनाम नेमाळ्यांनी स्तंभलेखन. कथा, कादंबरी, प्रवास वर्णन, बालसाहित्य, स्मृतीचित्रां, निबंद अशा प्रकारांतल्यान आतांमेरेन 30 वयर पुस्तकां आनी 200 वयर माथाळे प्रकाशीत. भारतांतल्या सगळ्या मुखेल भाशांनी साहित्याचो अणकार प्रकाशीत. 2006 वर्सा पद्मश्री भौमानान सन्मानीत. कर्नाटक आनी देशांतल्या साबार पुरस्करान सन्मानीत. संपर्कः ईमेलः foundation Infosys.com.

सुनेत्रा जोगः जल्मः1960, नामनेची अनुवादक, कोकंणी - मराठी भाशेंत अनुवाद. आजयेक वाचूंक शिकयलें आनी हेर काणयो, *'जाण्टेलो आनी ताचो देव'*, *'हांवें दूद पिवपाचें सोडलें त्या दिसा हांगाच्यो थंयच्यो जिणे काणयो'*, *'सर्गाचे वाटेर कितेंतरी घडलें,'* *'वीस खऱ्यो जिणे काणयो : स्फुर्तींच्यो'* हीं प्रकाशीत कोंकणी अनुवादाचीं कांय पुस्तकां. कोंकणी कला साहित्य केंद्र, कुडचडेच्या 2017 वर्साच्या अनुवाद पुरस्कारान सन्मानीत. संपर्कःमो. 9423889898, 9823490960.

इन्फोसीस फावंडेशनाची स्थापना आमी 1996 वर्सा केली. दुर्दैवान, सेवाभावी संस्थांतलें काम कशे तरेन चलता हे विशीं म्हाका साप उणें गिन्यान आशिल्लें. सॉफ्टवॅर, मॅनेजमेंट, प्रोग्रामींग आनी सॉफ्टवॅर संबंदांतल्यो अडचणी सोडोवप हाचे विशीं म्हाका चड गिन्यान आशिल्लें. परिक्षा, मार्कशिट्स आनी डेडलायनी हातूंत म्हजे चडशे दीस वताले. फावंडेशनाक लागून सामान्य मनशाचे जिणेंत सकारात्मक बदल घडोवन हाडूंक जाय अशी ताचे फाटली कल्पना आशिल्ली. बहुजन हिताय, बहुजन सुखाय. गरजेवंताची जात, पंथ, भास वा धर्म पळयनासतना संस्थेंतल्यान तांकां आस्थेन मजत मेळूंक जाय ही फावंडेशनाची मोख आशिल्ली.

आमचे मुखार आशिल्ल्या मुद्दयां मदीं, कुपोशण, शिक्षण, ग्रामीण विकास, आत्मनिर्भरताय, स्वास्थ्य सुविधा, सांस्कृतीक वावर आनी कलांचें पुनरुज्जीवन अशा कितल्याश्याच क्षेत्रांत काम करपाची गरज आशिल्ली. पूण ह्या सगळ्यां परस एक मुद्दो म्हज्या मनांत सामको वयल्या पांवड्यार आशिल्लो. पुराय भारतांत सुरू आशिल्ले देवदासी प्रथेचेर काम करप गरजेचें आशिल्लें.

देवदासी ह्या उतराचो अर्थ 'देवाची सेविका'. परंपरेन, देवदासी संगीतकार आनी नर्तकी आशिल्ल्यो आनी देवांक प्रसन्न करपा खातीर त्यो आपली कला देवळांनी सादर करताल्यो. आदल्या समाजांत तांकां व्हड मान आशिल्लो. हाचो पुरावो आमकां बदामीच्या गुंफांतल्यान, तेच प्रमाण उत्तर कर्नाटकांत सव्या आनी सातव्या शतमानांत राज्य करपी, चालुक्य राजवंशाच्या राजाची आवडटी देवदासी, वीणापोडीच्या काणयांतल्यान मेळटा. राजान देवळाक व्हडा

प्रमाणांत पयसो दान केलो. कालांतरान, देवळां नश्ट जालीं आनी देवदासी परंपरा चुकीच्या हातांत गेली. सुरवातीक जुवान चलयांक, देवाची वा देवळाची पुजा आनी सेवा करपाच्या बऱ्या हेतून अर्पण करताले. पूण कालांतरान, देवदासी हें उतर वेश्या ह्या उतराक समानार्थी जालें. कांय जल्मान जाल्यो जाल्यार हेरांक तांच्या पालकांनी विंगड विंगड कारणांक लागून देवाक ओंपलें. केन्ना केन्ना चलयांच्या केंसांत जंतू संसर्ग जावन तिका जट आयली जाल्यार ते चलयेच्या नशिबांत देवदासी जावपूच आसा अशें मानून घेवन देवळांनी 'बळी' दिले.

तांचे दुर्दशे विशीं म्हज्या मनांत विचार आयलो तेन्ना म्हाका कांय वर्सां आदीं हांव बेळगांव यलम्मा गुडा म्हणल्यार रेणुका देवीच्या देवळांत गेल्लें तेन्नाची गजाल याद जाली. तांच्यो पाचव्यो साडयो आनी कांकणां, तांच्या दाट, लांब केंसांतलो हळडुवो *भंडारा*, देवळांत भितर सरतना तांच्या हातांत आशिल्लो देवीचो मुखवटो, नाल्ल, लिंबा पानां आनी कलश हें सगळें दोळ्यां मुखार आयलें. 'ही समस्या हांव कित्याक सोडोवंक शकचें ना?' हांवें चिंतलें. आमच्या पयल्याच प्रकल्पा खातीर हांवें एका खूब कठीण वावराची निवड केल्या हाची तेन्ना म्हाका जाणीव जाली ना.

सादेपणान आनी उत्साहान हांवें उत्तर कर्नाटकांतल्या एका वाठाराची निवड केली. थंय ही प्रथा प्रचलीत आशिल्ली आनी धर्माच्या नांवार वेश्या वेवसाय चलतालो. देवदासीं कडेन उलोवन तांचे संबंदांतल्यो गजाली बरोवन काडप, म्हणटकच तांची कठीण अवस्था समजून घेवपाक म्हाका मजत जातली असो म्हजो विचार आशिल्लो. तेच बराबर कांय म्हयन्यां भितर तांच्यो अडचणी सोडोवपाखातीर कांय चर्चासत्रां आयोजीत करपाचीं अशें हांवें थारायिल्लें.

पयल्याच दिसा हांव एक चोपडी आनी पेन घेवन भायर सरलें. हांवें सादेच कपडे घाल्ले, भांगर वा तिकली लेगीत नाशिल्ली. जिन्स, टी-शर्ट आनी कॅप. कांय वेळा उपरांत म्हाका देवळा कडेन एका झाडा पोंदा बशिल्ल्यो कांय देवदासी दिसल्यो. त्यो खबरी मारताल्यो आनी एकामेकांच्या केंसांतल्यो उयो काडटाल्यो.

कांयच विचार करिनासतना, तांच्या खबऱ्यांत व्यत्यय हाडीत, हांव तांचे म्हऱ्यांत गेलें. 'नमस्कार, अम्मा. हांव हांगा तुमकां मजत करपाक आयलां. तुमच्यो अडचणी म्हाका सांगात, हांव त्यो बरोवन घेतां.'

तीं कसल्या तरी म्हत्वाच्या विशयाचेर उलयतालीं, घडये कारणान तांणी म्हजे कडेन तिडकीन पळयलें. रागारागान तांणी म्हजेर प्रस्नांचो शिंवर केलो.

'तूं कोण? आमी तुका हांगा आपयिल्लें?'

'आमचे विशीं बरोवपाक आयलां तूं हांगा? तशें जाल्यार, आमकां तुजे कडेन उलोवपाचें ना.'

'तूं ऑफिसर? काय मंत्री? आमी जर आमच्यो अडचणी तुका सांगल्यो जाल्यार त्यो तूं कशे तरेन सोडयतलें?'

'चलूंक लाग. खंयच्यान आयलां थंय चल परत.'

हांव हाल्लें ना. यत्न चालू दवरीत हांवें म्हणलें, 'हांव तुमकां मजत करूंक सोदतां. उपकार करून म्हजें आयकात. एड्स नांवाचें एक भिरांकूळ दुयेंस आसा आनी तें तुमकां

जावंक शकता हाची तुमकां जाणीव आसा? बरें जावंक शकना तें...'

'लाग चलूंक,' तांचे भितरले एकलेन म्हणलें. हांवें तांच्या तोंडांक पळयलें. तीं सामकीं चाळवल्लीं.

पूण हांव गेलें ना. 'घडये तांकां अजून मातशें पटोवन दिवचें लागतलें.' हांवें चिंतलें.

कसलीच शिटकावणी दिनासतना, तातूंतली एक बायल उबी रावली, आपलें जोतें काडलें आनी म्हजे दिकेन भिरकायलें. 'तुका सादी कन्नड भास समजना? लाग चलूंक.'

अपमान आनी लजेन, म्हज्या दोळ्यांतल्यान दुकां व्हांवतलीं अशें म्हाका दिसलें. फाट करून हांव चलूंक लागलें.

घरा पावतकच अपमानीत मनान हांवें थारायलें, 'परत केन्नाच थंय वच्चें ना.'

तरीय कांय दिसां उपरांत म्हाका दिसलें, घडये त्यो बायलो कांय कारणान अस्वस्थ आशिल्ल्यो जावये वा हांव चुकीच्या वेळार वा चुकीच्या दिसा थंय पावलें जावये.

म्हूण एका सप्तका उपरांत हांव परत एकदां थंय गेलें. ही भेट जाली तेन्ना तोमाटांचो हंगाम आशिल्लो. देवदासी खोशयेन एकामेकांक कुशीक दवरिल्ल्या पांटल्यांतले बरे धाकटुले, तांबडेगुंज वांटकुळेच तोमात वांट्टालीं. तांचे म्हऱ्यांत वचून तांचे कडेन पळोवन हांव गोड हांसलें. 'हॅलो, हांव परत एक फावट तुमकां मेळपाक आयलां. म्हजें आयकून घेयात. म्हाका खऱ्यांनीच तुमकां मजत करपाची आसा.'

तीं म्हजे कडेन पळोवन हांसलीं. 'तुजे मजतीची आमकां गरज ना. पूण तूं कांय तोमात विकते घेवंक शकता?'

'ना. म्हाका तोमात व्हडलेशे आवडनात.'

'कसली बायल तर तूं? तोमात म्हूण कोणाक आवडनात?'

हांवें तांचे कडेन उलोवपाचो परत एक यत्न केलो, 'तुमी एड्सा विशीं आयकलां? ताचे विशींची जागरुकताय वाडोवपाक सरकार कितलोसोच दुडू खर्च करता हें तुमकां खबर आसूंक जाय.'

'तूं सरकारी एजंट? घडये तूं खंयच्या तरी राजकी पक्षाचें आसुये. हें करपा खातीर तुका कितलें कमिशन मेळटा? चल, सांग आमकां. ह्या वाठारांत एक बरें हॉस्पिटल लेगीत ना आनी तूं आयलां, भिरांकूळ दुयेसां विशीं आमकां शिकोवपाक. आमकां तुजे मजतीची गरज ना. वायट वेळार आमची देवी आमकां मजत करतली.'

हांव थंय मोन्यांनी, उतरां सोदपाचो यत्न करीत उबें रावलें.

तातूंतले एके बायलेन निर्णायकपणान म्हणलें, 'सेर्त ही बायल पत्रकार आसतली. म्हूण तिचे कडेन पेन आनी कागद आसा. ती आमचे विशीं बरयतली आनी आमचो गैरफायदो घेवन पयशे करतली.' हें आयकून बाकीच्यांनी म्हजे दिकेन तोमात मारपाक सुरवात केली.

हे फावट म्हजे भावनेन म्हजेर मात केली आनी हांव रडपाक लागलें. रडत, हांव परत एक फावट थंय सावन परतलें.

हांव निराश जाल्लें. कित्या खातीर हांवें ह्या प्रकल्पाचेर काम करप? तीं परत परत म्हजो अपमान कित्याक करतात? आपल्या बऱ्या खातीर काम करपी मनशाक अशे तरेन आनीक खंयचे लाभार्थी लजेक घालतात आसतले? ह्या क्षेत्रा खातीर हांव योग्य ना.

हय, हांवें राजिनामो दिवंक जाय आनी परत म्हज्या शिक्षणीक क्षेत्रा कडेन वचूंक जाय. फावंडेशन दुसरो विश्वस्त सोदूंक शकता.

हांव घरा पावलें आनी राजिनामो पत्र बरोवंक बसलें.

म्हजो बापूय सोंपणां देंवून सकयल आयलो आनी तकली सकयल घालून कितें तरी बरोवपांत गुल्ल आशिल्ल्या म्हाका पळोवन विचारपाक लागलो, 'इतलें सैरभैर जावन कितें बरयता?'

पुराय गजाल हांवें ताका सांगली.

अजापाची गजाल म्हणल्यार म्हाका सहानुभूती दाखोवपा बदला बापूय हांसलो आनी म्हणलें, 'तूं इतलें अवेव्हारी म्हूण म्हाका खबर नाशिल्लें.'

हांव रागान ताका पळयत रावलें.

ताणें फ्रिजांतल्यान एक आयस्क्रीम काडलें आनी बसून तें खावपाचो म्हाका आग्रो केलो. 'तुजी तकली शांत जातली तें खावन,' ताणें म्हणलें आनी हांसलो. कांय वेळा उपरांत ताणें म्हणलें, 'याद दवर. प्राचीन काळा सावन समाजांत शिंदळकी अस्तित्वांत आसा आनी ती जिणेचो एक वेगळावं नजं असो वांटो जाल्या. सगळ्या सभ्यतायांच्या मुळाव्या समस्यां मदली ही एक. जायते राजे आनी संतांनी ती नश्ट करपाचो यत्न केलो पूण खंयच्याच कायद्याक वा ख्यास्तींक तिका पुरायेन नश्ट करपांत येस येवंक ना. संवसारांतलें खंयचेंच राष्ट्र हाचे पसून मुक्त ना. अशें आसतना तूं एकलें ही पुराय वेवस्था कशे तरेन बदलूंक शकतलें? तूं एक सर्वसादारण बायल. तुवें तुज्यो अपेक्षा कमी करूंक जाय आनी मोख उणी दवरूंक जाय. देखीक, धा देवदासींक धंदो बंद करपाक मजत करपाचो यत्न कर. तांचें पुर्नवसन कर आनी सर्वसादारण जीण जगप म्हणल्यार कितें हें तांकां दाखय. अशें केल्ल्यान तांचीं भुरगीं तांच्याच पावलार पावल दवरून चलचीं नात हाची तांकां खात्री जातली. ही तुजी मोख थाराय. ज्या दिसा तूं ती साध्य करतलें तेन्ना म्हजे चलयेन धा निराधार बायलांक शिंदळकेच्या वेवसायांतल्यान मुक्त करून, तांकां आपल्या पांयांर उबें रावन, स्वतंत्र बायल म्हूण जगूंक शिकयलें हाचो म्हाका अभिमान दिसतलो.'

'पूण तांणी म्हजेर जोतीं आनी तोमात मारलें. हांव रागान पिरंगलें.' हांव बापायक सदांच 'काका' म्हणटालें.

'खरें म्हणल्यार आयज तुका बडटी मेळ्ळी, जोत्यां पसून तोमातां मेरेन. अशेंच नेट धरून तूं तिसरे फावट थंय गेलें जाल्यार घडये तुका हाचेय परस कितें तरी बरें मेळटलें!' ताच्या ह्या विनोदान म्हज्या तोंडार हांसो हाडलो.

'तीं म्हजे कडेन उलोवचीं लेगीत नात. मागीर हांव तांचे खातीर काम कशें करतलें?'

'स्वता कडेन पळय,' म्हाका धरून लागींच्याच हारशा मुखार ओडीत म्हज्या बापायन म्हणलें. 'तूं जिन्स, टी-शर्ट आनी कॅप अशा भेसांत आसा. ही तुजी स्टायल आसत, पूण एक सादारण मनीस आनी देवदासी सारकी ग्रामीण भारतीय बायल तुका केन्नाच आपल्यांतली समजुची ना आनी तुजे कडेन संबंद जोडची ना. जर तूं साडी न्हेसलें, मंगळसूत्र घालें, कुकूम लायलो आनी केंस बांदले जाल्यार तीं तुका आदले परस खूब बरे तरेन येवकार दितलीं हाची म्हाका खात्री आसा. तुजे बराबर

हांवूय येतलों. अशे तरेच्या साहसांत म्हजे सारक्या एका जाणट्या मनशाचो तुका व्हड आदार जातलो.'

हांवें विरोध केलो, 'तांचे खातीर हांव म्हजो भेस बदलूंक तयार ना. अशा भायल्या बदलांचेर म्हजो विस्वास ना.'

'बरें आसा, तुका जर तांकां बदलपाचें आसा जाल्यार पयलीं स्वताक बदलूंक जाय. तुजो दिश्टीकोण बदल. अर्थात, निमाणें तो तुजो निर्णय.'

म्हाका हारशा मुखार सोडून तो गेलो.

म्हज्या पालकांनी आपली आवड वा निर्णय म्हजेर वा म्हज्या भावंडांचेर केन्नाच लादूंक नाशिल्ले. मागीर तें शिक्षण, वेवसाय वा लग्नाचो निर्णय, कितेंय आसूं. तीं सदांच सल्लो दितालीं आनी आमकां जाय जाल्यार मजत करतालीं. पूण म्हजे बाबतींत, हांवेंच सगळे निर्णय घेतिल्ले.

कांय दीस हांव गोंदळिल्लें. समाजकार्या खातीर गरजेच्या कळाशे विशीं हांव चिंततालें. ह्या वेवसायांत झगझग वा पयसो नाशिल्लो आनी हांव एकाट्या उद्देग वेवसायांतल्या वरिश्ठ अधिकाऱ्या वरी वागूंक शकनाशिल्लें. म्हाका थळाव्या भाशेचे कळाशेची गरज आशिल्ली आनी घडये इंग्लिशीची मातूय नाशिल्ली. कामां निमतान खंयूय प्रवास केलो तरी जमनीर बसून थळावें जेवण जेवपाक म्हाका जमूंक जाय. शांतपणान आयकून घेवंक येवंक जाय आनी सगळ्यांत म्हत्वाचें म्हणल्यार म्हाका करता तें काम आवडूंक जाय. म्हाका चड समाधान खंय मेळटलें, म्हजें जशें आसा तें भायलें रुप तशेंच दवरून वा हांव करता त्या कामांतल्यान?

मातशें आत्मनिरीक्षण केले उपरांत, हांवें म्हजो भेस बदलून पुरायेन कामाचेर लक्ष केंद्रीत करपाचें थारायलें.

म्हजे फुडले भेटे पयलीं हांवें म्हजे केंस फाटल्यान वळयले, बांदले आनी फुलां माळ्ळीं. दोनशीं रुपयांची एक साडी हांव न्हेसलें, व्हडलो कुकूम लायलो, मंगळसूत्र आनी कंवचेचीं काकणां घालीं. स्वता भितर बदल करून हांव '*भारतीय नारी*' जालें. एक रुढीबद्ध पारंपारीक भारतीय बायल आनी म्हज्या बापायक बराबर घेवन देवदार्सीक मेळपाक गेलें.

ह्या वेळार आमी जेन्ना थंय पावलीं तेन्ना म्हज्या जाणट्या बापायक पळोवन तांणीं म्हणलें, 'नमस्ते.'

म्हज्या बापायन म्हजी वळख करून दिली. 'हें म्हजें चली आनी तें भुरग्यांक शिकयता. सुटयेंत हांगा आयलां तें. तुमची जीण कितली कश्टाची तें हांवें ताका सांगलें. तुमचीं भुरगीं हेंच तुमच्या जगपाचें कारण आनी तुमच्या आरोग्याचें कितेंय जालें तरी तुमी तांकां बरें शिक्षण दिवंक सोदतात. खरें न्हय?'

सगळ्यांनी एकाच वांगडा म्हणलें, 'हय, सर!'

'म्हजी चली शिक्षिका आशिल्ल्यान ती तुमच्या भुरग्यांच्या शिक्षणांत मार्गदर्शन करून तांकां बरी नोकरी मेळपा खातीर मजत करूंक शकता. घडये तुमकां खबर ना अशा कांय शिष्यवृत्यां विशीं ती माहिती दितली आनी तांकां मजत करतली. म्हणटकच तुमचे वयलें अर्थीक वजें कमी जातलें. चलता न्हय तुमकां हें? चलना जाल्यार कांय नजं. तें आनीक दुसऱ्या खंयच्याय गांवांत वचून थंयच्या लोकांक मजत करतलें. उपकार करून चेपण घेवं

नाकात. विचार करात हाचेर आनी आमकां कळयात. आमी धा मिणटांनी परत येतात.'

म्हजो हात घट धरून बापायन म्हाका ओडीत मातशें पयस व्हेलें.

'तुवें तें सगळें कित्याक सांगलें?' हांवें विचारलें. 'तुवें तांकां सगळ्यांत पयलीं एड्स सारक्या भिरांकूळ गजालीं विशीं सांगपाक जाय आशिल्लें.'

'पिशेपणां करूं नाका. ताचे विशीं आमी आनीक केन्नाय सांगूंया तांकां. नकारात्मक गजालीन जर तुवें सुरवात केली जाल्यार तें कोणाकूच आवडचें ना. पयली सुरवात सदांच सकारात्मक जावंक जाय आनी लाभार्थ्याक खरीच उमेद मेळूंक जाय. हांवें तांकां उतर दिलां तेप्रमाण तुवें पयलीं तांच्या भुरग्यांक शिश्यवृत्ती मेळोवन दिवंक जाय. एड्साचेर मागीर काम कर.'

'हांव शिक्षिका अशें तुवें तांकां कित्याक सांगलें, काका?' हांवें विचारलें. 'हांव एक समाज सेविका अशें तुज्यान सांगूं येतालें.'

म्हज्या बापायन शांतपणान जाप दिली. 'शिकोवप हें एक व्हड प्रतिश्ठेचें काम अशें तीं मानतात आनी तूं एक प्रोफेसर, हय मगो?'

हांवें तकली हालयली आजुनूय ताच्या डावपेचाची म्हाका खात्री नाशिल्ली.

जेन्ना आमी परत थंय गेलीं तेन्ना बायलां आयकून घेवपाक तयार आशिल्लीं. तांणीं म्हाका 'अक्का' म्हणलें, म्हणल्यार कन्नड भाशेंत व्हडली भयण.

उतर दिल्लें ते प्रमाण तांच्या भुरग्यांक शिश्यवृत्ती मेळोवपाक मजत करपाचें काम हांवें सुरू केलें. वर्सा भितर कांय भुरगीं कॉलेजींत लेगीत वचपाक लागलीं. हें जाले उपरांत हांवें एडसाचो विशय काडलो आनी हे फावट तांणी म्हजें आयकून घेतलें. कितलेशेच म्हयने गेले. तांचे कडेन नातें जोडपाक म्हाका सुमार तीन वर्सां लागलीं. हांव तांचें प्रिय अक्का आशिल्लें. अखेरेक तांणी म्हजेर विस्वास दवरलो आनी आपल्यो काळजाक भिडपी काणयो आनी सहन केल्ल्या त्रासां विशीं म्हाका सांगलें.

निश्पाप चलयांक तांचो घोव, भाव, बापूय, इश्ट, काका वा हेर नातलगांनीच ह्या वेपारांत विकिल्लें. गरिबींतल्यान भायर सरून फुडल्या पिळग्यांक आनी कुटुंबाक आदार जावचो म्हूण पयसो जोडपा खातीर कांय स्वता जावन ह्या कुडीच्या वेपारांत आयिल्ल्यो जाल्यार हेरांक बरे नोकरेचें हांयस दाखयिल्लें आनी हांगा येवन कुडीचो वेपार करपाक लायतकच तांकां हें कळिल्लें. तांच्यो काणयो आयकून म्हज्या दोळ्यांतलीं दुकां हांव आडावंक शकलें ना. तातूंतल्या कितल्याश्याच जाणांनीं म्हजो हात धरून म्हाका थातारलें. दरेक काणी वेगळी आशिल्ली पूण शेवट एकूच आशिल्लो. समाजान तांकां दुख्ख भोगूंक लायलें, तांचें शोशण केलें. प्रत्येक बायलेक आपल्या ह्या वेवसाया विशीं अपमान आनी लज दिसताली.

फकत पयसो दान करून तांचे मदीं आत्मविस्वास आनी स्वता विशीं आदर निर्माण जावचो ना हाची म्हाका जाणीव जाली. हाचेर एक उत्तम उपाय म्हाका सुचलो तो म्हणल्यार एका भौशीक उद्देशान तांकां सगळ्यांक एकठांय हाडप आनी तांची स्वताची संस्था उबारपाक मजत करप. कर्नाटक राज्याच्या सरकारा कडेन कितल्योश्योच बऱ्यो येवजण्यो आशिल्ल्यो ज्यो घरां, लग्नां आनी शिश्यवृत्त्यांक

प्रोत्साहन दिताल्यो. पूण जर आमी फकत देवदासीं खातीर संस्था वा संघटण सुरू केली जाल्यार तीं एकमेकांच्यो अडचणी सांगूंक शकतलीं. कांय काळान हे सगळे प्रक्रियेंतल्यान शिकून तीं धीट आनी स्वतंत्र जातलीं. आपले जिणेक एक वेगळें वळण दिवंक शकतलीं.

अशे तरेन देवदासीं खातीर एक संस्था निर्माण जाली. एकाच वेळार सगळेच कडेन देव आसूंक शकना म्हूण ताचें काम करपा खातीर तो मनशांक धाडटा असो म्हजो विस्वास आसा. अभयकुमार नांवाचो एक मायेस्त आनी ध्येयवादी तरणाटो दिल्ली सावन अकस्मात आमचे कडेन आयलो. ताका म्हजे वांगडा काम करपाचें आशिल्लें. म्हणटकच ताच्या समाजकार्याची परिक्षा घेवपा खातीर ताका कठीणांतलें कठीण काम दिवपाचें हांवें थारायलें. हांवें अभयाक सांगलें, 'जर तुवें आठ म्हयने देवदासीं वांगडा काम करून तग मारलो जाल्यार तुका पुरायेन ह्या प्रकल्पांत घेवपाचो हांव विचार करीन.'

उतर दिल्ले प्रमाण ताणें आठ म्हयने तोंड दाखयलें ना आनी मागीर एक दीस तो आत्मविस्वासान म्हज्या ऑफिसांत आयलो. मातसो बारीक जाल्लो पूण ह्या काना सावन त्या काना मेरेन हांसो आशिल्लो.

हांवें म्हणलें, 'अभय, समाजकार्य कितलें कठीण हें आतां तुकां समजलां आसतलें. हें चालू उरपा खातीर पराकाश्ठेची वचनबद्धताय आनी चिकाटी जाय. कितल्याश्याच जाणांच्या आयुश्यांत बदल घडोवन हाडलो हें समाधान घेवन तुज्यान परत दिल्ली वचूं येता. तूं एक बरो मनीस. म्हाका खात्री आसा की हो अणभव तुजे कडेन सासणाचो उरतलो आनी फुडाराक तुका मजत करतलो.'

तो हांसलो आनी उत्तम कन्नड भाशेंत ताणें जाप दिली, 'म्हाका परत दिल्ली वचपाचें आसा अशें कोणें सांगलें? कर्नाटकांत रावन प्रकल्प पुराय करपाचें हांवें थारायलां.'

'अभय, हें खूब गंभीर काम. तूं जुवान आसा आनी हाका लागून अशे तरेच्या कामांत लुकसाण जावं येता आनी...' म्हजो आवाज मंद जालो. आनीक कितें उलोवचें ते म्हाका समजनासलें.

'ते विशीं हुसको करूं नाकात, मॅम! सगळ्यांत उत्तम अशें काम तुमी म्हाका दिल्लें आसा. तुमी म्हाका कसलें तरी टेबला वयलें काम दितलीं अशें म्हाका दिशिल्लें. तुमी म्हाका फील्डवर्क देवदासीं वांगडा काम करपाचो मान दितलीं अशी हांवें कल्पना लेगीत करूंक नाशिल्ली. फाटल्या एका वर्सान म्हाका तांच्यो वेदना आनी सोंसपा भायल्या त्रासांची जाणीव करून दिल्या. तें कळटकच आतां हांव हें सोडून आनीक खंयचेंय काम कशें करूंक शकतलों?'

एका तरणाट्या मदलें हें प्रामाणीकपण आनी करुणा पळोवन म्हाका खोस जाली. ताचो खर्च भागोवपा खातीर ताका स्टायपेण्ड दिवपाचें हांवें थारायलें पूण ताणें हात करून म्हाका थांबयलें, 'म्हाका इतले नाकात. म्हजे कडेन स्कुटर आनी कांय कपडे आसात. म्हाका फकत दोन वेळ जेवण जाय, तकलेर एक छप्पर आनी पेत्रोला खातीर इल्ले पयशे. तितलेंच.'

हांवें ताचे कडेन अपुरबायेन पळयलें आनी जिणेचें उद्दीश्ट मेळिल्लो एक मनीस

हांव पळयतां हें म्हाका कळ्ळें. ताणें निरोप घेतलो आनी नेटान पावलां मारीत म्हज्या ऑफिसांतल्यान भायर सरलो.

साहजिकूच, अभय प्रकल्पाचो मुखेली जालो आनी हांवें ताका पुरायेन तेंको दिलो. प्रकल्पाचे प्रगती विशीं जाणून घेवपा खातीर सदांच ताचे कडेन उलोवपाची जतनाय घेतली.

एक दीस हांव देवदासींक मेळ्ळें आनी तांच्या भुरग्यांची चवकशी केली.

'आमची सगळ्यांत व्हड अडचण म्हणल्यार आमच्या भुरग्यांचें शिक्षण. 'तांच्या शाळेची फी आमकां परवडना आनी मागीर पयसो मेळोवपाचो जो सोपो उपाय आमकां खबर आसा थंयच परत वचचें पडटा, तांणी म्हणलें.'

'तुमचीं भुरगीं खंयच्याय वर्गांत शिकूं, तांच्या पुराय शिक्षणाचो खर्च आमी करतलीं. पूण हाचोच अर्थ कितेंय जालें तरी तुमी देवदासी म्हूण काम करप ना.' हांवें निश्चेवान म्हणलें.

अनमन नासतना बायलांनी तें मान्य केलें. हांव आनी अभय दोगांचेरूय तांचो विस्वास आशिल्लो आनी आमी उतर सांबाळटलीं हें तांकां खबर आशिल्लें.

शेंकड्यांनी भुरग्यांची ह्या प्रकल्पांत नोंद जाली. तातूंतले कांय जाण वेवसायीक कोर्स करपाक गेले जाल्यार हेरांनी आपलें प्राथमीक, माध्यमीक आनी हायस्कूल शिकप पूर्ण करपाचें थारायलें. एडस जागृताय आनी प्रतिबंधा खातीर आमी कॅम्प आयोजीत केले आनी बायलांक आनी भुरग्यांक विंगड विंगड वैजकी मुद्द्यांचेर शिक्षीत करपा खातीर रस्तो नाट्यां आनी नाटकां प्रायोजीत केलीं. केंसांत जटो येतात ताचो अर्थ देवदासी जावंक जाय असो न्हय हे सादे दिसपी गजालीचोय तातूंत आसपाव आशिल्लो. बायलांनी स्वताचेर उपचार करून घेतले आनी कांय जाणांनी आपले केंस लेगीत तासले.

ल्हवू ल्हवू तांचे खातीर जामीन रावन तांकां रिणां मेळोवन दिवप आमकां शक्य जालें. जायते फावटी तीं म्हाका सांगतालीं, 'अक्का, आमकां रीण मेळोवन दिवपाक मजत कर. जर आमी तें फारीक करूंक शकलीं ना जाल्यार तुका फटोवपा सारकेंच जातलें तें. आनी आमी तें केन्नाच करचीं नात हें तूं जाणां.' हो वेळ मेरेन मनांतल्यान म्हाका कळिल्लें की एकाद्रो गिरेस्त मनीस म्हाका फटयत पूण आमच्यो देवदासी केन्नाच तशें करच्यो नात. तांच्या मनांत म्हजे विशीं विस्वास आशिल्लो आनी म्हाका तांचे विशीं.

दुसरे वटेन हांव आनी अभय दोगां खातीर जीण चड भिरांकूळ जाली. आमकां दलाल, थळावे गुंड आनी हेरां कडल्यान जिवे मारपाच्या धमक्यांचे फोन, पत्रां आनी रकाद येवंक लागले. म्हजे परस अभया खातीर म्हाका चड भंय दिसतालो. हांवें पोलीस संरक्षण मागलें पूण अभयान तें सरळ न्हयकारलें आनी म्हणलें, 'आमच्यो देवदासी म्हाका राखतल्यो. म्हजी चिंता करूं नाकात.'

कांय सप्तकां उपरांत कांय दलालांनी आपलो वेवसाय सोडिल्ल्या तीन देवदासींचेर ॲसीड उडयलें. पूण तरी लेगीत आमी सगळ्यांनी हें काम सोडून दिवपाक न्हयकार दिलो. बळी पडिल्ल्यांची प्लास्टीक सर्जरी जाली आनी ताका लागून हेरांचो आत्मविस्वास परत येवपाक मजत

जाली. तांकां भंय घालप शक्य नासलें. एक जावन हो तिरस्कृत वेवसाय सोडूंक सोदपी ह्या बायलां कडल्यान आमकां बळ मेळ्ळें. सरकारान जरी तांकां उत्पन्ना खातीर आदार केलो तरी कितल्याश्याच जाणांनी बोकड्यो, गायो आनी म्हशी पोसूंक सुरवात केली.

कांय तेंपान, आमी ल्हान शाळा सुरू केल्यो ज्यो देवदासीं खातीर रातचे वर्ग घेताल्यो. कितल्याश्याच वर्सांच्या सगळ्यांच्या यत्नांचो आसपाव आशिल्लें हें एक खडतर अशें झूज आशिल्लें. बारा वर्सां उपरांत एका खाशेल्या मुद्द्याचेर भासाभास करपाक म्हूण कांय बायलां म्हाका येवन मेळ्ळीं.

'अक्का, आमी एक बँक चालू करूंक सोदतात पूण आमचे आमीच ती करपाक आमकां भंय दिसता.'

'बँकेंत कितें जाता अशें तुमकां दिसता?' हांवें विचारलें.

'बँक चालू करपाक वा खातें उगडपाक तुमचे कडेन खूबशे पयशे आसचे पडटात. तुमी खूब म्हारग कपडे घालचे पडटात. बँकेंत काम करपी चड करून फांत घालतात, टाय बांदतात आनी ॲर कण्डिशन ऑफिसांनी बसतात हें आमी पळयलां. पूण असल्या गजालीं खातीर आमचे कडेन पयशे नात, अक्का.'

तांणी ही अडचण आमचे नदरेक हाडून दिली तेन्ना हांव आनी अभय तांचे बराबर बसलीं आनी बँकिंगाची मुळावी म्हायती तांकां समजावन सांगली. कांय तज्ञां कडेन चर्चा केली आनी तांच्या मार्गदर्शना खाला ह्या बायलांनी तांची स्वताची बँक सुरू केली. अपवाद फकत थोड्या कायदेशीर आनी प्रशासकी सेवांचो. त्यो आमी दिल्यो. तरी लेगीत बँक कर्मचारी आनी शॅरहोल्डर्स फकत देवदासी जमातींतलेच आसचे अशें बंदन घालपाचेर आमी भर दिलो. म्हणटकच निमाणें मुदत ठेवीं वरवीं पयशांची बचत करून तांचेर कमी व्याजाचें रीण बायलांक मेळूंक लागलें. सगळो फायदो बँकेच्या सभासदां मदीं वांटून घेवप अशें आशिल्लें. कालांतरान बँक वाडली आनी बायलोच ताच्यो संचालक जावन ती चलोवंक लागल्यो.

तीन वर्सां परस कमी काळांत, बँके कडेन अंयशीं लाख ठेवी आशिल्ल्यो आनी आदल्या देवदासींक थंय नोकऱ्यो मेळिल्ल्यो. पूण म्हत्वाचें म्हणल्यार लागीं लागीं तीन हजार बायलो देवदासी वेवस्थेंतल्यान भायर सरिल्ल्यो.

तांच्या तिसऱ्या वर्धापन दिसा, बँकेंतल्यान म्हाका एक पत्र आयलें.

बँक सुरू जावन तीन वर्सां जालीं हें सांगपाक आमकां खोस भोगता. आतां बँकेची अर्थीक स्थिती सामकी बरी आसा आनी आमचे भितरली कोणूच देवदासी परंपरा चलयना वा तातूंतल्यान पयसो जोडिना. आमी सगळ्यांनी समारंभा खातीर शंबर शंबर रुपया कुशीक काडून तीन लाख रुपया जमयल्यात. आमी एक हॉल भाड्यान घेतला आनी सगळ्यां खातीर जेवण दवरलां. अक्का, आमच्या ह्या खाशेल्या दिसा तुमी उपकार करून येवचें. तुमी आमकां खूब प्रीय आसात आनी ह्या वेळार मुखेल सोयरीं म्हूण तुमी आमकां जाय. आमी अनवळखी आसून लेगीत तुमी शेंकड्यांनी फावटी तुमच्या खर्चान प्रवास करून आयल्यांत आनी आमचे खातीर कितलोसोच पयसो मोडला. हे फावट, तुमचे खातीर आमी ॲर

कण्डिशन वोल्वो बशीची येवपा-वचपाची तिकेट, बरें हॉटेल तशेंच सगळो खर्च करूंक सोदतात. आमचो पयसो कायदेशीर, नैतीक मार्गान आनी धर्मान जोडिल्लो आसा. आमची नमळायेची आनी मना सावन केल्ली विनंती तुमी न्हयकारची ना हाची आमकां खात्री आसा.

म्हज्या दोळ्यांत दुकां आयलीं. सतरा वर्सां आदीं म्हाका जोतीं भेट मेळिल्लीं. पूण आतां म्हज्या प्रवासा खातीर तांचे तांकी प्रमाण सर्वोत्तम अशें तीं म्हाका दिवंक सोदतालीं. एसी वोल्वो बस आनी हॉटेलाचें तांचे नदरेन कितलें सूख हें म्हाका खबर आशिल्लें.

हांवें म्हज्या खर्चान कार्यावळीक हाजीर रावपाचें थारायलें.

कार्यावळी दिसा सदचे वरी राजकारणी वा हारतुरे वा व्हडलीं भाशणां असलें कांयच नाशिल्लें. ती एक सादी कार्यावळ आशिल्ली. सुर्वेक कांय बायलांनी देवदासींनी बरयिल्लें वेदनांचें एक गीत गायलें. मागीर आनीक एक पंगड आयलो आनी स्वातंत्र्या मेरेनच्या तांच्या प्रवासाचे अणभव सांगले. दोतोर, नर्शी, आदवोगाद, क्लार्क, सरकारी नोकर, शिक्षक, रेल्वे कामगार आनी बँक ऑफिसर जाल्लीं तांचीं भुरगीं मुखार आयलीं आनी आपल्या शिक्षणाक मजत केली म्हूण आवयांचे आनी संस्थेचे तांणी उपकार मानले.

मागीर उलोवपाची पाळी म्हजी आशिल्ली.

हांव उबें रावलें आनी अकस्मात म्हाका उतरां फुटना जालीं. म्हजें मन कोरें जालें आनी मागीर पयसुल्ल्यान म्हाका म्हज्या बापायचीं उतरां याद जालीं: 'म्हजे चलयेन धा निराधार बायलांक शिंदळकेच्या वेवसायांतल्यान मुक्त करून तांकां आपल्या पांयांर उबें रावून स्वतंत्र बायल म्हूण जगूंक शिकयलें हाचो म्हाका अभिमान दिसतलो.'

सहसा हांव उत्स्फुर्तपणान उलोवपी पूण त्या दिसा भावनांनी म्हजें मन भरून आयिल्लें. खंयसावन सुरवात करची तेंच समजनाशिल्लें. जिणेंत पयलेच फावट म्हाका दिसलें ज्या दिसा हांव देवाक मेळटलें तेन्ना सरळ उबें रावन आत्मविस्वासान सांगूंक शकतलें, 'तुवें म्हाका जिणेंत खूब कितें दिलां, आनी म्हाका दिसता तातूंतलें इल्लें तरी हांवें परत केलां. म्हाका शक्य जाता ते उत्तम तरेन हांवें तुज्या तीन हजार भुरग्यांची, तांकां देवदासीच्या अर्थशून्य आनी दुश्ट परंपरेंतल्यान सोडोवन सेवा केल्या. तुजीं भुरगीं हीं तुजीं फुलां आनी हांव ती तुका परत दितां.'

मागीर म्हजी नदर बायलांचेर गेलीं. म्हजें उलोवप आयकूंक तीं सामकीं उत्सूक जाल्लीं. हांव कितें म्हणटा तें तांकां आयकुपाचें आशिल्लें. अभय लेगीत थंय आशिल्लो. तांणी आमचे खातीर जें कितें केलें तें पळोवन भारावन गेल्लो.

हांव स वर्सांचें आसतना म्हज्या आज्यान शिकयिल्लो संस्कृत श्लोक म्हणून हांवें सुरवात केली: 'हे परमेश्वरा, म्हाका राज्याची गरज ना, राजा जावपाचीय इत्सा ना. म्हाका परत जल्म नाका वा सर्गांत भांगराचीं आयदनांय नाकात. तुजे कडल्यान म्हाका कांयच नाका. हे परमेश्वरा, जर तूं म्हाका कितेंय दिवंक सोदता जाल्यार म्हाका मोव काळीज आनी बळीश्ट हात दी म्हणटकच हांव हेरांचीं दुकां पुसूंक शकतलें.'

मोन्यांनी हांव म्हजे खुर्चे कडेन आयलें. त्या खिणाक तांच्या मनांत कसलो विचार वा भावना आसात म्हाका खबर नाशिल्लें.

एक जाणटी देवदासी स्टेजीर चडली आनी अभिमानान थंय उबी रावली. तिणें म्हणलें, 'आमच्या अक्काक आमी एक खास भेट दिवंक सोदतात. ती एक हातान शिंविल्ली गोजडी आसा आनी आमचे मदल्या दरेकल्यान तातूंतलो इल्लो तरी वांटो शिंवला. म्हणटकच तातूंत तीन हजार टांके आसात. घडये ती सुंदर आसची ना पूण आमचो सगळ्यांचो हातभार ते गोजडेक लागचो अशें आमकां दिसतालें.' मागीर तिणें सरळ म्हजे कडेन पळयलें आनी फुडें उलयली, 'आमच्या काळजांतल्यान ही आमी तुमच्या काळजा मेरेन पावयतात. गिमांत ती तुमकां थंड दवरतली आनी शिंयांत ऊब दितली. तुमचे खातीर आशिल्ल्या आमच्या प्रेमा सारकी. आमच्या कठीण काळार तुमी आमचे बरोबर आशिल्ल्यो आनी आतां आमीय तुमच्या वांगडा रावंक सोदतात.'

म्हाका आयज मेरेन मेळिल्ली ही सर्वोत्तम भेंट. 000

भाशाभावकीं

(मूळ इंग्लीश : एमिली डिकिन्सन)

अणकार : माधव बोरकार

वसंतांतलें काव्य

मळब पळोवन वसंतांतलें
हें जिंत्रप काव्य
मागीर नासत तें पुस्तकांतलें–
खरें काव्य कोणाक कळत काय?

सूर

कितले तरी सुरांनी गायता धर्तर
तिचें नासत आंग अशें काय
जंय फुटना सूर
सरूपाय एक चिरंतन सत्य सैमांतलें.

पूण जिच्या जळास्थळा
ज्याचो सूर उठत रावता
तो रातकिडो – दिसता म्हाका
सगळ्यांत सुंदर गाणें गाता.

हिमालय आनी फूल

आपल्या राज्यांत
उबारून तंबूचेर तंबू
ताचेर झेलाचे बावटे
फडफडायत उबो आशिल्ल्या
हिमालयाक आयली काकुळट
झेलाचे भुयेंतल्यान दिसपी
सानश्या धव्या फुलाची
आनी मागीर मान बागवली खाला
हिमालयाची.

000

एमिली डिकिन्सन : जल्म : 1830 मर्ण : 1885. ही एक श्रेश्ठ अमेरिकन कवयित्री. तिणें सुमार एक हजार आठशें कविता बरयल्यो. पूण ती आसतना मात तिच्यो कांय मेजक्योच कविता उजवाडा आयल्यो. आज तिच्यो कविता अमेरिकेच्यो शिमो हुपून संवसारभर पावल्यात.

,

माधव बोरकार : जल्म : 1954, नामनेचे कवी, अनुवादक, *'चंवर'*, *'वताच्यो सावळ्यो'*, *'उजवाडाचो रूख'*, *'परजळाचें दार,'* *'यमन'*, *'अव्यक्ताची गाणी'* आनी *'सिम्फनी'* हीं प्रकाशीत कवितांचीं पुस्तकां. विश्व कोंकणी केंद्र मंगळूर संस्थेचो श्रीमती विमला पै पुरस्कार, केंद्रीय साहित्य अकादेमीचो साहित्य पुरस्कार (2001) तशेंच अनुवादाच्या पुरस्कारान (2004) सन्मानीत. संपर्क : ग्रीन पीस हावसींग बोर्ड सोसायटी, नागळ्ळी, ताळगांव – गोंय, मो. 9420222876.

भाषाभावकी

(मूळ मराठी कविता : गीतेश गजानन शिंदे)

अणकार : डॉ. जयंती नायक

घोव मरतकच

अकाली घोव मरतकच
कितें करचें ताच्या वस्तींचें
सामान- सुमानाचें ?
ठेवणेंतले कपडे, शर्ट-पॅण्ट बी
गरिबाक दिवन वडोवची
काय घेवचीं आयदनां आयदनकान्नीं कडल्यान
तरी उरताच प्रस्न ताच्या अंडरविअरींचो

मोबायल जातलो वापरपाक
सिमकार्ड बदलून
पूण कॉण्टेक्ट लिस्टांतले
कलीग्जांचे, इश्ट-इश्टिणींचे नंबर्स
करचे डिलीट काय आसूंक दिवचे
तांदळांतल्या किड्यांसारके?

ताणें फ्रिजांत दवरिल्ले
बिअराचे कॅन्स सोंपोवचे एकटेनूच
उरिल्ल्या कोडू आयुश्या सारके
काय वोतून करच्यो फ्लश
सतत फेसाळपी यादी.

गेल्ल्या सात-आठ वर्सांत
डबलबेडाचेर एकेच बाजूक
न्हिदपाची लागिल्ली संवय मोडपाक येतली
ताचें उशें नदरेआड करून?
वर्सानवर्स ताणें बरयिल्ल्या डायऱ्यांक
तातूंत नोंदयिल्ल्या सपनांक,
इत्सांक, आकाक्षांक
रद्देंत असो कितलोसो मेळटलो भाव ?

गीतेश गजानन शिंदे : जल्म:1985, महाराष्ट्रांतले भोवचर्चीत युवा कवी आनी निबंद लेखक. मौज, दिपावली, महाराष्ट्र टाइम्स, कविता रती, संवाद, सर्जन , साहित्य सवाना, शब्दरुची, शब्दालय ह्या नेमाळ्यांनी कविता प्रसिध्द, तशेंच, लोकसत्ता, सकाळ, लोकमत आदीं नेमाळ्यांनी लेख आनी पुस्तक परिक्षणां प्रसिध्द. विवीध काव्य वाचन आनी काव्य सर्तीनी कविता सादर आनी 75 परस अदीक इनामां प्राप्त. 'निमित्यमात्र' कविता संग्रहाक साबार प्रतिश्टेचे पुरस्कार प्राप्त. संपर्क: 19 बी विंग, मालंकस सोसायटी, डॉ. लाजरस मार्ग, मॉडेल बँकेच्या लागीं, चरई, ठाणे, महाराष्ट्र - 400601 , मो. 9820272646, ईमेल- geeteshshindegmail.com

डॉ. जयंती नायक : जल्म : 1962, सर्जनशील लेखक आनी लोकवेद संशोधक. कथा, कविता, नाटक, बालसाहित्य, अणकार, निबंध, लोकवेद अशा साहित्य प्रकारांनी लेखन. 40 पुस्तकां प्रकाशीत, साहित्याचो जायत्या हेर भारतीय भाशांनी तशेंच इंग्लीश भाशेंत अणकार. केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कारान (2004) सन्मानीत. संपर्क : आमोणें, केपें, गोंय - 403 705, मो. : 9823575623

तो गेलो त्या दिसाचे आदले रातीं
बंद पडिल्लें रिस्ट वॉच
सांबाळचें काळजा कडेन
गरज नाशिल्ल्या सव्या बोटा सारकें?

तागेलीं जोतीं वडोवचीं शेंवटून
काय पळोवची वाट
चल्याक तीं जातलीं ताची?

अर्दवट वाचून जाल्ले
कादंबरीच्या खंयच्या तरी पाना वयल्यान
म्हजे कडेन पळोवपी ताचें वक्ल
दवरचें दोडून
काय सतत अणभवची जाणीव
तो पळयत आशिल्ल्याची?

हें मंगळसूत्र दवरचें काडून
काय धाल म्हण सांबाळचें
परपुरुशांच्या विरोधांत
लंपट नदरां पासून वांचोवपा खातीर?

ताच्या जाग्यार जर हांव गेल्लें
तर दिता आशिल्लो तो शेंवटून
ते शिल्लक उरिल्ले कॉण्डम्स?

पतंग

भुरगो उडयत आशिल्लो पतंग
दिसता फकत मांज्याची रेग
व्हड्या सारखी हालतली
पयस वचून कुपांत अस्पश्ट जावपी
म्हज्या हातांतलें रीळ
घुंवता द्रौपदी सारकें

आनी सुटत वतलो तातूंतलो दोरो
जणू दुःशासनान ओडिल्ली साडी
अदृश्य आभास जावन
वारो व्हांवता पळयता कृष्णा सारको
थारयता पतंगाची दिका
पूण भुरग्याक दिसता
तो सोडटा सदळ
वोडटा जाय तेन्ना
म्हणून पतंग गेला वयर.

येदोळ म्हणल्यार तोच पावलो कुपांत
सोडोवन नात्याची कानी
हांव मात अजुनूय उबो
अलिप्तपणान फिरकी धरून
आडकुंवचो न्हय म्हण ताचे म्हत्वाकांक्षेचो दोरो
खंयच्याय झाडाचे खांदयेंत.

सपन

जांकां फाल्यांच्या सूर्याची ना शाश्वती
जांच्या जनेलांचे हारशे केन्नाच फुटल्यात
कानाचे पड्डे फोडपी बॉम्बहल्ल्यांनी
जांच्या मळबाच्या कुडक्यांत
किलबिलाटाच्या जाग्यार
उदेतांत फायटर प्लेनाच्यो किंळच्यो
शेतांत ट्रॅक्टराच्या जाग्यार भोंवतात रणगाडे
वारो व्हांवता भिरांत जावन
मशीनगनान चाळण केल्ल्या जांच्या वर्ण्टींतल्यान
उदकूय विसरलें स्वताचो निर्मळ रंग
जे घेतात घोटं घोटं रुच रक्ताची हालींसराक
जांच्या उस्वासांत भरसल्या दारू मिश्रीत हवा
जांच्यो पाटयो केन्नाच फुटल्यात
शाळेंत खडू बदला सांपडटात काडतुसां

जांच्या बोटव्यांत भरला गोबोर भविश्य म्हण
जांचे जिणेची जाल्या निर्वासीत छावणी
याद जायना जांकां जल्मदात्यांचो चेरो
जांचें ना कांय देणें-घेणे आंतरराष्ट्रीय राजकारणा कडेन
जे आतां विसरल्यांत आंग काडूंकय शांत न्हिदे वांगडा
जे पावाच्या एका कुडक्या खातीरय जाल्यात स्वताचेच
दुस्मान
जे नात सुरक्षीत अल्लाच्याय दारांत
तीं भुरगीं,
कसलीं सपनां पळयतात आसतलीं
तुमच्या जगाच्या उज्वल भविश्या खातीर ?

झाडांची फोटोबायोग्राफी

शिमिटाचीं जंगलां
तशीं नवीं न्ही
पूण ह्या जंगलांत
निमणें चंवरिल्लें झाड दिसलें
तर अजाप दिसपाक हरकत ना!
मागीर ह्या झाडाक हुमटावचें मुळांसकट
काय तिकेट लावन
कॅश करचें मार्केट?
उरलो प्रस्न ऑक्सीजनाचो
तोवय तयार करया प्रयोगशाळेंत
कितले घडोवं बदल डीएनऐत
कार्बन डायऑक्सायड पचोवपा खातीर
ओझोनाची सत्रीय शिंवून घेवूं
झाडांच्या सालींनी
वा मळबाकूच सारोवं
सनस्कीन लोशन
हे मातयेंत आदीं झाडांय रुजतालीं
हें सांगपा खातीर प्रकाशीत करूं

झाडांची फोटोबायोग्राफी
तितलीच याद
फुडल्या पिळग्यांक झाडांची

देवत्व

आज्जे, तूं ना
तर देवाऱ्यांतल्यान देवूय
ना जाल्ल्या सारकें दिसता
ना म्हणपाक
आसात तांचे फातरांचे आकार
पूण तांचो प्राणूच
भायर सरून गेला तुजे वांगडा

हो लंगडो बाळकृष्ण
अनाथ जाल्ल्या सारको भोंवता
आनी बाप्पा मुखार दवरिल्लीं
दसणीचीं फुलां
सुकून गेल्यांत केन्नाचीं

तूं नाशिल्ल्यान विठ्ठल
अदिकूच काळो पडला
आनी महाकालीची जीब
दिसता भितर गेल्ले सारकी
येतल्या-वतल्याक
मायेन वाडपी तूं
तुज्या वचपान
अन्नपूर्णेचें अस्तित्व
शेणत आयलां.

निरांजनांतली फुलवात
फुल्लीच ना तेन्ना पासून
आनी कुकमाचो करंड

आशेला तुज्या स्पर्शाक
तुज्यो यादी वितळून वतल्यो कदाचीत
ताम्हणांतल्या त्या अनाथ कापरा सारक्यो
आनी देवाकूय जातली संवय
तुज्या नासपाची
पूण कापराक चिकटल्ले तांदूळ
आशिर्वादाच्यो अक्षदा जावन
चिकटत रावतले कपलार आमच्या
आनी उजळटलें भाग्य आमचें...

पूण आज्जे,
तूं गेल्ल्या दिसा पासून
शुभंकरोतीच जायना याद...
तेन्ना तूं यो परत
आनी म्हजो कान पिळून
उबो कर देवा मुखार
वदोवन घे श्लोक,
कदाचीत देवाकूय दिसतलो आदार
आनी परत येत ताचें देवत्व.

000

भाशाभावकी

(मूळ रशियन नाटक (1988) : आंटनी चेकोव)

वल्ली क्वाड्रस

सयरीक

अटनी चेकोव: जल्म:1860, मर्ण: 1904, नामनेचे रशियन नाटककार आनी कथाकार. 94 वयर पुस्तकां प्रकाशीत. *'द चेरी ऑर्चर्ड'*, *'द सी गूल'* *'द त्री सीस्टर्स'*, *'अंकल वानया'*, हीं तांचीं कांय फामाद नाटकां.

वल्ली क्वाड्रस : जल्म : 1967, कथाकार, कवी, कादंबरीकार, बालसाहित्यकार आनी पत्रकार. कन्नड आनी कोंकणी भाशेंतल्यान लेखन. 200 वयर कथांचें लेखन. *'आशावादी'* (कथा, 2001), *'खिळो'* (कथा, 2003), *'कंगाल आनी ताची कुंकेहळ्ळी'* (कथा, 2005), *'सतां आनी कथा'* (कथा, 2007), बंद (कथा, 2017), *'संघर्श'* (कादंबरी1991), *'मोगा म्हन्नज्या'* (कादंबरी 1988), *'पाटीं गांवांत'* (ई कादंबरी-2004), *'चारमुखां'* (कविता, 2002), *'कठपुतळी'* (कविता 2004), *'दरबारांतली पिरगण'* (कविता, 2006), *'बाजार'* (कविता, 2017) हीं तांचीं कांय प्रकाशीत स्वतंत्र पुस्तकां. कर्नाटक साहित्य अकादेमीच्या साहित्य पुरस्कारान दोन फावटी सन्मानीत. संपर्क : 1801, स्कायलार्क, सेक्टर-15, घांसोळी, नवी मुंबय, 400701, मो. 07738038980-07021967880.

पात्रां:

- स्टीफन स्टीफनोवीच चुबुकोव, भुंय मालक
- नताल्य स्टेफानोवना, धूव, पंचवीस वर्सां प्राय
- इवान वास्सिलेवीच लोमोव, चुबुकोवाचो सेजारी

सेट्टिंग : ड्राविंग रूम (चुबुकोवाचें घर, एक सोफा, टीपोय, एक कदेल, एक मेज आनी कदेल, एक दांडी)
(चुबुकोव हातीं एक दिसाळें घेवन येता, सोफाचेर आसचें पायनल सार्कें करून, सोफाचेर बसून दिसाळें वाचता)
(लोमोव कोट बूट न्हेसणाचेर, हातीं धवे ग्लवस न्हेसून भितर रिग्ता)

चुबुकोव : म्हज्या मोहाच्या वस्सिलेवीच! तुका हांगासर पळेवन हांव भोव संतोसतां! (ताचे बावळे धरून वेंग मारून तोंडाच्या दोन्यी कुशिंनी अपलें तोंड लागयता). आतां हें अज्याप. मोगाळ चेड्या... कसो आसाय आनी कितें तूं आतां आनी हांगा तें सर्व कितें?

लोमोव : हांव बरों आसां, देव बरें करूं (मात्सो रावता). आनी तूं कसो आसाय?

चुबुकोव : हांव कसोय आसूं, तुज्या मागण्याक अर्गां, देकून आसां. दयकरून बस..

आतां तूं जाणांय, आमच्या मोगाच्या सेजार्‍यांविशीं सर्व विसुंक न्हजो. पूण तूं कित्याक अवपचारीक जावनासाय? कित्याक ह्या सांजेच्या न्हेसणाचेर, हातीं ग्लावज, अनी हें न्हेसण? कितें तूं खंय तर्यी वेच्यार आसाय?

लोमोव : ना. हांव तुमकांच पळेवंक म्हणून आयलों. भोव बरें लागलें स्टीफन स्टेफानोवीच.

चुबुकोव : तर कित्याक ह्या सांजेच्या न्हेसणाचेर, म्हज्या भुर्ग्या? अशें भग्ताकी तूं नवें वरस आचरण कर्च्यार आसाय!

लोमोव : बरें, पळे, गजाल अशी आसा; तुमकां त्रास दिल्ल्याक म्हाका माफ कर.... हांव तुजे तेवशीं आयलां, मानेसत स्टीफन स्टेफनोवीच.. एक विनतेसवें. हेंच पयलेपावटीं हांवें तुजेलागीं कुमोक विचारून येंवचें न्हय, आनी तुवें हरयक पावटीं....., देकून उलवंक... माफ कर, हांव भोव नर्वस जालां, तुज्या पर्वणगेन हांव मात्सें उदक पियेतां, मानेसत स्टीफन स्टेफनोवीच. (उदक पियेता)

चुबुकोव : (मुल्यांत) हो दुडू मागुंक आयला तर खंडीत निरासतलो! (ज्योरान) कितें, म्हज्या मोगाळ इश्टा?

लोमोव : पळे, मानेसत स्टेफनोवीच.. म्हळ्यार, स्टेफन मानेसतीच.. म्हाका भोगोस, हांव शिरांनी कांपत आसां, तुवें पळेंवचेपरीं... मटव्यान, तुवें म्हका कुमोक करुयेता, खंडीत जावन... आनी तुजी कुमोक आशेंवचो कसलोच अधिकार म्हजेलागीं ना.

चुबुकोव : ओह!, बोल्या भंवतोणीं मार्चें रावय चेड्या! उचार तें, जें कितें विचारुंक आसचें! बरें?

लोमोव : एक मिनूट (गुंडायेचो उस्वास घेता) सत सांगचें तर... हांव तुज्या धुवेचो, नताल्या स्टेफनोवाचो हात मागुंक आयलां.

चुबुकोव : ये देवा सर्गिंच्या! इवान वासिलेवीच! कसलो संतोस!... पर्त्यन सांग तें, हांवें सार्कें आयकलें म्हणून म्हाका भगाना.

लोमोव : म्हाका विचारुंक गवरव भग्ता.

चुबुकोव : ओह म्हज्या मोगाळ चेड्या... हांव भोव चड खूश पावलां, व्हय! खरेंच, आनी सर्व रितिंनी (लोमोवाक वेंग्ता तशेंच कीस दिता). लांब काळाथावन हांव हेच्च खातीर भर्वसून आसलों. तूं केदनांय म्हज्या पुतापरिंच आसाय. देव तुमकां दोगांयक्यी बेसांव दींव.

म्हाका पळे, हांव पिश्यापरीं बडबडोन आसां! तसलो संतोस! (ताचे गाल चिडून)! ओह तूं फट्टिंग!... हांव वेतां आनी नतशाक आपयतां आनी सर्व.

लोमोव : (एक्च पावटीं घुंवता) मानेसत स्टेफन स्टेफनोवीच, तूं चिंताय हांवें तिच्या पर्वणगेची अपेक्षा करुयेता म्हणून?

चुबुकोव : कित्याक? खंडीत तें वोप्तलेंच! तें मोगार पडतेलेंच.. तें गरमेच्या एका माजरा परिंच... आनी सर्व.. हांव तडव कर्चोना (वेता)

लोमोव : हिंव आसा... हांव सगळ्यान कांपून आसां... हांवें म्हाकाच निश्चय करिजय. हांवें पार्टी-फुडें केलें तर, हांव मुगदलों. हांव एक बरी बायल आनी खरो मोग म्हणून राकोन बसलों तर केदिंच काजर जावंक सकचोना.. (कांप्ता). कठीण हिंव आसा! नताल्या स्टेफनोवन एक बरें घर काम कर्चें चेडूं. तें पळेवंक्यी पाड ना... आनीं तें इसकोलाक गेलां!.. आनी कितें जाय म्हाका? ओह म्हज्या कानांनी ते किणकुळे परत गाजतात (पियेता). खंच्याय संदर्भार, हांवें काजर जायजय. हांव येदोळ्च पांतीस वर्सांचो. कसलीच उचांबळाय नासताना एक शांत आनी नियमीत जिणी हांवें सारुंक जाय. हांव तळमळे भगून आसां, हांव भोव उद्वेगांत आसां, ह्या घद्ये म्हजे वोंट कांपोन आसात, आनी म्हज्या उज्व्या दोळ्यांच्यो आस्ड्यो उडी मारून आसात.. परत! पूण सर्व संग्तिंच्यांकी मारेकार... नीद.. वा नीद उणी जाल्ली! हांव म्हजें मातें उश्याचेर दवर्ल्लेपरिंच, म्हज्या दाव्या कुशीन कितें तर्यी वोडता (एक लांब आवाज) आनी म्हजें भूज आनी तकलेंत तो अनभोग जाता.. हांव एका पिसांटापरीं उडी मातों, मातशें चल्तां आनी परत निदतां, पूण निदोंक गेल्लेपरिंच परत तें जाता (लांब आवाज), तेदनां आन्येक वोड आसता, आनीं हें कांय वीस पावटीं घडता.

(नताल्या स्टेफनोवना येता)

नताल्या : बरें! हलो! हें तुका मात्र! पापा म्हणालो, ''भितर वच, थंय तो अपल्यो वसतू व्हरुंक आयला.'' कसो आसाय तूं, इवान वास्सिलेवीच?

लोमोव : हांव बरो आसां, मानेसतीण नताल्या स्टेफनोवन (तो उभो रावता आनी बाग्वता)

नताल्या : तुवें म्हज्या एपरोना खातीर भगसिजय.. आमी वठाण्याचे कोंगे सुकवन आसांव.. तूं कित्याक इतलो तेंप हांगासर येवंक नांत? दयकरून बस (तीं

बसतात), इल्लें जेवताय?

लोमोव : ना! देव बरें करूं, म्हजें जेवण येदोळ्च जालां.

नताल्या : तुका गर्ज पडली तर दयकरून सिग्रेट वोड. आतां हावो बरोच आसा, पूण काल इतली थंडी आसली म्हळ्यार गाद्यांनी कितेंच काम करुंक जालें ना. तुवें कितलो कोल्हू दाळ्ळोय? खरेंपणीं, आज हांव मातशीं उत्सूक जावनासां आनी सगळो गादो लुंवला, पूण आतां हांव चुर्चुर्तां कित्याक म्हळ्यार तो कोल्हू कुसत कोण्णा म्हणून. हांवें मातशें राकुंक जाय आसलें? व्हय! हांव मातशीं राक्ती. पूण तूं पळे! कित्या तूं सांजेच्या न्हेसणाचेर! व्हा! तूं बरो दिसताय! तूं कितें खंच्याय पार्टेक वचोंक पुणी वेच्यार आसाय? सांग म्हाका.

लोमोव : (संतोसान) पळे मानेसतीण नताल्या स्टेफनोवना... सत सांगचें तर, हांव हांगासर आयलां.... तुका विचारुंक... आयक तूं म्हाका... खरेंपणी, तूं विज्मीत पावुंक आसाय आनी भोवशा मात्सो राग्यी करुंक आसाय, पूण हांव... (कोनशांत) आज खरेंच थंड आसा!

नताल्या : कितें गजाल (रावता) बरें?

लोमोव : मटव्यान सांगचें प्रेतन कर्तां, तूं जाणांय मानेसतीण नतल्या स्टेफनोवना, म्हज्या भुर्ग्यापणार थावन, निजायकी, तुमच्या कुटमाक मेळचो सुयोग तशेंच मान प्राप्त जालो. म्हजी देवाधीन मौशी आनी तिचो घोव, तूं जाणांय, तांचो जागो म्हाका लाभ्ल्लो, सदांच म्हाका तुज्या पापाचेर तशेंच तुज्या देवाधीन आवयचेर भोव चड गवरव आसलो. द लुमोवस आनी द चुबुकोवस सदांय चड इश्टागतेंत, आनी हांव सांग्तां चड मयपासान एकामेका गवरव दीवन आसलीं. आमी भोव लागशिलीं शेजारीं. खंडीत तूं हें सर्व जाणांय! म्हजो जागो तुमचो जावनासलो! म्हज्या गायरांच्या चरोवाचें लच्चील तुमच्या कोळक्याक लाग्ता आनी...

नताल्या : एक मिनूट, दयकरून तुका मधें रावयिल्ल्याक भोगशी, पूण तुवें सांगलेंय 'म्हजें चरोवाचें लच्चील....?' पूण तें तुजेंगी?

लोमोव : व्हय, तें म्हजें.

नताल्या : (हासून) कितें उलयताय तूं सायबा? चरोवाचें लच्चील आमचें, तुजें न्हय!

लोमोव : नां! म्हजें, मानेसतीण नताल्या स्टेफनोवना.

नताल्या : बरें. हांव हाच्यादीं हें केदिंच नेणासलीं. पूण तें कशें पाकुंचें?

लोमोव : कशें? हांव चरोवाच्या लच्चिलाविशीं उलयतां, तो त्या ल्हानश्या जाग्यान तुज्या रुकाचे आनी त्या कोळक्याच्या मधें पाचारला.

नताल्या : ... आनी कोळकें?.. आह.. व्हय व्ह... नां, तें आमचें.

लोमोव : ना, तूं चूक समजलांय, मानेसतीण नताल्या स्टेफनोवना, तें म्हजें.

नताल्या : आतां चीत दीवन चींत, इवान वस्सिलेवीच, कितल्या तेंपाथावन तें तुजें जावनासा?

लोमोव : कितलो तेंप? जितलें हांव चिंतुंक सक्ता तेदोळ थावन.

नताल्या : आतां निजायकी राव एक मिनूट!

लोमोव : हांव तुमकां दसतावेजां दाखवंक सक्तां, मानेसतीण नताल्या स्टेफनोवना, हें चरोवाचें लच्चील, एका तेंपादीं विवादाचो विशय जावनासलो, पूण आतां सर्वांक कळ्ळां तें म्हजें म्हणून. तांतूं वाद मांडुंक कितेंच ना. तूं पळे, म्हज्या मौशेची आजियेन तुज्या पप्पाच्या आज्याच्या शेत्कारांक शाश्वत जावन दिताना, ताका पाटीं जावन ताणें इटे करून तिका दीवंक जाय आसले. तुज्या बापायच्या अज्याच्या शेत्कारांनी कांय चाळीस वर्सां ह्या सुवातेक फुंक्याक वापार्ताले, आनी ती तांचीच आसत म्हळ्ळेपरीं चिंतून आसले. पूण तें खरेंपणीं जावनासलें...

नताल्या : तूं चूक समजलाय! म्हजो आजो आनी पिजो दोगांयनी तांचो जागो कोळक्या पऱ्यांत विसतारायलां, अशें म्हळ्यार तें चरोवाचें लच्चील आमचें. हांगासर वाद मांडचेतसलें कांय ना. तें बेश्टें पिशेंपण.

लोमोव : म्हजेलागीं दसतावेजां आसात नताल्या स्टेफनोवना!

नताल्या : ओह.. तशेंगी!... तूं म्हजेलागीं कितें फोकाणां कर्ताय?.. ही एक व्हड जोक! आमचेलागीं कांय तिनशीं वर्सां थावन हो जागो आसा, आनी आतां एक्च पावटीं सांगतात 'तो आमचो न्हय!' इवान वासिलेवीच, हांव तुवें सांगचें पात्येना. तीं लच्चिलां कांय विशेस मोलाचीं न्हय, कांय भारा एक्रो, पूण तो विशय न्हय, हो अन्न्याय. आनी हांव अन्न्यायासवें रांवचिंना.

लोमोव : हांवें कितें सांगलें तें तुवें आयकुंक नांय! तुजो पिज्याचे शेत्कार, जशें म्हाका येदोळच तुका सांगचो सुयोग प्राप्त जाला, इटे लासून म्हज्या मौशेच्या आजियेक दिताले. म्हज्या मौशेची आजी एक मऱ्यादेची बायल जावनासोन.....

नताल्या : कोणाक पडोन गेलां ह्या आजो आजियेंच्या बिजनेसांत! तें लच्चील

आमचें, तितलेंच.

लोमोव : तें म्हजें.

नताल्या : आमचें! तुज्या तोंडाचो रंग निळसो जातासर तुवें वार्जीक करुयेता आनी तूं आनी पंद्रा ज्याकेट न्हेस्येता, पूण तें आमचें, आमचें आमचें! हांव तुजें जावनासचें कितेंच आशेनां तशेंच म्हजें जावनासचें कितेंच दिंवचिंना, देव बरें करूं!

लोमोव : नताल्या स्टेफनोवना, हांव त्या लच्चिलाचेर गुमान करिना, पूण हांव रेग्रेपरकार उलयतां, तुका पसंद तर तुका इनाम जावन दितां.

नताल्या : जर थंय कितेंय करुंक आसा तर हांव कर्तां, कित्याक म्हळ्यार तें म्हजें. तुज्या वर्तनाक हांव पात्येवंक सकाना! येदोळ पासोन आमी केदनांय तुजे विश्यांत बरो सेजारी आनी ईश्ट म्हणून चिंत्ल्लें. आधल्या वर्सा आमी तुका मोळचें मिशीन दिल्लें, हाचो मतलब, नवेंबर म्हणासर आमी आमच्या खंदकांक सोडलां. आतां तूं आमकां जिप्सिंपरीं लेक्ताय. म्हाका म्हजोच जागो दिताय! खरें! म्हज्या अभिपरायेपरकार हें सेजार्पण न्हय! सत सांगचें तर, हांव हो एक अवमान म्हणून लेक्तां.

लोमोव : तर तूं चिंताय हांव तुजो जागो भितर घाल्लो वा घाल्चो? ना! केदिंच म्हज्या जिण्येंत हांवें हेरांचो जागो भितर घालुंक ना, आनी त्ये पासत कोणेंय म्हजेर बदनाम घाल्चें सोसिना... (उदक पियेता).. चरोवाचें लच्चील म्हजें.

नताल्या : तें सत न्हय! तें आमचें!

लोमोव : म्हजें

नताल्या : ती एक फट! हांव रुजू कर्तां! हांव आमच्या तण कातर्तेल्यांक लच्चिलाक आज्च धाडतां

लोमोव : कितें?

नताल्या : आमचे तण खातर्तले आज्च थंय आसतेले.

लोमोव : हांव तांची गोमटी खातर्तां जर ते म्हज्या लच्चिलाक पांय दवर्तीत तर!

नताल्या : तितलें धयर!

लोमोव : (हर्ध्याचेर हात दवर्न) चरोवाचें लच्चील म्हजें! तूं समजताय? म्हजें!

नताल्या : दयकरून बोब मारिनाका! तूं तुज्या स्वंत घरांत हें सर्व कर, पूण हांगासर हांव आशेतां तूं एका जेंटल्मेनापरीं कर.

लोमोव : जर हे म्हज्या काळजाचे धडदडे आनी हो कानांनी सादचो खिणकुळ्यांचो

आवाज न्हय तर तुका सांग्तों, हांव तुजेलागीं दुस्रे रितीन समजायतां (रागान) चरोवाचें लच्चील म्हजें.

नताल्या : आमचें!

लोमोव : म्हजें!

नताल्या : आमचें!

लोमोव : म्हजें!

(चुबुकोव येता)

चुबुकोव : कितें चलून आसा? कित्याक ही बिबाट?

नताल्या : पाप, प्लीज सांग ह्या मानेसताक तें चरोवाचें लच्चील कोणाचें म्हणून, ताचें वा आमचें?

चुबुकोव : (लोमोवाक) चरोवाचें लच्चील आमचें!

लोमोव : पूण, स्टेफन स्टेफनीच, तें कशें तुजें जांवचें? दयकरून मात्सो राजांवीक मनीस जा! म्हज्या मौशेच्या आजियेन तें लच्चील तुज्या बापायच्या शेत्कारांक तत्कालीक पूण फुंक्याक वापरुंक दिल्लें जावनासा. त्या शेत्कारांनी ती सुवात चाळीस वर्सां वापारलीं आनी तांचीच स्वताची म्हळ्ळेपरीं चिंतिलागले, पूण कितें जालें म्हळ्यार...

चुबुकोव : एक्स्क्यूज मी.... तूं विस्रलोय की त्या शेत्कारांनी तुज्या आजियेक कितेंच देवें फारीक केलें ना, कित्याक म्हळ्यार तें लच्चील विवादांत आसलें. आनी आतां गांवचे हरेक पेटे सयत जाणांत तें म्हजें म्हण. तशें म्हळ्यार तुवें अजून सर्वे प्ल्यान पळेवंक ना.

लोमोव : हांव रुजू कर्तां तें म्हजें म्हणून!

चुबुकोव : तूं रुजू करुंक सकचोनांय.

लोमोव : हांव सक्तां!

चुबुकोव : कित्याक बोबाटताय? बोबाटून कितें साबीत करुंक सकचोनांत. म्हाका तुजें कितेंच नाका, आनी म्हजें कितेंच तुका दिवंक आशेना. कित्याक हांवें दीजय? आनी त्याशिवाय जर तूं वार्जीक मांडताय तर, तें लच्चील हांव तुका दिंवच्याकी त्या शेत्कारांक दितलों. देकून थंय..

लोमोव : म्हाका समजना! कशें तुका हेरांचो जागो कोणाक्यी दिंवचो अधिकार मेळता म्हळ्ळें.

चुबुकोव : हांव निर्णय कर्तां म्हजेलागीं अधिकार आसा वा ना म्हळ्ळें. कित्याक म्हळ्यार, तर्नाट्या, हांव असल्या ताळ्यांत कोणाथावन्यी आयकून सवय

जाल्लों न्हय, आनी हांव, तर्नाट्या, तुज्याकी सभार वर्सां जाणतो, देकून हांव तुका विचार्तां, म्हजेलागीं उलयताना मऱ्यादेन उलय.

लोमोव : ना. तूं चिंताय हांव बेकूफ आनी तुजेथावन फायदो जोडतलो! तूं म्हजो जागो तुजो म्हणताय, आनी हांवें समधानेन आनी मऱ्यादेन उलवंक आशेताय! बरे सेजारी अशें वर्तन धाकयनांत, स्टेफन स्टेफनीच! तूं सेजारी न्हय, तूं जागो भितर घाल्लो जागो गिळपी!

चुबुकोव : कितें तें? तुवें कितें म्हळेंय?

नताल्या : पापा, त्या तण खातर्तेल्यांक त्या लच्चिलाक आतांच धाड!

चुबुकोव : कितें म्हळेंय तुवें, सर?

नताल्या : चरोवाचें लच्चील आमचें, आनी हांव तें केदिंच दिंवचोना, केदिंच ना!

लोमोव : आमी पळेतांव! हांव ही विशय कोर्टाक वर्तलों आनी तेदनां पळेयां कोणाचें म्हणून.

चुबुकोव : कोर्टाक? तूं वच अनी कोर्टाक वर, आनी तें सर्व! तुज्या सर्व श्याथियेंत तें कर! हांव तुका जाणां; तूं फकत कोर्टाक वेचें नीब सोधून आसाय, आनी तें सर्व... तुजे सर्व मनीस तशेच आसले! तुजें कुटम कोणायक्यी आनी सर्वांक्यी फीऱ्याद दिंवचांत नांव वेल्ली.

लोमोव : म्हज्या कुटमाक हांतलो भायर दवर! लुमोवस घराणे सदां नांव वेल्लें. कानूनाक मांदचें घराणे, हेर थोड्यांपरीं न्हय हांव नांव सांगिना... तुक्या आज्यापरीं, जाका नागवणेक लागून कुडायिल्लो दाकल्याक.

चुबुकोव : तुमी लोमोवस घराणे वीड लाग्ल्लें, पिशे, सगळीं तुमी!

नताल्या : सगळीं, सगळीं सगळीं...

चुबुकोव : तुजो आजो एका बेब्द्याच्याकी चड नातलो, आनी तुजी ल्हान मौशी, नसतस्या मेहैलोवना एका आर्किटेकटासवें धांवलें.... तें सार्कें, एका आर्किटेकटासवें आनी सर्व.

लुमोव : आनी तुजी आवय एक कुब्दी बायल जावनासली (हर्ध्याक हात दवर्न) ओह म्हज्या देवा, कितेंगी वोडता म्हाका... म्हजी तकली फडता. म्हाका उदक जाय!

चुबुकोव : तुजो बापूय एक जुगारी आनी तूं एक डोंगी!

नताल्या : आनी तुजी मौशी खबराळी आनी चाडियाळी!

लोमोव : म्हज्या दाव्या पांयाक आर मारली! तूं एक जिवदाळ आनी अ.... ओह म्हजें काळीज.... आनी हें एक उग्तें सत की, एलिसांवा पयलें तुवें लोंच

दिलोय... म्हजे दोळे गयरे जावनासात... खंय आसा म्हजो तोपी?

नताल्या : हें कीळ! हें अपरामाणीक! हें किर्कोळ!

चुबुकोव : आनी तूं बेश्टो कुसदो, दोन तोंडांचो फटकिरो! व्हय!

लोमोव : हांगा आसा म्हजी तोपी... म्हजें काळीज! वाट खंय आसा? दार खंय आसा? ओह.. म्हका भग्ता हांव मोतीं... म्हजो पांय मात्सो मोव.... (तो वेता)

चुबुकोव : (ताचो पाटलाव करून) आनी म्हज्या घरांत परत पांय दवरिनाका!

नताल्या : कोर्टाक वर! आनी आमी पळेतांव!
(लोमोव लत्ता)

चुबुकोव : तो येमकोंडाक वचोंदी (तो भायर वेता)

नताल्या : भिंयेडो!

चुबुकोव : फट्टिंग!

नताल्या : तो देंवचार! पयलें तो आमचो जागो घेता आनी उपरांत ताचेलागीं आमचेर गाळी दीवंक जीब आसा.

चुबुकोव : आनी त्या अडेबागीक, त्या मांकडा मेंद्वाक सयरिकेची एक शीर आसा म्हळ्ळें चिंतुंक सयत घुस्पड आसा!

नताल्या : खंयची सयरीक?

चुबुकोव : कित्या? तो आयिल्लो तुजेलागीं काजार जांची सयरीक घेवन.

नताल्या : म्हाका सयरीक? तुवें पयलें कित्याक सांगलें नांय?

चुबुकोव : देकून्च तो तसो न्हेसून आयिल्लो त्या चिल्लर सुटाचेर आनी सर्व. चेपलेलें सोसेज खंचो.

नताल्या : तो आयिल्लो म्हजी सयरीक सोधून? ये म्हज्या देवा (कदेलाचेर गळता आनी विळाप कर्ता) पार्टी हाड ताका! ये म्हज्या देवा! पार्टी हाड ताका. हाय म्हज्या देवा! ताका पार्टी येशें कर!!

चुबुकोव : कोणाक पार्टी येशें कर?

नताल्या : वेगीं, वेगीं!... वच... वच ह्ड ताका. (रागान कडकडून)

चुबुकोव : तें कितें? तुका कितें जालां? (समजता) ओह, हांवें कितें केलें! पिसों! हांव फाशी घेतलों!... हांव म्हाकाच शूट कर्तलों!.. हांव गळपास घेतलों आनी उपरांत म्हाकाच गुळो घालन घेतलों!

नताल्या : हांव मोर्तलीं! ताका हाड!

चुबुकोव : बोबाटिनाका! हांव वेतां.

(भायर धांवता.. मात्सो विराम) (नताल्या कदेलाचेर विळाप कर्ता)

नताल्या : तांणीं कितें केलें म्हाका! ओह ताका पार्टी हाडय! (विळाप) प्लीज.... (विराम)

(चुबुकोव रिग्ता उस्वास बांधून)

चुबुकोव : (खरस काडून) तो येता.. तो पार्टी येतलो आनी तें सर्व! तुंच ताचेलागीं उलय ह्ये पावटीं. हांव तें सर्व तुजेर सोडतां.. नताल्या (विळाप करून) हाड ताका!

चुबुकोव : (रागान) तो येता, हांवें सांगलें तुका, ओह, कसलें वोजें, सायभा, एका व्हाड्ल्ल्या चेडवाचो बापूय जांवचें! हांव म्हजोच गळो खातर्तां! हांव खंडीत! आमी ताका शिरापलो, गाळी सोवल्यो आनी घरांतलो भायर घालो, आनी हें सर्व तुजीं कर्मां.. तुजीं!

नताल्या : नां, हें तुजीं!

चुबुकोव : हांव सांग्तां ही म्हजी चूक्च न्हय (लोमोव येता) आतां तूं ताचेलागीं उलय तुजेसतकीं (वेता)

(लोमोव रिग्ता, थकला)

लोमोव : म्हजें कळीक बडयता भिरांकूळ थरान.. म्हजो पांय निदोंक गेला.. कितेंगी म्हाका म्हज्या कुशीक वोडून आसा.

नताल्या : आमकां भोगशी, इवान वसिलेवीच, आमी मातशीं ताप्ल्ल्यांव.. म्हाका उडास येता आतां : चरोवाचें लच्चील निजायकी आमचें.

लोमोव : म्हजें काळीक चडुणें फुटता.. म्हजें लच्चील.. म्हजे दोन्यी दोळ्यांच्यो आसद्यो झटको दितात आतां.

नताल्या : तें चरोवाचें लच्चील तुजें, व्हय तुजेंच.. पयलें तूं बस.. (तीं बसतात) आमी चुकिदार जावनासल्यांव.

लोमोव : हांवें तें रेग्रानुसार केलें.. तो जागो म्हाका इल्लो फावो जाल्लो, पूण रेग्रो..

नताल्या : व्हय. रेग्रो. आतां दयकरून आमी हेर विशय उलव्यां.. नां तर..

लोमोव : म्हजेलागीं रुज्वात्यो आसात पळे. म्हज्या मौसेची आजियेन तुज्या बापायच्या आज्याच्या शेत्कारांक...

नताल्या : व्हय, व्हय (ताळो उभारून).. तें पुरो (बगलेन) हांव तर्यी सुर्वात कर्तीं (ज्योरान) तूं कितें शिकारेक वेच्यार आसाय ह्या तेंपार?

लोमोव : हांव चिंतून आसां, सुग्गेच्या काळा उपरांत वेचें, ओह तुवें आयकलांय? म्हजो अपुर्भायेचो पेटो गेसर थोंटो जाला.

नताल्या : ओह भिर्मत! तें कशें जालें?

लोमोव : हांव नेणां.. भोवशा कुसकलासतलो वा हेर पेट्यांनी चाबलास्येत. तो म्हजो भोव श्रेश्ठ पेटो, तो कितलो मोलाधीक म्हणून सांगची गर्ज ना, हांवेंएं मिरोनोवाक 125 (एक्षें पंचवीस रूबल) दिल्ले ताका.

नताल्या : तुका लुटलो इवान वसिलेवीच.

लोमोव : म्हाका भग्ता हांवें वार्जीक केल्लें. तो एक फसट रेट पेटो.

नताल्या : पापान फकत 85 (आयशीं पांच) रूबल दिल्ले ताच्या शिकारी मेस्सर. आनी मेस्सर गेस्सराच्याकी श्रेषट पेटो!

लोमोव : मेस्सर श्रेश्ठ? गेस्सराच्याकी श्रेश्ठ? तूं कशें म्हणताय (हासून) मेस्सर गेस्सराच्याकी उंचलो!

नताल्या : खंडीत तो बरो! मेस्सर अजून तर्नाटो, पूण वंशावळिंत कसलीच बराबरी ना.

लोमोव : पूण नताल्या स्टेफनोवना, तूं विसरलेंय, मेस्सराची खाडकी मातशी व्हड आसा. व्हड खाडकी म्हळ्यार पाड शिकारेगार!

नताल्या : व्हड खाडकी? ताची? ही एक न्यूस म्हाका!

लोमोव : हांव तुका खात्रेन सांग्तां, ताची सकल्ची खाडकी वयल्या खाडकेच्याकी मटवी.

नताल्या : तुवें मापलांय म्हण दिसता न्हय?

लोमोव : व्हय. तो धांवडावंक उत्तीम व्हय, पूण कितेंच धर्न धरुंक..

नताल्या : पयले सुवातेर, आमचो मेस्सर उंचल्या कुळियेची जान्वार, लेस्सर आनी स्ट्रेस्सराचो पूत. आनी तुजो गेस्सर स्लश्शर आनी पुश्शराचो आनी ताका कसलीच कुळी म्हळ्ळी ना. तो फकत एक नास जाल्लें तारूं.

लोमोव : तो पर्नो, पूण हांव ताचेसमोर पांच मेस्सरांक्यी घेंवचो ना. कित्याक? तुवें कशें हें सांग्येत.. गेस्सर एक खरो पेटो; आनी मेस्सराविर्शी, बरें, तो एक जोक शिकारेचो. तुवें ताका 25 दिल्लेय तर तांतूं 20 चड जाते!

नताल्या : इवान वसिलेवीच, आज तूं जाय म्हणून हळशीक कर्ताय? पयलें लच्चील तुजें म्हळ्ळेपर्रीं वर्तन केलेंय, आतां गेस्सर मेस्सराच्याकी बरो पेटो म्हणताय. म्हाका जे कोण सताक फूड करुंक सकानात्ल्ले पसंद नांत. मेस्सर तुज्या पिश्या गेस्सराच्याकी शेंभोर वांट्यान बरो म्हळ्ळें तुका सार्कें कळोंदी.

लोमोव : ऐ. सी. नताल्या स्टेफनोवना, तूं म्हाका या कुड्डो वा पिसो म्हण लेक्ताय.

तुवें समजुंक जाय मेस्सराची खाडकी व्हड आसा!

नताल्या : तें सत न्हय!

लोमोव : तें सत

नताल्या : तें सत न्हय!

लोमोव : तूं कित्याक बोबाटून आसाय?

नताल्या : तूं कित्याक पासत फटीं मार्ताय? गेस्सर फकत गुळो घालुंक फावो जाल्लो, आनी तूं तका मेस्सरासवें तुलन कर्चें धयर कशें घेताय?

लोमोव : एक्स्क्यूज मी, म्हाका हें संभाशण मुखारुंक नका. म्हजें काळीक धडदडुंक लागलां परत.

नताल्या : तूं पक्का असलो शिकारी म्हळ्यार जे फकत उलवपांत मात्र पूण शिकारेक नाफावो जाल्लें!

लोमोव : दयकरून चूप जा (पिंर्गता) शटप! म्हजें काळीक फुटता!

नताल्या : हांव चूप रांवचीं नां (चुबुकोव रिग्ता)

चुबुकोव : कितें गजाल आतां?

नताल्या : पापा, सत सांत, खंचो पेटो उत्तीम? आमचो मेस्सर वा ताचो गेस्सर?

लोमोव : स्टेफन स्टेफनोवीच, प्लीज एक विशय सांग : तुज्या मेस्सराची खाडकी मातशी व्हड आसा वा ना? हां व ना?

चुबुकोव : आनी एकादावेळा व्हय तर कितें जालें? तो ह्या जिल्लेचो श्रेश्ठ शिकारेचो पेटो आनी सर्व.

लोमोव : पूण म्हजो गेस्सर ताच्याकी उत्तीम? सत्च सांग!

नताल्या : म्हाका प्रचोदीत करिनाका मोगाळ चेड्या... म्हाका पर्वणगी दी.. तुजो गेस्सर खंडीत बरो, तो बरे वंशाचो पेटो, ताच्या पांयांचेर धृड रांवुंक सक्ता, बरे कर्न विणलली बोर आसा पूण तूं सत आयकुंक सक्ताय तर; तो मातारो आनी ताची सोंडी बारीक.

लोमोव : तुवें म्हाका भोगसुंचें पूण हांव कठीण रितीन काळजा आवाजांत व्हळवळून आसां. आमी सताक फूड कच्यां... कच्यांगी? मारुसिसकी शिकारेवेळार तुमच्या मेस्सरान पाटल्यान धांवताना, म्हज्या गेस्सरान त्या कौंटणी पेट्याबराबर धांव्ल्लो उडास कर.

चुबुकोव : तो पाटीं उरलो कसो म्हळ्यार त्या कौंटान चाबूकेंत मारलो देकून.

लोमोव : ताचेलागीं बरें कारण आसलें. पेट्यांनी कोल्यां पाटल्यान धांवाजय, पूण मेस्सर वचोन शेळियेच्या पाटीक पडलो.

चुबुकोव : तें सत न्हय!.. आतां, म्हजो उद्वेग होगडावन घेवंक हांव जवाभदार न्हय, देकून आताम आमी वार्जीक कर्चें रावव्यां. तुवें सुर्वात केलीय कित्याक म्हळ्यार सर्वां सदांच हेरांच्या पेट्यांचेर मोसोर कर्तात. व्हय, आमी सर्व तशिंच. तूं वेगिंच पळेतलोय, थोडे पेटे तुज्या गेस्सराच्याकी बरे, तें.. आनी तशें.. सर्व तें.. म्हाका सर्व उडास आसा!

लोमोव : म्हाकाय उडास आसा!

चुबुकोव : (चिडावन) म्हाका उडास आसा सयत.. तुका कितें उडास आसा?

लोमोव : म्हजें काळीज.. म्हजो पांय निदोंक गेला.. म्हाका जायना..

नताल्या : (चिडावन) म्हजें काळीज.. खंच्या वर्गाचो शिकारी तूं? कोल्यांक धांवडावन वर्च्याकी काळोकाच्या कुडांत निदचें उत्तीम (चिडावन) ओह म्हज्या काळजा!

चुबुकोव : व्हय खरेंच, खंच्या खासताचो शिकारी तूं, कितेंय आसूं, आमी विशय बदलियां जर म्हजो राग चडलो तर. तूं एख बरो शिकारेगार न्हय आनी आमी तें थंय्च सोड्यां!

लोमोव : तूं एक शिकारेगार? तूं फकत कौंटासवें तशेंच दुडवागार इश्टांसवें शिकारेक वेताय. ओह म्हज्या काळजा.. तूं अपरापांईक, समाजीक आरोही.

चुबुकोव : कितें? हांव समाजीक आरोही? (बोबाटून) शट अप!

लोमोव : दिवोड!

चुबुकोव : ल्हान पोर!

लोमोव : पर्नो उंदीर!

चुबुकोव : शट अप नां तर तुका कोवड्याक गुळो घाल्लेपरीं गुळो घाल्तां! मूर्खा!

लोमोव : थंय, थंय, थंय आसा.. म्हजें काळीक उसळटा! म्हजें भूज भायर येता... खंय आसा म्हजें भूज? हांव मोर्तां (कदेलांतलो सकला पडता) डाकटकार आपय (मत चुक्ता)

चुबुकोव : मूर्ख (ताचें अनुकरण करून) हांव पिडेस्त! म्हजें काळीक बडयता!

नताल्या : तूं एका घोड्याची सवारी सयत सार्की करुंक सकानांय (लोमोवाक पळेता) पापा, कितें गजाल ताची? पापा! पळे, पापा (किंक्राटून) इवान वसिलेवीच.. तो मेलो!

चुबुकोव : ओह... तें कितें? कितें गजाल?

नताल्या : (विळापून) तो मेलो.. मेलो!

चुबुकोव : तो मेलो? (लोमोवाक पळेता) म्हज्या देवा! उदक! डोकटोर! (एक

ग्लास उदक लोमोवाच्या तोंडाक घाल्ता) पिये हें!.. ना, तो पियेना, तो मेलो आनी जालें. हांव कित्याक म्हज्या तकलेक गुळे घालिनाये? हांव मोर्नाक फावो! म्हाका चुरी दी! म्हाका एक पिसतूल दी! लोमोव हाळता ओह.. म्हाका भग्ता तो पार्टीं येता, म्हाका भग्ता तो जिवंत आसा.. हांगा उदक, इल्लें उदक. व्हय तें सार्कें....

लोमोव : हांव नेकेत्रां पळेतां.. हें सर्व गयरें.. हांव खंय आसां?

चुबुकोव : आतां आयक, दर्वड कर आनी वेगीं काजार जा (तो लोमोवाचो हात धुवेच्या हातीं दिता) तें आयतें आसा आनी सर्व जशेंच. हांव तुमकां आशिर्वाद दितां पूण म्हाका दयकरून शांतेन जियेवंक सोड!

लोमोव : एह? कितें? कोण?

नताल्या : ओह तूं जिवंत आसाय... व्हय, व्हय... हांव कबूल आसां...

चुबुकोव : एकामेका कीस दिया!

लोमोव : एह? किस्स? कोणाक? (नताल्या लोमोवाक कीस दिता)... बरें.. व्हय तें भोव बरें! एक्स्क्यूज मी, कितें घडोन आसा? ओह, आतां म्हाका उडास येता.. म्हजें काळीक... शुरू.. हांव खूश आसां. नताल्या स्टेफनोवना.. (तो किस्स दिता) म्हज्या पांयाक अजून आर मारल्या..

नताल्या : हांव... हांव भोव संतोस आसां..

चुबुकोव : (बगलेन) कितें वोजें म्हज्या खांदाचें!

नताल्या : (ताच्या बावळ्यांनी) तशें..आतां तुवें वोपून घेवयेत मेस्सर गेस्सराच्याकी बरो म्हळ्ळें.

लोमोव : तो पाड जाल्लो!

नताल्या : बरो!

(तांचें वार्जीक चल्ता)

लोमोव : तो बरो!

नताल्या : पाड, पाड, पाड!

चुबुकोव

: (स्वगत) आनी तीं जियेलीं संतोसान ते उपरांत
(शांपेयन, शांपेयन... म्हणून बोबाटताना दिवे पालवतात)

(नाटक सोंपता)

000

काव्यमंच

(कविता)

परेश नरेंद्र कामत

आतां

आतां येत फुलून काय तूं आनी हांव?
मोनेळ घेत काय आमकां दोगांकूय वेंगेंत?

आतां फकत हांशें ओंठार
कांय खीण उतरां विरयत तुजे-म्हजे मदले आनी काळूय
व्हांवत आसा निरंतर...

तरंग

तूं हांसलें
मुमुखेंच एकदां-
पूण
एकार एक
उदेतात तरंग वाऱ्याचे उदकार
अजुनूय
एकएकदां...

000

परेश नरेंद्र कामत : जल्म : 1968, कवी, चित्रकार आनी अनुवादक *'अळंग'*, *'गर्भखोल'*, *'शुभंकर'*, *'चित्रलिपी'* आनी *'रंगबोली'* हे पाच कविता संग्रह प्रकाशीत. कवितांचो इंग्लीश तशेंच हेर भारतीय भाशांनी अणकार. कला अकादमी साहित्य पुरस्कार, जनगंगा साहित्य पुरस्कार, गोवा कोंकणी अकादेमी साहित्य पुरस्कार आनी केंद्रिय साहित्य अकादेमी पुरस्कारान सन्मानीत. संपर्क : पयलो माळो, एफ-6, पराग को. हावसिंग सोसायटी, शांतीनगर, फोंडें, गोंय 403401, मो. : 9422640210.

आर. रामनाथ

हांव मात नखशिखांत

तूं
म्हज्या
उतरांत
स्वरांत
रंगांत
रेगांत
आनी
आकारांत...

हांव मात नखशिखांत
नि
रा
का
रां
त...

आमेन

म्हजें
आंगान आंग
खोल खोल घाव्यांनी
शिणगारलां
आनी तेंच दाखोवपाक
हांव तुजे कडेन आयलां...
उपकार करून
तूं म्हज्या घाव्यांक मलम लावं नाका
किंवा म्हज्या घाव्यांत फूंक मारून
तूं म्हाका वाजोवंक नाका
तुका जमता जाल्यार

आर. रामनाथ : जल्म : 1956, कवी, गीतकार, पटकथा लेखक. कोंकणी आनी मराठी भाशेंतल्यान लेखन. *'मळब रंगमाची'* आनी *'निसण'* हे दोन कोंकणी कविता संग्रह प्रकाशीत. कला अकादमी साहित्य पुरस्कार, बिम्ब प्रकाशनाचो पद्मश्री र. वि. पंडित यादस्तीक पुरस्कार, तशेंच गोवा कोंकणी अकादेमीच्या सर्वोत्कृश्ठ साहित्य पुरस्कारान (2014) तशेंच कोंकणी कला साहित्य केंद्राच्या 'जनगंगा' (2017) पुरस्कारान सन्मानीत. संपर्क : एम्. ओ-6, गोवा हावसिंग बोर्ड, कुट्टी, फोंडें, गोंय - 403401. मो. : 9850458763.

तूं म्हज्या दर एका घाव्याक दंश कर
आनी कर म्हाका काळोकिट्ट
आपशींच हांव ह्या दिगंतखोल काळखांतुल्यान
तुजे मेरेन पावतलों...

निदान आतां तरी
म्हण
तूं
आमेन!...

उलो

पाखे नाशिल्ले वण्टीर
हांव अचळय
हुमकळटां...

दिश्ट नाशिल्ल्या दोळ्यांतल्यान
हांव बळयां
व्हांवतां...

कातळ काळजाक उलो मारून
हांव आगीं
ओंपतां...

निर्मनुश्य रस्त्यांतल्यान
हांव एकांता कडेन
वतां...
आत्मो नाशिल्ले कुडीक
हांव आत्मारामा कडेन
व्हरतां...

म्हाका

म्हाका
हांगासरलो
दरेक मनीस
वा
च
पा
क
जाय
– आनी निदान ते मेरेन तरी
म्हाका
कितेंय करून
ज
ग
पा
क
जाय...

000

अतुल र. पंडित

जीण

जीण म्हणल्यार जीण आसता
फुकट मेळिल्लो वेळ नासता
तो नशिबाचो खेळ आसता
न सुटपी तें कुवाडें आसता

जीण म्हणल्यार जीण आसता
तो इस्पिकांचो खेळ आसता
बरीं पानां मेळ्ळीं नात जाल्यार
मेळिल्ल्या पानांचेर डाव खेळपाचो आसता

अतुल पंडित : जल्म : 1964, कथाकार, निबंदकार, समिक्षक, पत्रकार. साबार पुस्तकांचें परिक्षण करपी लेखन. 'काळचक्र' हो कथासंग्रह प्रकाशीत. संपर्क : एच/एल-116, हावसिंग बोर्ड कॉलनी, घोगळ, मडगांव, गोंय – 403601, मो. 9623269013.

जीण म्हणल्यार जीण आसता
ती एक रंगयाळी रांगोळी आसता
रंग भरप हेंच आमच्या हातांत आसता
कितले ठिपके वापरप हें हातांत नासता

जीण म्हणल्यार जीण आसता
पांखां नासतना उडपाचें आसता
सूख दुख्खाच्या झोपाळ्यार बसून
म्होंवें सपन रंगुवपाचें आसता

जीण म्हणल्यार जीण आसता
मरणाक भियेवपाचें नासता
जगात आनी जगयात म्हणून
आनंदान रावपाचें आसता

जीण म्हणल्यार जीण आसता
तुमची आमची 'सेम' आसता
व्यथा लिपोवन दोळ्यांनी
तोंडार हांसो हाडचेलो आसता

जीण म्हणल्यार जीण आसता
निस्वार्थीपणान वावुरचेलें आसता
'आनिकूय जग, हांव मागीर येतां'
यमान लेगीत म्हणचेलें आसता

जीण म्हणल्यार जीण आसता
आमच्या हातांत कांय नासता
हातांत घडयाळ जरी आसलें
वेळ मात देवाच्या हातांत आसता.

सुपुल्ल्या सुकण्या

कुपां झालर पयस सारीत
उफाळपी ल्हारां झेलीत
गांवांतल्यान शारांत येवपी
म्हज्या सुपुल्ल्या सुकण्या

यो, बिनधास्त यो
हुस्क्या विरयत यो
पूण येतना
येतले तुका हाडूंक
थंड उदकाचे दोनूच घोंट
म्हजे नागमोडी न्हंयेचे?
तानेल्ल्या म्हज्या जिवाक
थोडी भोव थाकाय दिवूंक?

चराचरांतलीं
सृजन स्पंदनां
रुजयत मनांमनां
भिरभिरपी ती
शांत, शीतळ, परमळीत
मळबपिशी हवा
अचळय घेवन
येवशी तूं
तुज्या धाकटुल्या
ल्हवपीक पांखांनी भरून?
शारांतल्या ह्या
चार वणटींच्या
कोनट वातावरणांत
म्हजो जीव
गेला
सामको गुदमरून

म्हज्या कसदार गांवची
ओलसाणेन भरिल्ली
घमघमीत वासाची
भुसभुशीत माती
जमता जाल्यार

घेवन येवशी
इल्ली चिमटी मारून?
आईन दिल्लें
समृद्ध
संस्काराचें बीं
तृप्त जावन
येतलें
रसरशीत रुजून

म्हज्या माणकुल्या सुकण्या,
खऱ्यांनीच तूं येतलें?
अवश्य यो
मेकळ्या मनान यो
झुलू झुलू झुलून यो
भुरूभुरू उडून यो
पूण येतना
म्हजो सोबीत गांवूच
घेवन यो
अळंग फाटीर मारून
कारण
त्या गांवांत
म्हजें नांव आसा
हांगाचे हे
व्हायट कॉलर कॉलनींत
म्हजें नांवूच शेणलां
म्हजें
खरें
नांवूच
शेणलां

000

नाट्यमंच

(नाट्य)

डॉ. जयंती नायक

नवें किरण

पात्रां :

1. जिवोत्तम देसाय
2. सत्यवती
3. विठोबा
4. ती
5. शाबा वेळीप
6. लोक
7. दत्तू

देखाव : 1

वेळ : सकाळचीं सुमार 11.00 वरां (जिवोत्तम देसायाचो वाडो. दिवाणखान्यांत जिवोत्तम देसाय अस्वस्थ जावन पासयो मारता. भायर वादळी वातावरण. गडगड मारता, विजो लखलखतात. घो घो करून पावस ओत्ता.)

जिवोत्तम : (चिंतेस्त सूर) हें वादळ, हो गडगड, ह्यो लखलखपी विजो... देवा, रवळनाथा, कितें आसा तुज्या मनांत? कसल्या अरिश्टांचीं हीं चिन्नां? कसले चुकी खातीर तुवें मांडला हो आकांत? सारके तीन दीस जाले. हें वादळी वारें थांबपाचें नांव काडना. सतया न्हंयेची

डॉ. जयंती नायक : जल्म : 1962, सर्जनशील लेखक आनी लोकवेद संशोधक. कथा, कविता, नाटक, बालसाहित्य, अणकार, निबंध, लोकवेद अशा साहित्य प्रकारांनी लेखन. 40 पुस्तकां प्रकाशीत, साहित्याचो जायत्या हेर भारतीय भाशांनी तशेंच इंग्लीश भाशेंत अणकार. केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कारान (2004) सन्मानीत. संपर्क : आमोर्णे, केपें, गोंय - 403 705, मो. : 9823575623

उदकाची पातळी खिणा खिणाक वाडत आसा. खंयच्या खिणाक ती आपल्या जबड्यांत हो गांव घेत हाचों नेम ना. सगळ्याक हाहाकार मातला. भर दिसाची रात जाल्या. फाल्गुनाचो म्हयनो हो, तापिल्लो धुल्ल हुबयत शिगमो खेळपाचो... पूण जालां विपरीत. वचत थंय उदकाचे व्हाळ दिसूंक लागल्यात.

विठोबा : (येत) खरें तुमचें व्हडल्या धनया. आयज शिगम्याची पुनव. गांवच्या हळडुण्याचो दीस. येदोळ म्हटल्यार रयत-कूळ, गांव-गांवकार, धोल-ताशे वाजयत देवळा कडल्यान हांगा वाड्यार हळदुण्याचो कळस व्हरूंक येवपाचें. पूण अजून कोणाची जाग - जूग ना.

जिवोत्तम : अजून धोलार बडी पडलेली कानार पडना.

विठोबा : धोलार बडी पडलेलो आवाज कानार पडना, पूण रूख-झाडां मोडपाचो आवाज मात कानार पडत आसा धनया...

(इतल्यांत लागींच झाड कोसळिल्ल्याचो व्हडल्यान आवाज. फाटोफाट व्हडल्यान एका दादल्याची किळांच.)

विठोबा : आवयस् देवा, धनया... धनया... फाटल्या वाड्याचेर वड मोडून पडला दिसता. केदो आवाज पळय.

जिवोत्तम : फाटल्या वाड्यार वड पडलो?

विठोबा : (आकांतून) हय धनया... हय. धाकलोबाब... धाकलो बाब... (धांवता) (सूचक संगीत)

(देखाव सोंपता)

देखाव : 2

(वेळ : आदल्या देखाव्या उपरांत एका अर्द वरान)

(थळ : जिवोत्तम देसायाच्या वाड्याचो दिवाणखानो)

जिवोत्तम : (व्हडल्यान) विठोबाऽऽ विठोबाऽऽ

विठोबा : (भायल्यान) येता धनया.

(एक दोन मिणटां वतात.)

विठोबा : (येत) आयलो धनया.

जिवोत्तम : ही हातांत कुराड घेवन खंय गेल्लो?

विठोबा : फाटल्या घरार पडलेलो वड कातरतालों.

जिवोत्तम : ह्या वादळांत? आनी एकलोच कातरतालो?

विठोबा : (रडकुरो) कितें करतलो धनया... म्हाजें काळीज कातरता. कोसळलेलो वड, अर्दो त्या घरार आसा. तेच्या वजनान जर वण्टी आनी पांखें देंवलें तर...

जिवोत्तम : हूं... (एक हुस्कार सोडटा.)

विठोबा : धनया... सांगता म्हुणोन रागार जायनाका. आमी तेका ह्या घरांत.

जिवोत्तम : (आवाजा चडोवन) विठोबा...

विठोबा : चूक जाली धनया... पूण हें मन कळवळटा. ह्या हातांनी खेळयलो तेका... फाटीच्या घोड्यार बसोन भोंवडायलो... तेची दशा जायना पळोवंक म्हाज्यान. पोराच्या जिवाचें कितेंय बरें-वायट जाल्यार...

जिवोत्तम : उलयलें तितलें पुरो विठोबा. तूं ह्या घराचो जाण्टो चाकर म्हण इतलें तुका उलोवंक दिलें हांवें.

विठोबा : आनी जाण्टो म्हुणोनच तर सांगतां हांव धनया, पोराक भोगसयात. काडात तेका भायर ते बंद कुडींतल्यान. वयनीबाय दीसभर जनेलांत उबी रावन, नदर काडनासतना त्या वाड्या कडेन पळयत बुकूबुकू दुकां गळयता तें पळोवंक जायना म्हाज्यान. येदोळ तो वड कोसळत सावन तर ती पाशाण जावन उबी आसा त्या जनेलांत.

जिवोत्तम : जो तो आपल्या कर्माची जाप दिता. दुख्ख म्हाकाय आसा पूण म्हजो निर्णयूय ठाम आसा. तो म्हाका बदलूंक मेळना. हांव वडील ह्या घराण्याचो... देसाय ह्या गांवचो. गांवचे सगले कुळाचार घेवनूच म्हाका फुडें वच्चें पडटा. आयचे घडयेक घरच्या प्रस्ना परस गांवचो प्रस्न म्हज्या मुखार मोठो आसा. गांव वांचोवपाची जबाबदारी आसा म्हज्या मुखार.

विठोबा : पूण कितें करतलो धनया तूं? कसो वांचयतलो हो गांव?

जिवोत्तम : ह्या गांवचीं देव-दैवतां, देसाय घराण्याचो कुळपुरूस, ती सतीमाय... आनी तो बाळवंश... हांचे शिवाय ह्या गांवच्या रक्षणाक कोण येतलो धांवून? हांव तांकां होरायतलों. गांवचे राखणे खातीर तांकां गाराणें घालतलों. चल विठोबा, वाट काडीत वच ह्या मोडांतल्यान गांवांत आनी आपयलां सांग हांवें रयत-गांवकारांक. तांकां सांग हळदुण्याची न्हावणी घालून, सगळ्यांनी मागया म्हण रवळनाथा कडेन कोपशांती त्या आकाशीच्या देवाची.

(इतल्यांत धोल-ताशांचो आवाज कानार पडटा.)

विठोबा : (उत्तेजीत जावन) धनया... धनया... हें पळय गांवकारूच येतात दिसता हांगा. धोलांचो आवाज येता आयकूंक.

जिवोत्तम : मागीर वच भितर बेगीन आनी तुजे वयनीबायक सांग, देवाकुडींतलो हळदुण्याचो कळस हाडून दवरूंक चौकार. तिचें कार्य तें.

(सूचक संगीत)

(देखाव सोंपता)

देखाव : 3

विठोबा : (दारार मारून) वयनीबाय... वयनीबाय दार काड वयनीबाय.

जिवोत्तम : (येत, धेंकणेल्या सुरांत) विठोबा... कितलो वेळ रावता तुका हांव भायर. तूं हांगाच आसा? आनी हें दार कित्याक बंद?

विठोबा : वयनीबाय दार बंद करून बसल्या हे कुडींत. कितलें सांगलें तरी दार उगडना.

जिवोत्तम : अशें? हांव पळयतां. (दारार मारून) सत्यवतीऽऽ, सत्यवतीऽऽ, दार उगड सत्यवती. दारांत गांवकार पावचे जाल्यात. हळदुण्याचो कळस हाडून दवर चौकार तुज्या हातांनी. परंपरा ती देसाय घराण्याची. आयजवेर सगळ्या सुनांनी ती फुडें व्हेली. तुवेंय इतलीं वर्सां तीं सांबाळ्ळी, आजूय ती व्हर फुडें. (दारार मारता).

विठोबा : वयनीबाय... दार उगड वयनीबाय.

जिवोत्तम : कसलें रागणें तुजें हें. गांवा मुखार घर व्हड न्ही. गांवचेर आयिल्लें अवर्शण निवारूंक होरावणी घालूंक जाय देव-देवतांक. ते खातीर पयलीं कळस सरूंक जाय भायर. चल दार उगड आनी कर संपन्न तुजें कार्य. म्हजे वयलो तुजो राग दवर कडेक. फाटलीं तीन वर्सां सावन तुवें मोनेळ पाळ्ळा, पूण तुज्या कर्तव्यांक फाट केली ना! आजय तुजीं कर्तव्यां कर सत्यवती, तुजीं कर्तव्यां कर. दार उगड... दार उगड... (हताश जावन दारार मारीत रावता.)

(हताश संगीत)

(देखाव सोंपता)

देखाव : 4

(सत्यवती स्वगत उलयता.)

सत्यवती : हें बंद दार आतां केन्नाच उगडचें ना. म्हज्या पोटच्या गुळ्याक... म्हज्या पुरूषोत्तमाक, तुवें बंद करून दवरला चार वण्टीं भितर... फाटल्या तीन वर्सां सावन तो घुस्मट्टा थंय बंद कुडींत. ह्या वादळ-पावसांत भंयान गुठली जावन बसला म्हजो पोर थंय काळखांत. पांख्यार पडिल्लो वड केन्ना घात घेत म्हज्या पोराचो हें सांगूंक जायना! एका अट्टल गुन्यांवकारा सारकी ख्यास्त भोगता म्हजो पोर. ताचो गुन्यांव कितें? तर, ताणें प्रेम केलें एके गरीब... हरिजन चलयेचेर. म्हालाच्या देसायाच्या

चल्यान एके हरिजन चलयेचेर प्रेम करप म्हणल्यार... एका खुना परस व्हड गुन्यांव! ताची तुवें ताका ख्यास्त दिली. ताका आपल्याच घरांत बंदखण फावो केली. ताचें हांसतें-खेळटें जुवानपण काळखेकुडींत दाबून दवरलें. त्यावूय परस भयानक म्हणल्यार ते चलयेक ह्या संवसारांतल्यान ना केली. तिचें प्रेत सतयां पाण्ट्यार हुबतना मेळ्ळें. सत्य गांवचे लोक जाणून आसात, पूण तुज्या दराऱ्या मुखार कोण तोंड उगडनात. हांगा कायदो-कानून तुजोच चलता आनी हांवें... तोंड उगडून कांयच घडचें ना हें जाणून म्हजें तोंड सासणाचें बंद केलां. फाटलीं तीन वर्सां म्हज्या काळजांतलो घुस्मट, तिडक-राग ... सगळें ओंठांत बंद करून दवरलां... आतां हे ओंठ केन्नाच उगडचे नात. हें बंद दारूय आतां केन्नाच उगडचें ना. मागीर हो गांव आसूं, नातर नासूं!

(सूचक संगीत)

(देखाव सोंपता)

देखाव : 5

(आदल्या देखाव्या उपरांत रोखडेंच.)

(वाजपाचो आवाज लागीं पावता. वाजपाक नेट ना.)

जिवोत्तम : विठोबा, त्या चौरंगाक मात्सो हात धर. कळस दवरता हांव ताचेर. लवंडत बी वजनान. शेवटाक म्हाकाच हाडचो पडलो तो. आयज तुजे वयनीबायन सकयल उडयलें म्हजें उतर. ... तूं मुकाट्यांनी आयकता न्ही? ...हांव जाणां, तूंवय म्हजेर रागार आसा म्हण.

विठोबा : आं. ना... ना.. रागार न्ही व्हडल्या भाटकारा... तशें न्हूं... पुणोन...

जिवोत्तम : आसूं... तुवें म्हाका स्पश्टीकरण दिवपाची गरज ना. म्हज्या घराण्याची मान-मर्यादा म्हाका सांबाळूंकच जाय. ती पुरसाकुडीचें वण्टीर हुमकळटली तरसाद पळयल्या न्ही तुवें विठोबा. दर दसऱ्याक तिची शस्त्रपुजा जाता. आमच्या घराण्यांतल्या मूळ पुरसाची... म्हाल देसायाची ती तरसाद. ह्या म्हालाचे राखणे पासत ताणें ती वावुडली. धर्म-परंपरेक आड येतल्या दुस्मानांक तिचे वरवीं ताणें रगताचें न्हाण घालें आनी - आनी ह्या घराण्याचे सतीमायेन, घोवाच्या सरणार आपल्याक सती वचूंक मेळचें म्हण आपल्या पोटांतलो बाळपुरसाचो गर्भ तेच तरसादीन फाळून भायर काडलो.

विठोबा : जाणां हांव धनया, जाणां हांव ह्या घराण्याचे प्रताप. कर्तव्यांक केन्नाच

फाट केली ना देसायांनी. पूण तें वेगळें आनी हें वेगळें.

जिवोत्तम : तुजें पूण अजूनय आसा?

विठोबा : पोटच्या पोरा सारको जीव केला हांवें धाकल्या धनयाचेर. तेका असो... (रडटा).

जिवोत्तम : तुमी सगळीं समजतात, तुमकांच काळीज आसा, म्हाका ना. ...आसूं, हो विशय हांगाच बंद.

(वाजपाचो आवाज मोठ्यान येता.)

हो पळय, पावलो दारांत मेळ (वाजपाचो आवाज वाडटा आनी थीर जाता.)

जिवोत्तम : येयात... येयात. गांवकारांनो, तुमचीच वाट पळयतालों हांव. हें कितें? फकत इतलेच लोक?

लोक – 1 : हय देसायांनो, इतलेच जाण येयल्यात आमी. जाता तें जावूं, उडोन गेल्यार वचूं, म्हणोन धोल-तासो हातांत घेवन ह्या मोड-पावसांत भायर सरल्यात.

लोक – 2 : पयलींच देवाचो कोप जाला, तो आनीक जावंक नाका, म्हणोन जिवाची पर्वा करिनासतना फुडें सरल्यात आमी...

लोक – 3 : मोडांतल्यान हिंगा आनी पावनात काय जाल्लें. कांबळी-कापोती सांबाळटासर नाका पुरो जाल्लें. रवळनाथाचें नांव घेत एक एक पावल घालीत पावले हिंगा.

जिवोत्तम : चिप्प भिजल्यात तुमी. विठोबा, तेंकां माथें पुसूंक दी कितेंय!

लोक – 1 : कांय नाका देसायांनो. पुराय धरणीच उदकान थपथपल्या. थंय आमची कितें पाड!

लोक – 2 : हीं मोडाचीं चिन्नां पळयल्यार आतां उदकच पिवन वडयतलें दिसता ह्या गांवाक.

जिवोत्तम : आयब उलोवं नाका रे.

लोक – 3 : खरें तेचें देसायांनो. हांव ह्या गांवचो वडील गांवकार, म्हाज्या उब्या आविश्यांत हायें केन्ना भर शिगम्या दिसांनी, अशें मोड-वारें आनी न्हंयेक हुंवार येयलेलो पळयलो ना.

लोक – 4 : कलीयूग हें. मनशाचींच कर्मां, मनशाक भोगल्यांत. धरणेर पातकां चड जाल्यांत म्हुणोन मळबाक अश्यो चिरो पडल्यात.

जिवोत्तम : कांयच सुचनाशें जालां. त्या रवळनाथ, मूळपुरूस, सतीमाय आनी बाळवंशाच्या मनांत कितें आसा कांयच कळना.

लोक – 1 : सगळो गांव भिरांतेन थरथरता देसाया...

जिवोत्तम : आमचे हातींत आतां एकूच आसा. हो हळदुण्याचो कळस घेवन सतीमायेच्या पांयां कडेन या. थंयच्या तिर्थान कळस भरून हाडून रवळनाथाक न्हावणी घालया आनी उलो करया तेका आनी सगळ्या देव-दैवतांक, गांवराखणे खातीर! खवळिल्ले न्हंयेक धाड सांगया तेंकां सैमा!

लोकांचो एकवटीत आवाज : हय, हय... तशेंच करया.
तशेंच करया.

जिवोत्तम : उबार रे वर्सकारा तो कळस माथ्यार. म्हणात रे हर... हर... हर...

लोक : हर... हर... हर....
(सूचक संगीत)

(देखाव सोंपता)

देखाव : 6

(वाजप वाटेर पावलां. इतल्यांत दत्तू थंय धांवन पावता.)

दत्तू : (वाजपाच्या आवाजांत भरसल्लो सूर) रावात रे... रावात... फुडें वचनाकात.

लोक : (कुजबूज) हें आनी कितें... हो दत्तू आनी कितें अवचिन्नपणां उलयता?

जिवोत्तम : दत्तू? कितें जालें रे? असो धांवन कित्याक आयलो तूं? आनी कळस घेवन फुडें वचनाकात अशें कित्याक सांगता रे तूं?

दत्तू : देसायांनो, गुन्यांव भोगशियात, पूण हें संकश्ट गाराणें घालून निवारण जावपाचें न्ही. तें निवारण जातलें जाल्यार गांवांतलें तें दुश्चीन पयलीं ना करूंक जाय...

लोक – 1 : (अजापान) दुश्चीन?...

लोक – 2 : कसलें दुश्चीन?

लोक – 3 : कितें उलयता रे हो?

जिवोत्तम : (आवाज चडोवन) कितें उलयता रें तूं दत्तू? गूढाची भास नाका, स्पश्ट उलय.

दत्तू : देसाया... व्हडल्या देसाया... शाबा वेळपाले सुनेगेर भुरगो जाला... तेच्या पुताच्या ज्युस्त बाराव्या दिसा! रांड बायलेगेर भुरगें जावप म्हटल्यार पयलेंच एक दुश्चीन आनी तेतूंत बापायच्या बाराव्या दिसा म्हुटल्यार....

लोक – 1 : शी! शी! दुश्चीन! दुश्चीन!

लोक – 2 : तेंचो पांयगूण वायट!

लोक – 3 : पयले फावट घडलां हें गांवांत!

दत्तू : हेवाटेन भुरगो जाला आनी तेवाटेन हें मोड सुरू जालां खंय. शाबान ही गोष्ट लिपोवन दवरलेली. सुंदऱ्या वैजिणीक तेणें सोपूद घातलेलो खंय, कोणाक सांगनाका म्हुणोन. वाऱ्या-वादळांत भुरग्याचें रडणेंय वण्टी भितरच उरलें. तीन दीस सुंदरे व्हनीन तोंडांत गुड्डो घालोन दवरलो, पूण आतां गांवूच ना जावचेर पावला, म्हण्टकच तिच्यान रावोंक जालें ना. धांवत येयली ती म्हाज्या म्हऱ्यांत. आनी आयकताच हांव येयलो धांवन हांगा.

लोक – 2 : तशें जाल्यार हें दुश्चीन जाता तितकें बेगीन गांवांतल्या ना करूंक जाय!

लोक – 3 : तेका वडोवंक जाय न्हंये तोंडांत. तेका गिळून जावंदी तिका थंड!

जिवोत्तम : (येवजीत) आरे... पूण...

लोक – 1 : पूण आनी कांयच ना देसायांनो. आमी सगले गांवकार हात जोडून मागतात तुजे कडेन ह्या गांवाक राख! एकट्याक लागोन आख्खो गांव काबार जावंक दिवं नाकात!

जिवोत्तम : ना! ना जावंक दिवचो हांव गांव काबार!

विठोबा : (मदींच) पूण धनया.., ही खबर कोणेंय पुलीशेक...

जिवोत्तम : चूप्प विठोबा... म्हाका शिकोवपी तूं न्ही! ह्या गांवांत पोलिसांक काम ना. कळ्ळें. चलात... या रे आमी शाबा वेळपाल्या घरा.

लोक : चल या... या.

विठोबा : धनया...! धनया...! (सगळोच आकांत.)

(कडकड करून खंय तरी बिजूल पडटा. फाटोफाट गडगडाचो आवाज.)

(देखाव सोंपता)

देखाव : 7

(शाबा वेळपाल्या घरांत. घरांत कुलकुलाट चल्ला. गांवचे लोक, जिवोत्तम देसाय सगळे जमल्यात.)

जिवोत्तम : दी! दी त्या भुरग्याक म्हजे कडेन.

ती : ना! ना! म्हज्या भुरग्याक हांव दिवचिना.

जिवोत्तम : भुरगो न्ही तो, दुश्चीन तें! ना करूंक जाय तेका ह्या गांवांतल्यान. ना तर

हो गांव उरचो ना.

ती : ना! ना! तुमकां मारूंक कशीच दिवची ना हांव म्हज्या भुरग्याक. म्हज्या घोवाची याद ती! म्हज्या जगपाचो आदार!

जिवोत्तम : शाबा, समजाय तुजे सुनेक. गांवच्या हिता वयर चडनाका सांग तिका. दी काडून त्या भुरग्याक म्हजे कडेन.

ती : (करांदाय) ना! ना! नाका बाप्पा, म्हज्या पोराक मारूंक दिवंनाका. तुज्या पुताचो अंश तो.

(शाबा फुडें सरून तिच्या हातांतल्या भुरग्याक काडटा. भुरग्याच्या रडण्याचो आवाज.)

शाबा : दी गे बाये दी. ह्या गांवांत देसायाचें उतर कोणूच सकयल वडोवंक शकना. दी तेका हांगा. घे धनया, घे.

(तिच्यो किंळच्यो)

देसाय : चल या रे. (चोंबो वतल्याचो आवाज.)

ती : नाका! म्हज्या भुरग्याक बुडोवंक व्हरनाकात रे! जाय जाल्यार हांव म्हज्या पोराक घेवन वतां हो गांव सोडून! देवा, सतीमाये! वयनीबाय! वयनीबाय!...

(आकांतून घरांतल्यान भायर धांवता. फाटोफाट विठोबाय धांवता.)

(सूचक संगीत)

(देखाव सोंपता)

देखाव : 8

(जिवोत्तम देसायाचो वाडो)

ती : (आकांतून) वयनीबायऽऽ वयनीबायऽऽ दार उगड वयनीबाय! म्हज्या भुरग्याक वांचय!

विठोबा : वयनीबाय; हे मायेची तळतळणी आयक वयनीबाय! दार उगड!

ती : म्हाज्या रगतागुळ्याक राख वयनीबाय. म्हाजी व्होटी रिती जावंक दिवनाका. व्हडलो देसाय आनी गांवचे लोक म्हज्या भुरग्याक बुडोवंक घेवन गेल्यात, तें दुश्चीन म्हुणून. बापायच्या बाराव्या दिसा जल्माक येयला म्हुणून. ते समजतात तेच्या पांयगुणान ह्या गांवचेर अवर्शण आयलां. म्हाज्या पोराक राख वयनीबाय. ह्या गांवांत व्हडल्या देसायाक आडावपाची तांक फकत तुजेच कडेन आसा. तुका, तुज्या पुरूशोत्तम बाबाचो सोपूत आसा वयनीबाय! म्हाजे छातयेंतल्यान व्हांवतल्या दुदाचो

सोपूत आसा.

(व्हडल्यान रडटा)

विठोबा : दार उगड वयनीबाय... एके आवयचें आवयपण राख!

(कांय वेळ दारार मारता. पूण आवाज ना. दोगांय हताश जाता.)

ी : सोंपली! निमणी आस्त सोंपली. वयनीबाय.. वोतलें म्हजें दूद आतां वाऱ्यार. देवा, कसली रे तुजी ही नीत!

(हुंडक्यांनी रडटा. कांय खीण एक किण्णाटो पातळटा आनी अचकीत घड्ड करून आवाज जाता आनी दार उगडटा.)

सत्यवती : (चंडी सुरांत) ना धुवे, ना वोतचें तुजें दूद वाऱ्यार! ही सत्यवती राखतली तुजें दूद! विठोबा, देसायांच्या कुळपुरसाची तरसाद घेवन यो बेगीन पुरसा कुडींतल्यान. पळयतां हांव, कोण कसो रिती करता हे मायेची व्हटी! चांचावन काडटली एकाएकाक! मागीर मुखार आसा तो आपलो काय परकी म्हण पळोवची ना आज हांव!

(व्हडल्यान बिजूल चकचकता.)

(सूचक संगीत)

(देखाव सोंपता)

देखाव : 9

(न्हंयेच्या प्रवाहाचो, हुंवाराच्या उदकाचो गाज. तातूंत भुरग्यांचें रडणें. लोकांचो कलकल. गडगड, विजांचो आवाज. लोकांचो 'हर हर' आवाज भरसल्लो आसा.)

जिवोत्तम : हे गंगे... घे हें दुश्चीन तुज्या पदरांत आनी जा शांत! कर पयस तुजें रागणें ह्या गांवां वयलें! येयात रे फुडें... दवरता हांव ह्या बाळकाक उदकांत!

सत्यवती : (नेट्टान येत, व्हडल्यान आड्डता.)

खबरदार... त्या बाळकाक उदकांत दवरशात तर! हे तरसादीन कुडके करतली एकएकाचे! सरात फाटीं...!

जिवोत्तम : कोण? ...सत्यवती? तूं हांगा...?

लोक : (कुजबूज)

लोक – 1 : वयनीबाय...? हांगा!

लोक – 2 : आवयस! तरसाद आसा मरे तिच्या हातांत.

लोक – 3 : सामकी खंकाळिल्ली दुर्गाच कशी दिसता मरे ती.

सत्यवती : दियात त्या भुरग्याक हांगा... सोडात.

जिवोत्तम : ना! हांव दिवचों ना.

सत्यवती : (भुरग्याक वोडून काडटा. भुरग्याचें मोठ्यान् रडणें) दी! घे धुवे तुजें बाळक. धर ताका तुज्या खांक्यांत.

ती : (रडत) म्हजो बाबू... म्हजो बाळ!

जिवोत्तम : (तिडकून) म्हज्या हातांतलें भुरगें वोडून काडपायेदें तुजें धाडस जालें सत्यवती! हाचो परिणाम बरो जावचो ना. पूण तुका हांव मागीर पळोवन घेतां... पयलीं हें कार्य पुराय करतां... बोम्या... फटी... सरात फुडें आनी काडात त्या बाळकाक ते अस्तुरेच्या खाक्यांतलें...

लोक – 1 : दी गो...

लोक – 2 : दी त्या बाळकाक.

ती : (किंळाच) ना!... ना! वयनीबायऽऽ

सत्यवती : (खवळिल्ल्या सुरांत) पयलीं सरात फाटीं. कोणूच हात लावचो ना त्या बाळकाक. लायत तर हे तरसादीन ते हातच कापून वडयतली हांव.

जिवोत्तम : (आड्डून) सत्यवती! तुजे मर्यादेंत राव!

सत्यवती : आज सोंपली सगळी मर्यादा! इतको तेंप हे मर्यादे खातीरच पळयले उगड्या दोळ्यांनी तुमी चलयिल्ले सगळे अत्याचार. स्वताच्या पोराचो घुस्मट पळयलो... एके जुवान चलयेचीं व्हांविल्लीं रगतां पळयलीं... पूण आज खोट्या भ्रमान दोळे फुटूंक नाशिल्ल्या एका कवळ्या निश्पाप जिवाचो तुमी प्राण घेवंक भायर सरल्यात तें कशेंच पळोवंक शकची ना हांव!

जिवोत्तम : (तापून) सत्यवती! स्वताच्या घोवा वयर चडटा तूं!

सत्यवती : आज हांव तुमची बायल न्ही. आज हांव देसायांची सुनूय न्ही... आज हांव हांगा उबी आसा ती एक आवय! एके आवयच्या आवयपणाची राखण करूंक!

जिवोत्तम : सत्यवती... सतीची परंपरा आसा आमच्या घराण्यांत, ती तरी याद दवर!

सत्यवती : (त्वेशान) तिणेंच तर बळ दिलां आज म्हाका! ते सतीन सती वचून आपलें सत्व राखलें, हांव सत्व राखूंक विधवा जावंकय आज फाटीं सरचीना!

(एक स्तब्धता. सगळे आवाज शांत जातात.)

जिवोत्तम : तुज्या तेमा मुखार आज हतबल जाला हो जिवोत्तम देसाय. तूं तुजें खरें करूंक पेटल्या... पूण ह्या गांवचें कितें, ताचो विचार कर! कोणा काळार आमच्या पुर्वजांनी वसयिल्लो गांव उदका पोंदा वचपाचो जाला तें चित!

सत्यवती : (दृढ निश्चयान) ना वच्चो हो गांव उदका पोंदा .. हें मोड... हो हुंवार... म्हाका खात्री आसा, ह्या गावांत तुमी जे अधर्म चलयिल्ले ते धुवन

वडोवंक आयिल्लो... पूण आयच्यान ताचो अंत जाला... हे फुडें कसलेंच अधर्मी कृत्य ह्या गांवांत हांव जावंक दिवची ना. आतां हें मोडय शांत जातलें. पावसूय थांबतलो..

(लोकांची कुजबूज)

लोक – 1 : आरे बाबा! केदें धाडस हे वयनीबायचें!

लोक – 2 : प्रत्यक्ष देसायूय हारलो तिच्या मुखार!

सत्यवती : पळयात... उदेंतेचे दिकेन पळयात. हे आवयच्या तोंडार उदेला तस्सो हांसो मळबाच्याय तोंडार उदेला. काळ्या कुपांतल्यान एका लखलखीत सुर्या किरणान तोंड भायर काडलां. आतां आसरतलो पावस.. देंवतलो हुंवार...

लोक – 1 : आरे, खरेंच मरे!

लोक –2 : सुर्यान किरण सोडलां मळबांत!

लोक – 3 : धन्य धन्य ती वयनीबाय. तिच्या सत्वा मुखार आकाशाचो देवय नमलो!

लोक – 4 : हीच खरी सती ह्या गांवची!

लोक – 5 : वाजयात रे वाजप, मनोवया रे खोशी संकश्ट निवारल्याची!

000



नाट्यमंच

(नाट्य)

महेश नायक

आतां म्हजें कितें चुकलें?

देखाव – एक

(पड्डो उगडटा. रांदचेकुडींत राज रांदता. गॅसार तोप आसा. थंयचे डबे उगडून तो ताचो वापर करता. इतल्यांत ताचो इश्ट नेहाल येता)

नेहाल : राज, आसा मरे घरांत?

राज : यो रे नेहाल यो. बरें जालें तूं आयलो तो.

नेहाल : कित्याक बरें जालें?

राज : गॅसार च्या दवरल्या. तुकाय कपांत घालतां.

नेहाल : हातूंत बरें कितें जालें तर? तूं काय बरो एकलोच पितलो आशिल्लो. आतां हांव आयला म्हणटकूच म्हाकाय करची पडली. तुजो त्रास वाडलो.

राज : तातूंत त्रास कसलो. म्हज्या इश्टाक रातचो सोऱ्याचो ग्लास भरून दिवचे परस सकाळीं च्याचें कप भरप बरें.... आनी हरशीं म्हणून हांव एकलोच न्हय? च्यायेक, जेवणाक कोणूय वांगड मेळटा काय हांव पळयतां...खरें सांगतां नेहाल, एकटो रावपाची संवय जाल्या पूण एकट्याक रांदून जेवंक बेजार येता.

नेहाल : बेजार येतलोच. येद्या व्हडल्या घरांत एकलो म्हूण रावं येता?

महेश नायक : जल्म : 1975. एकांकी, नाटक प्रकारांत लेखन. 30 वयर नाटकाचीं पुस्तकां प्रकाशीत. कुडचडेंच्या कोंकणी कला साहित्य केंद्राच्या नाट्य लेखन पुरस्कारान सन्मानीत (2015). संपर्क : घर क्र. 293, गणेश देवळा मुखार, सांतिनेज, पणजी-गोंय 403001. मो. 7350305588

राज : आवयबापायचो एकुलतो एक पूत हांव. बाबा भुरगेपणांतूच गेलो आनी आई गेल्यार पांच स वर्सां जालीं. आतां हांव हे मातयेच्या चार वणटींनी एकटोच रावतां.

नेहाल : आतां ही एकटेपणाची संवय सोडून दी.

राज : म्हाकाय तशेंच दिसता. पळय रे कोणागेरूय एक सुण्याचो पेटो मेळटा जाल्यार.

नेहाल : सुण्याचो पेटो? सुटिल्ले भशेन कितें उलयता?

राज : हांव कितें वायट उलयला. वांगडा कोण तरी जायच न्हय. काय ना जाल्यार खावंक, जेवंक तरी वांगड मेळटलो. तशें रातचें पाऱ्या वयल्यान एक माजर केन्ना केन्ना येता. हांव ताका चादरीन घट्ट धरून न्हिदतां.

नेहाल : कितें रे राज. बायल हाडपाच्या वयार सुण्या, माजराच्यो गजाली करता.

राज : बायल?

नेहाल : हय बायल म्हणल्यार घरकान्न.

राज : घरकान्न? आरे, घरांत घरकान्न येवपाक पयलीं लग्न जावचें पडटा.

नेहाल : मागीर जा मरे. केन्ना जावपाक रावला?

राज : म्हजो फाटीं फुडें करपाक कोण आसा?

नेहाल : तुजो फाटीं फुडें कोण ना म्हणून फाटीं रावुंनाका. हो तुजो इश्ट फुडें सरला...पळय....(मोबायलार फोटो दाखयता)

राज : वा! सोबीत.

नेहाल : जालें तर. तुजी जाप सांपडली.

राज : म्हणल्यार? हाचो अर्थ कितें?

नेहाल : हाचो अर्थ हो की हांवें दाखयलां त्या चेडवाची हांवें तुका सोयरीक हाडल्या आनी तुका तें पसंतूय पडलां.

राज : अशें हांवें केन्ना सांगलां?

नेहाल : फोटो पळोवन वा! सोबीत म्हणूंक ना?

राज : म्हणलें. फोट्यांतलें चेडूं आसाच तशेंच सोबीत.

नेहाल : मागीर जालें तर.

राज : आरे, अशें डायरेक्ट कशें...म्हाका लग्नाचो विचार तरी मनांत हाडूं दी. निकतोच सुण्याचो विचार मनांत हाडटा थंय आसां.

नेहाल : आतां तूं सुण्याचो विचार काडून उडय. आवयबापायचे सुनेचो विचार कर.

राज : सुनेक पळोवपाचें सूख आईच्या नशिबांत नासलें आनी बाबाच्याय.

नेहाल : बाबा रे तुजो हो इश्ट जितो आसा. निदान ताका तरी भाभीक पळोवपाचें सूख दी.

राज : तुवें दाखयलां तें चेडूं आवडलें पूण..ताचे विशींची माहिती.....

नेहाल : आतां खरो लग्नाचो लाडू हातांत धरलो.

राज : लाडू वांटचे पयलीं भांगरां करूंक जाय.

नेहाल : भांगरांचें टॅन्शन घेवं नाका. ताका भांगराचो मोह ना. ताचें नांवूच सुवर्णा. तें बारावी मेरेन शिकलां. तें चड गरीब न्हय आनी गिरेस्तूय न्हय. तें मध्यमवर्गीय.

राज : नांव सांगलें तितलेंच पुरो.

नेहाल : माटव बांदपाक सुरू करूं तर?

राज : तूं कितें घोड्यार बसून आयला?

नेहाल : तुका घोड्यार बसोवपाचें चिंतूनच आयला.

राज : तशें तें म्हाका आवडलां रे... पूण म्हाका आवडलें म्हणून जायना ताकाय हांव आवडूंक जाय.

नेहाल : ताका तूं आवडला. ऑफकोर्स तुजे भशेन ताणें वा! सोबीत अशें म्हणूंक ना, पूण तुजो फोटो पळोवन तें लजलें.

राज : राव रे. तुवें ताका म्हजो फोटो केन्ना दाखयलो?

नेहाल : हांगा येवचे पयलीं. तुका दाखयलो तसो ताका दाखयलो.

राज : हें बरें तुजें. म्हाका ताचो फोटो दाखोवचे पयलीं म्हजो फोटो ताका दाखोवप?

नेहाल : हयकारूय ताचोच पयलीं घेवन आयला हांव. आतां तुजो हयकार बेगीन दी. रोखडोच खळ्यांत माटव बांदतां नाजाल्यार सुणो बांदतां. (राज रांदचेकुडींत वता) राज, तुजे जापेक रावला.

राज : पयलीं म्हज्या हातची निमणी च्या पी. (कप दिता)

नेहाल : निमणी?

राज : मागीर भाभीच्या हातची पिवची पडटली.

(शेनाय वाजता, ल्हवू ल्हवू काळोख)

*****

देखाव दोन

(उजवाड जाता. सुवर्णा रांदचेकुडींत रांदता. आरमारींतलो एक डबो उगडटा. तें दिसपाक व्हंकल कशी दिसता. मोबायल वाजता. सुवर्णा मोबायल घेता)

सुवर्णा : हॅलो नेहाल. हांव सुवर्णा. ह्या घरांत दुसरी बायल खंयच्यान आयली... तुजो इश्ट एकटोच आशिल्लो. आतां तुवें ताका सुवर्णा नांवाची बायल दिल्या...(हांसत मोबायलाचेर उलयत रांदचेकुडींत वता) सध्या हांव रांदतां. तुजो इश्ट भितर आसा. ऑफिसांत वचपाक कपडे घालता... कितें? सुखांत आसा काय विचारता? आतां ह्या प्रस्नाची जाप हांव कशी दिवं? लग्नाक निकतो म्हयनो जाला. म्हयनोभर तरी सुखान गेलो. पळोवया तुजो इश्ट म्हाका कितले दीस सुखी दवरता तो...हय जाणां हांव. निमणें तूं तुज्या इश्टाचेंच बरेपण सांगतलो. चल, म्हाका तांचो डबो भरूंक जाय. तूं फोन कट करूं नाका. तांकां उलो मारतां... (रुमा कडेन वचून) आयकलांऽऽ... नेहालाचो फोन आयला... तुमचें जालें जाल्यार घेयात. हांवें होल्डांत दवरला.

(सुवर्णा रांदचेकुडींत वचून कामां करता. राज कपडे घालीत भायर येता. फोन घेता)

राज : कितें रे... सकाळींफुडेंच फोन... म्हयनो जाता थंय आसा..लागलो संवसार कसो चलता काय विचारूंक. बायल दिल्या काय गाडी रे... हय, हय, सगळें बरे भशेन चल्लां. हय, सुवर्णाचो सभाव आवडलो आनी रांदपूय. स्वता रांदतालों तेन्ना अर्दो डबो घरा येतालो. आतां इतलो चाटून हाडटां की तें धुवून हाडलो काय विचारता. भोंवपाक? ना रे. लग्ना पयलीं धा दीस धरून फकत वीस दीस सुटी दिली तेच सायबाचे उपकार. चल, मागीर उलोवया. ऑफिसांत पावंक कळाव जायत जाल्यार सायबार्ची उलोवर्णी खावर्ची पडटलीं. चल, बाय (मोबायल कट करून बोल्सांत घालता) सुवर्णा, जालें? जालो डबो?

सुवर्णा : जालें, जालें.

(सुवर्णा डबो घेवन भायर येता)

राज : वा! बरो खमंग वास आयलो.

सुवर्णा : फकत वास घेवं नाकात. सगळें सोंपोवंक जाय.

राज : तें आनीक सांगूंक जाय. शिताचो एक लेगीत गोटो उरत जाल्यार तुजो अपमान.

सुवर्णा : पुरो पुरो.

राज : खऱ्यांनीच सुवर्णा. तूं आयलें म्हण म्हज्या ह्या रित्या घराक घरपण आयलें. देव्हाऱ्यांत देव आयलो. तुळशी कडेन उजवाड आयलो. घरची वाट धरूंक निमित्त आयलें. पोटाची, शरिराची भूक भागोवपी आयलें.... सुवर्णा, तूं म्हज्या जिवितांत येवन म्हजें जिवीत बदल्लें. पयलीं हो डबो तयार करपाक म्हाका फांतोडेर उठचें पडटालें.

सुवर्णा : आनी आतां आठ जायसर हांतरूणार लोळटा.

राज : तशें जागरणूय जाता न्हय.

सुवर्णा : ओगी रावात...कितेंय (लजता)

राज : सुवर्णा, सुखी आसा न्हय तूं?

सुवर्णा : येदोळ नेहालान होच प्रस्न केल्लो. कितें जालां तुमचें? म्हाका कितें मांय त्रास करता काय घोव पियेवन मारता?

राज : तूं सुखी आसा काय ना तें पळोवप, तुका कितें जाय, नाका तें पळोवप कर्तव्य म्हजें...सुवर्णा, आमच्या संवसाराचे हे वाटेंत कितें चुकता जाल्यार सांग म्हाका.

सुवर्णा : कित्याक इतलो विचार करतात? हांव सुखी आसां. म्हाका तुमचो आनी ह्या घराचो कसलोच त्रास जायना. तुमी दीसभर फकत तुमच्या कामाचेर लक्ष दियात. हांव दीसभर ह्या घराचेर लक्ष दितां.

राज : तूं दीसभर घरचीं कामां करता....

सुवर्णा : करतलेंच. हावजवायफ हांव.

राज : तुका जॉब करपाची इत्सा आसा जाल्यार ....

सुवर्णा : म्हाका कामाक कित्याक धाडटा?

राज : आतांचीं बायलां वतात...

सुवर्णा : तुमी जें कितें जोडून हाडटात तातूंत संवसार करुया. आसा तातूंत सुखी आसां हांव. म्हाका चड सुखाची आस ना आनी खरें सांगूं, म्हाका बायलांनी मॉडर्न जावप, कामाक वचप आवडना. म्हाका हावजवायफ जावन रावप आवडटा. घोव ऑफिसांत वतना घोवाक जेवणाचो डबो दिवप (डबो दिता), ताच्या बोल्सांत लेंस घालप (घालता), ताका बॅग दिवप (दिता), दारार रावन ताका टाटा करप आनी तो येवपाच्या वेळार हाताची घडी घालून ताची दारार रावन वाट पळोवप.

राज : सांजवेळा तूं दारार रावन म्हजी वाट पळयता तें पळोवंक म्हाका वेगळीच खोस जाता.

सुवर्णा : तुमचे खोशेंत म्हजी खोशी. हांव हावजवायफूच बरी. चलात. वेळार येयात, वाट पळयतां.

(राज मुखार वचून फाटल्यान पळयता. सुवर्णा टाटा करता. ल्हवू ल्हवू काळोख)

*****

देखाव तीन

(सांजचो वेळ. राज कामाचो सुटून उमेदीन घरा आयला. पूण दारार सुवर्णा वाट पळयत उबें ना. राज काचाबूल जावन घरांत सुवर्णाक सोदता. सुवर्णा ताका एका कोनशाक शेंदरेर बशिल्लें दिसता. ताच्या म्हऱ्यांत उशें, चादर, ताट, पेलो आसा)

राज : सुवर्णा ? हें कितें... अशें जमनीर कित्याक बसलां? चल, ऊठ. (म्हऱ्यांत वचपाक)

सुवर्णा : म्हज्या म्हऱ्यांत येवं नाकात.

राज : सुवर्णा, कितें हीं पिशेपणां. चल, ऊठ.

(हाताक धरून ताका उठोवपाक सोदता)

सुवर्णा : म्हाका आफडूं नाकात.

राज : कितें जालां.... म्हजें कितें चुकलें?

सुवर्णा : हांव भायर....

राज : तेंच विचारतां. अशें भायर कोनसो धरून कित्याक बसलां?

सुवर्णा : म्हजो म्हयनो भरलो.

राज : जाल्यार कितें जालें? ही अशी अवस्था कित्याक करून घेवंक जाय?

सुवर्णा : म्हयनो लागलो की आमगेर असोच कोनसो धरतात.

राज : म्हज्या राजवाड्यांत तुका हांवें राणी केल्या आनी तूं अशें भिकाऱ्या भशेन...सुवर्णा, म्हाका तुका अशें पळोवंक जायना....

सुवर्णा : म्हाका पळोवन तुमी स्वताक त्रास करून घेवं नाकात.

राज : तूं स्वताक त्रास करून घेता तें पळोवन म्हाका त्रास जावचो ना? हें अशें तुजें कोनशाक शेंदरेर बसप तें लेगीत उशें, चादर, ताट, पेलो घेवन. म्हजी बायल तूं. सुवर्णा, तुका हे अशे अवस्थेंत कसो पळोवं?

सुवर्णा : म्हाका हाची संवय जाल्या. म्हयनो भरलो काय कोनसो धरप हे संस्कार जाल्यात म्हजेर. अशा वेळार घरच्या मनशांकूच न्हय, वस्तूंक लेगीत आमी आफडिनात.

राज : आवयगेर पाळटाले जाल्यार हांगा पाळुंकूच जाय अशें ना. तुज्या घरचे संस्कार विसर. आतां हेंच तुजें घर आनी ह्या घरांत हें सगळें पाळपाची गरज ना. म्हज्या ह्या घरांत तुजें नवें जिवीत सुरू जालां. सगळें नव्या मॉडर्न विचारान सुरवात कर. त्रास दिवपी ही परंपरा मारून उडय.

सुवर्णा : कशी मारून उडोवं? म्हज्या मनाक तें पटूंक जाय.

राज : पटोवन घे. आतां पळय, तुमगेर कोण श्रावण पाळिना तुंवूय पाळिनासलें. आमगेर पाळटाले. हांव तो अजून पाळटां. म्हजेर श्रावणाचे संस्कार जाल्यात. आतां तूं ह्या घरचें म्हणटकच तुंवूय श्रावण धरून आमच्या घरांतलें संस्कार पाळटलें?

सुवर्णा : हय.

राज : मागीर आयज तूं पाळटा ते आमच्या घरचे संस्कार न्हय.

सुवर्णा : तुमी श्रावण धरिनात जाल्यार जाता सांगला तरी हांव धरतलें. कारण ते तुमचे संस्कार.

राज : म्हयनोभर तुका शिवराक जेवणाचो त्रास जायत म्हणून ना धरल्यार जाता म्हणलां. संस्कारा परस म्हाका तुजो जीव म्हत्वाचो.

सुवर्णा : हो जालो तुमचो विचार. हांव संस्कार मारूंक शकना, म्हाका तें पटना.

राज : सुवर्णा...

सुवर्णा : प्लीज, म्हाका फोर्स करूं नाकात. चलात, कपडे बदलात. जेवण तयार आसा फकत गरम करून घेयात.

राज : बरें आसा. आनीक करिना तुका फोर्स. पूण इतलेंच सांगतां, तुज्या मनाक न पटपी गजाल म्हज्या मनाक लागता.

(राज टीव्ही सुवर्णाच्या म्हऱ्यांत दवरता)

सुवर्णा : हें कितें?

राज : कोनशाक बसून कितें करतलें, वाज येवचो ना तुका?

(रिमोट हातांत दिवपाचो यत्न करता)

सुवर्णा : म्हज्या हातांत रिमोर्ट दिवं नाकात.

राज : रिमोर्टा बगर कशें पळयतलें?

सुवर्णा : वस्तूंक लेगीत आफडूंक शकना म्हण सांगलें न्हय

राज : कितें म्हणटलो तुका. बरें आसा, हांवूच लावन दितां. चॅनल बदलपाचो आसत तेन्ना उलो मार म्हाका.

(राज टीव्ही लावन भितर वता. कपडे बदलून जेवण गॅसार दवरता आनी सुवर्णाच्या म्हऱ्यांत येता) चॅनल बदलूं?

सुवर्णा : टीव्हीच बंद करात. म्हाका पळोवपाचो ना. (राज टीव्ही बंद करता) जेवण गरम केलें?

राज : दवरलां.

सुवर्णा : स्वताक वाडून घेयात.

राज : तूं जेवपाकूय उठून येवचें ना?

सुवर्णा : म्हाका हांगाच हाडात.

राज : हें कितले दीस चलतलें?

सुवर्णा : तीन दीस जायसर.

राज : कितें? म्हणल्यार तीन दीस असो कोनसो धरतलें?

सुवर्णा : हय. आनी सात दीस जायसर देवळांत वच्चें ना.

राज : हें आयकून कसो रिएक्ट जावं तेंच कळना.

सुवर्णा : फकत तीन दीस, मागीर सगळें पयलीं सारकें...चलात, जेवण वाडात. म्हज्या म्हऱ्यांत तोपूच हाडात. म्हजें ताट, पेलो वेगळो दवरला.

राज : कित्याक म्हण स्वताक इतलो त्रास करून घेवंक जाय?

सुवर्णा : म्हाका कसलोच त्रास जायना. वयाच्या तेराव्या वर्साच्यान अशा वेळार हांव अशेंच रावतां. म्हाका ह्या सगल्यांची संवय आसा....चलात, जेवण घेयात.

(राज रांदचेकुडींत वता. स्वताक वाडून घेता. तोप घेवन सुवर्णाच्या म्हऱ्यांत येता)

राज : घे.

(सुवर्णा ताट वयर करता)

सुवर्णा : दवलो ताटाक लागूंक दिवं नाकात. वयल्यान वाडात, उदकूय वयल्यान ओतात.

(ताटांत वाडटा. पेल्यान उदक घेता. राज रांदचेकुडींतल्यान आपणाक वाडिल्लें ताट घेवन सुवर्णाच्या म्हऱ्यांत येता)

राज : एकलोच जेवपाची संवय मोडल्या. भियेवं नाका. मात्सो पयस बसतां.

(राज ताट घेवन जमनीर बसता)

सुवर्णा : डायनिंग टेबलार बसचें सोडून अशें जमनीर बसप...तुमकां जमनीर बसून जेवतात तें पळोवंक बरें दिसना.

राज : तुका पळोवन म्हज्या मनाक कितलो त्रास जाता हें तुकाय कळूं दी.

(दोगांय जेवतात. सुवर्णा ताट घेवन भायर वता. भायर बालदी दवरल्या. तातूंत धुता. राज आपलें ताट रांदचेकुडींत धुता. सुवर्णा आपलें हांतरूण

शेंदरेर घालता. राज खाटीर हांतरूण घालता. घालून जाले उपरांत सुवर्णाच्या म्हऱ्यांत येता)

राज : हें कितें? तूं आयज हांगाच न्हिदतलें?

सुवर्णा : तें जालेंच न्हय.

राज : तुका सगळें सूख दितलों म्हूण लग्ना वेळार सोपूत घेतिल्लो आनी आयज तुका अशें जमनीर....

सुवर्णा : हातूंत तुमचें कितें चुकलें?

राज : बायलेक जमनीर न्हिदोवन स्वता खाटीर आडवो जावप? सामकी चूक ...हांतरूणार माजर आयलें जाल्यार ताका हांव चादरीन घेवन न्हिदतालों. तूं तर म्हजी घरकान्न.

सुवर्णा : तुमच्या मनाची अवस्था कळटा म्हाका. म्हयन्याचे फकत तीन दीस म्हाका म्हजे कायदे पाळूं दी. तुमकां जें पटना तें म्हजे खातीर पटोवन घेयात. चलात, न्हिदात आनी म्हजो सोपूत आसा, म्हजे खातीर तुमीय जमनीर न्हिदशात जाल्यार....गूड नायट.

राज : गूड नायट? (हांसता) तुजे बगर बरी रात....(राज भितर वता, न्हिदपाक खाटीर आडवो जाता. सुवर्णा न्हिदता. राजाक न्हीद पडना. ताचो जीव चिटमिट्टा) म्हजे न्हिदेकूय एकटेपणाची संवय मोडल्या...हांव मोव गादयेर.....सुवर्णा शेंदरेर...(राज सुवर्णाच्या म्हऱ्यांत वता) सुवर्णा....ए सुवर्णा....

(सुवर्णा दोळे उगडटा)

सुवर्णा : कितें जालें?

राज : चल (हात धरता)

सुवर्णा : कितें करता, अशा वेळार.....

राज : तूं समजता तशें काय ना. म्हाका तुका तुजो अधिकार दिवंक जाय. चल (राज सुवर्णाक ओडीत खाटीर बसयता) हांगा खाटीरूच न्हिदतलें. भायर वचशीत जाल्यार पळय. लग्ना उपरांत फकत तुज्या शरिराचेर अधिकार गाजयला. आयज म्हज्या कर्तव्याचो अधिकार गाजयतां. (राज दाराक खिळी घालता. सुवर्णा खाटीचे धडेक न्हिदता. राज उठून पळयता) सुवर्णा, हें कितें? घरचो कोनसो सोडयलो जाल्यार तुवें खाटीचो कोनसो धरलो?

सुवर्णा : तुमी तुमचें कर्तव्य पाळळें. हांव म्हजे संस्कार पाळटां.

(ल्हवू ल्हवू काळोख)

*****

देखाव चार

(उजवाड जाता. राज खाटीर न्हिदला. उठ्ठा तेन्ना पळयता जाल्यार सुवर्णा म्हऱ्यांत ना. भितरल्यान उदकाचो आवाज येता. सुवर्णा न्हाता अशें समजून राज रांदचेकुडींत वता. गॅसार तोप दवरता. उदक घालता. डबे उस्तीता)

राज : सुवर्णा ऽऽ ....साकरेचो डबो...सुवर्णा.
(सुवर्णा केंस पुशीत भितरल्यान भायर येता)

सुवर्णा : वयल्या ड्रॉव्हरांत पळयात.

राज : तूं माथ्यार न्हालां?

सुवर्णा : हय, कित्याक?

राज : आयज दुसरो दीस, माथ्यार तिसरें उदक न्हाता न्हय?
(सुवर्णा माथें पुसप बंद करून राजाक पळयत रावता)
कितें जालें? अशें कित्याक पळयता?

सुवर्णा : तुमकां तिसऱ्या उदका विशीं माहिती आसा. आफडूंक जायना, कोनसो धरूंक जाय हाची माहिती कशी ना?

राज : ऑफिसांत एक दीस समीर उसरां आयलो. बायलेचें तिसरें उदक म्हण कळाव जाल्ल्याचें ताणें.....
(सुवर्णा अर्दवट आयकून परत शेंदरेर बसता. राज ताच्या म्हऱ्यांत बसता)
म्हाका म्हज्या प्रस्नाची जाप मेळूंक ना.

सुवर्णा : खंयच्या प्रस्नाची?

राज : आयज माथ्यार...

सुवर्णा : रातीं तुमी म्हजो हात धरून म्हाका खाटीर न्हिदयलें. जावंक जायना तरी तुमचो स्पर्श म्हाका जालो...न्हावन हांवें कालचें पातक धुलें.

राज : म्हजो स्पर्श जावप म्हणल्यार पातक? सुवर्णा हांव घरकार तुजो.

सुवर्णा : अशा वेळार मनीसजातीक आफडप पातक. म्हाका तें पातक धुवूंक जाय आशिल्लें. नळाच्या उदकाक गंगा समजून हांवें पातक धुलें. (राज हांसता) हांसले कित्याक? नळाच्या उदकाक गंगा मानलें म्हण?

राज : ना.

सुवर्णा : मागीर?

राज : गंगा लेगीत एक बायलजात हें तूं विसरलें म्हण.
(राज रांदचेकुडींत वता. सुवर्णा विचारांत पडटा. ल्हवू ल्हवू काळोख)

*****

देखाव पांच

(उजवाड जाता. सकाळचो वेळ. सुवर्णा देवाक उजवात दाखोवन श्लोक म्हणटा. राज न्हिदला. आवाजान ताची न्हीद खळटा.)

राज : आगो, आयतारचो तरी देवाक सुसेग दी.

सुवर्णा : आयतारची सुटी घेवंक देव तुमचे भशेन कितें आळशी न्हय. वरां पळयात कितलीं जालीं.

(सुवर्णा उदकाचो तांबयो घेवन तुळशी कडेन वता. तुळशीक उजवात दाखोवन उदक ओत्ता. राज उठून बाथरूमांत वता. नेहाल येता.)

नेहाल : न्हावन, केंसाक तुवालो बांदून, तुळशीक उदक घालपी व्हंकल, ताचेर सुर्याचीं किरणां. वा! सोबीत चित्र.

सुवर्णा : चित्र? खंयच्या पेण्टरान सोबीत चित्र रंगयलां?

नेहाल : म्हाका दिसता ह्या पेण्टींगाचें श्रेय हांवें स्वताक घेतिल्लें बरें.

सुवर्णा : आनी धा जायसर एक मनीस गादयेर आडवो जाता त्या चित्राचें श्रेय कोणाक?

नेहाल : राज अजून उठूंक ना?

सुवर्णा : यो भितर आनी तुज्या दोळ्यांनी पळय.

(दोगांय भितर वतात. राज हांतरूणार दिसना)

नेहाल : राज आडवो जाल्ल्याचें चित्र काय दिसना.

सुवर्णा : उठून बाथरूमांत गेले दिसता.

नेहाल : म्हणल्यार बावडो पयलींच उठला? तूं बेश्टेंच म्हाका म्हज्या इश्टाचें वायट सांगता. फांतोडेर उठपी मनीस तो.

सुवर्णा : आसूं. तुका सांगून कांय फायदो ना. निमणें तूं तुज्या इश्टाचीच बाजू घेतलो.

(राज भायर येता)

राज : कितें जालां? सकाळींफुडें म्हज्या इश्टा कडेन वाद कसलो?

सुवर्णा : तुमी धा जायसर हांतरूणार लोळटात हें ताका पटना.

राज : सारकें...पटोवन घेवूय नाका. आयतार म्हण हें आनी हाचो देव म्हाका न्हिदूंक तरी दितात?....आदींच उसरां मेरेन जागरण करूंक एकूच शेनवार मेळटा.

सुवर्णा : हांव च्या हाडटां.

(सुवर्णा लजून भितर वता)

राज : तूं गेलो काय म्हाका तापोवणीं पडटलीं. दुसऱ्यांच्या म्हऱ्यांत कितेंय उलयता काय म्हणटलें.

नेहाल : तुवें बायलेची बरीच स्टडी केल्या मरे.

राज : म्हजे बायलेची हांव स्टडी करचों ना जाल्यार कितें लोक करतले?

नेहाल : कांय म्हयन्यां पयलीं आंकवारपणाचें जिवीत जगपी आयज संवसारांत बुडला. बायलेंत शेणला तें पळोवप बरें दिसता.

राज : हें सारकें. संवसारांत बुडला, बायलेंत शेणलां हांव.

नेहाल : बरें चल्लां मरे तर सगळें?

राज : हय तर. कसलोच प्रोब्लेम ना. फाटीं फकत एक, दोन दिसां खातीर वाद जाल्लो...आसूं, ते दीस गेले.

नेहाल : वाद जाल्लो? कित्याक?

राज : काय ना रे असोच.

(सुवर्णा च्या घेवन येता)

नेहाल : भाभी, हांव हें कितें आयकतां? तुमचे मदीं वाद जाल्लो खंय?

सुवर्णा : अं...हं....ना रे....असोच.

नेहाल : वादाचो विशय कितें? कित्या वयल्यान जालो वाद?

(दोगांय एकामेकांक पळयतात)

राज : कांय ना रे...तूं च्या घे पळोवया.

नेहाल : तुजेच खातीर वाद जाल्लो आसतलो. कितें? भाभी, सारकें न्हय?

सुवर्णा : हांव फाटल्यान वतां. कपडे उमळपाक जाय.

(सुवर्णा वता)

नेहाल : भाभी विशय सो बदलता? वादाचो विशय नाजूक आसा दिसता.

राज : वादाचो विशय कितेंय आसूं रे. पूण तो वाद थांबले उपरांत सूख आसा.

नेहाल : म्हणल्यार?

राज : झगडीं जाले उपरांत घोव बायलेचो मोग वाडटा हें आयकल्लें. ताचो अणभव हांव दर एके राती अणभवतालों. नेहाल...थँक्स फोर गिव्हींग मी सच अ वण्डरफूल वायफ.

नेहाल : मागीर, म्हजो चॉयस तो. ताच्या वांगडा बरे भशेन राव आनी सांगतां तुका, ताचे कडेन वाद जाला म्हणटा पळय तो पयलो आनी निमाणो. तें सांगता तेंच खरें समज. तें वागता तेंच बरोबर अशें मानून चल.

राज : तें वागता तेंच बरोबर? पूण तें वागता तेंच बरोबर कित्या वयल्यान?

नेहाल : राज?

(ल्हवू ल्हवू काळोख)

*****

देखाव स

(उजवाड जाता. एका म्हयन्याचो काळ गेला. सुवर्णा रांदचेकुडींत जेवणाचो डबो भरता. राज कपडे घालीत भायर येता)

राज : सुवर्णा, जालें जेवण? भरलो डबो? बेगीन भर. कळाव जायत जाल्यार सर जीव खातलो....जालें काय ना?

सुवर्णा : (रांदचेकुडींतल्यान) जालें, जालें.

राज : बेगीन गो राणी.

(सुवर्णा रांदचेकुडींतल्यान धांवत डबो घेवन येता)

सुवर्णा : घेयात. रावात, च्या हाडटां.

राज : आगो नाका, ऑफिसांत घेतां. म्हाका पयलींच कळाव जाला.

सुवर्णा : चड कळाव जाला? कितलो वेळ आसा?

राज : वेळूच ना.

सुवर्णा : मातूय वेळ ना?

राज : अशें कित्याक विचारता?

सुवर्णा : कांय ना.

राज : सांग तरी.

सुवर्णा : तुमचे कडेन मात्सो वेळ आशिल्लो जाल्यार.....

राज : वेळ? कित्याक?

सुवर्णा : तुमचे कडेन मात्शें उलोवपाचें आशिल्लें.

राज : अशें कितें करता गो राणी? आख्खी रात गेली आनी तुका सकाळीं...

सुवर्णा : आसूं...आसूं...तुमी चलात ऑफिसांत...हांव मागीर फोन करतां.

राज : तूं फोन करतलेंच. पूण तुजो फोन येसर हांव हुस्क्यांत उरतलों. कितें तें आतांच सांग.

सुवर्णा : तुमकां कळाव जातलो. बेश्टीच सराचीं तापोवर्णी पडटलीं.

राज : तुजें आयकनासतना वचत जाल्यार मनाचीं तापोवर्णी पडटलीं. सराचीं तापोवणीं खावं येता? मनाचीं कशीं खावं? (बसता) उलय.

सुवर्णा : हांव आयज आईगेर वता म्हणटालें.

राज : इतलेंच, वच मुगो. हांवें खंय तुका आडायलां..पूण मदींच शें आईगेर? आईची याद येता काय कितें?

सुवर्णा : आईची याद तुमी काडूंक तरी दितात?

राज : मागीर, आयज अशें अकस्मात?

सुवर्णा : म्हजो म्हयनो लागीं पावला. आयज ना फाल्यां....

(राज उठून सायडीक वता)

राज : ह्या कारणाक लागून तूं आईगेर वचूंक सोदता?

सुवर्णा : हय.

राज : कांय गरज ना वचपाची.

सुवर्णा : तशें जाल्यार हांव कोनसो धरतलें आनी तुमी म्हज्या कायद्या आड येवचे नात. (राज ओगी रावता) अशें ओगी रावुं नाकात. म्हाका तुमचो निर्णय जाय.

राज : तुका आईगेर वचपाक हांवें आडावंक ना. तुका जाय तेन्ना तुवें आईगेर वच्चें पूण जें कारण तुवें जोडलां तें म्हाका मान्य ना.

सुवर्णा : कितें चल्लां तुमचें? कित्याक तुमी म्हजो असो छळ करतात?

राज : हांव छळ करतां? हाका तूं छळ म्हणटा? सुवर्णा, फाटल्या म्हयन्यांत तुका इतलें सांगुनूय कशें पटना? तूं एक शिकिल्ली बायल. जग कितलें मुखार पावलां तें पळय.

सुवर्णा : जग कितलेंय मुखार पावूं हांव म्हजे संस्कार विसरचें ना.

राज : तुजे ते संस्कार म्हज्या मनाक पटनात. बायलजातीची विटंबणा ती. कोनसो धरप, मनशांक, वस्तूंक आफुडप ना, देवळांत वचप ना, इतलेंच न्हय, देवीच्या देवळांत वतनाय स्वताक आडावप हें विसरून की ती लेगीत एक बायलजात.

सुवर्णा : हीं असलीं ज्ञानां सांगून म्हजे निर्णय बदलूंक लावं नाकात. म्हज्या मनाक पट्टा तेंच हांव करतलें.

राज : सुवर्णा, प्लीज. हांव सांगतां तें समजुपाचो यत्न कर. पळय, लग्ना पयलीं तुजें नांव सुवर्णा केरकार आशिल्लें. लग्ना उपरांत सुवर्णा बोरकार जालें. आडनांव, पत्तो, सरभोंवतणचें जग बदल्लें. मागीर तुजे विचार कित्याक बदलूंक नात? सुवर्णा, प्लीज काळजांतल्यान चिंतून पळय. हांव कितें तें बऱ्याक सांगतां. अशें करून तूं स्वताक बंदखणींत बांदूंक सोदता आनी हांव ही बंदखण कायमची तोडूंक सोदतां....प्लीज सुवर्णा, स्वताक आनी म्हाका त्रास जाता अशें वागूं नाका.

सुवर्णा : चलात तुमी ऑफिसांत. तुमकां कळाव जातलो.

राज : वच्चे पयलीं तुजो निर्णय सांग.

सुवर्णा : म्हाका तुमच्या निर्णयाची गरज आशिल्ली.

राज : म्हज्या निर्णयाक रावलां जाल्यार आयक...तूं आईगेर वच्चें ना. खंयच वच्चें ना. म्हज्या घराच्या हुमऱ्या भायर तूं एक पावल मारचें ना.

(राज डबो, बॅग, लेंस घेवन घरा भायर वता. मुखार वचून फाटल्यान पळयता. दारार सुवर्णा टाटा करपाक ना. तें आशिल्लें थंयच स्तंभ कशें उबें आसा. ल्हवू ल्हवू काळोख)

*****

देखाव सात

(उजवाड जाता. राज हातांत मोबायल घेवन शांत बसला. नेहाल येता)

नेहाल : राज....

(राज नेहालाच्या हातांत मोबायल दिता. नेहाल मोबायलार मॅसेज वाचता)

राज : ताका सांगिल्लें, घरच्या हुमऱ्या भायर पांय दवरूं नाका म्हणून. घोवाची शिटकावणी पांयां पोंदा मस्तून गेलें...कायमचें...नेहाल तूंच सांग. म्हजें कितें चुकलें? पांजऱ्यांत कैद आशिल्ल्या सुकण्याचे हाल म्हज्यान पळोवंक जायना जाले. हांवें ताका पांजऱ्यांतल्यान भायर काडपाचो यत्न केलो. उडूंक शिकोवपाचो यत्न केलो. सांग, सांग, हातूंत म्हजें कितें चुकलें? सुवर्णा म्हजी घरकान्न...एक बायलजात. हांव तेच बायलजातीक स्वाभिमानान जगूंक शिकयतलों. हातूंत म्हजें कितें चुकलें? म्हजे बायलेक हांवें स्वातंत्र्य दिवपाचो यत्न केलो जाल्यार म्हजें कितें चुकलें?

नेहाल : राज, आरे, स्वताक सांबाळ. सगळें सारकें जातलें.

राज : कशें सारकें जातलें रे? ह्या म्हज्या घराच्या वणटींक पळय. मातयेचो आदार घेवन, घेवन तांचो कणो मोडूंक पाविल्लो. लग्ना कडेन तांकां फातरांचो आदार दिवन लेगीत त्यो आतां कोसळटात कश्यो दिसतात. पळय ती भायली तुळस, पळय पोरसांतलीं झाडां कशीं तानेल्यांत तीं. आयक तांचो आवाज, सगळीं आड्डून सांगतात आमची तान भागोवपी गेली...लग्ना उपरांत पयले फावट म्हज्या घराचें दार बंद आशिल्लें. आरे, फकत हांव कुलपाची वळख विसरूंक ना तर कुलपाची चावी लेगीत त्या कुलपांत स्वताचें अस्तित्व सोदताली.....नेहाल, परत एकदां हांव ह्या चार वणटींनी एकटो पडलां.

नेहाल : कांय भियेवं नाका. सगळें पयलीं सारकें जातलें.

राज : पयलीं सारकें? कशें जातलें पयलीं सारकें? एकटोच जगतालों. परत एकटो जालों. म्हज्या जिवितांत आपली संवय जिती दवरून म्हज्या एकटेपणाचो गळो आंवळून गेलें...लग्ना उपरांत रांदचेकुडींत म्हजी वळख शेणिल्ली...नव्या बुयांवांनी पोरण्या बुयांवांचो जागो सोदतालों.

आरे, कितें कितें म्हणून सोदूं रे हांव. म्हजो तर संवसारूच शेणलो... कसली म्हूण ख्यास्त भोगतां हांव...कितें चुकलें म्हजें....म्हजें कितें चुकलें?

नेहाल : तुजें कांयच चुकूंक ना. तशें पळोवंक गेल्यार सुवर्णाचेंय कांयच चुकूंक ना. कांय बायलां हे नेम पाळटात म्हणल्यार ऑफकोर्स घरांत तांचेर तशे संस्कार जाल्ले आसतात. सुवर्णाचेंय तशेंच जालां. जें तूं सांगता तें घडये ताच्या मनाक पट्टाय आसत पूण इतल्या वर्सांची संवय बदलप ताका शक्य नासत. खरें म्हणल्यार हो विशय दर एका घराण्याचेर अवलंबून आसा. कांय घरांनी हें स्ट्रिक्टली पाळटात जाल्यार कांय घरांनी हें मातूय पाळिनात... खरें सांगतां, म्हाका तुज्या विचारांचो अभिमान आसा. म्हाका पर्सनली तुजे विचार पट्टात. ह्या विशयाचेर तूं म्हणटा तशेंच जावंक जाय. आरे, देशांत कांय देवळां आसात जातूंत हजारांनी वर्सांच्यान बायलांक भितर वचपाक मनाय आसा. आयज सगल्यांक हें चुकीचें दिसता. न्यायालयान हस्तक्षेप करून ही प्रथा बंद करपाचो आदेशूय दिला. पूण कितलीं बायलां प्रवेश करतात? कितलीं आपखोशेन करूंक सोदतात? कितल्या बायलांक हें पट्टा, पटना...ह्या सगल्यांचेर हांवें आनी तुवें विचार करून कांयच फायदो ना. कितें बरें, कितें वायट, कितें जावंक जाय, कितें जावंक जायना हें सगळें कुशीक दवर आनी फकत तुज्या संवसाराचो विचार कर. सुवर्णाची संस्कृती मोडपाच्या नादांत तुजो संवसार मोडूं नाका. (नेहाल सुवर्णाक मोबायलार फोन लायता) हॅलो, सुवर्णा, हांव नेहाल उलयतां. राज तुजे कडेन उलोवंक सोदता.....घे, राज, वाटाय तुजो संवसार...(राज मोबायल घेता)

राज : सुवर्णा, घरची जमीन तुजीं पावलां सोदता. म्हज्या बरोबर ह्या घराकूय एकटेपणाची संवय मोडल्या. म्हाका आमचो संवसार जाय. आमचो शेणिल्लो संवसार मुठींत धरून यो. हें विश्व तुजेंच. तुज्या विश्वांत तुका जाय तसो नेम लागू कर. हांव म्हजे विचार तुजेर लादचों ना. म्हजो संवसार वाटावपाक म्हज्या स्वाभिमानाचो, विचारांचो बळी दितां... तुजे खातीर हांव इतलें तरी करूंक शकतां हें जाणवलां म्हाका...यो सुवर्णा..यो, हांव तुजीच वाट पळयतां.

(ल्हवू ल्हवू काळोख)

*****

देखाव आठ

(उजवाड जाता. सुवर्णा रांदचेकुडींत काम करता. मोबायल वाजता)

सुवर्णा : हॅलो, नेहाल खंय रे तूं? म्हयनो जावन गेलो, तोंड दाखोवंक ना तुवें.... म्हणल्यार आमचे मदीं परत वाद जातलो तेन्ना येतलो तूं? नाका रे बाबा....तुका कितें दिसता वाद जातकच फकत तुज्याच इश्टाक त्रास जाता?....ना, ते अजून येवंक नात पूण तांचो येवपाचो वेळ जाला... हय, हय, रावतां दारार...हांव कितें करतां तें सगळें सांगता न्हय...चल, दवरतां.. हय..दारार रावपाचो वेळ जालो. चल, बाय.

(सुवर्णा फोन दवरून राजाची वाट पळयत दारार उबें रावता. ताका अस्वस्थशें दिसूंक लागता. ताका घुंवळ आयिल्ले भशेन दिसता म्हण बाथरूमांत वता. राज उमेदीन येता. दारार सुवर्णा दिसना म्हण तो भियेता)

राज : सुवर्णा दारार ना...परत कितें जालें? गेल्ली लक्ष्मी परत हाडली मागीर तुळशी कडेन उजवाड कित्याक ना? अकस्मात परत कितें जालें?

(सुवर्णा बाथरूमांतल्यान भायर येता. खाटीर फाट करून बसता. राज भितर येवन शेंदरी घाल्लो कोनसो पळयता. ताका सुवर्णा खाटीर दिश्टी पडटा. ताच्या म्हऱ्यांत वता. ताका उलो मारता)

राज : सुवर्णा...(सुवर्णा ताका पळयत रावता) आतां म्हजें कितें चुकलें?

(सुवर्णा राजाच्या म्हऱ्यांत वचून ताचो हात धरता)

सुवर्णा : म्हजो म्हयनो चुकलो...

(ल्हवू ल्हवू पड्डो येता)

(नाटक सोंपता)

000

नाट्यमंच

(नाट्य)

श्रीधर कामत बांबोळकार

सूड जागोर

पात्रां :

1) हेमंत कुमार
2) राजा
3) कारभारी
4) लिलाधर
5) हरींद्र
6) मरींद्र
7) वीरेंद्र
8) समंध/भूत
9) गणी
10) झिलगो
11) जागरांतलो मुखेली
12) जागरांतलो राया
13) जागरांतली राणी
14) जागरांतलो वीरेंद्र
15) राजदूत
16) चाकर
17) पंच
18) राणी
19) मालीनी

प्रवेश 1

(थळ- किल्ल्याचे राखणेची सुवात- बुरूज. भिरांकूळ पार्श्वसंगीत- मध्यान रात. हरींद्र, मरींद्र आनी वीरेंद्र राखण करतात. तिगूय भियेल्यात.)

वीरेंद्र : पळय- व्हडल्या म्हाराजा सारकोच दिसता न्ही?

(समंध उजवे वटेन प्रवेश करता)

हरींद्र : खरें रे बाबा- आवयस्..... कितें रे हो चमत्कार! म्हाका भंयानूच इतले फांतोडेर घाम सुटलो...

वीरेंद्र : कोणेंय तरी ताचें लागीं उलोवंक जाय

श्रीधर कामत बांबोळकार : जल्मः 1955. गोंयचे नामनेचे रंगकर्मी आनी चित्रकार. कोंकणी आनी मराठी म्हण 200 वयर नाटकां आनी एकांकींचें दिग्दर्शन. 400 वयर पुस्तकां खातीर मुखपृश्ठां चित्रण. गोंय राज्य सांस्कृतिक विकास समिती आनी हेर साबार सरकारी आनी निमसरकारी संस्थांचे वांगडी आनी पदाधिकारी. दुसऱ्या कोंकणी नाट्य संमेलनाचे संमेलनाध्यक्ष. 2014 वर्सा गोंय राज्य पुरस्कारन सन्मानीत. दिनानाथ दलाल यादस्तीक कला केंद्र, फोंडें हाचें संस्थापक. महाबळेश्वर सैल हांच्या 'युगसांवार' कादंबरीचेर आदारीत 'सांवारयूग' नाटकाचें लेखन आनी दिग्दर्शन.संपर्कः बोकडबाग, बांदोडें, फोंडें, गोंय, मो. 9422451397.

अशी ताची इत्सा आसतली.

मरिंद्र : हयव्हय, हरींद्रो, कितेंय तरी विचार मरे.

हरींद्र : (कडकडटा) कोण- कोण गा तूं? हांगा इतले मध्यान रातीं- भूत... आमच्या म्हाराजा सारको दिसपी, हांगा वावुरपी कोण गा तूं? देवाचो सोपूत आसा तुका उलय- सर फुडें.

मरींद्र : (समंध हालचाल करता- ताचेर तांबडो उजवाड खर जाता) ताका तिडक मारल्याशी दिसता रे...

वीरेंद्र : (समंध फाटी वता) चल्लो रे! चल्लो...

हरींद्र : (उंचेल्या सुरांत, अडेच्या नेटान) राव! तुका सांगून दवरतां हांव. आगा उलय मगा! उलय! (समंध वता)

मरींद्र : चल गेलो! उलोवचो ना तो.

वीरेंद्र : (अडेच्या नेटान) कितें हरींद्रो! कडकडलो मरे? खरें दिसनासलें मरे तुका? भास जाताले म्हणटालो मरे आमकां? आतां उलय.

हरींद्र : शू! परत आयलो पळय तो! आतां मात्त आडायतांच हांव ताका! राव! तुका उलोवंक येना जाल्यार तुज्या मनांत कितें आसा तें सांग. राज्याचेर कितेंय अरिश्ट येवपाचें आसत आनी ताची आदींच शिटकावणी दिवपा खातीर तूं हांगा भोंवड्यो मारता, जाल्यार तशें सांग-
(फांतोडे वयलो कोंबो साद घालता. समंध वता.)

मरींद्र : हो भालो शेंवटून मारूं ताचेर?
(तिगूय हळूहळू फुडें वतात)

हरींद्र : रावना जाल्यार खरेंच मारता.

वीरेंद्र : आरे, पळय तो चल्लो..

मरींद्र : आरे, गेलो तो!

हरींद्र : आरे, आमी बरें केलें ना. लांब लांब दिसूं पूण ताचो तोंडावळो व्हडल्या म्हाराजा सारकोच दिसता. ताचे कडेन आमी दादागिरी करपाची न्ही. (हांसत) आरे वाऱ्यो सारकी पोकोळ आकृती ताची. ताका मार तरी लागतलो आसलो? आमीच पचक जातले आसले.

वीरेंद्र : तो उलयतलो आसलो रे! पूण त्या कोंब्यान साद घातलो न्ही रे मदींच.

हरींद्र : तें कितेंय जावं, आमी ही सगली घडणूक राजकुंवराच्या कानार घालपाक जाय. म्हाका दिसता हें भूत जरी आमचे कडेन उलोवपाक तयार ना, तरी राजकुंवराक पळोवन तोंड उगडीत एकाद्रें. म्हणटकच ह्या पुराय

प्रकरणाच्या मुळांत कितें आसा तें कळटलें आमकां. ए, आमी अशेंच करूंया. आरे, निदान आमी राजकुंवराचे बरें मागते म्हूण तरी ताका हें सगलें सांगप आमचें कर्तव्य थारता, अशें दिसना तुमकां?

मरींद्र : हय तर चलात, आजच मेळून सांगुया ताका–

प्रवेश 2

(थळ : म्हालांतली भासाभास करपाची सदरी. राजा, राणी, हेमंतकुमार, लिलाधर, कारभारी, राजदूत, शिपायाक, सेवक आदी प्रवेश करतात. राजा, राणी, कारभारी, हेमंतकुमार बसतात.)

राजा : आमचो व्हडलो भाव विश्वास म्हाराज सर्गेस्त जाले त्या खिणा सावन आमच्या राज्यांतली समेस्त प्रजा दुखेस्त जाल्या. तांचे यादीन आमचेंय अंतस्करण खर वेदनांनी लासून वतालें, तरी लेगीत तें सगळें दुख्ख कडेक दवरून आमकां आमच्या कर्तव्याची जाण जावन, राज्याचीं सुत्रां हातांत घेवचीं पडलीं. तुमच्या समेस्तांचे संमतीन, आमी आमचे भावजेक राणीपदाचेर कायमची दवरून तांकां अर्धांगी म्हूण स्वीकार केला आनी तांच्या वांगडा गादयेर बसला. सुवेवस्थीत राज्यकारभाराचे नदरेन आमी आमचें कर्तव्य अशे तरेन चोख दवरलां.

(दरबारांतल्या लोकां कडेन पळयत उबो रावता. हेमंतकुमार सोडून बाकीचे उबे रावतात. राणी, कारभारी, लीलाधर आनी हेमंतकुमार हे सोडून वतात.)

राजा : बरें, आतां आमचो पुतणयो हेमंतकुमार कितें म्हणटा? खरें म्हणल्यार तूं आतां आमचो राजकुंवर.

हेमंत : (स्वगत–तिरस्कारान राजा सारको सूर लावन) हें लागींचें नातें हळुहळू तकलेर बसतलें?

राजा : हेमंतकुमारा! तुजो तोंडावळो आजून असो दुखेस्त कित्याक?

हेमंत : छे! तुमचे कृपेची सावळी आसतना, म्हाराज!

राणी : पुता– तुजें हें सुकलेलें तोंड फुलारून परत एकदां तुजी खोशयेची नदर आमच्या राज्यार पडूं दी. बापायची याद असो कितले दीस काडीत बसतलो! जो जल्माक आयला, ताका केन्ना तरी मरण चुकलां? (ताच्या केंसार हात भोंवडायत) आरे, दर एकल्याक ह्या संवसाराचो प्रवास सोंपोवन एक दीस अनंतांत विलीन जावचेंच पडटा..

हेमंत : हय मां! खरें तूं सांगता तें...

राणी : हय मरे? मागीर तुजोच शोक असो वेगळे तरेचो कित्याक?

हेमंत : कित्याक! हांव कितें सुतकाचो देखावो करता? म्हजी व्यथा खूब खोल आसा मां!

राजा : पूण तुजो पितृशोक सभावीक आसलो, योग्य आसलो, तरीय थोडो विचार करपाक जाय. तुजो बापूय गेलो तसोच ताचोय बापूय ताचे आदीं गेलो. ताचे आदीं बापायचो बापुयूय गेल्लो! पितृशोक करप सामकें सभावीक आसलें, तरीय तेंच घेवन बसप सोबना आमकां! अशें करप म्हळ्यार देवाचे येवजणे कडेन कलह केल्ल्या वरी जाता, नेभळटपणां जाता, संयमशुन्यताय जाता, अडाणीपणां जाता. थांबय हो पितृशोक! आतां हांव आसा न्ही तुका बापाय सारकोच? म्हज्या उपरांत राज्याचो अधिकारी तूंच जातलो. आतां विद्यापीठाक वचपाचो विचारूय सोडून दी. हाचें फुडें तुवें हांगाच रावपाचें. कारण तूं आमचो मुखेल दरबारी-राजकुंवर तूं. हांगाच आतां समाधानान राव.

राणी : खरेंच, हेमंतकुंवरा, हांवूंय हेंच सांगपाक सोदी तुका. कांयच गरज ना आतां विद्यापीठाक वचपाची. आयकता मरे आतां आमचें?

हेमंत : बरें मां, जाता तितलें तुज्या मना सारकें करीन हांव.

राजा : शाबास, शाबास! शाण्या सारको उलयलो! चल हेमंतकुमाराचे हे जापे सरशीं म्हज्या मना वयलो व्हडलो भार देंवलो! खूब संतोस भोगलो तुजीं हीं उतरां आयकून. चला या आतां आमी- कितें म्हणटा कारभाऱ्या?

कारभारी : अधिराज- चलात वचुया..

(हेमंतकुमार जाग्या वयलो हालना. बाकीचे सगले वतात.)

हेमंत : (स्वगत) आरे, ही जड-घट कूड विरगळून कित्याक वचना आपसूक! विधात्या! कितें बिघडटलें आसलें, तुवें आत्महत्या हें पातक थाराव नासलें जाल्यार! कितें उपेग तुजे हे सृश्टीचो, हांगाचें हें कश्टी, जीर्ण, निसत्व, निरस अस्तित्व? काळखें रानूच घालता जंय थयथयाट, असो हो दुशीत वाठार! धिक्कार! धिक्कार हे जिणेचो! फकत दोनूच - छॅट, दोन तरी खंयचें! दोन म्हयनेय उलगलेनात जाका वचून असो गूणसंपन्न घरकार!

तिचेर प्रेम तरी कितलें ताचें-

मातशें खट्ट जावन बावडेक भिरांत दिसत म्हूण सदांच वावुरलो तो तिका

आदार दीत! पूण म्हजी आवय-
एका म्हारुखाच्या जिवीत सत्वाचेर वेटाळो घाल्ली वाल ही -
फकत एका म्हयन्या भितर -
करपाक लागली दुसरो संवसार!
आरे देवा! ना नपयत कित्याक जायना म्हजी स्मरणशक्त!
फकत एकाच म्हयन्या भितर -
करपाक लागली दुसरो संवसार? शी?
आरे, जाका गावलो ना बुद्दीचो वर- अशें एकाद्रें जनावर,
तें लेगीत, तें लेगीत बसतलें आसलें थोडो काळ दुकां गळयत!
पूण एक म्हयन्या भितर हो दुसरो संवसार-
तो लेगीत कोणा कडेन? सख्ख्या देरा कडेन!
आनी तो देर तरी कसलो!
छॅ! खंय तो हती आनी खंय तो हुंदीर!
माये! कसलें पातक कर्म हें!
हें बरें केलें ना तुवें - जावचों ना हाचो परिणाम बरो!
(कोणाच्या तरी पावलांचो आवाज आयकून)
हूं! कित्याक आतां त्यो यादी!
बंद कर तोंड आनी कर सहन सगलें!
(हरींद्र आनी मरींद्र येतात)

हरींद्र : राजकुंवराचो जयजयकार जावं!

मरींद्र : राजकुंवराचो जयजयकार!

हेमंत : कोण हरींद्र? मरींद्र तूं-

हरींद्र : हय राजकुंवरा, हांवूंच तो तुजो चाकर!

हेमंत : आरे पापया, तूं म्हजो चाकर कसो जावं येता? म्हज्या जिवाभावाचो तूं

मरींद्र : राजकुंवरा - हांव तुमचो सेवेकरी मरींद्र.

हेमंत : तुमचीं खोशयेचीं मुखामळां पळोवन कितलें बरें दिसलें म्हूण सांगूं! हरींद्र, विद्यापीठा सावन केन्ना आयलो- कसो आयलो?

हरींद्र : (घुटमळटा) कसो आयलो- मारली दांडी!

हेमंत : कितें सांगता! तुजो दुस्मान लेगीत अशें उलोवचो ना तुज्या विरुद्ध. फटींगपणां? खरें सांग- तूं हांगा पावलो कसो?

हरींद्र : व्हडल्या म्हाराजांचे उत्तर क्रिये खातीर आयिल्लो.

हेमंत : पापया, फकाणां कित्याक करता? म्हजे आवयच्या लग्न-सुवाळ्याक आयिल्लो म्हूण सांग मरे!

हरींद्र : (मात्सो विचार करून) खरें सांगपाचें जाल्यार - ह्या लग्नाची घाईच जाली. न्ही? थोडे दीस तरी जावपाक जाय आशिल्ले.

हेमंत : दीस जावपाक जाय आसले! आरे, काटकसर काटकसर म्हणटात हाका! एकेच कायलींत. एकेच कायलींत श्राद्धा वांगडाच लग्नाचेय वडे तळून काडल्यात. कित्याक जाय तो दोट्टी खर्च! एकेच पंक्तीचीं दोन 'प्रयोजनां'! हरींद्र, दुस्मानाचेर लेगीत येवचो न्ही रे असो प्रसंग! म्हजो बाबा दिसता रे एक सारको दोळ्यां सामकार.

हरींद्र : खंय दिसता?

हेमंत : आरे, मनाच्या दोळ्यां सामकार दिसता.. खरो कसो दिसतलो?

हरींद्र : हांवें ताका एकदांच पळयल्लो- राजतेज पर्जळटालें ताच्या मुखाचेर!

हेमंत : लाखांतले मनीस आसले रे ते! तसो सर्वगुणसंपन्न आदर्श राजा परत जावचोच ना!

हरींद्र : राजकुंवरा! खरें सांगूं? काल रातींच तांकां हांवें पळयिल्ल्या सारकें दिसलें-

हेमंत : (उत्सूकतायेन) कोणाक? कोणाक?

हरींद्र : व्हडल्या म्हाराजांक - तुमच्या बाबांक.

हेमंत : बाबांक? कितें सांगता तूं?

हरींद्र : राजकुंवरा! थोडो धीर धरशी जाल्यार सगलें सांगन कितें कितें घडलें तें आनी हांव सांगतां ताका, हो मरींद्र आनी राखणे वयले वीरेंद्र दोगूय साक्ष आसात.

हेमंत : आरे पापया, बेगान सांग.

हरींद्र : फाटोफाट दोन राती राखणेक आसतना वीरेंद्र आनी मरींद्र दोगांयनीय पयल्या कोंब्या सादा आदीं हो प्रकार पळयलो. सामकी व्हडल्या म्हाराजा सारकी दिसपी एक आकृती तांचे पसून एका धेंपाचे सुवातेर प्रगट जाली. सामकी तायट पावलां उडयत तीन खेपे तांचे फुडल्यान चलत गेली. हांची दोगांयचीय भियेवन गुळी जाली. पूण काल म्हाका तांणी हें सगलें सांगलें, तेन्ना हांवूंय गेल्लो काल रातीं, त्याच वेळार, तेच सुवातेर- आनी कितें सांगूं राजकुंवरा- सामको तोच प्रकार - काल रातीं परत घडलो!

हेमंत : (उतावीळ जावन) खंय घडलो हो प्रकार?

मरींद्र : ज्या दरवाज्यार आमी रातीचे राखणेक रावतात थंयच.

हेमंत : तुमी उलयले नात ते आकृती कडेन?

हरींद्र : हांच्या दोगांयचींय दाडमणां घट जाल्लीं. शेळो घाम फुटिल्लो हांकां. हांवें स्वता केलो ल्हानसो यत्न. पूण ते आकृती कडल्यान कांयच जाप गावली ना. हांवें प्रस्न विचारतकच तो तोंड उगडून आतां उलयतलो अशें दिसतालें, पूण तितल्यान कोंब्यान पयलो साद घातलो आनी त्याच खिणाक ती आकृती नाच्च जाली.

हेमंत : मोठें अजाप म्हणपाचें हें!

हरींद्र : राजकुंवरा, सामकी अशीच घडणूक घडली आनी आमचें कर्तव्य म्हूण आमी हें तुमकां सांगपाचें थारायलें.

हेमंत : आरे, तें सगलें मान्य पूण हांव कितलो अस्वस्थ जालां. बरें, तुमी परत वतले, आज रातचे थंय?

हरींद्र : हय तर.

मरींद्र : या तर.

हेमंत : बरें आसा, आज रातचो हांव येतां ते सुवातेर. कोणाच्यान सांगूं येता आजूय घडत तो प्रकार परत–

हरींद्र : दुबावूच ना– आज लेगीत घडटलोच तो प्रकार–

हरींद्र : आज राती – कोंब्यान साद घालचे पयली हांव येता थंय –सामकें थारलें– बरें तर चलात तुमी आतां. (हरींद्र आनी मरींद्र वदन करून वतात)

हेमंत : (स्वगत) बाबांची आकृती!
बऱ्याचीं न्हीं चिन्नां–
कितें तरी अरिश्ट दिसता हांगा
आतांच– रात आशिल्ली जाल्यार!
पूण करतलो कितें– वाट पळोवपा बगर उपाय ना. सोड...
जरी पुरिल्लें आसलें एकाद्रें पाप खोल भुंयेंतल्या पोटांत, तरी तें आपोआप येतलेंच नदरेंत केन्ना तरी केन्ना तरी.... (वता)

प्रवेश 4

(स्थळ : कारभाऱ्याल्या राबित्याची सुवात, लिलाधर आनी मालिनी. मालिनी फुलां गुंथीत बसलां. लिलाधर प्रवेश करता.)

लिलाधर : आगो ताई, म्हजें सगलें सामान धाडलें मगो तारवाचेर?

मालिनी : हय रे- केन्ना!

लिलाधर : बरें तर येता हांव. पूण- पूण हांव जितलो जितलो पयस पावतलो, तितलो तितलो म्हाका विसरूं नाका. अर्दी-मर्दी चिटी धाडीत राव. (तें वोग्गी राविल्ल्यान- आवाज चडोवन) आयकलां मगो?

मालिनी : म्हजेर विश्वास ना मरे?

लिलाधर : आनी एक सांगूं? तो हेमंतकुमार लालेता न्ही तें व्हडलेंशें मनार घेवं नाका आं! आगो ह्या वयार आयिल्ल्याचे तितले पुरतेच खीण आसतात. वसंत रुतूंत सगल्या कोगळांक गायन दिसता. फुडें पावसाळ्यांत तांचें नांव लेगीत आयकूंक येना- समजलें मगो!

मालिनी : वोगी राव रे!

लिलाधर : मात्तूय मनार घेवं नाका तातूंतलें एक्कय. आगो, मनीस वाडपाक लागलो म्हणटकच तागेल्या मनाची कवाडांय वाडपाक लागतात. आज ताचें प्रेम खरें आसतूय तुजेर- ना म्हणिना हांव- ताच्या मनांत कसलेंच कपटूय आसचें ना. तरी लेगीत तुवें शिटूक रावपाकूच जाय. ताचेर राजघराण्याची बंधनां आसात, हें विसरूं नाका. आपणालें लग्न, राजघराण्याचो फुडार, एकाद्र्या सामान्य भुरग्या भशेन थारोवपाची स्वतंत्रताय ना ताका. फुडाराक फस्तेक पडशी म्हूण सांगतां तुका. शाण्या मनशान सांबाळून वागचें. तूं म्हणटलें, 'म्हजें मन नितळ आसा, म्हाका कसली भिरांत!' पूण तें खरें न्ही. खरें म्हणल्यार जायते खेपे कळो फुलचे आदींच ताका भितरल्यान कीड लागता. तन्ने पिरायेचेर वायट संस्कार चड बेगीन जातात. देखून, सांगता तुका, सावध रावपा सारकी दुसरी गजाल ना- समजले मगो भयणुले!

मालिनी : बरें... बरें... बरें! तुजो सगलो उपदेश, तातूंतलें उतरान उतर मतींत उरतलें म्हज्या. पूण बाबा म्हाराज, तूंय बी पयस वतकच सांबाळून राव. दुसऱ्याक ब्रह्मज्ञान सांगप सोंपें, स्वता शें वागप न्हय सोंपें.

लिलाधर : (तिच्या उद्धटपणाचेर तिडकून) बरें, बरें, म्हजें हांव पळोवन घेन. तुवें सांगपाची गरज ना. (भितर पळोवन, सकयल्या आवाजान) बाबा आयलो सो दिसता.

(कारभारी प्रवेश करता)

कारभारी : आरे, लिलाधर, तूं अजून हांगाच. चल, चल, चल, बेगीन जावं दी.

आरे, आज वातावरण बरें आसा, दर्याक भरती आसा. सगली तयारी जाल्या. आनी तूं आजून हांगाच!

लिलाधर : पांयां पडटा बाबा-

कारभारी : आयुश्यमान भव! सुखान राव! चल (थांबून परत) पूण बरेपणाच्यो चार गोश्टी सांगता त्यो सारक्यो आयक आनी मर्तीत दवर बऱ्यो करून.

मनांत आयिल्ली गजाल केन्नाच रोखडीच उलोवं नाका!

मनांत आयलें तें त्याच खिणाक अविचारान करूं नाका.

वाग मेळून मिसळून सगल्यां कडेन, पूण अतीवळख, अपमान नाका.

उठलो सुटलो कोणाक गिळूंक घालूं नाका वा तोडूं नाका.

झगडीं फर्स्तींत पडूं नाका, पूण पडल्यार फार्टी सरूं नाका.

दुस्मानाक जल्मभराची याद दाखयल्या बगर सोडूं नाका.

कान तुजो दी दर एकट्याक, पूण सहज उतर नाका निंदा आयकून मतपरिवर्तन करपाची केन्नाच घाई नाका. गांठीक पयसो आसतना खर्चाक तूं भियेवं नाका मोलादीक वस्तू घे वचून पूण भपक्यांक तूं भाळूं नाका. सारकें लक्ष आसा मरे?

लिलाधर : हय बाबा, सारकें लक्ष आसा म्हजें.

कारभारी : कोणाक दिवं नाका.

कोणा कडल्यान घेवं नाका.

पयसावत पयसो, मनीसपण, असो केन्नाच संबंद नाका.

सोऱ्या रिणाचे सवयेक लागून खर्चींकतायेची चटक नाका.

आतां निमणी पूण सगल्यांत म्हत्वाची गजाल सांगता. ती सामकी कोरांतून दवर तुज्या मनाचेर.

सचोटीन वाग तूं स्वता कडेन, आत्मवंचना करूं नाका.

दिसा फाटल्यान रात येता तसो फसोवन कोणाक फसोवं नाका.

समजलें मरे? चल, बरो करून.

लिलाधर : बरें, येता हांव- हांवें तुका कितें सांगलां तें मर्तीत उरतलें मगो?

मालिनी : हय तर- घट उरतलें मर्तीत. पळयशीत तूं.

(लिलाधर वता. कांय वेळान कारभारी)

कारभारी : कितें सांगलें गो ताणें तुका?

मालिनी : म्हाका विशेश अशें कांय ना-

राजकुंवरा विर्शी सांगतालो तो, सहज-

कारभारी : खरेंच, बरी याद जाली. कितें गो, हांवें आयकलां तो तुका ऊठ-सूठ भेट्टा म्हूण! आनी तूंय बी ताच्यो लांब लांब गुलूगुलू गजाली आयकत बसता खंय वरांचीं वरां! खरें गो हें? (वोग्गी रावता) हें जर सत आसत तर म्हजी धूव आसून लेगीत तुका रीत ना अशेंच म्हणचें पडटलें. कितें चलता गो तुमचें दोगांयचें इतलें? आं? खरें सांग.

मालिनी : बाबा, तो हालींसरा एक सारको सांगत आसता तुज्या बद्दल म्हाका खूब खूब ओड लागल्या.

(लजता)

कारभारी : ओड लागल्या! असल्या गजालींचो अर्थ तरी समजता व्हय तुका? अक्कल तरी आसा तुका 'ओड लागल्या' हाचो अर्थ समजुपाक?

मालिनी : पूण बाबा, हांवें खंय सांगलां म्हाका ताचो अर्थ कळटा म्हूण! (रागार जाल्ले वरी)

कारभारी : सारकें आयकून घे तर- असलीं पोकीं फटींगपणां तूं खरी मानता? पापया सांबाळून वाग, नाजाल्यार धुवेक सांबाळूक शकलो ना म्हूण लोक शेण घालतले म्हज्या तोंडांत. आनी तुका सांगून दवरतां, आयच्यान तुमचें मेळप-मिसळप एकदम कमी कर, ताच्या अधिकारा सामकार मान बागोवपा परस थोडें ताठपणान वाग ताचे कडेन. ताका कितें! कितेंय जालो तरी तो राजकुंवर! फाल्यां तुजे परस देखणी चली ताचे नदरेक पडली जाल्यार तुका सोडून तो तिचे फाटल्यान लागतलो. तागेलें तें सोपूत-बिपूत मात्तूय खरें मानपाचें नात, समजलें? निमणें सांगतां, वोगी रावपाना भलत्या मार्गाक लागलें जाल्यार, हाचें फुडें ताचे लागीं कसलोच संबंद आसूंक फावना. कितें, आयकलां मगो?

मालिनी : (गदगदलेल्या सुरांत) आसचोना, कसलोच संबंद आसचोना ताचे कडेन....

कारभारी : आतां कशें जालें! चल -

(दोगांय वतात)

(थळ : पयल्या प्रवेशाचें. वेळ : मध्यान रात)

(हरींद्र आनी मरींद्र बसल्यात, राखण करीत. हेमंतकुमार प्रवेश करता)

हेमंत : कसलें वारें सुटलां रे आयज इतले मध्यान राती! बरो कुडकुडो खाता थंडेचो!

हरींद्र : हय! कूड सामकी कडकडटा ह्या वाऱ्यान. (पयस वाद्यांचो-गायनाचो

आवाज आयकूंक येता)

आयज राजवाड्यांत कितें चललां काय?

हेमंत : जेवणावळ चलल्या मोठी! सोरो घोटपाचे सतींत काकान सगल्यांक हारयलें खंय. तोच पराक्रम करपा खातीर हो उत्सव चालू आसा. आयज तर विचारपाचें ना! रातभर जागोर, नाचगाण्यांचें धुमशेण, बोबाबोब- आयज कोणाकच आडकाठी ना. सोऱ्याच्या बल्लांत पेंवतात आसतले सगले.

(समंध प्रवेश करता)

हेमंत : (एकदम गंभीर, खोल आनी संथ जाल्ल्या आवाजांत) शुभंकर देवदेवतांचो, आमची राखण करात. आमचेर दया करात. (समंधा कडेन थीर नदरेन पळोवन, थोड्या वेळान) कोण तूं? सद्‌गतीन गेल्लो पुण्यात्मो वा पिशाच्चयोनींत सांपडलेलो पापात्मो? तूं कोणूय आसलो वा मृत्यूलोकांत तुज्या आशिर्वादाचो वा अभिशापाचो पावस घालपा खातीर तूं खंयच्यानूय उदेला आसलो, तरीय तुजे लागीं हांवें निर्धार केल्लो आसा आनी ह्या राज्याचो सोंपिल्ल्या वंशाचो दिवो- राजा समजून हांव तुजे कडेन उलयतलां. तुज्या मनांत कितें आसा? स्पश्ट सांग. म्हज्या दुबावाचो अंत पळोवं नाका. विधीपूर्वक केल्ल्या अंत्यसंस्कारा उपरांतूय तुज्यो अस्थी सचेतन कशो जाल्यो? तुजो हो भिरांकूळ संचार कित्या खातीर चलला? (मोठ्यान) आरे उलय. हें सगलें कित्या पासत? आमचे कडल्यान कसल्यो अपेक्षा आसात तुज्यो? (मोट्यान) उलय. (समंध ताका वच अशी खूण करता.)

हरींद्र : तुका कितें तरी एकसुरेंच सांगपाचें आसा, अशे मुद्रेन आपयता तो. (समध परत खुणायता)

मरींद्र : हांगाच्यान पयस या म्हणटा तो- (हेमंत एक एक पावल घालता) तूं वचूं नाका.

हरींद्र : नाका नाका वचूं नाका.

हेमंत : हांगा उलोवचोना तो. ताचे फाटल्यान वचपाकूच जाय.

हरींद्र : नाका, नाका.

हेमंत : कित्याक नाका? तातूंत भिरांत कसली? हांव एकाद्रे शुल्लक गजाली खातीर जीव पणाक लायता अशें दिसता तुमकां? ताचे इतलोच म्हजोय आत्मो अविनाशी आसा! (संमंध परत खुणायता)

परत आपयता तो म्हाका. वतांच हांव ताचे फाटल्यान.

हरींद्र : पूण राजकुंवरा, ताणें तुका कितेंय बरें-वायट केलें जाल्यार?
(समंध परत खुणायता)

हेमंत : आजून आपयता तो म्हाका- (समंधाक) येतां हांव- (फुडें सरता)
(समंध आनी ताचे फाटोफाट हेमंत वता) (काळोख. परत उजवाड जाता तेन्ना एके सुवातेर फुडें समंध ताचे फाटल्यान हेमंत प्रवेश करतात.)

हेमंत : आनी खंय व्हरपाचो आसा तूं म्हाका? कितें सांगपाचें आसा तें हांगाच सांग- आनी फुडें येवपाचो ना हांव.

समंध : आयक तर-

हेमंत : (अजापीत जावन) हय आयकतां.

समंध : (खोल आवाजांत एक एक उतर गंभीर आनी संथ तालांत) सगलें आंग गंधकाचे वाफेन करपून काडपी उज्यांत परत वचपाचो वेळ जाला-

हेमंत : परमेश्वरा-

समंध : आतां म्हजी काकूळट करीत रावूं नाका. हांव सांगतां थंय लक्ष दी. आयकल्या उपरांत ताचो सूड घेवपाक जाय तुवें.

हेमंत : कसलो सूड? कोणाचो सूड?

समंध : हांव तुज्या बापायचें भूत- पिशाच्च. रातच्या वेळार असो भोंवत रावप आनी उरिल्लो, दीसभराचो काळ जितेपणांत केल्ली म्हजीं पातकां भस्म जाय मेरेन उपाशीं पोटान घुस्मटत रावप, हेंच म्हज्या नशिबांत आयलां. एक-एक वेदना हांव तुका सांगत रावल्यार तुजो जीव घुस्मटलो, तुजें रगत गोठेतलें, तुजे दोळे तुटिल्ल्या नखेत्रा सारके एकदम निखळून भायर सरतले- पूण जिवंत मनशाक हांव तातूंतलें कांय एक सांगूंक शकना. (हेमंतकुमाराक आकांताचे त्रास जातात) - सारकें लक्ष दी.

हेमंत : (कंपीत सुरांत) परमेश्वरा!

समंध : तुवें जर तुज्या बापायचेर खरें प्रेम केल्लें आसत तर त्या प्रेमाक लागून ताच्या क्रूर खुनाचो सूड घेवंक जाय तुवें!

हेमंत : (आड्डता) खून!

समंध : हय खूनच! सामको पातकी, सामको भिरांकूळ, सामको अमानूश खून!

हेमंत : बेगीन सांग. मनाचें गतींत उडंग मारून ताचे गचेचो घोंट घेता.

समंध : तुजे कुडींत आसा तर उदक! हेमंतकुंवरा! हांव बागेंत न्हिदिल्लो आसतना सोरोप चाबून म्हाका मरण आयलां अशी फटीची खबर पुराय राज्यांत

पावयली. पूण ज्या सोरपान तुज्या बाबाक सोंपयलो, तोच आयज राजमुकूट चडोवन बसला.

हेमंत : (किंचाळून) कोण, काका! (मनांत) तरीय म्हाका दुबाव मारतालोच.

समंध : हय तोच! त्याच व्यभिचारी, हलकट जनावरान, आपणाल्या कपटी उलोवपाची भूल घालून, आपणाल्या किळसवाणे कामतृप्ती खातीर भायल्यान सद्गुणी दिसपी म्हजे राणयेक भश्टायली. हेमंतकुंवरा, केदो अधःपात रे हो! हांवें जिचेर जिवीतभर प्रेम केलें, तिणें म्हजे परस शतपटींनी हीन अशा म्हज्याच भावाचो स्वीकार करचो! तिनसांजचे कातरेर मंद वारें सुटिल्लें. सदचे संवये प्रमाण हांव बागेंत सुस्त मनान थार पडिल्लो. थंय तुजो काका म्हाभिरांकूळ अशें वीख घेवन आयलो आनी तातूंतलें दोनूच थेंबें म्हज्या कानांत सोडले, एका खिणांत त्या विखाचो म्हजे कुडींत संचार जावन, म्हजें रगत गोंठेवन गेलें आनी पुराय आंग लांकडा वरी जालें. म्हज्या जिवाचें, राज्याचें, राणयेचें, म्हज्या सर्वस्वाचें अशा राकेसी मार्गान अपहरण केलें. निमणें प्राण वतना देवाचें नांव लेगीत घेवंक पावलों ना.... कितलें नीच कर्म हें! ह्या राज्याची राजवेदी निंद्य व्यभिचाराचें, दुराचाराचें आश्रयस्थान तूं जावंक दिवं नाका! हां, पूण एक गजाल मतींत दवर. ह्या खुनाचो सूड घेवपा खातीर खंयचोय मार्ग तुवें आपणयालो, तरी एक जतनाय घे. तुजे आवयक हात लावं नाका! तिचो तिकाच पश्चात्ताप जावं दी. परमेश्वर तिच्या पातकांचें पुराय माप तिच्या पदरांत घालतलो! चल आतां आत्ताच्या आतां. फांतोड जायत आयली- देव तुजें कल्याण करूं. वतां हांव. म्हजी याद दवर!(समंध ना जाता)

हेमंत : (पिसावल्ल्या वरी भान सुटिल्ल्या वरी, आड्डत आदले सुवातेर येता) (स्वगत)

आरे! सर्गीच्या, भुतलावयल्या, पाताळांतल्या, त्रिखंडांतल्या सुराअसुरांनो! भुतावळींनो! केदो अनर्थ हो! आरे!... काळजा! शिरंतरांनो! रेंद्रेंद्रांनो! आरे, म्हाका पयसावं नाकात! धीर दियात! समर्थ जायात! तुजी याद? विंपद्ग्रस्त समंधा! तुजी याद? हाचे फुडें दुसऱ्यो कित्याचीच याद उरूंक शकता म्हाका? म्हज्या मस्तकांतलो आतां विशय एकूच- तूंच- तुजोच- तुजोच! तुजोच! उरिल्ले मायाविशय, विचार, शिश्टाचार- एकद शिमे पलतड! हे सगले शुल्लक क्लेश भायरावन आतां उरतलें शिल्लक एकूच- तुजीच याद! आरे देवका! कोण विखारी ही अस्तुरी जात! निदान

ह्या राज्यांत तरी... स्मीतल्हारांची खंयची खण कसो घेता प्राण नेम ना ताचो!

(भितरल्यान मरींद्र आरनी हरींद्र उलो मारतात)

हरींद्र : राजकुंवरा!

मरींद्र : राजकुंवरा! राजकुंवरा!

हेमंत : (स्वगत) बरें आसा! काका! हें पळय कोरांतून दवरले बाबांचे उद्‌गार-वतां हांव- म्हजी याद दवर!

(हरींद्र आनी मरींद्र प्रवेश करतात)

हरींद्र : (हेमंताक वेंगायता) राजकुंवरा!

मरींद्र : देव पावलो, राजकुंवरा, तुमची भेट जाली परत!

हेमंत : आरे पुरो- पुरो! कितलो मोग करतात तुमी म्हजेर!

हरींद्र : कितें! कितें जालें?

हेमंत : आरे एकदम बरें.

हरींद्र : तेंच कितें तें सांगता न्ही.

हेमंत : तुमी हें सगलें गुपीत दवरतले?

हरींद्र : देवाचो सोपूत घेवन सांगतां.

हेमंत : आरे, ह्या राज्यांत असो एकूय खलपुरूश ना- (एकदम वेगळ्याच सुरांत) - जो हलकट ना!

आतां ह्या भुता विशीं विचारतात, तर इश्टांनो खरें सांगूं? ताणें दिल्ली खबर उतरान उतर खरी आसा. पूण तो कितें उलयलो तें विचारशात? तर उपकार करून तुमची उमळशीक दामून दवरशात, तर बरें जातलें. आनी एक विनंती करतां, आज तुमी जें पळयलें, तांतलें एकूय उतर लेगीत कोणाच कडेन उलोवं नाकात.

हरींद्र : ना ना खंयच उलोवचोना.

हेमंत : (तरसाद भायर काडून) हे तरसादीचो सोपूत घेवन सांगात की आयज घडलेली घडणूक कोणाकूच सांगचे नात. म्हणात.

हरींद्र : (तरसादीचेर हात दवरून) आज घडलेल्या घडणुकां पैकी आमी कोणाकूच कांयच कळूंक दिवचे नात, असो हे तरसादीचेर सोपूत घेतां.-

हेमंत : शाबास इश्टांनो! तुमचो ह्या अभागी मनशाचेर जो मोग आसा तो हांव केन्नाच विसरूंक शकचो ना. चलात आपआपल्या कामाक लागुया. (तिगूय वतात)

(थळ : कारभाऱ्याच्या घरांतली आदलीच सुवात. कारभारी वाचता. मालिनी प्रवेश करता. तिच्या हातांत शिवणकाम आसा. ती मुसमुसत येता.)

कारभारी : (लालेवन) कितें बाय, कितें जालें?

मालिनी : (रडक्या आवाजान) बाबा, म्हाका खूब भिरांत दिसता.

कारभारी : आगो जालां कितें?

मालिनी : बाबा, हांव म्हजे कुडींत बसून विणटालें, थंय राजकुंवर अचकीत भितर सरलो. हांव भियेलें आनी ताका पळयत जाल्यार कितें विचित्र स्थिती! कपड्याचें भान ना, केंस विस्कटल्यात, तोंड धवसार, हात पांय थरथरतात, मरणाच्या कवाडांतल्यान परतून आयिल्ले भशेन दिसतालो. सामको पिशांतूर-

कारभारी : हूं! तुजेंच पिशें लागिल्ल्याच्यो वेदना ह्यो सगल्यो.

मालिनी : कोणाक खबर! आसत तशेंच.

कारभारी : कितें म्हणलें गो तुका ताणें?

मालिनी : म्हणलें बिणलें काय ना.... भितर सरना बराबर ताणें म्हजो हात धरलो, (हेमंतकुंवरा वरी सगल्यो क्रिया करून दाखयता) उपरांत हातभर फाटीं सरलो आनी दुसरो हात कपलाचेर धरून म्हज्या तोंडा कडेन असो खिळून पळोवंक लागलो- जशें कितें ताका म्हजें चित्रच पितारपाचें आसलें. बरोच वगत अशें पळोवन जातकच म्हजो हात वयर करीत म्हाका वयल्यान सकयल तिनदां नियाळून घेतलें आनी मागीर म्हजो हात एकदम सोडून दिलो. असो हुस्कार सोडलो- जशें काय ताच्या आंगांतलें सगलें त्राणूच ना जालें एकदम. जालें - आनी वचपाक लागलो. पूण वतना ती नदर मात तागेल्या खांद्या वयल्यान म्हजेरूच सामकी थिरावल्ली. दारा कडेन पळयलें ना, खंयच खंयच पळयलें ना- म्हजे कडेन पळयलें ना, खंयच खंयच पळयलें ना- म्हजे कडेन पळयत वतना ताका वाट तरी कशी दिसली, देवाक खबर!

कारभारी : तूं आतांच्या आतां म्हाराजा लागीं चल म्हजे वांगडा. आगो, हीं सगलीं चळलेल्या मोगाचीं लक्षणां. अशा वगतार मनशाचें मन ताचे सुवादीन उरना मात्तूय. शी! बरें जालें ना हें. तूं ताका अपमानीत जाय सारकें वागिल्लें बी?

मालिनी : ना बाबा! तूं त्या दिसा म्हजेर तिडकल्लो तेन्नाच्यान एकदां लेगीत मेळूंक

ना हांव ताका. ताचीं आयिल्लीं पत्रां लेगीत न्हयकारलीं हांवें.

कारभारी : आगो, तेच खातीर तर जालो हो घोटाळो! तुज्या विशींचें ताचें आकर्शण ह्या थराचेर पावलां अशें दिसलें नासलें म्हाका. चल- चल - आमी सामकीं म्हाराजा लागीं वचुया.

(कारभारी आनी मालिनी वतात)

(थळ : राजवाड्यांतलो दिवाणखानो. राजा आनी राणी उलयत बसल्यात. कारभारी प्रवेश करता)

कारभारी : तामणदेशांतल्यान राजदूत परतल्यात. तांची कामगिरी फळादीक जाल्ली दिसता.

राजा : वा! वा! खरेंच, शुभखबर आयकुची ती तुज्याच तोंडांतल्यान!

कारभारी : अशें मूं? मागीर आनी एक शुभखबर हांव तुमकां सांगपाचो आसा! हेमंतकुमाराच्या पिशेपणाचें कारण म्हाका सांपडलां!

राजा : आगा, तें बेगीन सांग. आमकां उमळशीक लागल्या तें आयकुपाची.

राणी : म्हाका मात दुबाव मारता, बापायचें मरण आनी उतावीळपणान जाल्लें आमचें लग्न हाचे खेरीज दुसरें-तिसरें कांयच कारण ना ताच्या पिशाचें.

राजा : समजतलेंच आतां तांचे कडल्यान...

कारभारी : आतां अधिराज- तुमचें राजपद म्हळ्यार कितलें व्हड, ताचो कारभार लेगीत कितलो व्हड. असल्या निर्विवाद गजालीं विशीं- म्हळ्यार दिसाक दीस वा रातीक रात कित्याक म्हणटात, अशा सूर्य उजवाडा इतले स्पश्ट गजालीं विशीं- नाका आशिल्लें पाल्हाळ लावपांत दीस-रात आनी वेळ वगडायनासतना हांव म्हजी शुभवार्ता सामकी थोडक्यांत सांगतां. हेमंतकुंवराक पिशें लागलां. आतां हांव ताका पिशेंच म्हणटा. कारण पिशेपणाची व्याप्ती सांगत बसलों, तरी निमाणें परिणाम कितें जातलो? पिशेंपणांच- तेन्ना तो नाद हांव सोडटां.

राणी : आतां अलंकार थांबय, मुद्द्याचें सांग.

कारभारी : राणीसायब, हांव अलंकाराक चुकून स्पर्श करिना. तेन्ना राजकुंवराक पिशें लागलां ही खरी गजाल. पूण खरें आसलें तरी बरें न्ही. तरी ह्या विकाराचें कारण कितें? म्हाका एक धूव आसा आनी म्हज्या सांगण्याक धरून ताणें हें पत्र म्हजे कडेन दिलें. आतां तांतलो मजकूर आयकुचो आनी तुमचो निर्णय दिवचो. (वाचता) देवी मालिनी! हरणाच्या सोबीत दोळ्यांच्या सुंदरी!

राणी : कोणें हेमंतकुमारान बरयलां हें?

कारभारी : राणीसायब, आतां मातसो धीर धरात. हांव उतरान उतर वाचपाचों आसा. हां (वाचतां) न स्नानं न च भोजनं न पठनं नान्यत्र सौख्य धृति नान्य स्त्रीजनदनं न च कथानिद्राविलासोद्दम।
किन्तु तां परिचिन्तयामि सततं ध्यानेन चेतःस्थिताम्
स्वप्नालोकन सौख्यपानविधिना जीवाम्यहं चंद्रिको त्संगोमोत्सुक
–हेमंतकुमार
राणी सायब, मालिनीक आयिल्लें हें पत्र ताणें म्हज्या सांगण्या वयल्यान म्हाका दिलां– इतलेच न्ही, पूण राजकुंवर तिका केन्ना, खंय, कितें कितें उलयलो तें सगलें तिणें म्हाका सांगलां.

राजा : पूण म्हाका एक सांग– हेमंतकुंवराच्या ह्या मोगाचो मालिनीचेर कितें परिणाम जाला?

कारभारी : अधिराज! आर्दी म्हाका सांगात, ह्या दासा विर्शी तुमचें मत कितें?

राजा : एक मानादीक, एकनिश्ठ सज्जन अशेंच म्हजें मत.

कारभारी : हय मूं! तशें जाल्यार तेंच हांव आतां सिद्ध करपाचो आसा. हांवें मालिनीक नीत सांगलें. हेमंतकुंवर एक राजपूत्र. तुज्या सप्तमांत राजयोग शक्य ना. तेन्ना हे नाका आशिल्ले प्रकार हांव करूंक दिवचोना! आनी धपकावन सांगलें, तूं म्हाका मेळूंक फावना, ताची कसलीच भेटवण स्विकारूंक जायना, ताचो निरोप आयकूंक जायना. तशेंच वागलें तें. पूण म्हणुनूच म्हाका दिसता– थोड्या भितर सांगपाचें म्हळ्यार या प्रतिकारांक लागून हेमंतकुंवराक हो विकार जालो, तो पिशांतूर जालो, ताची जेवणा वयली वान्सा ना जाली, ताका न्हीद पडना, ताचें मन सगल्या वटांनी उडलां आनी अशें जाता जाता निमणें ताची ही अशी (पत्र दाखयता) पिशा वरी स्थिती जाली. खूब वायट घडलें!

राजा : हें कारण पट्टा तुका?

राणी : आसूं येता तशें

कारभारी : अधिराजा! हांवें अमूक एक गजाल अशी आसा म्हणलें आनी ती तशी ना अशें केन्ना सिद्ध जालां?

राजा : निदान हांव तरी पळोवंक ना. पूण आतां फुडें कितें?

राणी : आवय! तो पळयात, बावडो कितें तरी वाचीत कसो येता पळयात.

कारभारी : अशें तशें जाल्यार तुमी दोगांयनीय नदरे आड जावचें आतांच. हांवूय ताचे

लागीं सहज उलोवन पळयतां. (राजा आनी राणी बेगिबेगीन भितर वतात. हेमंतकुमार पुस्तकाचेर नदर खिळोवन येता.) येवचें-येवचें राजकुंवरा, कितें कशें चललां?

हेमंत : बरें चललां- चललां बरें- देवादयेन... (वोग्गी)

कारभारी : म्हाका वळखलो तूं?

हेमंत : ना वळखूंक कितें जालां? नुस्तेकार मरे तूं?

कारभारी : (दचकता) नुस्तेकार! छॅ, राजकुंवरा, खारवी न्हीं हांव.

हेमंत : (लक्ष पुस्तकांतूय) नुस्तेकार न्ही? मागीर तूं नुस्तेकारा इतलो प्रामाणीक आशिल्लो जाल्यार बरें जावपाचें.

कारभारी : प्रामाणीक?

हेमंत : हय, हय प्रामाणीक, (पुस्तकांतली नदर काडून आपलेच तंद्रीत) आगा, ह्या संवसारांत धा हजारांत एक जरी प्रामाणीक मनीस सांपडलो तरी नशीब म्हणटां हांव.

कारभारी : हें मात सामकें बरोबर उलयलो.

हेमंत : (कारभाऱ्याक वा वळखिल्ले वरी) नातर कितें? आगा, मेल्लें मडें पवित्र गंगेंत जरी सोडलें, तरी ताका किडे पडटातूच, गंगेंत लेगीत किडे आसतात! (विशय बदलून) तुमकां चली बी आसा? चली म्हळ्यार कळळें न्ही? धूव.

कारभारी : हय, आसा. हेमंत तशें जाल्यार तिका पवित्र संगतीचो स्पर्श जावंक दिवं नाकात. नीट जतनाय घेयात तिची. सारकी जतनाय घेयात. (परत वाचता)

कारभारी : (स्वगत) कितें आसूं येता अर्थ ह्या उतरांचो? आजून हाचे तकलेंतलें मालिनीचें पिशें वचूंक ना. म्हाका लेगीत वळखलोना हो. नुस्तेकार खंय हांव. छॅ! हें पिशें बरेंच खर आसा. खरें म्हणल्यार, तरणे पिरायेचेर म्हजीय बी थोडीशी हीच अवस्था जाल्ली. (उगड) राजकुंवरा, तुमी हें कितें वाचतात?

हेमंत : (पुस्तकांतल्या एका एका उतरां वयल्यान बोट फिरोवन) उतरां! उतरां! उतरां! शब्द! शब्द!

कारभारी : तें समजलें. पूण तीं उतरां कितें सांगतात?

हेमंत : कोणें कोणाक सांगलें?

कारभारी : न्ही- म्हणल्यार, ग्रंथाचो विशय कितें?

हेमंत : आगा परनिंदा. (समजावन सांगिल्ले वरी) हो खवचट निंदक हांगा अशें म्हणटा, मनशाक म्हातारपण लागलें म्हणटकच ताचें केंस पिकतात, ताच्या मुखाचेर चिरयो पडटात. रुखाच्या धपकांतल्यान- खाकोळांतल्यान गळटा तसो दीख ताच्या दोळ्यांतल्यान गळपाक लागता, ताचे अकलेचें शुन्य दुदया येदें जाता आनी मांडयो सुकलेल्या कोंड्या सारक्या सुकतात. आतां हें सगलें वर्णन म्हाका परता.

(कांय वेळ ताचे कडेन पळयत)

पूण हें खरें आसलें, तरी तशेंच्या तशें बरोवप म्हळ्यार कितें प्रामाणिकपणा जालो! आतां तुमचेंच पळयात न्ही!

(एकेक पावल उडयत ताच्या आंगार वता.. कारभारी तितलो फार्टी सरता)

कुल्ले भशेन तुमी जर उरफाटे चलपाक लागले, तुमी लेगीत म्हजे सारके तरनाटे जावचे नात कित्याक? पूण ह्या बरोवप्याक हें मान्य ना.

कारभारी : (स्वगत) हो भ्रम आसलो, तरी तांतलो क्रम मात बिनचूक आसा, न्ही? मातशे दुसरे सुवातेर वचुया आमी?

हेमंत : म्हळ्यार खंय? म्हज्या थडग्यांत? (परत वाचपाक लागता)

कारभारी : (स्वगत) हाच्यो जापो कितल्यो अर्थपूर्ण आसतात केन्नाकेन्नाय. एके तरेन पिशेपणांतली गोडसाण म्हणपाक जाय ही, बऱ्या शाण्या सुरत्या मनशाक केन्ना सुचपाचे नात अशे विचार चक्रम मनशां सामकी अघळ-पघळ उलोवन वतात. म्हाका दिसता, हाका आतां हांगाच सोडून वचप आनी रोखड्यारोखडी हाची आनी मालिनीची भेट जुळोवन हाडप, हेंच योग्य जातलें. (उगड) युवराज, हांव वचूं आतां?

हेमंत : 'वा! वा! कोणाकूय वच' म्हणून सांगपा इतली मजा आनी कित्यांतूच दिसना म्हाका. पूण जीव दिवपाचें सोडून, म्हजो जीव दिवपाचो ना हांव! 'म्हज्या जिवाक वच' म्हणून सांगचो ना.

कारभारी : हें कितें नाका जाल्लें उलयतात तुमी राजकुंवरा. देव बरें करूं तुमचें.

हेमंत : (पुस्तक वाचिल्ले सारकें करता) अशी पिडा आसता ही पाडपडिल्ल्यांची.

(गणी आनी झिलगो प्रवेश करतात. भियेत भियेत येतात. गणी मोटवो आनी मोटो. झिलगो बारीक. दोगूय राजकुंवराच्या वयाचे साथीदार. नदर चोरयेची. दोगूय उलोवपांत लागोळे. एकामेकांक विचारून उलोवपाची तांची संवय.)

कारभारी : कितें रे, राजकुंवराक भेटपाचें आसा मरे तुमकां? येयात येयात, मेळात. (कारभारी वता)

झिलगो : देव बरो दीस दीवं.

गणी : देव बरो दीस दीवं राजकुंवरा.

हेमंत : (वाचता-वाचता. मत गेल्ल्या वरी) आरे वा! तुमी केन्ना आयले? कितें रे गणी- कसां रे झिलग्या? कशें चललां? तुमचें?

झिलगो : खास अशें कांय ना. म्हणल्यार कांय ना. संवसारांत सगल्याक शांतताय नंदता. दर एकटो आपआपलें काम चोख निभायता.

हेमंत : म्हणल्यार पुराय विश्वाचो निमणो श्वास घेवपाचो वेळ आयला म्हणपाचो. फटींगपणां उलयतात तुमी पोरांनो. म्हाका सामकें खरें सांगात हां. तुमी नशिबाचें कितें खालां रे, म्हूण तुमची हे बंदखणींत पोटली पावयली?

गणी : बंदखण म्हणटात तुमी युवराज?

हेमंत : न्ही जाल्यार कितें? हें राज्य म्हणल्यार एक बंदखणूच.

झिलगो : तशें पळोवंक गेल्यार हो संवसारूच मुळांत एक बंदखणूच.

हेमंत : एक बंदखणूच. अफाट बंदखणूच. थंय असंख्य कादयो आसात, पारेकार आसात, काळखा कुडी आसात आनी हें राज्य तर तांतली म्हाभयानक बंदखण आसा.

झिलगो : तुमचो व्हड हावेस हेंच तशें दिसपाचें कारण आसप राजकुंवरा. म्हान हावेसाक हें सान राज्य संकुचितूच दिसपाचें.

हेमंत : (आवेशान) तशें न्ही. एखाद्र्या ल्हानशा कोशांत भितर रावन हांव म्हाका ब्रह्मांडाचो स्वामी समजूंक शकतलों आसलो! पूण सपनां... नाका आशिल्लीं सपनां पडटात म्हाका. ताचो परिणाम हो.

गणी : आगा, पूण सपनां म्हणल्यार हावेस. आकांक्षा दुसरें कांय न्ही! हावेस ही सपनाची सावळी?

झिलगो : आनी ती लेगीत इतली इतली ल्हव, अशी वाऱ्या सारकी आसता, तिका सावळेची सावळी म्हणूं येता.

हेमंत : अशें अशें म्हळ्यार तुमचें म्हणणें. जे भिकमोग आसतात ते फुगिल्ले भूपती म्हळ्यार भिकाऱ्याच्यो वायुरुपांतल्यो सावळ्यो! अशेंच मरे? ए-म्हजो भेजो आतां व्हांवपाक लागता हे सावळेचे फाटल्यान लागून.

झिलगो : तुमकां बरें दिसना? कितें जालां राजकुंवरा?

गणी : उदक, पाणी कितेंय हाडूं?

हेमंत : छे-छे, तशें कांयच जावंक नाका म्हाका. आनी तुमी कितें म्हजे चाकर तर? म्हाका गराडो घालून राखणदारांची सेवा खूब जाली! बरें, पूण आतां इश्ट म्हणून म्हाका सांगात. तुमी हांगा कशे पावले?

झिलगो : खासा तुमकां मेळपा खातीर. दुसरें कांयच कारण ना.

गणी : सामकें कांयच कारण ना.

हेमंत : इश्टांनो, हांव इतलो यकींचन जालां, तुमचे जायतशे उपकार लेगीत मानूंक शकना, तरी लेगीत दिनवासतां तुमकां. दिनवासतना लेगीत खूब भिडेल्ल्या भशेन जाता म्हाका. कितें रे, तुमकां हांगा मुद्दाम धाडल्यात, हय मरे! काय सामके सहज आयल्यात? मारली लहर आनी आयले फडाफड.

(ते दोगूय एकामेकांक तेळटात)

आरे म्हजे कडेन एक भितर एक भायर अशें कितें करतात? आं, सांगात आतां.

गणी : आतां कितें सांगपाचें, राजकुंवरा...

हेमंत : आरे, कितेंय जायना जो हेतू आसा तोच सांगात म्हणटा हांव. (तांचे कडेन थीर नदर लावन तांच्या मनांतलें कळिल्ल्या भशेन) आरे पापयांनो! कितले म्हूण लिपयतले तुमी? तुमकां मुद्दाम धाडल्यात हांगा हांव सांगतां. म्हाका खबर आसा तुमच्या मोगाळ राजासायबान, राणीसायबिणीन मुद्दाम धाडल्यात हांगा.

झिलगो : कित्या पासत?

हेमंत : तेंच तर सांगात म्हणटां हांव तुमकां.

(ते दोगूय एकामेकां कडेन पळोवन खुणायतात)

इश्टांनो, तुमी म्हजे गुरूबंधू, बरोबरचे आनी जिवाभावाचे इश्ट! आनी तरीय सांगचेनात म्हाका, तुमचो हांगा येवपाचो हेतू? (स्वगत) आतां सांपडले हे! (उघड) आरे, तुमच्या इश्टागतीच्या मोगाक लागून तरी खरें उलयात पापयांनो.

गणी : आतां फटीं कित्याक मारूं राजकुंवरा! आमकां हांगा धाडल्यात हें सामकें खरें.

हेमंत : आतां तुमकां हांगा कित्याक धाडल्यात तें हांवूंच सांगता म्हणटकच तुमच्या भेज्याक काल्पनीक कारणां सोदीत बसपाचो ताण नाका. आमी आमच्या काका लागीं मॉ कडेन वचनबद्ध जाल्ले आसत, तर वचनभंगाचें

पातकय लागपाक नाका तुमकां! (एकदम विचारांचो झटको बशिल्ले वरी) कोणाक खबर कितें जालां म्हाका पूण म्हजी खोशी पुराय अस्ताक गेल्या हालींसरा! म्हजें मन अशें खिन्न जालां, ताका लागून भोंवतणचें पुराय विश्व म्हाका एकाद्रे भुसभुशीत भुंये वरी सोंपला कशें दिसता. पृथ्वी, उदक, उर्जा, वायू, मळब सगलीं पंचमहाभुतां, चड कित्याक, रवी मंडलाचें भांगराळ नक्षीकाम, तें लेगीत सगळेंच रोगेल्ले उबेन भरला, अशें दिसता. मनशाची बुद्द कितली व्हड. गिन्यानाचीं इंद्रियां कितलीं तीक्ष्ण, वेव्हार कितलो उमळशिकेचो, ज्ञान कितलें अप्रूप! प्रत्यक्ष देवा लागीं तुळा करपी हो सगले जीवसृश्टीचो मुकूटमणी- पूण म्हाका मात तो धुल्लांतल्या कणा परसूय सुदीर दिसपाक लागला. पुराय मनीसजात म्हाका नाकाशी जावपाक लागल्या. तुमी हांसतात म्हाका- पूण हांव सांगतां, अस्तुरेची जात- ती लेगीत नाकाशी जाल्या म्हाका.

झिलगो : छॅ! छॅ! राजकुंवरा, म्हजे तकलेंत तसलें कांयच नासलें आं.

हेमंत : तशें जाल्यार पुराय मानवजातीचो म्हाका कंटाळो आयला, अशें म्हणिना बरोबर तूं हांसलो कित्याक? सांग मरे?

झिलगो : ताचें कितें जालें! हांवें मनांत म्हणलें, तुमकां पुराय मनीसजातीचो कंटाळो आयलो- तशें जाल्यार ज्या जागरांच्या खेळ्यांक वांगडा घेवन आयल्यात आमी- सहज वाटेर मेळ्ळे ते आमकां-तांकां तुमचे कडल्यान आलाशिरो आसूच नांका! अशा विचारान थोडोसो हांशिल्ल्या भशेन दिसलां आसतलो हांव तुमकां!

हेमंत : खंयचे जागरकार हे?

झिलगो : ते फाटले खेप आयिल्ले तेच. मामा-भाच्याचो देखाव पळयल्लो तुमी- आनी तुर्मटी- दांडलांकार, निखणदार बी बरे नाचिल्ले पळय घुमटांच्या तालार! तेच खेळे हे. (भायल्यान घुमटां आनी जागराचीं वाद्यां वाजतात.) तें पळयात, आयकयात तांचोच बोवाळ हो. (कारभारी प्रवेश करतात)

कारभारी : हां, कितें म्हणटात, कितें चललां म्हज्या बालइश्टांचें?

हेमंत : ए झिलग्या, तुमचे कान मात्शे हांगा हाडात.

हेमंत : (म्हऱ्यांत येतात) हें व्हडलें बाळक आसा न्ही. ताचें पोट बांदप आजून चालू आसा, बंद जावंक ना.

गणी : म्हणचे ताका परत बोमली फुटल्या दिसता (हांसतात) आगा, कोणें तरी म्हणलां, पन्नास वर्सांचो जातकच काळ परतून जाता माणकुलें बाळ!

हेमंत : आनी हांव भविश्य सांगतां तुमकां, हें माणकुलें बाळक जागरकार आयल्यात म्हूण खुशाल जालां आनी तेंच आसा तो तुमकां.

कारभारी : राजकुंवरा! एक शुभखबर सांगपाचो आसा हांव तुमकां.

हेमंत : म्हाराज, एक शुभखबर सांगपाचो आसा हांव तुमकां. अर्धनारेश्वराची काणी ही.

कारभारी : खरेंच जागरकार भायर आयल्यात.

हेमंत : अशें? आरे वाजयात रे!

(परत भितर जागराचें वाजोवप. एक जागरकार प्रवेश करता)

हेमंत : येवकार गड्या, ह्या नगरांत तुका येवकारतात आमी! आरे, पूण तुजो आवाज कितलो फुटला रे आतां! आनी तुजे पोले- तेय बी दवल्यात. अशें कितें चललां तुमचें?

जागरकार : (नमस्कार करता) बरें आसा राजकुंवरा, तुमची सेवा करपाची संद... (घुटमळटा.)

हेमंत : तूं अशें कर- तुज्या सगल्या गड्यांक घेवन यो आज राती कडेन म्हाका मेळपाक. तेन्ना तुमची सगली कार्यावळ आमी मेकळेपणान थारावया. कितें?

जागोरकार : बरें राजकुंवर सायब, हांव वचूं राजकुंवरा?

हेमंत : बरें आसा, (गणी आनी झिलग्याक) तुमच्यांनीय वचूं येता आतां. आतां बरें जालें तुमी मेळ्ळें म्हाका.

कारभारी : आनी हांवूंय बी. ह्या खेळ्यांची वेवस्था पळयतां.

हेमंत : हय तर, (जागोरकाराक) मागीर रातचें भेटुया. एके नवे जागराचे काणयेचो आमी म्हूर्त करुया. (ते सगले वतात)

हेमंत : मेळ्ळो एकदांचो एकांत!

खरेंच कितें ही म्हजी निर्बुद्धावस्था!

हां! हो आतांचो जागोरकार- हो लेगीत थारतलो म्हजे परस श्रेश्ठ!

एकाद्रे काल्पनीक काणयेंत, हो लेगीत आपणाल्या गायन आनी अभिनया कडेन इतलो जातलो समरस, ताचीं पावलां, नाच, उतरां अशीं रसरसतलीं, भडकतलीं, थरथरतलीं, काडयेचोय संबंद नासतना- हो लेगीत इतलो तन्मय जातलो... पुराय रंगमांड उदकान भरून वतलो दुकांच्या झऱ्यांतनी हांचें रांगडें नाचप एकएकट्याचे प्राण कासावीस करतले, पापी जातले पापग्रस्त, निर्दोश संत्रस्त, अजाण जातले बेभान, एकट्याचे कान-

दोळे जातले अजापीत पूण हांव! हो असो जडेला... बसला जळफळत जागच्या जाग्यार! बसला अमानूश म्हजी आवतिकाय! एका राकेसान केला खून म्हज्या जल्मदात्याचो जशी काय बंद जाल्या म्हजी वाचा! कसली भरल्या म्हाका इतली धास्ती? कसो विसरलो हांव म्हजी मोख? तें कांय ना. म्हजें सत्वूच ना जावन गेलां! तशें नासलें जाल्यार केन्नाच त्या दुस्मानाचेर घुरी घालून... शेंवटून ताचें प्रेत वाऱ्यार, दितलो आसलो खावड गिदांक मनां सावन! आरेरे! कोण मूर्ख हांव कसली म्हजी ही शूरताय! प्रत्यक्ष खून जालो बाबांचो, 'ताचो सूड घे' म्हणून म्हज्या फाटल्यान फाटल्यान लागलां पिशाच्च ताचें, तरीय हांव बसला रवंथ करीत...

(**थळ :** ह्याच अंकांत दुसऱ्या प्रवेशाचे सुरवातीचे राजा, राणी, मालिनी, कारभारी, झिलगो आनी गणी उलयत आशिल्ल्याचें दिसतात)

राजा : अशें सारांश, ताचो तोंडावळो असो, गोंदळलेलो, तो कित्याक दिसता, ताचे भिरांकूळ अस्वस्थतायेचें, भ्रमिश्ठपणाचें, कारण कितें हें आड मार्गांनी, आडवळणांनी लेगीत तुमी ताचें कडसून काडून घेवंक शकले ना तर!

झिलगो : हय! आपणालें मन थीर ना, इतलेंच ते कबूल करतात. पूण मात लेगीत सांगिनात, ताचें कारण.

गणी : खरें म्हळ्यार, ह्या बाबतींत उलोवपाचें टाळटात ते आनी चडूच खोदून विचारपाक लागल्यार पिशें पांगरून कळाशेन सुट्टात!

राणी : तुमचे लागीं सारको वागतालो तरी तो?

झिलगो : वागलो सामको सभ्यपणान.

गणी : तरी लेगीत ती सभ्यताय अडेचीच दिसली.

झिलगो : आपूण जावन अशें कांयच विचारिना. पूण विचारिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो मात अघळपघळ दीत रावतात.

राणी : बरें, ताचें मन कित्यातूय रमोवपाचो प्रयत्न करून पळयलो तुमी?

झिलगो : हय-हय, तें मात योगायोगान जाय तशें जुळून आयलें, राणीसायब! वाटेंत आमकां अमूक एक जागराचो खेळ करपी पंगड मेळ्ळो, तांचें विशीं राजकुंवरा कडेन सहज गजाल काडून पळयली तेन्ना तांचो तोंडावळो एकदम फुललो. उपरांत तांचें रातीचें बरेंच उलोवणें जालें आनी विशेश म्हळ्यार आयज रातीं तांचो जागोर ते दाखोवपाचे आसात.

कारभारी : हय, अधिराज, जागराचो खेळ थारला आनी तुमकां दोगांकूय आमंत्रणां दिवपाची जापसालदारकी म्हजेर सोंपयल्या तांणी.

राजा : अशें म्हणटा, तशें जाल्यार येतलींच आमी! हें एकदम बरें जालें. आतां ताका हो नाद लागला न्ही, तातूंतच रंगोवन दवरात तुमी ताका, चलात, चलात, ताचे लागीं लागींच रावात. खूब बरें जालें शाबास!

झिलगो : आमचे कडसून जाता तितलो यत्न करता आमी. चल गणी, आमी तांच्या म्हऱ्यांत या. (वंदन करून वतात)

राजा : (राणयेक) तुंवूय मातशी भितर वता? हेमंतकुमाराची आनी मालिनीची गांठ घालून दिवपा खातीर ताका हांगा मांडणी करून हाडपाचें थारायलां आमी. दोगांयची सहज गांठ पडली अशें भासयतले आमी ताका.

राणी : बरें आसा!

राजा : आमचो बेत असो आसा, तो आमकां दिसतलो पूण आमी मात ताका दिसपाचे नात, अशे तरेन आमी लिपून रावपाचें आनी ताचें उलोवणें आयकुपाचें तो तिचे कडेन कसो वागता, हेय बी लिपचोरयां पळोवपाचें. आनी ताचें हिचेर आशिल्ल्या प्रेमाचेंच ताच्या भ्रमिश्टपणाचें कारण आसा जाल्यार पळोवपाचें.

राणी : येता हांव. बाय मालिनी, तुज्या रुपावळ्याक लागुनूच जर मन पिसावन गेलां, तर हांव म्हणटां, भांगरा परस बरें जालें! तुज्याच गुणाक लागून तें जाग्यार येतले. दोगांयचेंय शूभमंगल जातलें.

मालिनी : (लजेता) तुमच्या तोंडांत साखर पडूं. (राणी वता)

कारभारी : आतां तूं हांगाच बस आनी पुस्तक वाचिल्ले भशेन कर- म्हळ्यार तूं हांगा एकटेंच कशें, असो प्रस्न ताका पडचो ना. चलात अधिराज- आमी थंय लिपून पळोवया सगलें. खरें म्हळ्यार अशें करप व्हडलेशें बरें न्ही. पूण करतले कितें?

राजा : हां. कितलो तेप हें अशें चलपाचें, कोणाक खबर!

कारभारी : आयलो दिसता. चलात, चलात बेगीन.

(राजा आनी कारभारी वतात. मालिनी पुस्तकांत गेल्ल्या वरी बसता. हेमंतकुमार येता)

हेमंत : (स्वगत) एकूच प्रस्न : जगचें काय मरचें?

दुर्दैवाचे शस्त्रां धपके सहज करप भितरल्या भितर वा निःपात संकटांचो करीत प्रतिकार सदैव हातूंतलें खंयचें जगप उदात्त आनी खंयचें उणें?

आनी मरण?

मरण म्हळ्यार न्हीद! निमणी?

काळजाचे सगले विकार, कुडीच्यो व्याधी हजार- एकदांच दोळे धांपून सासणाच्यो सोंपोवप- हाचे सारको गोड शेवट दुसरो खंयचो आसतलो?

मरप म्हणल्यार निमणें न्हीदप.

न्हीदप?

आनी मदींच जर पडलें सपन- तर मागीर?

होच तर खरो खर प्रस्न!

हे निमणे न्हिदेंत मेल्ले कुडीचो संबंद सोंपतकच खंयच्या सपनांचें ताट भरून येतलें, ह्या कुवाड्या सामकार तर तुट्टा वाट आमचे बुद्दीच्या हेंच तें आडमेळें, जाच्या सामकार तेंकोवन हात मानेचेर बसतात आनी जिवीतभर पिरंगत, कश्टत जगत रावपाचें.

हरशीं कोण बसतलो आसलो सहन करीत काळाचे निश्ठूर धपके, जबरदस्तीचे जुलूम, घमेंड्यांची गुरगूर, खोंटायल्ल्या मोगाच्या आतकड्यांचे पीळ, कादये बाजांचें काहरण, अधिकारपदाचो माज, सहनशक्तीच्या पैलाडचो निश्कारण अपमान?

हे दुखेस्त दुर्गतीचो जर खरेंच करपाक मेळिल्लो अंत तोंपून सुरो म्हज्याच हड्ड्यांत, म्हज्याच हातांनी, तर हो सगलो भार घेवन, पिरंगत, कुंयत, कोण कित्याक रावतलो आसलो जगता!

-पूण ह्या उज्यांतल्यान पलतडीं एका अज्ञात होमखणांत. जयसल्ल्यान ना परत वाट-

थंय वचपाचो जायच ना धीर,

आनी हे वटेन दोंगर, तेवटेन दर्या

अशे आवतिकायेक लागुनूच आमी सगले जातात भिजूड.

आनी निमणें उंच उडंग मारपी व्हड व्हड संकल्प ह्या दुबळ्या साधक-बाधक विचारांची बाधा जावन विरगळत वयले वयर आनी घसरतात सकयल!

(मालिनीची जाग लागून)

आरे! हें आसा दिसता हांगा!

देवाचें जर करीत आसशी स्मरण, तर ताका ह्या पातक्याची याद जातली अशेंच कर!

मालिनी : (मात्शे भियेल्ल्या सारकें, थरथरत्या उतरांनी)
राजकुंवरा, कितल्या दिसांनी दर्शन घडटा तुमचें! कशें चललां तुमचें?

हेमंत : एकदम बरें! बरें! सामकें बरें!
दीत शिराप फकत, कर्कशेवरी!
मस्तका खंय शेणली तुजी अक्कल?
सोड ही अस्वस्थताय! (तकली दामून शांत जाता)
आं...?
अशें सांगतात, जर एकाद्र्या नाट्यांत असो प्रसंग जुळटा आसत, जो जुळटा एकाद्र्याच्या वायट कृत्या कडेन तर वचून ताची मत तोच दिता साक्ष आपल्याच विरुद्ध!
खून म्हणिना बरोबर गळो फुटपाकूच जाय! ठरलें!- होच जागोर- काका सामकार! तो समंद, तें भूत, पिशाच्च, ताचो आवाज फकत भुलवणी नासत कित्या वयल्यान? पूण जर खरेंच बाबांचो अंत जाला आसत, तो म्हणटा तसो तंतोतंत, तर मागीर ह्या खुनाचीं दाडमळां उगडलीं. मागीर काकाचें तोंड, गात्रांत गात्रां, हो फटको बसना बरोबर कबूल जातलो मागीर हांवूंय आपणायतलो म्हजो मार्ग... थारलें- थारलें होच विचार. काका राव! घेताच तुजो समाचार! थारलो विचार! सूड जागोर...
(अशें म्हणत घडाघड वता)

मालिनी : तुमी दिल्ल्यो भेटवणी परत दिवच्यो अशें दिसपाक लागलां म्हाका! खरेंच घेवच्यो त्यो तुमी!

हेमंत : हांवें? केन्ना कितें दिल्लें हांवें?

मालिनी : तेंय बी विसरलें दिसता! राजकुंवरा, त्यो दितना तूं कितलो गोड उलयतालो! ताका लागून एकेक वस्त म्हाका मोलादीक दिसताली. आतां गोडसाण सोंपली. आतां कितें मोल उरलें तांचें?

हेमंत : अशें अशें म्हळ्यार तूं शिलवंत आसा?

मालिनी : म्हळ्यार कितें?

हेमंत : शिवाय सोबीत दिसता!

मालिनी : अर्थ तरी कितें ह्या उलोवण्याचो?

हेमंत : हाचो अर्थ, तूं जर शिलवंत आसत आनी सोबितूय आसत, तर तुजे सुंदरकायेक लगट करपाक दिवं नाका.

मालिनी : पूण राजकुंवरा! सुंदरतायेक शिला सारकें दुसरें खंयचें भूशण आसूंक

शकता?

हेमंत : तें खबर आसा म्हाका सगलें... पूण निमणें शिलाचे संगतीचो सुंदरतायेचेर भलतोच परिणाम जावपा वाट्याचो, सुंदरतायेक लागून शीलूच भश्टवपाचो चड संभव़ आसता! आदीं हांव हाका विरोधाभास म्हणटलो आसलो, पूण आतां विरोधाचो पुराय निरास जावन गेला! म्हजो लेगीत- आशिल्लोच एका काळार तुजेर मोग!

मालिनी : निदान म्हजो तसो समज करून दिल्लो खरो तुमी...

हेमंत : पूण तूं तो करून घेवपाचो न्ही! दोळे बांदून वयले वयर सद्‌गुणांचे कलम लायलें, तरी मूळ रूप बदलना, समजलें. खरें म्हणल्यार तो खरो मोग नासलोच.

मालिनी : सामकें फटवलें हांव!

हेमंत : हय मगो? तशें जाल्यार आत्ताच्या आतां एकाद्रया मठांत वच. पातकी प्रजा निर्माण करपाचे भानगडींत पडटाच कित्याक? हांव सामान्यतायेक प्रामाणीक आसलों, तरी आपणाक इतलो दुर्गुणी मानतां की म्हजे आवयनूय म्हाका जल्माकूच घालूंक नासलो, तर खूब बरें जातलें आसलें, अशें दिसता केन्नाकेन्नाय हांव इतलो घमेंडी, खुनशी, आपमस्तकी, निजाचो इतलो पातकी की म्हजीं पातकां सांगपाक जावचीं नात, विचारपाक जावचीं नात, करपाक जावचीं नात! अशा मदले मदीं वळवळपी किड्या कडल्यान जातलेंच कितें? आमी सगलेच एकजात हलकट! तूं कोणाचेरूच विश्वास ना दवरप बरें! देखून सांगतां, एकाद्रया मठाची वाट धर! (एकदम) आनी तुजो बापूय खंय आसा?

मालिनी : (भियेत) घराच आसा.

हेमंत : तशें जाल्यार त्या घराचीं सगलीं दारां-कवडां बंद करून उडय भायल्यान. म्हणटकच ताचीं माकडपणां चार वरां भितरूच तितलीं चलतलीं! चल, चल!

मालिनी : आरे देवा!

हेमंत : तूं जर लग्न करपाचेंच आसत, तर हो तूं कितलेंय नितळ रावलें, तुजें चारित्र्य धुल्ल्या तांदळा सारकें धवेंच आसलें, तरी तुज्या कपला वयलें लोकापवाद टळपाचे नात. देखून सांगता. त्या परस एकाद्रया मठांतूच वच. ताची वाट धर. आनी तरीय तुका लग्ना बगर रावपाक जायना, तर एकाद्रया नंदी बैला बरोबर लग्न कर. तुमी अस्तुऱ्यो दादल्यांचे राकेस

कशे करून उडयतात, हें बुद्दीमान दादल्याक बेस बरें उमजता. मठांत वच- मठांत, आतांच्या आतां चल-

मालिनी : परमेश्वरा, हे भिरांकूळ मनस्थितींतल्यान बेगीन मुक्त कर रे हांकां.

हेमंत : हें पळय रुपडीं पितारपाचें तुमच्या बायलांची कुशळंटाय म्हाका खबर आसा! देव तुमकां रूप दिता एक, पूण तुमी घेतात भलतेंच. तुमी नाचरेंपणां करतात, मोडेतात, लागोळ्यांनी उलयतात, मोगाळ नांवां दवरतात, आनी हें सगलें करून-सवरून तुमी त्या गांवचीच न्ही, अशें भासयतात! चल वच म्हाका आनी उलोवपाक लावं नाका. तकली घुंवल्या आतां म्हजी! पुरो! आयच्यान सगलीं लग्नां बंद! जे लग्न जाल्यात तेच संवसार करतले- तातुंतल्या एक अपवाद सोडून पूण बाकीच्यांक हाचे फुडें आंकवारीच रावपाक जाय! चल, चल एकाद्र्या मठाची वाट सोद शुभस्ते पंयानः !

मालिनी : देवा, परमेश्वरा! इतल्या व्हड मनशाची कितें ही दुर्दशा! ती विद्वानाची, शुराची नदर, वाणी, पराक्रम, पुराय राज्याची आशा सुवात, मनांतलें फूल, सौष्ठवाचो सभ्यतायेचो आदर्श, खंय गेलें तें सगलें नाच जावन!आनी हांव? तांच्या म्होवाळ वचनांचें पोट भरून पिवपी हांव भाग्यवान! कसले भोगताळ आयले हे म्हज्या कपलांत! सुस्वर वाद्यांच्या भंगिल्ल्या अंतरंगाचे हे बेसूर तरंग! जिणें उपभोगलें तें सगलें वैभव सगलें, तिणेंच भोगलें हे धुविल्लें वारें!

(हुंदके दिता.) (राजा आनी कारभारी वतात)

राजा : छे- छे! मोगा कडेन मात्तूय ओड ना ताची? ताचें उलोवणें- तें लेगीत वांकडें आसलें तरीय पिशेंपणाचें नक्कीच नासलें! कसलें तरी दुखणें तोंपता ताका- ताच्या मनाक पोखरता- दुखणें तोंपता ताका- पूण तें अशें भितरले भितर धुंगरेंत-धुंगरेंत एकाद्र्या दिसा ताचो स्फोट जालो, तर परिणाम खुबूच भयंकर जातलो? हांवें जाल्यार आतांच थारायलां मीर्ग जुंव्या वयली खंडणी वाशील करपाच्या निमतान ताका रोखडोच भायर धाडपाचो. ताका लागून थोडें परिवर्तन जातलें. भायल्या सैमाचें, नव्या वातावरणाचो ताच्या मनाचेर बरो परिणाम जातलो आनी ताका लागून ताची तकलीय जाग्यार येतली. तुका कितें दिसता?

कारभारी : हय तर! बरो परिणाम नक्कीच जातलो. तरी लेगीत म्हाका आजुनूय दिसता आं, ताची ही मनाची आवतिकाय प्रेमभंगाक लागुनूच जाल्या

आसतली. कितें मालिनी? तो कितें कितें उलयलो तें सांगपाक नाका. आमी सगलें थंयसून आयकलां. अधिराज! तुमकां योग्य दिसता तें करचेच तुमी, तरी लेगीत ताचे आदीं, म्हाका दिसता, आयचो जागोर सोंपतकच राणी सायबांनी आपूण जावन ताचे ह्या आवतिकायेचें कारण सामकें लागशिल्ल्यान ताका विचारचें आनी त्या वेळार परत एकदां हांवें ताचें सांगणें लिपून आयकुचें. राणीसायबाक जर तांच्या मनाचो थाव लागलो ना, तर मात तुमी म्हणटात ते प्रमाणे मीर्ग जुंव्यार धाडपाचो- वा हांव म्हणटां, तुमकां योग्य दिसता तशें ठिकाण थारावन थंय ताका भितर घालपाचो.

राजा : बरें आसा- तशेंच करचें. प्रतिश्ठांचीं उणाकपणां नदरेआड करून चलपाचें ना!

(दोगूय वतात)

(**थळ** : किल्ल्यांतलो एक दिवाणखानो)

(चंद्रसेन, हरींद्र, गणी, झिलगो, जागराच्या खेळाची मांडामांड करतात. कारभारी प्रवेश करता)

हेमंत : कितें म्हणटात कारभाऱ्या! राजा सायब येवपाचे आसात मूं जागोर पळोवपाक?

कारभारी : राणीसायब लेगीत येवपाच्यो आसात. येवपाचीं जालीं.

हेमंत : तशें जाल्यार जागोरकारांक सांगात- बेगीन तयार जायात म्हूण.

कारभारी : हो पळय चललो!

(कारभारी वता)

हरींद्र : कितें राजकुंवरा! हांवें कितें करपाचें सांगात.

हेमंत : सोपूत घेवन सांगतां, तुज्या सारको दुसरो प्रामाणीक जिवाभावाचो जिवितांत म्हज्या वांट्याक आयलो ना.

हरींद्र : हेंच सांगीत रावतलो आतां?

हेमंत : हें पळय, आतां हांगा एक जागराचो खेळ जावपाचो आसा. तातूंतलो एक प्रसंग आनी बाबांच्या मरणाचो प्रकार हातूंत बरेंच सारकेंपण आसा. तो प्रसंग चालू आसतना तूं काकाल्या तोंडा वयली शिरान शीर सामकी बारकायेन नियाळ. त्या वेळा वयल्या गायनाक लागून काकाचो तोंडावळो जर धपक्याक देंवलो ना तर तो समंधबिमंध सगलें फट- फकत आमचे कल्पनेचो खेळ म्हणचे पडटलें. तूंय बी सारकें लक्ष दवर- हांवूंय दोळ्यांत

तेल घालून पळयतां. जागोर सोंपतकच मागीर तपासून पळोवया आमचीं मतां.

हरींद्र : आयलें मतींत. ताका जर तांच्या तोंडा वयले भाव म्हज्या पसून चोरून दवरपाक जाले जाल्यार म्हाकाच चोर म्हणात- जालें?

हेमंत : गडे येवपाक लागले पळयता. हांव बसतां कसोय जावं. तूं मात बरी सुवात पळय.

(भालेकार, चापकार, राजा, राणी, कारभारी, गणी, झिलगो आनी हेर दरबारी प्रवेश करतात)

राजा : कितें हेमंतकुमारा, कशें चललां तुजें?

हेमंत : विचारपाक नाका- वारेंउदक भोव मानवलां पळयात न्ही! राजयोगाची उमेद तर आंगांत भरून उरल्या. बिंयांक दवरलेलो बोकडो लेगीत इतलो फुगचो ना!

राज : ही म्हज्या प्रस्नाची जाप जाली ना.

हेमंत : हय! ती जाणूय म्हजी उरूंक ना. कितें कारभाऱ्या शाळेंत शिकतना तुमीय बी नाटकांत काम केल्लें खंय.

कारभारी : हय केल्लें तर! म्हजें कामूय बरें जाल्लें खंय तेन्ना. (मोट्यान) जागराक उशीर कित्याक रे आतां?

झिलगो : तुमच्या शब्दाची वाट पळयतात ते, राजकुंवरा.

राणी : हेमंतकुमार, असो म्हज्या म्हऱ्यांत बस तूं. यो.

हेमंत : छे, छे, माँ! हांगा हें सोबीतकायेची रुपवती सुंदरी आसतना-

कारभारी : (राजाच्या कानांत हळूच) आयकलें मूं?

हेमंत : तुमचे मांडयेचो पालव दिवशात?

मालिनी : आवय-आवय! पुरो मॉ!

हेमंत : फकत तकली तेकोवपा पुरतो!

मालिनी : मागीर अशें सारकें सांगप ना?

(तिच्या पांयां कडेन बसून तिचे मांडयेर तकली दवरता)

आज स्वारी खुबूच खोशी दिसता!

हेमंत : कोण, हांव?

मालिनी : हय तर!

हेमंत : हांव कसले खोशयेंत! तुमच्या नाचा बरोबर ताल धरपी हांव- ताळयो मारुंकूंच जाय हांवें! खऱ्यो खोशी आसात आमच्यो मॉ सायब! तरी बाबा

सोंपिल्ल्याक दोन दीस लेगीत जावंक ना....

मालिनी : हें कितें नाका आशिल्ले उलोवप? ताका गेल्ल्याक बे दुणे चार म्हयने जाले- विसरलो दिसता?

हेमंत : आवयस! इतलो काळ उलांडलो! तशें जाल्यार सुतक्या भशेन रावपाचें कांयच कारण ना!

(जागरकार येतात. वाजोवप सुरू)

मालिनी : राजकुंवरा, ह्या जागराचें नांव कितें?

हेमंत : तो पळय जागोरकार आयलो. आतां तोच सांगतलो सगलें- त्या पोराच्या पोटांत कांयच उरपाचें ना.

मालिनी : आसूं, आज आमचे कडेन उलोवपांत कांय अर्थ ना! हांव पळयता जागोर बरो करून!

जागोरकार : पयलें नमन माजें मांडाच्या गुरूक
पयलें नमन माजें मांडाच्या गुरूक
दुसरें नमन माजें सर्वय देवांक
दुसरें नमन माजें सर्वय देवांक
तिसरें नमन माजें म्हाराजाक
तिसरें नमन माजें म्हाराजाक
चवथें नमन माजें म्हाराणयेक
चवथें नमन माजें म्हाराणयेक
पांचवें नमन माजें नगरीच्या सबेक
पांचवें नमन माजें नगरीच्या सबेक
राष्ट्राच्या आज्ञेक मान दिवन
काय तुमी करता हो, कांय तुमी करता हो
रायाच्या आज्ञेक मान दिवन
जागोर असे खेळता हो
जागोर असे खेळता हो।

(जागरांतलो राया आनी राणी येतात)

राया : देव-बिरामण- साक्ष ठेवोनी लगीन आमचें
जाले हो, लगीन आमचें जालें!
लगीन जाऊनी तीस वर्सां जाली हो, तीस वर्सा जालीं
ह्या काळांत मोग आमचो वाडीलो हो

मोग आमचो वाडीलो

राणी : फुडील्या तीस वर्सां मोग आमचो वाडूं हो
मोग आमचो वाडूं हो! हे राया।।
म्हाराया, भलायकी तुमी देखोनी
मनी येता दुबाव हो, मनी येता दुबाव...

राया : राणये, माज्यो, ह्या कुडीचो खंयच्या खिणां तियाग करचो लागे गे,
तियाग करचो लागे गे खरे पणी सांगो, सये सांगूंक आतां जावचे ना गो
सांगोत आतां जावचें ना...
आतां आसा, फाल्यां ना अशे सये जालां गो
अशें सये जाला गो...
माज्या उपरांत खोशेन तुवें, रावचे सगे सये
खोशयेन तुवें रावचें गो...
मरून हांव गेलो तरी दुसरें लगीन तुवें जावचे गो... लगीन तुवें जावचें
गो...

राणी : म्हाराया, सख्यागण्याक काय तुमी बोलीत हो?काय तुमी बोलीता?
दोट्टी इचार माजे मनी कैसी राय लो कैसी कैसो राया येई हो?
पयल्या- घोवाच्या घातकी नारीक परत लेगीत बरें वाटे हो, परत लेगीत
बरें वाटे दो।
जिला असे आयाव परस धनाची ती आस हो,
तिच दुसरो पती करो हो, दुसरो पती कसे हो!
दुसऱ्यार दादल्याचे शेज मनोवनी,
हांवूं, दुपेट घात कसो करूं दी
दुपेट घात करूं हो

राया : तुज्या उलोवपांत आनी विचारांत सत, हांव मानता गो, सत हांव मानता
गो,
सयमा नेम आसा आमचे कायदे आमी मोडी हो, कायदे आमी मोडी
फळ टणक असे मेरेन, रूखाक चिकटूनी बसे हो,
रुखाक चिकटुनी बसे हो
मोव जाले तशे ते गळूं नी खाली पड हो, गळूं नी ते पडे...
देवगतीच्या बदलुपी परिस्थिती आमच्या
मोगाचे विशय लेगीत गेले बदलत, तर, सये,

तितूंत अजाबाचें कांयच ना.
प्राप्त काळाची बुद्द आमच्या सुवादीन,
फुडाराची सिद्धी भवितव्या सुवादीन- हेंच सत!
हांव लगीन करचेंच ना, असो निश्चेव तूं आयज खुशाल करशी, पूण, आमच्या पतीचें फाल्यां मरण जातकच आये अवसान दुर्बळ जातले हेंय मतींत थेंय!

राणी : नाका, नाका, हें पातक माज्या हातीन घडचे न्हू राया हें पातक घडचे न्हू....
घडिल्ले तैसे तरू माझ्या अंगी कीडे पोडो हो,
कल्पीता मेरेन
माजो नरकवास ना सोंपूं हो नरकवास ना सोंपूं हो...

राया : सये, तुजी ही प्रतिज्ञा भीष्म प्रतिज्ञेकूय फाटीं घालपी!
माका आतां खूब थकिल्ल्या वरी दिसता.
दीसभरच्या श्रमपरिहारा खातीर म्हाका विसव घेवपाची गरज आसा. हांव आतां न्हिदतां. तूं वच.

राणी : म्हाराजा, तुवें विसव, ताटाचेर आमचो देवा केन्नाच..,
(जागरांतलो राजा आड पडटा. राणी वता)

हेमंत : कितें माँ, ही काणी मानवता मूं?

राणी : हांव म्हणटां, तिणें इतलें नाटक करपाची गरज नासली?

हेमंत : पूण ती आपणालें वचन पाळटली!

राजा : हेमंतकुमारा, हे संवाद तुवें आदीं केन्ना आयकल्ले?
हातूंत कपटाचो मात लेगीत अंश ना?

हेमंत : छे- छे! खेळ तो. खेळांतलो विशप्रयोग- तातूंत कपट बी खंयचें?

राज : हे काणयेचें नांव कितें?

हेमंत : उंदराचो लातेर! थोडें अलंकारीक आसा हें नांव.
माकडराज्यांत जाल्ल्या एका खुनाचे मोटे कळाशेन रचिल्ली ही काणी. पूण आमकां कितें करपाचें आसा ह्या खुना कडेन? जाचें अंतरंग नितळ ताका कसली मळमळ?
(काणयेंतलो- जागरांतलो किरीटलेन प्रवेश करता)

हेमंत : काणयेंतल्या रायाचो हो बापोलभाव

काका : हे कृष्णकृत्य कराया संदी बरी गावली गणती

बरी संद गावली...
विखाच्या एकाच थेंबानु हेचें प्राण सोपों गा.
हेचे प्राण (आतां सोपो) गा! हेचें प्राण
(जागरांतल्या रायाच्या कानांत वीख घालता)
(राजा उठून उबो रावता, ताका पळोवन) (किरीट आनी जागरांतली राणी नाचतात)

मालिनी : उठात, उठात- म्हाराज वचपा खातीर उठले.

हेमंत : म्हळ्यार, खेळांतल्या विशप्रयोगाक भियेले?

राणी : म्हाराज, बरें दिसना व्हय तुमकां?

राजा : आरे, बंद करात हो जागोर-
शिपायांनो, फुडें सरात.
(हरींद्र आनी हेमंत सोडून बाकीचे बेगिबेगीन वतात)

हेमंत : (हर्षवायू जाल्ले वरी) हरींद्रा- दी टाळी! लागू पडली गुळी! आरे एकट्याची होळी- दुसऱ्याची दिवाळी! वारे वा जागोर खेळ्यांनो! आरे, त्या समंधाची वाणी सामकी आकाशवाणी! (ताका वेंगायता) गावया रे आतां गाणीं! पळयलो मरे तो राजा आनी ताची राणी?

हरींद्र : आगा, पूण आतां शांत जा! हांवूंय पळयतालो- दर एके गजाली कडेन लक्ष आसलें म्हजें! चल तूं...
(हरींद्र वता)

प्रवेश दुसरो

(कारभारी प्रवेश करता)

कारभारी : राजकुंवरा, राणी सायबान आपयलां तुमकां.

हेमंत : हांगा येयात.

कारभारी : राजकुंवरा, म्हाका दोन उतरां उलोवपाक दिवशात?

हेमंत : फकत दोनूच!

कारभारी : राजकुंवरा म्हाराज-

हेमंत : कितें जालें ताका?

कारभारी : सामकें बेजारल्यात ते.

हेमंत : चड जाल्या दिसता! हांगा येयात. तें कूप पळयलां? तें पळय उंटा भशेन

दिसता तें- सारको खरोच उंट.

कारभारी : हय- हय. सारको खरोच दिसता. सामको तस्सो उंट!

हेमंत : न्ही, न्ही, उंटा भशेन न्ही, हतया सारको दिसता तें.
ती मान न्ही, सोंड ती हतयाची!

कारभारी : खरेंच, हतीच कसो दिसता!

हेमंत : छे, छे, तो हतीय न्ही आनी उंटूय न्ही- गाढवा सारको दिसता! हा- हा- हा! आदीं आसली मान, पूण तिचे जालें आतां दोन लांब कान!

कारभारी : हय बाबा- आतां तर म्हजी मती थंडावती!

हेमंत : म्हळ्यार गाढवूच! चल, माँक सांगात, सवकासायेन येन. सांगात चलात-

कारभारी : अशेंच सांगूं?

हेमंत : तशेंच सांगात. सवकाश सांगात- चलात वचात.
सतांव नाकात आतां म्हाका कोणूय.
(हरींद्र आनी ताचो हात ओडून कारभारी वतात)

हेमंत : (स्वगत) ही गुडूप काळखी- चेटकी मध्यान रात!
उजवाडलां आसतलें आतां भुतांखेतांक,
गजबल्यो आसतल्यो आतां मसंड्यो-
उरफाट्या पावलांचीं कारस्थानां चालूं आसतलीं ताचीं!
सर्वसाक्षी सूर्यनारायणाक लेगीत येतलो थरथरो
अशे उरफाट्या काळजाचे सगले रक्तखेवाचे चंदे
करपा खातीर जाय तशे होच तो काळोख!
हांवूंय भेटतलो माँसायबांक ह्याच वेळार...
चल काळजा!
सोडूं नाका तुजें अढळ आसन,
निढविलेलो दुःशासन जावं नाका- निर्दय जालो तरी.
भेदक उतरांचे भाले तोप तिचेर जाय तितले,
पूण हात उबारूं नाका.
जरी उतरांत संचारलां अवतार खुनाचो,
तरी तरसाद- ती मात माखोवं नाका.
चल - चल-
(वता)
(**थळ :** राजाचो खाजगी दिवाणखानो)

(बेजारलेले अवस्थेंत पासयो मारता)

राजा : (स्वगत) म्हजें पातक कितलें घाणयारें! ताची घाण सर्गा मेरेन पावल्या आसतली! पुराय त्रिभुवनांत निंद्य मानलेलो, सख्ख्या भावाचो हांवें खून केलो!

(गणी आनी झिलगो प्रवेश करतात)

गणी : कसली आज्ञा आसा म्हाराज?

राजा : (आवेशान) म्हाका तो आतां दोळ्यां सामकार नाका जाला. ताचीं तीं नाडेपेन्नां हाचे फुडें खीणभर लेगीत हांगा चलूंक दिवप घातकाचें जातलें. तुमी मीर्ग जुंव्यार वचपाची तयारी करात. तुमचे कडेन दिवपाचीं कागदां हांव तयार दवरतां. घेवन वचात ताका. नाच्च करात. म्हज्या दोळ्यां सामकारचो. चलात, तयारी करात.

झिलगो : बरें म्हाराज.

(झिलगो आनी गणी वतात)

राजा : (स्वगत) देवाक पांयां पडपाची लेगीत सुवात उरूंक ना म्हाका!
रगतान बरबरटिल्ले हे हात
जोडूं तरी खंयच्या तरेन- देवा सामकार?
दुसरे वटेन- हेमंतकुमाराचो ब्रह्मसमंध
बसला म्हज्या मानगुटार
एक कडेन केल्लें पाप- थंयसर हाचो ताप...
कितें करूं- कसो सुटूं हातांतल्यान?
(कारभारी घाईन प्रवेश करता)
घे बाग - घे बाग!
(धोंपरा तेंकयता आनी दोळे धांपून हात जोडटा आनी मान वयर करता.)
(हेमंतकुमार प्रवेश करता)

हेमंत : (स्वगत) अस्सो! जुस्त मेळ्ळो!
आत्तांच करता हाका मेकळो!
पूण हो तर देवाक प्रार्थिता.
अशा स्थितींत हाका आयलें मरण तर हो वतलो सर्गांत!
छे, छे! हो कसलो प्रकार सुडाचो?
ज्या घातमाऱ्यान बाबांचो प्राण
ताकाच हांव- बाबांचो पूत, एकसुरो एक- धाडटलो सर्गार!

सर्गार!
बाबा बावडो गेलो आसतलो न्हिदेंत- कसले अवस्थेंत!
घेनासतना प्रायश्चीत पातकांचें,
ना देवाचें नांव, ना गंगे उदक मुखांत,
पडलो बावडो भुतांच्या राज्यांत!
आरेरे!
-आनी हो ताचो निर्दय मारेकार-
हो मात्त बसला देवाच्या दारांत धुयत खुनाचें रगत
करता पातकांची शुद्धी
आनी सारके ह्याच वेळार
म्हजो हातभार लावन हांव करतलो हाका मुक्त!
आवयस्! केदी दुर्बुद्दी जातली म्हाका!
चल तरसादी- फार्टी सर!
हो न्ही म्हूर्त सुडाचो!
हो हलकट राया जेन्ना रंगतलो वायट कर्मांत
-सोरो - जुगार - दुराचारांत -
अशा कर्दमांत जंय नासतलो मातूय पुण्याचो वास,
तेन्नाच करपाचो हाचो अंत -
इतलो दारूण, जसो उरफाटो पडटना हाची खोंट लागून
सर्गाक अचूक पडटलो हो नरकांत!
म्हजी आवय आसा जिती
तो मेरेन भिरांत नाका-
हाच्या पातकांचो जावचोच ना अंत!
चल! फार्टी सर!
(फार्टी पळयत पळयत हेमंतकुमार वता)

राजा : (उठून उबो स्वगत) शीव, शीव!
म्हजीं उतरां तितलींच वतात वयर,
पूण चित्त चिकटता विशयाचेर
भाव नाशिल्लीं उतरां कशीं उगडटलीं सर्गदार!
(राजा वता)
(स्थळ : राणयेचें शयनघर)

(राणी चिंतेस्त पडल्या. कारभारी येता)

कारभारी : राणीसायब! राजकुंवर हांगाच येतात. तांचे कडेन सामकें स्पश्ट उलोवचें तुमी. तांचे चाळे मर्यादा हुपपी जाल्यात आनी फकत तुमचेच मध्यस्थीक लागून आतां मेरेन तांचें वागप सोंसलां, अशेंच सांगचें ताका. हांव हांगाच पडद्या फाटल्यान रावतां. ताचें मन निटायेचेर हाडचें तुमी.

(भितरल्यान हेमंतकुमार माँ- माँ - माँ! अशे उले आयकूंक येतात.)

राणी : कांयच हुसको करूं नाकात तुमी! चलात बेगीन!

(कारभारी वता. हेमंतकुमार प्रवेश करता)

हेमंत : कितें माँ- कसलें काम आसलें म्हजे कडेन?

राणी : राजकुंवरा, तू तुज्या बापायचो व्हडलो अपराध केला!

हेमंत : माँ, म्हज्या बाबाचो तुवें व्हड अपराध केला!

राणी : आयक, अशें उलोवं नाका.

हेमंत : तूं सारकें आयक- तूं अशें उलोवं नाका.

राणी : म्हळ्यार कितें?

हेमंत : खंय कितें?

राणी : राजकुंवरा, तूं तुजे आवयची वळख विसरलो?

हेमंत : देवा सोपूत घेवन सांगतां मात्तूय विसरूंक ना! तूं राणीसायब तुमच्या घोवाच्या भावाची बायल आनी दुर्दैवान म्हज्यो मातोश्री आसात.

राणी : तूं अशेंच उलयत रावलो, जाल्यार तुजी कान उघडणी करपाक शकतली अशेच व्यक्तीक धाडटां. राव!

हेमंत : पयलीं तूं थांब हांगा- हालूं नाका जाग्या वयली- आनी तुजें पडबिंब तुका हारशांत दाखयतां तें नीट पळय!

राणी : म्हळ्यार तूं करतलो तरी कितें म्हजें? खून? आरे, धांवा! धांवा!

कारभारी : (भितरल्यान) आरे धांवात! धांवात!

हेमंत : (तरसाद काडून पड्ड्यां कडेन वतना) कोण कुजबूजता थंय? - घूस!

(पड्ड्यांत तरसाद धोंगशिता)

कारभारी : (भितरल्यान) मेलो! मेलो!

हेमंत : मर! देड दमडे खातीर काडली चामडी तुजी!

राणी : आरे, कितें केलें तुवें हें?

हेमंत : कितें केलें कोण जाणा! राजा आसलो दिसता?

राणी : केदें भिरांकूळ कर्म केलें तुवें हें- खून!

हेमंत : खरेंच भिरांकूळ कृत्य- राजाक मारून ताच्या भावा कडेन लग्न करपा इतलेंच भिरांकूळ कृत्य!

राणी : राजाक मारून?

हेमंत : हय माँ सायब, - हींच आसलीं म्हजीं उतरां! (पड्ड्या कडेन वचून उगडून भितर पळयता) भिकाड्ड्या! अविचारी लुडबुड्या! मुर्खा - हो घे निमणो स्वास! म्हाका दिशिल्लें तूं कोणूय म्हान आसा- चोर तर तूं! घेवन वच तुजें संचीत तुज्या वांगडा! (राणयेक) तूं कित्याक हात पोशेता? वोग्गी बस! आतां तुज्या काळजाक हात घालपाचो आसा हांव-

राणी : पूण अशें मळब-पाताळ एक करपा सारकें केलां तरी हांवें कितें?

हेमंत : कितें केलां? तुवें जें केलां ताका लागून पुराय कुलअस्तुरे चारित्र्याक लाशें पडटा. तांचे सगले सद्‌गुण फटकिरे थारल्यात. निश्पाप मोगाचो आयांव तिबो ना जावन थंय भाजिल्ल्याचो फोड आयला! माँ, तुजें कर्म इतलें घाणयारे, ताका लागून लग्न काळाचे सोपूत म्हळ्यार जुगड्यांचीं फटींगपणां, धर्म म्हळ्यार वायट कर्म थारून सर्गांत तिडक पेटल्या आसतली- हे धरत मायेक प्रलयकाळाच्यो वेदना सुरू जाल्या आसतल्यो?

राणी : आरे पूण पुता, इतलो तापार जावपाक जालां तरी कितें?

हेमंत : कितें जालां? कितें जालां? (राणयेच्या गळ्यांतलें राजाचें चित्र आशिल्लो ताईत खेचून काडटा) हें चित्र पळय आनी हें चित्र पळय! दोन भावांच्यो ह्यो दोन प्रतिमा! भुंवया वयलें हाचें हें भारदस्त कपल, सोबीत काळे केंस, भरदार छाती, अप्रूप अशें आसन, कोणाकूय बाग घेवपाक लावपी हाची नदर- आपणाली सगली कळाशी खर्चून विधात्यान निर्माण केल्लो हो देखदिणो पुतळो! हो तुका घोव म्हूण लाबिल्लो! एक आदर्श राजा आनी हो? हो तुजो आतांचो घोव- कुशिल्ल्या कणा सारकें हाचें रूप! देवा सारक्या आपणाल्या भावाच्या जिवार हो उठलो! आगे, तुका दोळे तरी आसात काय ना? ह्या मदना कडेन संवसार केले उपरांत ह्या माकडाक तूं भुलली- आनी तीय बी हे पिरायेचेर ह्या दोगांय मदीं कितें साम्य पळयलें तुवें? तुज्यो संवेदनां साबूत तर नक्कीच आसात- हरशीं तुजे सगले वेपारूच तुट्टले आसले. मागीर तुज्या मेंदवाक मोडण्याचो झटको आयिल्लो म्हणून तुजें तारतम्य नश्ट जालें? आगे, मनशाक लेगीत

थोडी तरी आवड-निवड, हर्ष-खेद आसतात? खंयच्या सैतानान तुका कुड्डी केली? तुज्या गिन्यान इंद्रियांचो, तुजे बुद्दीचो असो कसो गेऱ्या जालो? तुजी लजबीज खंय ना जाली? (बेजबाबदार ब्रह्मदेवा, जरड जाल्ली तुजी प्रजा लेगीत जंय इतलो खेव घालूंक शकता- विवेकूच जंय वासनां पेटोवंक शकता- थंय विवेकशुन्याचे विकारशतेक दुशण तरी कशें दिवचें?)

राणी : आरे पुरो- पुरो कर! म्हजे दोळे उगते जाले आतां! म्हजी म्हाका पुराय वळख जाली! पूण म्हजो हो कलंक केन्नाच धुवन वचचो ना!

हेमंत : पूण तो धुवन वचचो ना, म्हूण रेब्यांतूच रमप, थंयच लोळप, थंयच दुकरा वरी मिटक्यो मारीत....

राणी : नाका रे! नाका उलोवंक आतां आनी- आयकुपाक जायना म्हज्यान हें! हें तापयल्लें तेल कानांत ओतूं नाका! थांबय हें!

हेमंत : खुनी! दुश्ट! हलकट! नालायक!

राणी : आरे, पुरो - पुरो- पुरो...

हेमंत : नीच- राजा!

(ताका भितर समंध दिसता)

हे मळबांतल्या देवतांनो, तुमचो म्हाका आदार दियात. तुमी म्हाका कित्याक दर्शन दिलें?

राणी : आवय गे, हाका भ्रम जालो आतां.

हेमंत : तुमच्या सांगण्याचो म्हाका विसर पडलो, म्हूण जागोवपाक बी येवंक नात मूं?

समंध : (भितरल्यान) तुज्या कर्तव्याचें तुका लागीं-लागीं विस्मरणूच जालां. तुजी याद जागी करपा खातिरूच हांव आयलां. पूण थंय पळय- तुजे आवयच्या जिवाचे हाल जाल्यात. तिका धीर दी! हेमंतकुमारा, तिचे कडेन उलय...

हेमंत : कितें जाता तुका माँ?

राणी : तुका कितें जाता पुता? असो शुन्यांत कितें पळयता? वाऱ्याच कडेन कितें उलयत रावला? आंगाचेर काटो पळय कितलो आयला तुज्या! पयलीं शांत जा पळोवया. कितें दिसता तुका?

हेमंत : ते -ते पळय! तांचे भितर गेल्ले दोळे कशे पळयतात पळय, पाशाणाकूय झरे फुटत अशी ताची नदर पळय.

म्हजे कडेन अशें पळोवं नाकात. ... म्हजो निश्चेव हालपाक लागतलो, रगत खवदळपा वाट्या दुकां उसळटलीं!

राणी : आरे, कोणा कडेन उलयता तूं?

हेमंत : तुका कांयच दिसना थंय?

राणी : खंय कितें दिसता? आमी दोगांच जाणां तर आसात हांगा.

हेमंत : आगे, तो पळय न्ही- तो चललो बाबा- जितेपणांत दिसतालो तसो. तांगेलो- अदृश्य जाले.

राणी : पुता, हीं सगली तुजे कल्पनेची बाधा रे! भ्रमांत दिसलें तुका कितें तरी.

हेमंत : भ्रम? म्हजी नाडी पळय. सामकी तुजे नाडये सारकी तालार चलता काय ना पळय. हांव भ्रमांत उलयनासलो. जाय जाल्यार तींच उतरां तशीच्या तशी परत उलोवन दाखयतां. माँ, हांव भ्रमांत उलयतालों, अशें समजून तूं तुजीं पातकां धांपूं नाका! तुज्या पातकांचो पाडो एकदां तरी परमेश्वरा कडेन वाच- पश्चाताप जावं दी तुका. फुडलें पावल सारकें घाल. रोगाचेर कुपथ्य करून तो वाडोवंक दिवं नाका. माँ, भोगशीय म्हाका, हांवूंच तुका उपदेश करपाक लागलो. पूण करतलो कितें? दिसूच अशे आयल्यात, वायट मनशाचें बरें करपा खातीर भल्या मनशानूच ताचे पांय धरचे पडटात.

राणी : हेमंत कुंवरा, तुवें म्हजें काळीज फोडून उडयलें रे.

हेमंत : मागीर तातुंतलो वायट अंश शेंवटून मार आनी बऱ्याचो सांबाळून शुद्धीकरण कर! येतां हांव, काकाचो संबंध सोड. मुळांत नासलो तरी सद्‌गुण पांगरीय. आयचे राती मन थाऱ्यार दवर. अशें करशीत जाल्यार आयचे परस फाल्यां, फाल्यां परस परवां तुजो विवेक बळिश्ट जावन ताका स्थिरताय येतली. माँ, अभ्यासान मनीस जितेंद्रियूच खंय पूण जिवनमुक्तूय जावंक शकता. येतां हांव- वायटकर्माचो तुका पश्चाताप जातलो तेन्ना पुत्रधर्माक पाळो दिवन तुज्या पांयांचेर माथें दवरीन हांव! ह्या कारभाऱ्याचोय म्हाका आतां पश्चाताप जाता. पूण एकामेकांक ख्यास्त दिवप हेंच आमच्या नशिबांत आसलें! ईश्वराची येवजणूच अशी दिसता- हाका गिरासपी दुखणेंय हांव- तें निस्तारपीय हांवूंच! अशुभाचो उपक्रम म्हणलो (हातांतल्या काकाच्या चित्रा कडेन पळोवन) म्हणटकच उपसंहार आयलोच. फाटोफाट! (ताईत शेंवटिता. राणी तो ताईत उखलता. तेन्ना पर रागान) माँ, आनीक एक सांगूं?

राणी : कितें पुता?

हेमंत : आतांचो म्हजो उपदेश- तातुंतलें एक कुस्कुट्टूय आयकूं नाका तूं. तो हलकट राजा तुका मेळटलो आतां. मागीर पडटलो तुज्या गळ्यांत- तुका खातकुतल्यो करतलो, तुजे पोले सांसपितलो, तुका कितें कितें घडलें तें विचारतलो, म्हजें पिशें फटीचें म्हणटलो- मागीर तूं लेगीत तुज्या राणीपदाक, चातुऱ्याक, सत्यनिश्ठेक सोब सारकी अशीच वाग. ताचे परस सामकें ना सांगपा सारकें आसलें तरी- सामकें मना विरुद्ध काय जायना तुजें मनांतलें ताका उकतेपणान सगलें सांगून उडय.

राणी : ना रे- तूं जें जें उलयलां तें सांगपाक जीव तरी कसो जातलो म्हजो?

हेमंत : म्हजी मीर्ग जुंव्यार हकालपट्टी जावपाची आसा, खबर आसा न्ही तुका?

राणी : आगे बाये, तें सांगपाचें उरलेंच तुका!

हेमंत : सगलीं कागदपत्रां तयार आसात. ते म्हजे दोन साथीदार- ते सोरोप- ते म्हजें मार्गदर्शन करपाचे आसात- हय मगे? बरें आसा, पळोवन घेन! म्हज्या खातीर फोंड खणून पुरपाचे आसात न्हय म्हाका तुमी? त्याच फोंडांत तुमकां बरो खोल पुरून असो सुरींग लायन- म्हजे कडेन खेळूं नाकात! चल कारभाऱ्याक- आतां कसो थंड, गहन, गंभीर जाला पळय. ताका जितो आसतना? कितलो फाजील बालीश बडबड चल- निमणो स्वास आपणें जावन घेतलो म्हज्या हातांतल्यान! बरें येतां हांव माँ सायब! (हेमंत प्रेत ओडून व्हरता)

कारभारी : अधिराज, राजकुंवर राणीसायबा लागीं वचपाक भायर सरल्यात. तांचें दोगांचेंय उलोवणें आयकुपाक वचूं मूं हांव? कितेंय जालें तरी आवयपूत तीं- एकामेकां लागीं निश्ठुरतायेन वागपाक जावचें ना तांकां कदाचीत तेंच पळोवंक जाय- वचूं मूं हांव? रोखडोच येवन सांगतां हांव तुमकां सगली गजाल. येतां हांव.

राजा : खूब उपकार जातले म्हजेर.

(कारभारी वता)

(स्वगत) परमेश्वरा, तुका कृपासागर म्हणटात मरे? मागीर तुजे कृपेचो पातक्यांक कांयच कसो उपेग ना? पाप करपां आदीं ताका परावृत्त करप वा केल्ल्या पातकांतल्यान ताची सोडणूक करप हें तुजें कामूच न्ही रे? पूण हांव तुका तरी खंयच्या तोंडान प्रार्थू? रक्तखेव करून मेळयल्लो राजमुकूट, ऐश्वर्य आनी राणी- हांचे मदल्या कित्याचोच हांवें त्याग

करूंक ना मागीर म्हाका पश्चाताप जाला, हें तुका खरें तरी कशें दिसतलें? पातकांच्या धनाचो अर्दो वांटो घेवन पापांतल्यान सोडणूक करपाच्या हांगाच्या न्यायाधिशा सारको तूं न्ही. तुज्या न्यायालयांत पातकांचें माप पुराय रिकामें जाल्ले बगर पापक्षालन जायना. आरे! कितें ही म्हजी गत जाली! कापोड्याच्या जाळ्यांत सांपडिल्ले सुटके खातीर धडपडटना हांव चड चड घुस्पत चलला रे! करूं तरी कितें आतां हांव! आरे तटास देह! सकयल बाग घे तरी एकदां! अर्भका सारको अस्तय जा. मात तरी नरम जा आर्दी- मागीर देवा कडेन दया याचना.

(स्थळ : राजाचो खाजगी दिवाणखानो. राजा, गणी आनी झिलगो उलयत बसल्यात)

राजा : (राणीक येतना पळोवन, गणी आनी झिलग्याक) तुमी मातशे थंय वचात. (राणयेक) हां- कितें जालें? खुबूच भियेल्ल्या सारकीं दिसता तूं! कितें, जालें कितें?

राणी : भयंकर प्रकार घडला गे बाये!

राज : म्हळ्यार? म्हणटा तरी कितें?

राणी : दर्या आनी वादळ दोनूय एकदम खंकाळ जाली आनी पड्ड्याच्या भितर कसलो तरी आवाज जायना बरोबर घूस! घूस! करीत चवताळून पड्ड्यांत सुरो तोपून कारभाऱ्याचो जीव घेतलो.

राजा : आरे बाबा, कितली भिरांकूळ गजाल जाली ही! म्हळ्यार हांव थंय आसल्यार म्हजीय तीच गत जातली आसली! छे, छे, छे! ताचें हें वागप आतां म्हाका, तुका दर एकट्याक भोगचें पडटलें. आतां ह्या खुनाचें कितें करपाचें? लोक तर म्हाका दुशणां दितले. म्हणटले, ह्या असल्या बेफाम मनशाक आमी मेकळो रावप दिवपाचो नासता- भितर घालून दवरपाचो. आरे, आरे, माया पिशी आसता. म्हणटात न्ही, तेंच खरें दुखणें. चेपून दवरलें तर निमणें तें जिवाचेर शंकता म्हणटात, तशें जालें हें खंय, खंय आसा तो?

राणी : म्हाताऱ्याचें प्रेतच घेवन गेला! बेफाम जावन ताचो जीव घेतलो तो घेतलो वयल्यान मागीर रडपाक लागलो-

राजा : आतां चड जालें हें- फाल्यां दीस वयर सरचे आदीं ताका जुंव्यार धाडपाकूच जाय आनी हो खून अधिकार वापर करून कळाशेन कसोय तरी दामून उडोवंक जाय. आरे गणी! आरे- (दोगूय येतात)

हे पळयता, पिशाचे अवतिकायेंत हेमंतकुंवरान कारभारीचो खून केलो आनी ताचें प्रेत म्हालांतल्यान खंय तरी घेवन गेलो तो. चलात, मनशांची मजत घेयात आनी प्रेत हातांत घेवन कोणाक कळयनासतना घेवन वचात. मसडेंत- चलात बेगीन. (दोगूय वतात)

(राणयेक) तूंय बी चल आतां- पयलीं विसव घे. कितली भियेल्या, पुरो जालां तुका. चल चल त्या प्रेताचो पत्तो लागतकच येतां हांव (राणी वता)

(बोल्सांतल्यान पत्र काडून वाचना) ही जी म्हत्वाची कामगिरी आमी तुजेर सोंपयल्या तिची मात्तूय हयगय जावंक फावना. आमच्या सामर्थ्या कडेन आनी आमचे राजनिश्ठ मांडलीक म्हणून कर्तव्या कडेन नीट लक्ष दिवचें आनी हेमंतकुमाराक ह्या संवसारांतल्यान ना करपाचें तुमचेर सोंपयल्लें काम तुमी सारकें करचें. हें काम पुराय जाल्ल्याचें कळ मेरेन आमकां सुखाची न्हीद येवप शक्य ना, हें तुमच्या सारक्या शाण्या सुरत्या मनशांक सांगपाची गरज ना.- (पत्राची गुंडाळी करून पिशवेंत घालता आनी ताचेर मुदयेची म्होर लावन कडेक दवरता आनी पासयो मारता. (झिलगो प्रवेश करता) हां. कितें रें, कितें लागलो तपास?

झिलगो : म्हाराज, तें प्रेत खंय आसा तें सांगपाक कसोच तयार ना राजकुंवर.

राजा : आनी हेमंतकुमार खंय आसा?

झिलगो : भायरूच उबो आसा- गणी आसा ताच्या बरोबर. कितें काम आसा म्हाराज?

राजा : (थोडो विचार करून) हाडात ताका हांगा.

(झिलगो वता आनी खिणांत हेमंतकुमार आनी झिलगो-गणी येतात)

हेमंतकुमारा, कारभारी खंय आसा?

हेमंत : जेवणावळींत गुल्ल जाला.

राजा : जेवणावळ? कसली जेवणावळ?

हेमंत : म्हळ्यार तो खाणाचेर हात मारिना, ताचेर हात मारतात थंय, कारस्थानी किड्यांचें व्हडलें संमेलन भरलां, आनी सगले एकठांय जावन काऱ्याचेर तुटून पडल्यात. बरी मजा चलल्या. कशी मजा पळयात- भरपूर खावड घालून आमी पोसतात बोकडो, मागीर आमचे खावडी खातीर तोच बोकडो खातात आमी- आनी निमणें आमकां खातात कीडे! निमणें कितें राजा जावं रे, निमणें किड्यांचे जेवणावळींतलीं हीं दोन पक्वान्नां! हाः

हाः हाः हाः!

राजा : शी शी शी शी!

हेमंत : शी शी? आगा, पुराय आयकात, राजाक खाता किडो, मागीर किड्याक खाता नुस्तें, मागीर नुस्तें खातात आमी- म्हळ्यार आमी राजा खातात राजा! हीः हीः हीः हीः!

राजा : ह्या बडबडाचो अर्थ कितें?

हेमंत : अर्थ! समजूंक ना? हाचो अर्थ असो- राजा लेगीत एकाद्र्या भिकाऱ्या भशेनूच गिळटा- हो अर्थ आसा तातूंत, होच अर्थ!

राजा : कारभारी खंय आसा?

हेमंत : सर्गांत! सर्ग लोकांत वचून पळयात म्हूण सांगात. आनी थंय तुमच्या मनशांक जर तो मेळ्ळो ना तर मागीर तुमी आपूण जावन वचात दुसऱ्या लोकांत थंय बी तुमकां ते एका म्हयन्या भितर मेळ्ळे नात, तर मागीर ताचो वास घेत घेत परत माळयेर वचून पळयात- माळयेर पळयात- माळयेर!

राजा : (गणी-झिलग्याक) चलात रे- माळयेर वचून पळयात.

हेमंत : वाटूच पळयत बसला आसतलो तो तुमची ते मेरेन! (झिलगो वता)

राजा : हेमंतकुमारा, तूं जें हें वायट कर्म केलां तातूंतल्यान तुका वाटोवपा खातीर आमी तुका जुंव्यार धाडपाचें थारायलां. तुका सामकें फांतोडेर वचचें पडटलें. सकाळीं चल तयारेक लाग.

हेमंत : मीर्ग जुंव्यार?

राजा : हय मीर्ग जुंव्यार.

हेमंत : एकदम बरें जालें! बरें तर- येतां हांव माँ सायब!

राजा : हांव तुजी आवय न्ही, तुजो मोगाचो बापूय.

हेमंत : न्हय आवय! आगा, बापूय कितें आनी आवय कितें, एकूच! घोव आनी बायल- एकेच कुडीचीं दोन अर्धांगां. खरें मीर्ग जुंव्यार वचपाचें मूं? चललो (एकटोच बेगोबेग वता)

राजा : (गणीक) ताचेर सारकें लक्ष दवरात. हे घे (पत्राची पिशवी दिता) दीस उजवाडचे आदीं भायर सरात. चलात- ताचे फाटोफाट वचात- (गणी वता)

(स्वगत) लागलो निकाल एकदांचो-

(थळ : राजाचो दिवानखानो)

(राणी चिंतेस्त बसल्या. हरींद्र पयस उबो आसा, तीं दोगांय उलयतात)

हरींद्र : भितर हाडूं तिका?

राणी : नाका, नाका. तिका मेळचें अशें दिसना म्हाका.

हरींद्र : पूण ती सामकी काकुळट करून विनयता- म्हाका तर तिची सामकी काकुळट दिसता.

राणी : कित्याक आयल्या ती हांगा?

हरींद्र : तें कशें सांगूं? तिच्या बापायची एक सारकी याद काडटाली. मदींच भियेल्ल्या वरी उलयता, मदींच गाता, रडटा-

राणी : (श्वास सोडून) कितें करतलें हांव ताका मेळून तिचे हे अशे स्थितींत?

हरींद्र : तरी लेगीत, म्हाका दिसता, तुमी तिका भितर येवपाक दियात. थोडें तरी उलयात तिचे कडेन. तुमी तिका एकठांय भेटूंक नात. पयलींच ते कुचित्री लोक...

राणी : बरें- चल, हाड तिका, (हरींद्र वता) दुर्दैव कशें सामकें निमताकूच तेंकलां. दुख्खाचेर बिबो घालो, तर तोच मेल्लो फावलो, अशें जाता- (मालिनीक घेवन हरींद्र येता. तिच्या हातांत फुलां आसात. माथ्याकूय मेळटात थंय खोयल्यात. भितर सरतकच राणयेच्या अस्तित्वाची तिका जाणीव नाशिल्ल्या सारकी ती शुन्यांत पळयता)

मालिनी : ह्या राज्याची सोबितकाय! राणी खंय आसा? धुंवरांत बुडली!

राणी : (तिच्या म्हऱ्यांत वचून फाटीर हात भोंवडायत आनी तिचें तोंड आपणा कडेन घेवन) कितें जाय तुका धुवे?

मालिनी : (फस्स करून हांसता आनी गावपाक लागता) धुधीचो बापूय कोंबडो. ताच्या गळ्यांत आसा पटो तांबडो, धवोफुल्ल भेस पांगुरता. हांवें कितें सांगलें ताका, असो जनेलांतल्यान वचूं नाका असो जनेलांतल्यान म्हूण कोण वता? वारो वता, वता, वता- परत येता. पूण जनेलांतल्यन प्राण वचप म्हळ्यार? आवय गे! (थांबून रडिल्ल्या वरी) मेल्ल्याचे फाटल्यान वचन दिसना, रडले बगर रावूं नजो (हुडकेता).

राणी : आवय! पोरा! कितें बडबडटा तूं हें भ्रमांत!

मालिनी : (एकाद्रें गुपीत सांगिल्ल्या सारकें) वोगी! अशें उलोवचें न्ही! (परत हांसता) रड रड रडलें, दादल्याच्या गळ्यांत पडलें, हो घे तुका प्रसाद. अक्कलकसाय तो आनी हें घे तुळशीचें पान- ताचो परमळ पळय कितलो बरो? (अशें म्हणत एक फूल राणयेच्या नाकांत घाल्ल्या सारकें

करता) (राजा येता)

राजा : (ताका तिचे मनस्थितीची जाणीव ना) कितें म्हणटा मालिनी?

राणी : पळयल्या व्हय ह्या पोराची कितें दशा जाल्या ती?

मालिमी : घोण कशी सकयल येता, सूं सूं करीत हळूच दोळे धांपता - उगडटा. अशें घट्ट धांपून दवरिना. अशें घट्ट धांपून दवरिना.

(गात गात वता)

राजा : कितलो भयंकर हो पितृशोकाचो प्रकाश, संकटां कोसळपाक लागलीं म्हणटकच केन्नाच एकटीं येनात, सैन्या सारकी घुरी घालतात! हरींद्र, चल, तिचे फाटोफाट वच. नीट लक्ष दवर म्हजेर) (हरींद्र वता) तिचो भाव येता. ताचीय मनस्थिती खंकाळल्या सारकी जाल्या.

(पड्ड्यांत बोवाळ : वचूंक दिता काय ना भितर? आडावं नाका म्हाका! कसलो बोवाळ? कोण आसा रे थंय?

(लिलाधर तरसाद घेवन आनी ताचे फाटल्यान तीन-चार शिपायक येतात)

लिलाधर : (भितर येतनाच) हो असलो राजा- खंय आसा? (राजाक पळोवन) तुमी सगले भायर वचात रे.

राणी : आदीं शांत जा पळोवया, लिलाधर-

लिलाधर : जो दोन बापायचो, ताका शांत रावपाक सांगता!

राजा : (राणयेक) तूं कडेक सर! बंडखोर कितलोय मदेलो, तरीय तो म्हाका हात लावंक शकचो ना. राजा भोंवतणी अशेंच दैवी कवच आसता. (राणी कडेक सरता). कितें सांगपाचें आसा तुका, लिलाधर?

लिलाधर : म्हजो बाबा खंय?

राजा : तुजो बाबा ह्या संवसाराक अंतरलो.

राणी : पूण हातूंत हाचो कांयच गुन्यांव ना.

राजा : (तापून) आतां ताका उलोवपाक दितली काय ना?

लिलाधर : संवसाराक अंतरलो? कसो? म्हजे लागीं फटींगपणां चलपाचीं नात. म्हजी राजनिश्ठा गेली फोंडांत आनी शिश्टाचार गेले उडत! म्हज्या विरुद्ध मळब-पाताळ एक जालें, तरीय म्हाका भिरांत ना ताची. हांव बाबाचो सूड घेतले बगर रावचो ना!

राज : मागीर कोणें धरला तुजो हात?

लिलाधर : म्हजो हात हांवेंच आडावन दवरला! मनांत म्हज्या येवंदीच- हांव जाय तें करपाक समर्थ आसा. जाय तितलें बळगें आसा म्हजे फाटल्यान.

राज : अशें! मागीर तुका तुज्या बापायचो खरो मारेकार कोण, हें समजून घेवपाचें आसा, काय दुस्मान-इश्टांतलो भेद कडेक सारून फकत रक्तखेव करपाचो आसा?

लिलाधर : बाबाचो मारेकार जाय म्हाका.

राजा : मागीर तें कळ मेरेन तरी थांबतलो काय ना?

लिलाधर : कित्याक ना?

राजा : आतां कसो शाण्या सारको उलयलो- तुज्या बापायच्या मरणा कडेन म्हजो कुस्कुटाचोय संबंद ना, हें सामकें सुर्याच्या उजवाडा इतलें स्पश्ट करून दाखयतां तुका. (भायर परत बोवाळ. सोडात तिका. भितर वचूं दी. तिका कित्याक आडायतात?)

लिलाधर : कसलो बोवाळ हो?

(मालिनी पिशांतूर जावन प्रवेश करता)

मालिनी : सगलो घोटाळो जालो. आयज सर्वपित्री उमास. बाबा घरा जेवपाक येतलो. पूण हांवें कसलीच तयारी करूंक ना. कसलीच करूंक ना.

लिलीधर : आरेरे! परमेश्वरा! म्हजें रगत गोठेवपाचो वेळ जाला आतां. परमेश्वरा, तुका दोळे आसात काय नात?

मालिनी : हांवें कसलीच तयारी करूंक ना.

लिलाधर : (हुंडकेंत) ताई, बाबांच्या मरणाचो सूड घे, म्हणून तुवें हट्ट धरिल्लो, तर हांव असो विरगळचो नासलो!

मालिनी : (गाता) बाबा रागार जातलो. म्हणटलो आमील तरी धांपून दवरल्या काय ना? पूण म्हाका मेल्ल्याक अशी न्हीद लागली, अशी न्हीद लागली- कितलें दार धोडायलें तरी उगडलेंच ना- उगडलेंच ना.

लिलाधर : मरण! मरण! खरेंच, अशें जगपा परस मरण पत्करलें!

मालिनी : देवाची दया- सोंपली माया- पुनीत जातली काया- मायेचें रीण पावोवपाक- मरण जाय गा मरण जाय... (वता)

लिलाधर : सर्वसाक्षी परमेश्वरा!

राजा : (राणयेक) तें खंय वता तें पळय. सारकें लक्ष दवरात ताचेर. चलात. (राणी वता) (लिलाधर एकदम सकयल बसता) लिलाधर, एका फाटल्यान एक अशो इतल्यो दुर्दैवी घडणुको घडत आसात.

लिलाधर : पूण म्हाका तुमी हें कित्याक सांगिनात- म्हजो बाबा गेलो कसो? खंय? केन्ना? ताचें निमणें संस्कार अशें लिपचोरयां, म्हाका कळयनासतना कित्याक केलें? ताच्या थडग्याचेर कसलेंच नांव ना, कुरू ना अशें दिसता? हातूंतल्या दर एका प्रस्नाची जाप म्हाका जाय- तें कित्याक सांगिनात तुमी?

राजा : लिलाधर, तुजे हे सगलेच प्रस्न बरोबर आसात जो खरो गुन्यांवकार आसा, ताका खर ख्यास्त जावंक जाय, हेंच म्हजेंय सांगणें आसा. तेन्ना आदीं शांत जा- आनी हांव सांगता तशें कर. तुज्या सामके विश्वासांतले जे कोणूय आसतले तांकां आपय पयलीं आनी सगल्यो गजाली निर्णया खातीर तांच्या सामकार दवरुया. अप्रत्यक्षपणान जरी तुज्या बाबांच्या मरणाक म्हजो थोडो लेगीत संबंद आसा अशें तांणी सांगलें जाल्यार आमी आमचें राज्य, म्हालवज, आमचो जीव लेगीत तुजे सुवादीन करतले- मागीर जालें तर?

लिलाधर : आगा, पूण तुमीच सांगात- इतली वाट पळयत बसपाक कित्याक जाय?

राजा : पूण तुजो म्हजेर विश्वास आसत, जाल्यारूच म्हज्या उलोवण्याचो उपेग? कितें? (थोड्या वेळान) तुका सांगूं? आरे, जाणें तुज्या बापायक मारलो, तो तर म्हज्याय विरुद्ध उडिल्लो.

लिलाधर : आनी इतलें आसुनूय तुमी इतले सुज्ञ आसुनूय कसली शिटूकसाण बाळगिली-

राज : पूण ताकाय तशींच कारणां घडलीं न्ही? ताची आवय म्हळ्यार राणीसायब-

लिलाधर : म्हळ्यार कोण? हेमंतकुमार? (उसळटा)

राजा : आतां शांत चिंतान सगलें आयकुपाचें आसा काय ना? आरे, ताचो ताचे आवयचेर कितलो जीव आसा तें खबर आसा मरे? बरें- म्हजो- म्हजो ताचे आवयचेर कितलो जीव आसा, हें हांवें तुका सांगपाक जाय? तिका कितें दिसतलें हें थोडें तरी चिंतपाची म्हाका गरज आसली. हें जालें एक कारण, दुसरें- हेमंतकुमार हो पुराय प्रजेचो लेगीत जीव की प्राण, हें तुका खबर आसाच. ताचे वायट गूण लेगीत लोकांक बरे दिसतात! अशे स्थितींत आमचेर लचांड येवचें न्ही, ही जतनाय घेवप म्हाका गरजेचें आसलें. कितें पट्टं मरे तुका? (तो वोगीच) आरे, तुज्या बापायन आमची कितें थोडी सेवा केली! हांव कितें शेणामेणाचें ताचे हे भयंकर

प्रकार मुकाट्यांनी सहन करीत बसपाक?

लिलाधर : (हताश जावन) निमणें कितें- म्हाका म्हजो बाबा ना जालो. म्हजी ताई- म्हजी गुणेस्त ताई- ती तर ह्या धपक्यान पिशांतूर जाल्या. तें कांय ना- हांव ह्या खुनाचो सूड घेतलों. तुमी कितेंय म्हणात!

(एक चाकर येता)

राजा : कोण रे? कितें जालां?

चाकर : (राजाक दोन पत्रां दिता) म्हाराज, हेमंताराजकुंवराचीं दोन पत्रां आयल्यांत. एक तुमचे खातीर, दुसरें राणी सायबा खातीर.

राजा : हेमंतकुमाराचीं पत्रां? कोणें हाडलीं?

चाकर : तारवट्यांनी हाडल्यात खंय, तांणी कुरंगा कडेन दिलीं. कुरंगान म्हाका दिलीं.

राजा : (आपणालें पत्र वाचिल्लें सारकें दाखोवन) लिलाधर, हें पळयलें मरे? तूंय आयक कितें बरयलां तें (चाकराक) तूं वच. (चाकर वता) (राजा वाचता)

राजाधिराज कुलदीप म्हाराजाचे सेवेक नमस्कार. तुमच्या राज्यांत हांव भणंग जावन बसलां. फाल्यां हांव आपूण जावन तुमच्या सामकार येतलों आनी त्याच वेळार म्हज्या ह्या विचित्र पुनरागमनाचें कारण सविस्तर सांगतलों. बरें मागून! हेमंतकुमार.- हाचो अर्थ कितें? तागेले साथिदारूय आयले काय कितें? काय ही बेश्टी मस्करी?

लिलाधर : तुमी अक्षर वळखतात मूं?

राजा : हय, अक्षर तर हेमंतकुमाराचेंच! भणंग- खरेंच, सकयल एक उतर आसा- एकटो! म्हळ्यार हें कितें काय? तुका कितें दिसता?

लिलाधर : म्हाका कांयच समजना, पूण तो येता न्ही येवंदीच ताका. हांव म्हणटां, बरेंच जालें. खून कसो करतात तें दाखयता ताका!

राजा : (विश्वासांत घेवन) अशें जर आसा- तर- तर मागीर म्हजें आयक. आत्ताच म्हजे तकलेंत एक मांडणी आयली.

लिलाधर : एके अटीचेर, म्हाराज. म्हाका वोगी बसपाक सांगपाना मूं तुमी? तितलें मात सांगूं नाकात.

राजा : छे-छे, नाकाशिल्लें! तुज्या मनाक स्वस्थताय लाभतली अशीच मांडणी आसा ही. ताका लागून तो तुज्या जाळ्यांत तर सांपडटलोच, पूण तो नाच्च जातलो ह्या संवसारांतल्यान. आनी तो बी अपघाताक लागून

जालो, अशें ताचे आवयकूय दिसतलें.

लिलाधर : अशें आसत जाल्यार हांव एका पांयांर तयार आसा- पूण ताका मारून उडयिल्ल्याचें श्रेय म्हज्याच वांट्याक येतलें न्ही?

राज : हय, हय, सामकी तशीच मांडणी आसा न्ही. तुज्याच हातांतल्यान सोंपोवपाचो व्यूह आसा हो. नीट लक्ष दी. तूं भायल्या राज्यांत गेल्ल्या सावन तुजे एके हुशारकाये विशीं मोटीं नामना जाल्या तुजी हांगा. जो तो तुका शाबासकी दितात. आनी देखून हेमंतकुमाराक तुजो दुस्वास दिसता.

लिलाधर : कसले हुशारकाये विशीं?

राजा : तरसाद झुजां विशीं. आमच्या पुराय राज्यांत तुजी सर कोणाच कडेन जावंक शकना, अशें सगलेंच जाण म्हणटात आनी देखून तुजे कडेन झुजपाक हेमंतकुमाराचे हात शिवशिवतात अशें कळ्ळां म्हाका. तो हांगा येना बरोबर मात्तूय वेळ वगडायनासतना तूं हांगा पाविल्ल्याचें कानार घालता. ताचे आनी त्याच वेळार तुजे हे प्रविणताये विशीं ताचो मत्सर जागो करपाची वेवस्था करतां, जंय शस्त्रां सामकीं हाता कडेन आसतलीं. उपरांत सहज तुमचें झगडें सुरू जातलें. त्याच झुजांत ताका मेकळो करून उडोवया. कितें जमत मरे तुका हें?

लिलाधर : हय तर, ना जमपाक कितें जालां? निदान एक तरी जीव वचपी धपको ताचेर हांव नक्कीच करपाक शकतलो. तरी पूण कोणाक खबर, नाच घालपाक आयलो तसलो धपको तर? देखून हांव अशें करतां- म्हजे कडेन एक भिरांकूळ वीख आसा. तेंय तरसादीच्या पात्याक लायतां हेमंतकुमाराक सुलूस लागचिना अशे तरेन लावन दवरतां. म्हळ्यार तें जरी ताच्या आंगांक लागलें तरी ताका खिणा भितर मरण येतलें. इतलें भयंकर वीख आसा तें.

राजा : शाबास, शाबास- अशेंच कर तूं! तूं ही तयारी करूच, पूण समजा एक ल्हानसो धपको तुज्यान ताचेर घालप जालो ना तर? म्हणून हांव म्हजे परीन अशें करतां- हांव म्हजे कडेन एक सोऱ्याचो पेलो वीख कालोवन तयार दवरतां. तुमचें झूज बरोच वेळ अशेंच चलत उरलें, म्हणटकच ताका पुरो जातलें. तो कितेंय पिवपाक मागतलो. त्या वगतार तोच पेलो हांव ताच्या सामकार धरता. तो पेलो ओंठांक मात्सो जरी स्पर्श जालो तरी तो खिणां भितर सोंपतलो.

लिलाधर : मागीर म्हाराज, हो सुयोग जाता तितले बेगीन-

(राणी भियेल्ले वरी प्रवेश करता)

राणी : आगा- नशीब कशें हात धुवन फाटीक लागलां!

राजा : म्हळ्यार जालां तरी कितें?

राणी : लिलाधर, बाबा तुजी भयण न्हंयेंत बुडली रे!

लिलाधर : बुडली? खंय?

राणी : आरे, भायर- बुर्ना कडेन. न्हंयेचे देगेर फुलां पुंजावपाक गेल्लें रे तें. थंय ताचो तोल वचून सरळ न्हंयेंतूच गेली रे ती.

लिलाधर : म्हजी ताई गेली? (धांवतच वता)

राजा : चल, चल, ताचे फाटोफाट वचपाक जाय आमी. कसो तरी थंड करतलों हांव ताका.- तेन्नाच हें नवें संकट. आतां तर तो सामको पिसाळिल्ल्या भशेन जातलो. चल ताका भुजवण दिवपाक जाय. चल चल (दोगांय वतात)

(राजा, लिलाधर आनी बाकीचें एक प्रेत घेवन पयसुल्ल्यान वतात)

(राणी फुडें सरता- प्रेताचेर फुलां उडयता)

राणी : पोरा, दवर हीं फुलां! फुला वरीच नाजूक आसलें, फुलांतूच रमलें. हेमंतकुंवराची माळ गळ्यांत पडिल्ली जाल्यार फुला भशेन सांबाळटलें आसलें तुका.

(प्रेत यात्रा फुडें वता. काळोख)

(एके कडेक)

हेमंत : कोण हरींद्र? केन्ना मेळ्ळें म्हजें पत्र तुका?

हरींद्र : आजूच सकाळीं- पूण म्हाका एक सांग, तूं इतले बेगीन एकटोच परत कसो आयलो?

हेमंत : कितें सांगूं तुका? घडिल्लो प्रकार आयकशी जाल्यार तुजो- तुजो लेगीत संतापान भेजो तापतलो. हांव हांगाच्यान गेल्लों, तेन्ना सावन म्हाका दुबाव येतालो. म्हाका मीर्ग जुंव्यार धाडपाच्या मुळांत कितें तरी डाव आसपाक जाय, अशेंच दिसतालें एक सारकें. तारवाचेर आसतना विंगड- विंगड कल्पनांचीं ल्हारां ल्हारेतालीं मनांत. रातची लेगीत कितेंय केल्यार न्हीद येनासली. निमाणें म्हज्यान रावंक जालें ना. ते दोगूय सोरोप- गणी आनी झिलगो- जंय न्हिदिल्ले थंय चोर पावलांनी गेलों. खुंट्याळा वयलें तांचे कपडे तपासले. तातूंत हें पत्र मेळ्ळें. केन्नाकेन्नाय उतावीळपणां लेगीत बऱ्याक पडटात पळय! हें पत्र हांवें एकांतांत व्हरून वाचलें. कितें

आसतलें अशें दिसता तुका तातूंत? म्हाका मारून उडोवपाचो हुकूम ह्या पत्रांत काकान आपणाल्या संस्थानीकांक दिला. वाचून पळय तें. राजनिती ही!

हरींद्र : कितें म्हणपाचें आतां! (वाचता)

हेमंत : आरे, मागीर वाच सवकासायेन.

हरींद्र : बरें- मागीर फुडें कितें जालें?

हेमंत : हांवें दुसरें पत्र बरयलें- सामकें काका सारक्या अक्षरांत आनी तातूंत बरयलें- त्या दोगांय सोरपांक खिणाचो वेळ लायनासतना चेंचावन नागलोकांत रवानगी करची.

हरींद्र : म्हळ्यार- ते दोगूय जाण.

हेमंत : पावल्या आसतले पाताळांत.

हरींद्र : पूण तूं परत कसो आयलो?

हेमंत : आरे, आमचें तारूं ज्या बंदरार थांबिल्लें थंयच तामण राज्याची खंडणी घेवन वचपी तारूंय थांबिल्लें. त्या तारवांत बसून परत आयलों. विलास नगरांत पावतनाच घोडेस्वारा वांगडा आदीं पत्रां धाडलीं. तुका, काकाक आनी माँक.

हरींद्र : पूण राजकुंवरा, मीर्ग जुंव्या वयल्यान रोखडेंच पत्र येतलें. मागीर सगलें सत उजवाडा येतलें. गोंदळ वाडटलो, मागीर कितें करपाचें?

हेमंत : जातलें- जातलें- तें सगलें जातलें पूण मध्यंतराचो वेळ? तो तर कोणूच ओडून घेवंक शकना न्ही? एकाद्र्याचो जीव घेवपाचें थारलें, म्हणटकच प्रत्यक्ष कृती मदीं अनुश्ठान थोडेंच मांडून बसचें पडटा. एक धपको, दोन कुडके.

(मालिनीच्या मरणाचे निमणे संस्कार करून सगले परततात)

लिलाधर : (तिडकीन) हां, आतां कितें करपाचें?

हेमंत : म्हळ्यार? लिलाधर? तोच उलयता हो?

लिलाधर : मेल्ल्या आत्म्याक शांतताय मेळची म्हणून कांयच करपा सारकें नाशिल्लें?

राजा : ना, धर्मा सिंधून आत्महत्त्या हें व्हडलें पातक मानलां. आत्महत्त्या करप्याक सद्‌गती दिवप हें धर्माचें काम न्ही अशें भटजीन सांगिल्लें.

लिलाधर : बरें आसा. पूण हांव तुका सांगतां, म्हजी ताई तुमचे परस इतली पुण्यशील, इतली सच्छील आसली-

हेमंत : कोण मालिनी? मालिनी ह्या संवसाराक अंतरली? आनी म्हाका सभाग्याक

तिचें निमणें दर्शनूय घेवंक मेळ्ळें ना. मालिनी! कितें केलें तुवें हें!

राणी : (प्रेताचेर फुलां उडयता)

लिलाधर : दुर्दैवा, जो ताच्या मनोभंगाक कारण जालो, ताच्या मस्तकाचेर तूं तुजो धपको घाल. ताचेर झडय तुज्या आघातांचो पावस! म्हाका ताईक निमणी कडकडून मेळूंक जाय आसलें. मागीर आमकां दोगांकूय सरणाचेर चडोवन तुमी अग्नी दिवपाचो.

हेमंत : इतलो आकांत करपी कोण रे तूं? हांव हेमंतकुमार विचारता तुका?

लिलाधर : (ताची गची धरून) सत्यनाश जावं तुजो!

हेमंत : तोंड सांबाळून उलय- सोड म्हजी गची! म्हजी तकली तुजे सुवादीन ना. सोडटा काय ना!

राजा : आरे, तांकां सोडयात.

(हरींद्र फुडें सरून तांकां वेगळायता)

हेमंत : बरें आसा. ह्या प्रस्नाचो निकाल झूज मारून लावपाक तयार आसां हांव.

राणी : कसलो प्रस्न?

हेमंत : मालिनीचेर मोग हांवें एकट्यान केलो! हाचे सारकेल्या सत्राशें साठ भावांचो मोग म्हज्या मोगाची सर्त करूंक शकना. तूं ताचे खातीर करशी तर कितें करशी रे?

राजा : लिलाधर ताची तकली घुंवल्या- (राणी येता)

राणी : ताचे वाटेक वचूं नाका.

हेमंत : सांग मरे, कितें करशीत तूं? रडशी? झुजशी? उपाशी रावशी? हड्डें फोडून घेवशी? सोऱ्याच्या बल्लांत बुडशी? हें कितें म्हाका करपाक कळना? व्हडलो आयला म्हज्या सामकार आपणाल्या मोगाची फुशारकी मिरोवपाक!

राणी : लिलाधर, ताका भ्रम जाला रे! पिशाचो झटको वतकच गोगलगाय जातलो तो- तूं मात्तूय लक्ष दिवं नाका ताच्या उलोवण्या कडेन.

हेमंत : म्हजेर इतलो तापार जावपाक हांवें कितें केलां तुजें? सदांच मोगान वागलो हांव तुजे लागीं- आसूं तें! शिंवाची गरड कानार पडली, तरी कोल्याक आपल्याच कुंयांचें कवतूक.

राजा : हरींद्रा, तूं ताका सांबाळ, लिलाधर, तुजे भयणुलेचें फावोशें यादस्तीक आमी करतले!

(हेमंत आनी हरींद्र सोडून बाकीचे वतात)

हेमंत : हरींद्र- वायट जालें रे हें. उलोवपाक जायनासलें तेंच उलयलों हांव लिलाधराक. खरें म्हळ्यार लिलाधराची भोगसुणी मागपाक जाय हांवें-

हरींद्र : राव, उलोवं नाका राजकुंवरा, कोण तरी येता हांगा.

(अमरसेन प्रवेश करता)

अमर : (बागोवन नमस्कार करता) युवराजांच्या पुनरागमनाचें स्वागत! खूब खूब खोशी जाली आमकां.

हेमंत : धन्यताय भोगता म्हाका, (हरींद्राक कडेक व्हरून) ह्या गांजीलमुसाक वळखता तूं?

हरींद्र : ना राजकुंवरा.

अमर : राजकुंवरा, तुमकां वेळ आसत जाल्यार म्हाराजांचो एक निरोप सांगपाचो आसा म्हाका.

हेमंत : आयकुपाची तयारी आसा म्हजी.

तो निरोप- राजकुंवरा, म्हाराजांनी सांगलां- लिलाधरा कडेन थारिल्लें तरसाद झूज बेगिनांत बेगीन जावंक जाय, तशी लिलाधराची इत्सा आसा. तर तें केन्ना जावचें अशें विचारलां म्हाराजान. तांचे वटेन ते तयार आसात. तुमची कितें जाब सांगूं हांव?

अमर : तरी लेगीत हांव म्हणटां तें अशें, तरसाद झुजांत लिलाधराची तुळा कोणूच करूंक शकना- अर्थांत तुमचेय प्रविणताये विशीं म्हाका मात्तूय दुबाव ना, हें तितलेंच खरें हां.

हेमंत : जालें तर मागीर तुजें काम.

अमर : तरी लेगीत तुमचो कस थारोवपाचो वेळ हो. इतलेंच सांगपाचें आसलें म्हाका.

हेमंत : अशें-अशें, म्हजीं फकांडां जातली काय, असो भंय दिसता तुका? ताचो हुसको करूं नाका. चल, हांव तयार आसां. सांग चल.

अमर : बरें तर.

(अमरसेन वता)

हरींद्र : राजकुंवरा, हो गांजीलमूस शिंकलो. तो कसोय जावं- पूण म्हाका लेगीत भिरांत दिसता. ह्या झुजांत तुमी हारतले!

हेमंत : छे रे, हारपाक कितें जालां? लिलाधर थंय शिकप करतालो तेन्ना हांव कितें न्हिदो काडटलों! म्हजेंय शिकप चालूच आसलें. म्हाका कांयच जावंक ना- हारपाक कितें जालां! म्हाका जें कितें जालां तें हांगा. (छातये कडेन बोट व्हरता.) पूण तितल्यांत कांयच बिघडूंक ना- समजलो?

हरींद्र : तरी लेगीत म्हाका दिसता, तुमी ह्या झुजांत पडचें न्ही. तुमची मनस्थिती जाग्यार ना.

हेमंत : हीं असलीं भिजुडपणां अस्तुरेचे जातीकूच सोबत! हें पळय असली संद वगडावंक फावना. तातूंत कितेंय तरी ईश्वरी सकेत आसता. जी गजाल आतां जावपाची आसा ती फुडाराक ना. फुडाराक जावपाची नासत ती आतां जातली- कांयच भियेवं नाका तूं! आयिल्ल्या प्रसंगाक फुडो करप हातूंतच खरो पुरुशार्थ आसा. (दोगूय वतात)

(स्थळ : किल्ल्याचें आंगण. राजा लिलाधर उलयत उबे आसात. राणी आसनाचेर मर्दी बसल्या. प्रेक्षकांची, गर्दी एका कोनशाक जायत्यो तरसादी दवरल्यात. एके वटेन हेमंतकुमार आनी हरींद्र येतात. अमरसेन थंयच आसता)

राजा : (फुडें येवन) यो हेमंतकुमारा, सुरवेक तुमचे दोगांयचेय हात दियात म्हाका. (दोगांयचेय हात हातांत घेता)

हेमंत : लिलाधर, हांवें तुजेर खूब गुन्यांव केला. ताचे खातीर सुरवेकूच तुजे लागीं भोगसुणी मागतां. तुजे सभ्यतायेक धरून तूं म्हाका भोगशितलो मरे?

लिलाधर : राजकुंवरा, म्हज्या मनांत सुडाची भावना जागी जावपा सारक्यो ज्यो घडणुको घडल्यात ताच्या मुळांत कोण आसा हें म्हाका खबर आसा. पूण त्या बाबतींत व्हडांनी आपणालो निर्णय दिवचे आदीं तटस्थ रावपाक हांव बांदिल्लों आसा. त्या वचना कडेन विसंगत वर्तन करून हांव म्हज्या नांवांक कलंक लावचो ना. तुवें फुडें केल्लो इश्टागतीचो हात इश्टागतीचेच भावनेन हांवें स्विकारलां.

हेमंत : हांवूंय उकत्या मनान तुज्या वचनाचो आदर करता हां. चल, खंय आसात शस्त्रां?

लिलाधर : म्हाकाय म्हजें आयुध वेंचूं दी.

राजा : अमरसेन, तांकां मजत कर. बरें, पूण लिलाधर- हेमंतकुमारा- ह्या झुजाच्यो अटी तुमकां सांगतां आदी. हें झूज मरसर चलपाचें ना. हांवें अशें थारायलां, तुमचे मदलो जो कोण दुसऱ्याचेर तीन वार पयलीं करूंक शकतलो तो जिखलो. कोणाचीय एकट्याची सरशी जायना बरोबर हें झूज थांबपाक जाय. ह्यो अटी मान्य आसात तुमकां?

लिलाधर : तुमी सांगता तें मान्य म्हाका, म्हाराज.

(राजा आपणाल्या आसनाचेर बसता. एका ग्लासांत सोरो ओतून पियेता. दुसरो एक रिकामी दिसपी ग्लास म्हऱ्यांत आसा)

लिलाधर : (तरसाद वेंचतना) वा, ही बरी आसा.

हेमंत : ही हांव घेतां.

(तितल्यांत लिलाधर हेमंतकुमाराचें दुर्लक्ष पळोवन तरसादीक वीख लायता.)

(हेमंत आनी लिलाधर तयारेंत उबे रावन झुजाक आरंभ करतात. झूज रंगार येता. बरोच वेळ कोणूच कोणाचेर धपको घालिनात. उपरांत हेमंतकुमार लिलाधराचेर एक मातसो वार करता.)

हेमंत : एक!

लिलाधर : ना!

पंच : एक- सामको स्पश्ट!

राजा : मातशे रावात. हेमंतकुमार, पयलो वार केल्ल्या खातीर हो घे एक घोंट. (रिकाम्या ग्लासांत सोरो ओतता)

हेमंत : नाका- इतले बेगीन नाका!

(परत झूज सुरू जाता. कांय वेळान हेमंत दुसरो वार करता) दोन? कितें कबूल?

राजा : हांव सांगता, हेमंतकुमाराक जैत मेळटलें.

राणी : हेमंतकुमारा, तुजें जैत जावचें म्हूण हांवूंच घेता एक घोंट. (अशें म्हणून एकदम एक घोंट घेता)

राजा : (आबूज जावन) आतां नाका.

(तिचो हात धरून रावता आनी रोखडोच सोडटा. भियेल्ले वरी तिका पळयता. राणी भियेल्ले वरी दिसता. तिचे कडेन हेमंतकुमार पळयता)

हेमंत : कितें जालें?

(हेमंतकुमाराचें लक्ष ना अशें पळोवन लिलाधर हेमंतकुमाराचे फाटीक मोट्यान घाय करता. थंयच्यान रगत व्हांवता.)

हेमंत : घाव! घातलो तुवें म्हाका लिलाधर!

(अशें म्हणून झुजाची तिसरी फेरी सुरू करता. वारान लिलाधराची तरसाद उडयता. लिलाधर निशस्त्र आसा तें पळोवन आपणालें शस्त्र ताका दिता. ताचें आपूण उखलता. पयल्याच धपक्याक लिलाधराक घावो घालता. तितल्यान राणी सकयल पडटा)

हेमंत : आरे, राणीसायबाक कितें जालें?

राजा : रगत पळोवन घुंवळ आपल्या आसतली तिका.

(राणयेक सांबाळपाचो यत्न करता)

लिलाधर : आरे, घात जालो रे हेमंतकुमारा, म्हजी तरसाद तुज्या हातांत, आरे ती विखारी आसा, आरेरे, आमी दोगूय मरतले! आरे, तुजी आवय पियेली तेंय बी विखूच आसलें रे. केदो घात जालो रे हो!

लिलाधर : (राजा कडेन बोट दाखयत) तो, तो पळय, ह्या खुनी प्रयोगाचो तो सुत्रधार.

हेमंत : कोण काका?

(धांवत वचून राजाक भोसकिता. राजा मरून आसना वयल्यान सकयल पडटा)

लिलाधर : शाबास, हेमंतकुंवरा, शाबास! येतां हांव....

हेमंत : राव लिलाधर, हांवूंय येतां तुजे फाटोफाट.

(हरींद्र ताका वेंगायता) हरींद्र-हरींद्र

हरींद्र : जिवाभावाच्या इश्टा! म्हाकाय येवं दी तुज्या वांगडा

(विखाचो ग्लास हातांत घेता)

हेमंत : सोपूत आसा तुका म्हज्या मोगाची! आरे, संवसाराक सत सांगपाक तूं तरी जितो राव- हरींद्र येता हांव, हरींद्र! ओम शांतीः ओम शांतीः ओम शांती... (पडटा)

हरींद्र : (दुख्खान) आरे, आरे गेलो, एक व्हड उदारात्मो ना जालो. गांवच्या मांडार दर वर्सा देवदेवतांक जागृत दवरपा खातीर एक विधी म्हूण जागर जातात. पूण ह्या राज्यांत घडलो रक्तरंगी जागोर! हांगा घडलो घात-पात, हांगा घडलो रक्त-पात! सुडाक लागून ना जालो व्हड उदारात्मो! परमेश्वरा, आतां तरी ताका शांतताय लाबूं आनी असलो हो रक्तभंगी जागोर फुडाराक कोणाच्याच वाट्याक नाका. परमेश्वरा, आतां तरी ताका शांतताय लाबूं दी.

(तोंड धांपून हुडक्यांनी रडटा) (फाटल्या पड्ड्यार तांबडोच उजवाड)

(एक आर्त दुखेस्त आलाप. गायनाचीं उतरां आसूं येता. ल्हवू ल्हवू पड्डो पडटा.)

000

(विलियम शेक्सपियर हांच्या मूळ इंग्लिश 'हॅम्लेट' नाटकाच्या आदारान.)

ललीत

(निबंद)

महाबळेश्वर सैल

म्हजी प्रतिभा : म्हजे अणभव

सरस्वती सम्मान मेळटकीर फाटीं 'शब्दल्हार' दिवाळी अंकाचो संपादक म्हजी सविस्तर मुलाखत घेवूंक नाशीकच्यान आयल्लो. हांवें ताका पयलींच एक प्रस्न विचारलो, ''सातवी मेरेनचेंच खरे शाळेचें शिक्षण घेतिल्ल्याक केन्ना ज्ञानपीठ वा सरस्वती सम्मान मेळ्ळा व्हय?''

तो म्हजे कडेन कांय वेळ अजापान, दुबावान पळयत रावलो. मागीर ताणें विचारलें, ''मागीर तुमी कोंकणी, मराठी हिन्दी, इंग्लीश ह्यो भासो खंय शिकले तर?''

हांवें खरें तर सातवी मेरेनचें शिकप कन्नड माध्यमांतल्यान केल्लें. हिन्दी हांव सैन्यांतल्या प्रशिक्षण मैदानार शिकलां. ती उर्दु मिश्रीत विचित्र हिन्दी आसली. हांव सैन्यांत 'मराठा लायट इन्फन्ट्री' ह्या रेजिमेंटांत आसलों. थंय वांगडचे सगळे जवान मराठी उलोवपी. ते येतना आप-आपल्या वाठारांतली बोली भाशा घेवन आयल्ले. पयले तीन-चार म्हयने तरी आपली बोलीच उलयताले. हांव त्यो शिकतालों, तांची गोडी कानांत सांठोवन दवरतालों. मुखार मागीर हांव पुणेरी मराठी वाचूंक लागलों तेन्ना म्हजी अशी एक प्रगल्भ, समृद्ध मराठी भाशा म्हाका मेळ्ळी. म्हज्यो सुरवेच्यो मराठी कथा, मराठी नाटकां तेच भाशेत आसलीं. कोंकणी ही म्हजी मायभासूच आसली, ती शिकूंक कश्ट पडले नात. तरी हावें गांवगिऱ्या वाठारांतलीं, विंगड विंगड कोंकणी बोलींतलीं उतरां यत्नान एकठांय केलीं आनी म्हज्या कोंकणी साहित्यांत वापरलीं. तें म्हजे कोंकणींतलें एक खाशेलपण. देवनागरी लिपी मात हांव

महाबळेश्वर सैल : जल्म : 1943, जेश्ट कादंबरीकार, कथाकार. मराठी भाशेंतय लेखन. भारतीय सेना तशेंच पोलीस दलांत केल्ले सेवेचो लेखनाचेर खाशेलो प्रभाव. पांच कथासंग्रह तशेंच सात कादंबऱ्यो प्रकाशीत. इंग्लीश तशेंच हेर भारतीय भाशांनी साहित्य प्रकाशीत. केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कार (1993) तशेंच विश्व कोंकणी केंद्र, मंगळूर, संस्थेच्या श्रीमती विमला पै पुरस्कारान सन्मानीत. तशेंच प्रतिश्ठेच्या सरस्वती सन्मान पुरस्कारान सन्मानीत. संपर्क : नीलतारा अपार्टमेंट्स, आर. टी. ओ. ऑफिसाफाटीं, आलें, राय, साश्ट, गोंय. मो. : 9764072908

खंयच्याय शिक्षका कडल्यान शिकिल्लो ना. अ आ धरून हांवूच ती शिकला. इंग्लिशीचें तर विचारूच नाकात. धड शाळेक वचनासतना, अभ्यास करिनासतना, हावे आठवींची परिक्षा दिल्ली. म्हगेलो इंग्लिशीचो पेपर शीला लेखाचेर अक्षरां कोरांतिल्लीं आसतात तसोच जाल्लो.

कन्नड शाळेंत सातवी पास जावन हांव इंग्लीश शाळेक आठवेक गेल्लो. अठ्ठावनाच्या जूनाक हांवें प्रवेश घेतलो आनी जुलयच्या निमण्या सप्तकांत म्हजो बापूय भायर पडलो. बापूय गेलो तेन्ना शेतांत बापायन रोविल्लें धान (थाम) वेंतभर वयर आयिल्लें आसलें. तेन्ना हांव चवदा वर्साचो, त्या शेताची उस्तवारी म्हाकाच करूंक जाय आसली. ना तर खातलो कितें? बापूय सैन्यांत आसलो. तो गेलो तेन्ना ताका णव रुपया पेन्शन मेळटालें. ते त्याच दिसा सावन बंद जालें. तेन्ना फॅमिली पॅन्शन ही संकल्पना नासली. घरांत आवय आनी हांव दोगांच. आवय जिवान बरी उरनासली. ती केन्ना म्हाका म्हणटाली, ''पळय रे पुता, म्हजें हड्डें गिरण कशें धडधडटा तें!''

शेत आसलें, गोठो आसलो, गोठ्यांत दोन बैल आसले. तें सगळें हांवेंच पळोवंक जाय आसलें, ना तर पोट कशें भरतलों? पंदरा, सोळा, सतरा तीन वर्सां हांवें शेतकार जावन शेताचो वावर केलो. बैलांक राखले, शेत कसलें, शेत कापलें, मळ्ळें. बैलांक चरोवंक हेर राखण्या वांगडा हांव पार गोंयचे शिमे भितर येतालों. तेन्ना गोंयांत पाखले आसले, तांची पालमात्री आसली. गोंय म्हणल्यार तेन्ना गूढ गुपीत कशें दिसतालें.

सुरवेक शेतांत जोत बांदल्यार म्हाका नीट नांगर बांदूंक कळनासलें. नागर भुंयेक खोचतालो, मागीर बैल तास सोडून धांवताले, म्हाका आयक नासले. तेन्ना हांव मेरेर बसून रडूंक लागतालों. आई येताली. ती कोणाक तरी आपोवन म्हाका सगळें शिकोवंक विनवणी करताली. शाळा सुटिल्ली. शेतकाम कठीण, कळना जाल्लें! हांव बेजारून वतालों.

आमचें 'माट्टीपोण' म्हणून शेत गोंयचे शिमेरूच आसलें. आमच्या घरा पसून दोनेक मैल पयस. थंयच्या खळा वयल्यान भात पोटलेंत भरून तकलेर मारून हाडचें पडटालें. वाटेर आर्दी एक ल्हान दोंगुल्ली लागताली. मागीर शेत, तांतली निसरडी वाट आनी मागीर एक व्हाळ, एक मोकऱ्याचें मळ, उजवे वटेन व्हडलें तळें, परत शेत, चिखलाची वाट. घरा पावसर जीव खर्शेतालो, मान बसताली. म्हज्या साहित्याच्या मुळांत ते कश्ट, त्यो वेदना आसात, सोंशिल्ली भूक आसा. बरोबर म्हज्या माजाळी गांवची सैम सोबीतकाय आसा. पावसाळ्याक एक दीस सांजचो एक बैल गोठ्यांतूच आयलो ना. हांव आनी आई रातभर वासरेंत बसून आसलीं. हांव रडरड रडटालो. दुसऱ्या दिसा तो गोंयचे शिमे भितर शिपायगुडी म्हण थंय मेळ्ळो. एकल्याच्या शेतांत घुसलो म्हण त्या लोकांनी धरून ताका बांदून दवरिल्लो.

त्या काळांत हांव शेताचीं सगळीं कामां शिकलों, गोंय शिमे वयली एकानएक

पातळिल्लीं वनां माडयलीं. झाडां विशींची माहिती करून घेतली. मातयेचे गूण पारखिले, पावस वाऱ्याचो अदमास घेवंक शिकलों. सदासर्वकाळ सैमा वांगडा संवकळ. तेन्ना म्हज्या लक्षांत समग्रपणान आयलें, शेतकार आनी सैम, दोगाल्याय सहकार्यानूच शेतांत दाणो गोटो पिकता. शेतकार बीं रोवन दवरता, उस्तवारी करता आनी सैम वारो, पावस, वोत वेळावेळार फाव त्या प्रमाणांत घालता आनी पिकावळ बरी उर्बेवन येता. शेतकार आनी सैम दोगांलेंय बरें सहकार्य जाय आसता. तेन्नाच्यान सैमा विशीं म्हजो आदर, आस्था खूब वाडली. म्हज्या साहित्याचेर ताका लागून सैम पुराय पातळून आसा. हांव स्वताक सैम लेखक मानता. सैम म्हज्या साहित्यांतलें जिवेंपण, सेंद्रीयपण आनी सोबीतकाय!

ह्या काळांत खूब मनशां भेटलीं, पारखिलीं. दर एक मनशाक आपलेच कश्ट, आपलींच दख्खां दोंगरायेदीं दिसतात. अडचल्ल्यांक आदार करूंक खूबच उणीं मनशां मुखार सरतात. म्हजें शिकप अर्दारच सुटलें, म्हण खंत दाखोवपी, शीक म्हण अदार करूंक मुखार सरपी एकलोय भेटलो ना. शेतातली माती कसयल्यार उपाशीं पडचों ना अशीच धारणा आसली.

पिरायेचीं पंदरा ते पंचवीस, लागीं लागीं धा वर्सां हांवें खंयच्याच पुस्तकाक सादो स्पर्श केलो ना. तीच शिकपाची खरी पिराय आसता. म्हज्या नशिबांत तें शिकप आयलें ना. आतां हांव कोणाकूय विचारतां, ''शाळा-कॉलेजीचें शिकप व्हड काय घेतिल्ले अणभव व्हड?'' तेन्ना ते साळसूदपणान म्हणटात ''अणभव व्हड'' म्हाका तें पटना. शिकप नाशिल्ल्यान म्हाका केदो संघर्श करचो पडलो, कितलें उणाकपण घेवचें पडलें तें हांव जाणां. आयजूय म्हाका इंग्लीश नीट कळना म्हण हांसतले आसात. एकलो इश्ट तर बेठोच फोन करून विचारता, ''आरे, तुवें हें इंग्लीश पुस्तक वाचलें, तें इंग्लीश पुस्तक वाचलें?' ताच्या विचारपांतली खोंच म्हाका कळटा.

गोंयकारपण ही म्हाका अत्यंत खोशयेची संकल्पना. हांव मुळांत गोंयकार. आमच्यो फाटल्यो कांय पिळग्यो माजाळी गांवांत रावत आयल्यांत, पूण मूळचे आमी काणकोण, हड्डफोंड, सैलावळ हांगाचे. आमच्या आडनांवाची 'सैलावळ' अजून हड्डफोंडार आसा आनी आमचीं थंय बरींच शेतां आसात. शेताच्या दोकुमेंतार आमच्या पुर्वजांचीं नांवां आसात. (आतां तीं शेतां कुळाक गेल्यांत). हड्डफोंड गांवचे गांवकार म्हण हालीं मेरेन आमचे पुर्वज वर्सुकी बसकेक येताले. जेन्ना हड्डफोंडार न्हंयेक पक्को पूल नासलो तेन्ना दर वर्सा आमचे लोक पावसाळ्या पयलीं साकव बांदूक आदार करूंक येताले. म्हजी आजी, बापायची आवय काणकोण, देळें पिसू नायक घराब्यांतली. तेन्ना कांय कारणाक लागून आमी गोंय सोडून गोंयचे शिमेर वचून राविल्लीं. हांव तो गोंयकारपणाचो झेंडो खांदार घेवन परत गोंयां आयलों. कोंकणी भाशेच्या संदर्भांतल्यान हांवें गोंयकारपण जागयलें.

हांव गांवांत एक शाळेचें शिकप सोडल्यार हेर सगळे करतालों. शेत कसतालो, गोरवां राखतालो, गांवांगावांनी जात्रा करतालो, नाटकां पळयतालो आनी चोय वाठारांतलीं रानायं माडयतालों. ल्हव ल्हव म्हाका दिसूंक लागलें, बैलाचे मानेर हांव जूं दवरतां तशें म्हजे मानेर परिस्थितीन जूं दवरलां. हांव बेजारूंक लागलों. आवयचेर राग काडूंक लागलों. म्हाका सदांच दिसतालें, उदेंतें वटेनच्या शिंवेश्वर आनी सिद्धेश्वर दोंगरा वयल्यान, गोंय शिमेवयल्या दोंगरा वयल्यान, फाटले काळी शिमेवयल्या वयल्यान एक अजापाचो प्रदेश आसा. वचून पळोवंक जाय!

म्हज्या सारक्या शिकप नाशिल्ल्याक परंपरागत नोकरी म्हणल्यार सैन्यांत भरती जावप. पूण बापूय पयल्या महाझुजांत बेपत्ता आशिल्ल्यान आवयन खूब सैन्याच्यो खास्ती भोगिल्ल्यो. ती म्हाका सैन्यांत वचूंक कशीच दियनासली. मिलिटरीचें नांव काडल्यार रडूंक लागताली. एक दीस खबर आयली, कारवारा तालुक्याच्या ठिकाणार सैन्यांत भरती करून घेवंक बेळगांव सावन सैन्यांतले अधिकारी येवचे आसात म्हण. हांवें कोण्णाक सांगिनासताना धांवूच मारली कारवारा. पयल्याच दिसा भरती जालो. तेन्ना एक फावट भरती जातकीर परते घरा वचूंन सोडिनासले. सोमतो बेळगांवा 'मराठा लायट इन्फंन्ट्री'च्या प्रशिक्षण केंद्रांतूच पावलों. फाटल्यान आई खूब रडली खंय. आदीं ती जिवान बरी उरनासली. मागीर ती दोन-तीन वर्सांतूच गेली.

सैन्यांत हांवें खूब अणभव घेतले. गिमांच्या दिसांनी हिमालयांत खूब भितर रावन आयलों. बाडमेरसान मुखार राजस्थानाच्या वाळवंटांत रावलों. शांतिसैनिक म्हण युनो मार्फत तेन्नाच्या पालिस्तायनांत इजिप्त-इस्रायलाचे शिमेर एका वर्सा खातीर आसलों. एकुणिसशे पासश्ट वर्साच्या भारत पाकिस्तान झुजांत पंजाब सरादेर सक्रीय भाग घेतलो...

फक्कत ह्या अठरा दिसांच्या झुजांत जाल्लो प्रचंड विनाश हांवें पळयलो. म्हज्या बरोबरचे बरेच सांगाती मेल्ले. हांव अस्वस्थ आसलों. म्हज्या विचारांची दिशाच तेन्ना बदलून गेल्ली. हे अस्वस्थतायेंतल्यान ल्हवू ल्हवू म्हजी सृजनशीलता जागी जावंक लागिल्ली. तेन्ना हांव कितेंकितें बरयतालों, हांवच वाचतालों आनी पिंजून उडयतालों.

मागीर हांवें सैन्यांतली नोकरीच सोडली. उपरांत तीन अवघड अशो नोकऱ्यो केल्यो. खूब खूब भोंवलों. खूब खर अणभव घेतले. आयज म्हजे अणभव आनी म्हजें साहित्य अशे एकजीव जावन गेलां, तें कुशीन काडप शक्यच ना. एका अर्थान ती म्हजी सफळताय अशेंय म्हणूं येता.

म्हजी प्रतिभा, म्हजे अणभव, भोवतणची सैम सोबीतकाय, मनशाले जिणेंतलो अस्तित्वाचो संघर्श, तांतलीं सुख-दुख्खां, हें सगळें म्हज्या साहित्याचे मुळावण. हांवें कोंकणी साहित्यांत खूब तरेचे अणभव हाडले. हें म्हजें खाशेलपण. म्हज्या साहित्यांत विशयांचीय विविधताय आसा. एके कथेची दुसऱ्या कथेवांगडा, एके कादंबरीची दुसरे कादंबरी वांगडा तुळाच करूं येना. 000

ललीत

(निबंद)

कृ. म. सुखटणकार

अर्थाचो अनर्थ

आमी जें उलयतात ताका सदांच अर्थ आसता अशें ना. चडसो अर्थ आसना म्हणल्यार जाता. आमी आमचें बोड (आसल्यार) वापरून ताका अर्थ लायतात. ह्या अर्थ लावपाचे धडपडींत जर समजा चूक जाली जाल्यार अर्थाचो अनर्थ जाता. आतां हातूंत उलोवप्याची सदांच चूक आसता अशें हांव म्हणना. देवान तोंड दिलां म्हणटकच उलोवप जाता. उतरां उजार करपाक पयशे पडनात म्हणटकच तीं शिंपडप जाता. उतरांक अर्थ आसपाक जाय असो आमच्या देशांत कायदो अजून मेरेन जावना. जे मेरेन हो कायदो जायना ते मेरेन असली उतरां आमच्या कानार आदळत रावतलीं.

आमकां असलीं उतरां आयकुपाची संवय जाल्ल्यान आमकां ताचें कांय दिसना. गोरे सायब आपलीं उतरां मोतयां जाल्लेवरी सांबाळून वापरतात. ते उलयलेलें उतर सामके गंभीरतायेन घेतात. आमी सहज 'Quit India' म्हणलें आनी तांणी तें गंभीरतायेन घेवन देश सोडपाची तयारी केली अशें सावळो म्हणटा. घरा कडेन आमी 'चल तोंड घेवन' हीं उतरां सदांच आयकतात पूण कोण तोंड घेवन खंयच वचना. तांकां बावड्यांक हें खंय खबर! ते आपली बिटकी कवळून घेवन गेले. पयर हिची तकली फिरिल्ली म्हणटकच हिणें म्हाका 'तोंड घेवन वचात पळोवया हांगाच्यान' अशें म्हणलें. हांव तेन्ना रांदचेकुडींत आशिल्लों. 'आगो वतां पूण ते कालयल्ले फोव दी पळोवया खोल्यार घालून' हांवें म्हणलें. हिणें घाले. हांवें थंयच बसून खाले वयल्यान एक पेलो उदक पिलों,

कृ. म. सुखटणकार : जल्म : 1963. निबंद लेखक. लेखनाक विनोदाची झालर. *'चिमटे धुमके'*, *'धंयार धुमके'* *'धुमक्यांर धुमके'* हीं निबंदाचीं पुस्तकां प्रकाशीत. कोंकणी कला साहित्य केंद्राच्या जनगंगा पुरस्कारान सन्मानीत (2016). मो. 9850530756

सालांत आयलों आनी फॅना खाला आड पडलों. हें सगलें गोऱ्या सायबांक सांगल्यार ते तोंडांत बोटां घालतले. ह्या दोन उतरां खातीर देश सोडलो हाचें पिकासांव तांकां जाले बगर रावचें ना. वयर म्हणलां तशें आमी चड करुन गोंयकार सगळ्या उतरांचो अर्थ लावपाक बसनात. तशें करुंक बशिल्ले जाल्यार आमी पिशे जावपाचे अशें म्हजें मत. शाळेंत आसतना भुगोल हो म्हजो वीक पॉयंट. गणीत सगळ्यांचोच वीक पॉयंट हें खबर आशिल्ल्यान ताचो उल्लेख हांवें करूंक ना. हाचो अर्थ म्हजे बाकीचे विशय बरे आशिल्ले अशें न्हय. तर, आमकां त्या काळांत पाटील गुरुजी 'खास तास' म्हणून घेतालो. म्हणजे सकाळ ते दनपार मेरेन तोच विशय. ताचेर चांचणी परिक्षा. मागीर भुरग्यांनीच ते पेपर तपासप अशें खूब कितें. भुगोलाचो 'खास तास' मंगळारा आसतालो आनी त्याच दिसा म्हज्या पोटांत मुड्डून घांस मारप. दो. रायकाराक (सिनियर) बी दाखोवन जालें पूण ताचेर व्हडलो असो परिणाम जालो ना. मागीर आईन कवळ्यां प्रसाद घेतलो. देवतेन शिमे भायली करणी म्हणून सांगली. खंयची शीम ती सांगली ना. आमचे शिमे प्रस्न केन्नाच सुटचे ना. हेंच खरें. आसूं.

'आगे, पोटांत घांस मारलो मुगे परतून. आज मंगळार.' हांवें कॅलॅण्डरार नदर मारीत म्हणलें.

'तुका मंगळाराच म्हूर्त मेळटा रे संडासांत बसपाक?' आईन म्हाका परतें विचारलें.

आतां ह्या प्रस्नाक म्हज्या मतान कांयच अर्थ ना. खंयचो मनीस संडासांत बसपाक म्हूर्त काडटा? म्हूर्त आमी लग्न, मुंज, घरप्रवेश सारकेल्या शुभकार्यांक काडटात. संडासांत वचून बसप हाचो तातूंत आसपाव जायना हाचेर कोणाचें दुमत आसचें ना ही म्हाका खात्री आसा. 'होच म्हूर्त मेळ्ळो तुका?' हो प्रस्न आमी अर्थ लक्षांत घेनासतना नकारार्थी वापरतात. हांव सात आठ वर्सांचो आसतनाची गजाल. हांव आजोळा गेल्लों. म्हाका कितल्योश्योच मावश्यो. खंयचे तरी मावशेक कावळो आफुडिल्लो म्हणून म्हाका चलता फिरतना फावो ती काळजी घेवपाची शिटकावणी मेळिल्ली. दुसऱ्या दिसा घरांत सत्यनारायणाची पुजा. दनपारच्या कडार आजो भितर सरलो तशी ताच्या कानार ही बातमी पडली. 'तुवें होच म्हूर्त सोदून काडलो?' ताणें मावशेक विचारलें. म्हाका ते पिरायेचेर लेगीत ह्या प्रस्नांत कांय अर्थ ना हें कळ्ळें.

'आज्या, मावशेन कावळ्याक यो आनी आपल्याक आफूड म्हणून सांगूना. तो कसो, केन्ना आफडत सांगूं नजंऽ. तूं भाटांत वतना सादूर! तुका बी आफडत. फाल्यां तुका पुजेक बसूंक जाय.' हांवें ताची तोपी खुटयाळ्याक लायत म्हणलें.

'तूं बायजण कसो उलोवंनाका. फाजील खंयचे कडलो! हातपांय धुय आनी जेवपाक यो!' मावशेन कावळ्याचो राग म्हजेर काडलो.

आनीक एक वाक्य चड करुन चले ल्हान आसतना आयकत व्हड जातात.

आनी चल्याचो दादलो जालो तरी तें तांची फाट सोडिना. हें वाक्य चल्यांकूच वापरतात कारण चलयांक तें वापरलें जाल्यार ताचो अर्थ भलतोच जाता. 'खंय शेण खावंक गेल्लो' वा 'खंय शेण खावन आयला' हें तें वाक्य. ह्या वाक्याचो अर्थ लक्षांत घेनासतना आमचो पालकवर्ग आनी मागीर आमच्यो अर्धांगिनी तें वापरतात. हें वाक्य वापरतना थळ, काळ हाचें भान तांकां उरना कारण उपस्थितांकूय तातूंत व्हड अर्थ दिसना. आमचीं कांय सोयरीं भायर आसतात ही तुमचे खातीर अभिमानाची गजाल. तीं केन्नाय 'सागरा प्राण तळमळला' अशी अवस्था जाता तेन्ना गोंयां येतात. मागीर तांची आमगेर एक पासय आसता. येतना म्हाका 'Le Coste' टीशर्टां बी घेवन येतात. आसूं. तर, एक दीस हांचे मदलो एकलो, भाभी आनी तांचो एक फॉरेनर फ्रॅण्ड अशी मंडळी आमगेर आयली. तांणी येतना Le Coste टीशर्ट बी हाडिल्लें आनी ज्यूस्त हांव घरा नाशिल्लों. खंय गेल्लों हें म्हत्वाचें न्हय. दनपरां हांव भितर सरलों तेन्ना मंडळी सालांत जेवपाक बशिल्ली. 'खंय गेल्लो शेण खावपाक' आईन सदचेवरी विचारलें आनी जप करपाक बसली.

'What did she say?' त्या फॉरेनरान उमळशिकेन विचारलें. तेन्ना ताणें क्रिस्पी बटाटाचें काप तोंडांत घाल्लें.

'She asked my dude where he had gone to eat cowdung'. हिणें आईच्या संपूर्ण कोंकणी भाशेंतल्या वाक्याचो सायबांचे भाशेंत बऱ्यापैकी अणकार करीत सांगलें. गोरे कातीन विचित्र नदरेन म्हज्या तोंडा कडेन पळयलें. हांव तेन्नाच तोंडांत घाल्लें पिपिरमीट चोखतालों. तो पाना वयलो सोमतो उठलो.

"Sit down Sit down. It is way of saying. There is nothing serious about it". भाभीन ताका तिचे परीन समजावपाचो यत्न केलो.

"Oh gosh Oh gosh Jesus!!!" तो देवाच्या पुताक याद करपाक लागलो.

"Oh calm down my friend! She doesn't mean it my friend! Please give me opportunity of your company my friend! I will have a little bit of rice with kadi. I swear I didn't have cowdung for lunch!" म्हजी इंग्लीश हरशीं मातशी पॉलिश्ड तरी सायबाक तें पटलें ना. ताणें टिश्यू पेपर मागलो आनी तो सोमतो टॅक्सींत वचून बसलो.

अर्थ नाशिल्लीं वाक्यां आमच्या नाटककारांनी पात्रांच्या तोंडांत घालपाची प्रथा आदल्या काळा पसून चलत आयल्या. केन्ना केन्नाय हीं वाक्यां पात्रां स्वगत उलयतात तर केन्ना तीं दुसऱ्या पात्रा कडेन उलयतात. हें सगळें नाटककार कशें बरयता ताचेर निंबून. आदल्या नाटकांनी स्वगतां पानांचीं पानां आसतालीं. आज आमी अशें स्वता कडेन उलोवंक लागत जाल्यार आमची पोटली मानीकॉमांत पावतली. देख दिवची जाल्यार 'एकच प्याला' आंतलें सुधाकराच्या तोंडांतलें स्वगत पळयात. 'च्योवीस तास झाले. मस्तकावर नुस्ते घणाचे घाव बसताहेत! काही सुचत नाही, काही नाही.' आमी तकली उसळूंक लागतकच तकलेक अमृतांजन सारोवन आड पडटात. तकलेक भगभग पडटकच

मातशें बरें दिसता. हो जालो म्हजो अणभव. तुमी अमृतांजनाचे सुवातेर टायगर बाम काडटा आसत पूण कोणूच, च्योवीस वरां जालीं तकली तुतयो मारिल्ल्यावरी फोडटा, 'कांयच सुचना गे बाये, कांयच ना', अशें स्वता कडेन उलयना. उलयता आसत जाल्यार ताणें बऱ्याश्या दोतोराक दाखयल्यार चड बरें. म्हणजे फुडारांत घरांत आशिल्ल्यांच्यो तकल्यो सारक्यो उरतल्यो. मास्तरान (राम गणेश गडकरी हांका हांव मास्तर म्हणटां तुमचे म्हायते खातीर) असलीं अर्थ नाशिल्लीं स्वगतां कित्याक बरयलीं खबर ना. मागीर तांकां आपलो आदर्श मानपी नाटककारांनी तांचीच श्री गिरयली. दत्ताच्या नाटकाचेरूय मास्तराचो प्रभाव दिसता. ताणें भट्टीवरचे पाव' ह्या नाटकांतूय असलीं अर्थ नाशिल्लीं स्वगतां घाल्यांत. ह्या नाटकांतलें सविता हें पात्र पयल्याच अंकांत स्वगत म्हणटा, 'अजून पदेर कसा आला नाही बरे? सात वाजून गेले. पोहे कालवायला घेऊ की नको? काही काही समजत नाही! जिवनात एवढे गंभीर प्रश्न आ वासून उभे आहेत. त्यात ही भर!' हांव हाचेर दत्ता कडेन उलयलों. हांवें ताका गोंयांत तरी हें स्वगत वास्तवाक धरून ना अशें स्पश्ट सांगलें. खंयचीच गोंयची अस्तुरी (लग्न जाल्ली) पदेराची वाट पळयतना अशें स्वगत उलोवची ना. चडांत चड 'खंय गेलो हो पदेर तोंड घेवन' अशें आपल्या घरकाराक म्हणत.

पूण सविता अशें उलयली ताका कितें करुंया? नाटककार जेन्ना नाटक बरयता तेन्ना तो ताचो उरना, ताचे भितरली प्रतिभा ताचे कडल्यान तें बरोवन घेता. तुका तें कळचें ना अशें ताणें म्हणलें आनी ग्लास तोंडाक लायलो. हांवें ताचे ते असामान्य प्रतिभेक मनोमन नमन केलें आनी म्हजो ग्लास तोंडाक लायलो.

शेजारच्या राज्यांतूय असलीं अर्थ नाशिल्लीं उतरां आमकां सांपडटात आनी मजा म्हणजे हीं चडशीं उतरां बायलांच्या तोंडांत घोळटात. देखीक, 'ईश्श' हें उतर. दिसांतल्यान एकदां तरी ईश्श म्हणले बगर तांकां सुसेग मेळना आसुये. ईश्श हें उतर आपूण लजल्या हें दाखोवपा खातीर वापरता अशी जाप म्हाका प्रस्न विचारतकच मेळ्ळी. घडये हें खरें आसुये. आदले सिनेमे पळयत जाल्यार तातूंत नायकान फकांडांनी 'आज रानात जायचं मन करतं' अशें म्हणटकच नायिका (णववारी न्हेशिल्ली) 'ईश्श, काही तरीच भलत्याच वेळी!' अशें म्हणत पदर तोंडाक लायताली आनी घराच्या भितरले वटेन धांवताली. आजकाल अशें कांय घडना म्हणटकच म्हजे सारकेलो मनीस मागीर घुसपता. आजकाल अशें घडना म्हणजे ईश्श म्हणटात पूण कोणूच तोंडाक पदर लावन भितर धावना. फाटीं आमगेर आमच्या मुंबयकाराली सून आयिल्ली, स्लिवलेस बी घालपी.

अगं तू स्लिम आहे म्हणून तुला स्लिवलेस शोभतो बरं का– हांव.

ईश्श! काकी, कोलंबीच्या हुमणाची रेसिपी मला लिहून देशील?

पयलें उतर म्हाका लजलां हें दाखोवपाक. उरिल्लीं हिका रांदचेकुडी वटेन तोंड करून. तोंडार लजून तयार

जाल्ली लाली ना आनी भितरूय कोण धांवली ना मागीर हांव घुसपुचो ना जाल्यार कितें जातलें? आमचे हे परशुरामान बाण मारून तयार केल्ले भुंयेर ईश्य, ईश्यगडे बी चलना. हाचो अर्थ आमच्यो चलयो, बायलो बी लजनात अशें न्हय. आमगेली ही लग्न जाल्याउपरांत उतरा उतराक लजताली. हांवें हिका अशी लजून म्हजो टायम वेस्ट करू नाका म्हणलें लेगीत.

म्हजी लुंगी बरी धुल्या मुगो? म्हज्या हें वाक्याक कोण लजत अशें हांवें सपनांत लेगीत चिंतूंक नासलें.

श्शी बाये तुमी न्ही!! अशें म्हणून हिणें बेडरूमांतल्यान धांव मारिल्ली ती म्हाका अजून याद आसा. वाटेर बापूय गरम उदकाचो तांबयो घेवन येतना कसो साल्वार जालो ताकाच खबर.

ती हालीं उतरा उतराक लजता आं. तूं तुजो जीव सांबाळ! टायगरान बापायक म्हणलें. आसूं. ईश्य हें उतर जरी अर्थ नाशिल्लें आसलें तरी वि. वा. शिरवाडकरा सारकेल्या नाटककाराक नटसम्राट ह्या अभ्रंवर नाट्यकृतींत तें घालपाचो मोह आवरलो ना हें तुमी नाटक पळयलां जाल्यार कळटलें.

नाटकां वयल्यान याद जाली, कांय साहित्यकृतींचो आमकां अर्थ लागना. हाचो अर्थ तांकां अर्थ नासता असो न्हय तांकां अर्थ लावचो पडटा. आमचो नागवेंकार ह्या शतमानांतलो एक आघाडीचो कवी म्हणल्यार जाता. भांगराचो मोडाव काडटां काडटां तो तितल्योच सुंदर कविता करता. आमकां ताच्या कवितांचो अर्थ लागना पूण ताचो अभिमान आमकां आसा. आमी ताका म्हणलें लेगीत आमकां समजऽ सारक्यो कविता बरय.

हांव म्हजे उमाळे कागदार ओंकतां. मागीर म्हाका लेगीत कितें बरयलां तें कळना. तें कळपा खातीर कवीच्या अंतरमना कडेन तुमकां एकरूप जावचें पडटलें. अशी जाप आमकां मेळ्ळी. हालींच कवी (नागवेंकार) आपले उमाळे कागदार ओंकलो. ते उमाळे एका दिवाळी अंकार छापून आयल्यात.

पोर्सांत पडीक बांय
दोरयेर सुकता ओलीं
माटवार बसला कावळो
हांव मात उदास उदास...

दिवाळी जाली. व्हडली दिवाळी जाली. नाताळ जालो. तरी आमकां हे कवितेचो अर्थ लागना. हाचो अर्थ आमी कवीच्या अंतरमना कडेन एकरुप जायनात. आसूं.

हांव वयार येवपाक लागलो तसो म्हज्या पालकवर्गाक त्रास जावपाक लागलो. तेन्ना साने गुरुजीन सगळ्यांक भारावन उडयल्ले. सगळ्यांक आपल्या घरांतलो भुरगो श्याम जावचो अशें दिसतालें. हाका लागून सगळ्यांचें लक्ष आमचेर केंद्रीत जाल्लें. आमकां श्याम करपाच्या बोवाळांत आमच्या वाड्या वयलीं कांचन, सविता आनी करुणा हीं पदेर, प्लंबर आनी इलेक्ट्रिशियन respectively हांच्या वांगडा पळून गेलीं. कांय नजंऽ. आज तीं सुखांत आसात! तर, आमचो पालकवर्ग आमकां श्याम करपांत मग्न आशिल्लो. शिरी मामान म्हाका श्याम करपा खातीर 'ब्रह्मचर्य हेच जिवन' आनी वीर्यनाश म्हणजेच 'सर्वनाश' हीं दोन पुस्तकां

वाचपाक दिलीं. पुस्तकांक लेखकांनी दिल्लो तपशील आनी म्हजो प्रत्यक्षांतलो अणभव हांचो मेळ बसना जाल्ल्या कारणान म्हाका कांयच अर्थ लागना जालो. अश्या वेळार मार्ग दाखोवपाक विचारवंत आसप खूब गरजेचे. त्या काळांत विचारवंत तयार जावंक नाशिल्ले. आतां मेळटा थंय विचारवंतूच मेळटात. पुस्तकांत लेखक जें सांगतात तें कळपा खातीर वाचप्यांची पातळीय तितलीच आसची पडटा हें हांव मान्य करतां. थंय हांव कमी पडला आसुये. संताचीं वचनां आनी अभंग हांचो अर्थ लायत आमची जीण सरता आनी शेवट मेरेन ते कितें सांगूक सोदताले तें आमच्या हाताक लागना. हाका लागून आमच्या विचारवंतांचे पसरे बरे चलतात अशें म्हजें मत. नवरात्रांनी आमी बरी बिदागी दिवन किर्तन सांगपाक हाडिल्ले बुवा आपले तांकी प्रमाण अर्थ लावन तें सांगतात. त्या दिसांनी आमी रातचें, सकाळचें उरिल्लें शिवराक जेवन गेल्ल्यान, आमकां सुस्ती मारिल्ली आसता. म्हणटकच आमचे तकलेंत कितलें वता तो भाग दुसरो. माऊलीचो एक अभंग आसा. तातुंतली एक वळ, 'कानडा हो विठ्ठलु कर्नाटकु'. हे वळीचो अजून मेरेन आमकां सारको अर्थ लागूंक ना. माऊलीक कितें अभिप्रेत आशिल्लें आमकां अजून उमगुना. आमकां गीता कळची म्हणून माऊलीन ज्ञानेश्वरी बरयली. ती म्हणून आमकां खंय कळ्ळ्या? सोड. थोडे विचारवंत विठ्ठलाची म्हन्नतीं कर्नाटकांतल्यान आयल्या म्हणून माऊलीन कर्नाटकु उतर वापरलां अशें म्हणटात तर थोड्यांचें मत विठ्ठल (पंढरपुरचो) खूब नाटकां करपी म्हणून ताका कर्नाटकु अशे संबोधन केलां. हे बाबतींत हांवें सावळ्याक विचारलें. 'तुका म्हणे नटधारी भोग भोगून ब्रह्मचारी' अशें तुकाराम बुवान म्हणलां अशी जाप सावळ्यान दिली. हे जापेचोय म्हाका अर्थ लागलो ना पूण सावळ्याक परत विचारपाची कापासझदाद म्हजे भितर नाशिल्ली. म्हणटकच हांवें सोडून दिलें. सोड.

आतां अर्थ सारको लागलो ना जाल्यार अर्थाचो अनर्थ जाता आनी प्रकरण हाता भायर वता. हांगा म्हाका शांताबाईच्यो वळी याद जातात. 'काही करु पहातो रुजतो अनर्थ, तेथे माझे अबोलणे ही विपरीत होत आहे'. शांताबाईच्या मताकडेन हांव सामको सहमत आसा. अर्थाचो अनर्थ जावपा खातीर तोंड उगडुपाकूच जाय अशें ना हें सामकें खरें. आमच्या संवसाराचे वेलीर तिसरे खेपे फूल फुल्लें तेन्नाची खबर. ही सदचे स्टायलीन 'हांव तशेंशें दिसता' अशें म्हणून लजली. हांवें 'हय? च्याक उडय आनी फ्रिजांतलें अळसांद्याचें तोंडाक भायर काडून दवर. हांव ताका उंडो लावन खातां.' इतलेंच म्हणलें. हांगा अर्थाचो अनर्थ जावपाक कांयच स्कोप ना हें तुमी मान्य करतले. ही सांजची म्हाका कुळारा पावय म्हणून फाटीक लागली. 'शुभस्य शीघ्रम' हातूंत विस्वास दवरपी हांव. हांवें सोमती चंद्रकांताली टॅक्सी आपयली आनी हिका धाडून दिली. हांवें फावो ती उमेद, खोस दाखयली ना म्हणून हिका भिरभिरी मारिल्ली. म्हणून ही कुळारा गेल्ली म्हणपाचें कळळें. हरशींय म्हणून हांव हिका कुळारा

सोडटलोंच आशिल्लों हाचो प्रस्नूच ना. आमगेर संवसाररुपी वेलेर तीन फुलां फुल्लीं. दर खेपे तीच उमेद उरता अशी ना. पयले खेपे हांवें बातमी आयकल्या बराबर हिका उखलिल्ली. तीच ताकद आनी उमेद हाची तिसरे खेपेय अपेक्षा दवरप हीं पिशेपणां अशें म्हाका दिसता. पूण हिणे ताचो भलतोच अर्थ लायलो. म्हाका खोस जावनाशिल्ली अशें न्ही. 'मुलं ही देवा घरची फुलं' हें म्हाकाय खबर आसा. गोड बातमी आयकून (तिसरे खेपे) म्हाका मात्तूय खोस भोगली ना अशी खबर मावोड्यां पसरली. आसूं, तांकां सोबलें तें ताणी केलें. वयर म्हणलां तशें अर्थाचो अनर्थ जावपा खातीर तोंड उगडुंकूच जाय अशें ना. हिचे आवयचीच गजाल सांगतां. हिची आवय हिची खबर घेवपाक येताली तेन्ना म्हजे खातीर म्हाका आवडटा म्हणून चुरमो, तळिल्ले घरे, पिठाच्यो गुळयो बी घेवन येताली. ती भितर सरल्या बराबर हांव हातांतल्यो पिशव्यो घेतालों. आयल्या ती बरी दोन तीन दीस राव, हांव सोडचों ना तुका' अशें म्हणून पिशव्यो रांदचेकुडींत दवरतालों. कृष्णान सुदाम्याक हाडिल्ले फोव फकत पळोवन ताका रंकाचो राजा केलो. हिची आवय म्हजे खातीर इतलें सगळें घेवन येताली म्हणटकच तिचे खातीर हीं उतरां फावतालीं अशें म्हाका दिसता. मागीर मागीर ती हात हालयत येवपाक लागली. हांव बेल वायतकच तिका दार उगडटालों. आयली तूं?' अशें म्हणून सालांत वचून फॅना खाला बसतालों. हातूंत म्हजें कितें चुकतालें अशें म्हाका दिसना. ती हात हालयत आयिल्ल्या कारणान तिच्या हातांतल्यो पिशव्यो घेवपाचो प्रस्नूच येनाशिल्लो. तिका रावपाचो आगरोय करपांत अर्थ ना हें म्हाका कळिल्लें. तो केलो ना जाल्यार लेगीत ती म्हयनोभर तरी रावताली. थोड्या तेंपान 'जांवयबापू आपल्याक पळोवन तोंड काळें करता आनी आयली ही पिडा मनांत म्हणत सालांत वता' अशी फाम मावोड्यां पडली. तोंड उगडल्यारूय अर्थाचो अनर्थ. बंद दवरल्यारूय तोच परिणाम म्हणटकच हांवे हाचेर विचार करपाचो सोडून दिला.

आयज आमचे जिणेची गती भयानक रितीन वाडल्या. कोणाक कितेंय सांगल्यार तें पुरायपणान लक्ष दिवन आयकुपाक कोणाच कडेन टायम ना. हाका लागून अर्थाचो अनर्थ जावपाचीं प्रकरणां वाडल्यांत. आयज जो तो एकामेकांचेर अब्रूलुकसाणेचे दावे घालत आसता. दुसऱ्या दिसा आपल्याक तशें म्हणपाचें नाशिल्लें अशें म्हणून माफी मांगता. हाका लागून हांव कितें म्हणटां ताका घटाय मेळटा. मोनालिजाचो हांसो आमी गूढ अशें मानून घेतलां. कारण आमची मती ताचो अर्थ लावपाक कमी पडली. तेच भशेन ज्या उलोवण्याचो, वागण्याचो अर्थ आमकां लागना तें गूढ अशें मानून सोडून दिवचें. ताचो अनर्थ करचो न्हय अशें म्हजें स्पश्ट मत. स्पश्ट उतर वापरतकच थंय अनर्थ जावपाक सुवात उरना.

000

ललीत

(निबंद)

अरुण काकोडकार

जीण-मर्णाची लडाय

खुबशो कथा-कादंबरी आमी वाचतात, नाटकां-सिनेमा पळयतात आनी करमणूक म्हणून तितली पुरती ताची मजा घेतात. कांय मनांत घर करून बसतात. कांय आमी विसरूनय वतात. त्यावेळार आमकां तांचो अर्थ आशय समजलोना जाल्यार आमी ताची फोडणीशी करूंक वचनात. पुणून मागीर केन्ना तरी, आयुश्यांतल्या एकाद्र्या अणभवान प्रसंगान अचकीत ती कादंबरी, सिनेमा याद जाता आनी तातूंतलो अर्थ समजूंक लागता.

हालींच 'रुस्तम' सिनेमा पळयलो. के. एम. नानावटीच्या खून-खटल्याचे फाटभुंयेर आदारीत हो सिनेमा. साठ वर्सां पयलीं मुंबयच्या शारांत घडिल्ली खरी खरी गजाल. नानावटी हो एकूणतीस वर्सांचो सरकारी नावीक अधिकारी सिंथीया हे सोबीत अस्तुरे लागीं ताचें लग्न जाता. लग्ना उपरांत कांय दिसांनी तो ड्युटेर रुजू जाता. नोकरेक लागून वर्स-सवाय वर्स तो पयस उरता. सिंथीया वांगडा ताचो नित्य पत्रवेव्हार चालू उरता. एक फावट सुटयेर घरा आयिल्ले कडेन ताका सिंथीया आनी ताचो इश्ट प्रेम हांचें प्रेमप्रकरण लक्षांत वता. जिचेर आपणें जिवापाड मोग केलो ती आपली घरकान्न आनी आपलो लागीचो इश्ट हांणी केल्लो विस्वासघात ताच्या खूब मनाक लागता. ताच्या मनांत सुडाची भावना जागी जाता. रागाच्या भरांत तो इश्टाचो खून करता.

खुनाची केस मुंबय हायकोर्टात आनी मागीर सुप्रीम कोर्टा मेरेन पावता. नानावटीक ताच्या गुन्यांवा खातीर इंडियन पिनल कोडच्या 302 कलमा खाला मरणख्यास्त

अरुण काकोडकार : जल्म : 1951 ; कथा, कविता, एकांकी, नाटक, निबंध अशा प्रकारांत साहित्य निर्मणी. *'मूठभर मळब'* हो निबंध संग्रह प्रकाशीत. वेग-वेगळ्या नेमाळ्यांनी- दिसाळ्यांनी म्हण सुमार 80 लेख-निबंधांचें प्रकाशन. बिम्ब प्रकाशनाचो बिम्ब पुरस्कार 2015, तशेंच गोंय सरकारच्या कला आनी संस्कृती संचालनालयाचो कला गौरव पुरस्कार 2015-2016 हांणी सन्मानीत. 1978 आनी 1979 ह्या दोनय वर्सां गोंयच्या कोंकणी भाशा मंडळान घडोवन हाडिल्ल्या कोंकणी नाट्य लेखन सर्तीत लेखनाचें दुसरें बक्षीस प्राप्त.

जाता. राष्ट्रपती कडल्यान मरणख्यास्त जल्मठेपे मेरेन उणी जाता. चवदा वर्सां बंदखणींत काडून नानावटी सुट्टा आनी सिंथीया वांगडा संवसार करता.

अशाच विशयाचो 'अचानक' नांवाचो सिनेमा सत्तरीच्या दशकांत आयिल्लो. ज्येश्ठ कवी गुलजार हांणी दिग्दर्शीत केल्लो सिनेमा. गुलजारान खुबशे सिनेमा दिग्दर्शीत केल्यात. मेरे अपने, परिचय, कोशिश, आँधी मौसम, किनारा हे तांचे कांय गाजिल्ले सिनेमा. 'अचानक' सिनेमा 1974 वर्सा आयिल्लो. सहज म्हणून हांवें इश्टा वांगडा तो सिनेमा पळयलो आनी मागीर तो विसरून गेलों. हालींच केन्ना तरी 'गुलजार - एक दिग्दर्शकाचा प्रवास' हें पुस्तक म्हाका वाचूंक मेळ्ळें आनी त्या सिनेमाची उजळणी जाली.

अचानकाची काणी नानावटी खटल्याचेर आदारीत आसा. पुणून कथेंत कांय बदल आसात. एक डॉक्टर (सर्जन) आनी ताचे लागीं उपचाराक हाडिल्ल्या एका मरणासन्न मिलीटरी जवान हांच्या नात्यांतल्यान निर्माण जाल्ल्या प्रस्नांची काणी.

रणजित नांवाच्या तरण्या जवानाचें लग्न जाता आनी थोड्याच दिसा भितर ताका ट्रेनिंगाक वच्चें पडटा. हें ट्रेनिंग चालू आसतना चीन भारताचेर आक्रमण करता. रणजिताक शिमेचेर धाडटात. शिमेचेर लडटना अचकीत दुस्मान सैन्य तांचे तुकडीचेर घुरी घालतात. फकत मूठभर सैन्य घेवन रणजित दुस्मानांक आडावन दवरता. हे लटाफटींत तो बऱ्याचशा सैनिकांक जिवानीशीं मारता. ते खातीर ताका शौर्यपदक फावो जाता. तें घेवन खोशयेभरीत जावन अचकीत तो घरा येता. घरा ताका अनपेक्षीत देखाव दिश्टी पडटा. ताची घरकान्न आनी तिचो मोगी एकामेकांचे वेंगेंत आशिल्लीं ताचे नदरेक वतात. तें पळोवन तो गर्भगळीत जाता. विस्वासघात ताच्यान सोंसूनजो जाता. ताच्या हातांतलें पदक सकयल गळून पडटा. सुडाचो उद्रेक ताच्या मनांत निर्माण जाता. सूडबुद्दींतल्यान तो आपली घरकान्न आनी तिचो मोगी एका फाटोफाट दोगांयचो खून करता. केस सुप्रीम कोर्टा मेरेन पावता आनी दोन खुनांच्या गुन्यांवा खातीर ताका फांशीची ख्यास्त फावो जाता.

मजगतीं, पोलिसांचे कस्टडींतल्यान रणजित पळून वता. पोलीस ताचे फाटल्यान लागतात. ताचेर फारपेट करतात. पोलिसांच्यो गुळयो लागून रणजित अत्यवस्थ जाता. तशेच अवस्थेंत ताका हॉस्पिटलांत हाडटात. ताका पळयनाफुडें हो पेशंट वाचपाक कठीण असो डॉक्टराचो अदमास आसता. पुणून उपचार तर करूंकूच जाय. पेशंटाक वांचोवपाक डॉक्टर शर्थीचे यत्न करता. एक व्हडलें ऑपरेशन करून ताचे प्राण वांचयतात. ल्हवू ल्हवू पेशंट निवळटा. कांय दिसां उपरांत तो चलूंक - भोवंक लागता. जिवान बरो जाता.

आतां पोलीस ताका परत व्हरपाक येतात. इतले कश्ट करून भलायकेच्या वायटांतल्यान वांचिल्ल्या पेशंटाची फांशी अटळ आसा हें डॉक्टराक पटना. पेशंटाचे वतीन तो राष्ट्रपतीक दयेचो अर्ज करता.

राष्ट्रपती अर्ज मान्य करिना. पेशंटाक पोलिसांचे सुवादीन म्हणल्यार मरणाचे सुवादीन केले बगर डॉक्टराक गत्यंतर नासता. एक वेगळीच अस्वस्थताय, पेशंटा विशीं कळकळ, तळमळ डॉक्टराच्या काळजांत लागून उरता. ''हांवे म्हजें कर्तव्य केलें. कायद्याक हांव आडावंक शकना.'' निर्शेणीचीं उतरां डॉक्टराच्या तोंडातल्यान येतात.

एक कर्तव्यनिश्ठ, प्रामाणीक फौजी एका फाटोफाट दोन खून कित्याक करता हाचें कारण सांगतना रणजिताची वस्तुस्थिती ताचो मुखेली कर्नल बोस डॉक्टराक सांगता तेन्ना डॉक्टर सहजपणान उलोवन वता. इतल्या सैनिकांक मारून रणजिताक मॅडल फावो जालें आनी दोगां जाणांक मारून. सजा-ए-मौत! इज इट नॉट अ स्ट्रेंज?

खूब जाणांक मारूनूय एकाद्रे व्यक्तीक पदक फावो जाता आनी एकल्याक मारल्यार फांशी. अशें कित्याक जाता? खूब वर्सां पसून मनशाक पडिल्लो हो प्रस्न. खंयचेय नैतीक निती-कल्पनालागीं आमकां वच्चें पडटा. हेरांक मारपाक आपल्याक अधिकार आसा हें जेन्ना मनशाक समजता तेन्ना तांकां मारप हे तो आपले कर्तव्य समजता. हत्ये फाटलें कारण जर समर्थनीय आसा जाल्यार हत्त्या समर्थनीय थारता... ''एक-एक ने दस दस को मारा'' कवी प्रदीप हांच्या 'ए-मेरे वतन के लोगों' ह्या प्रसिद्ध देशभक्ती गितांतली एक ओळ खूब कितें सांगून वता. भुरगेपणांत हें गीत आयकतना भारतीय सैनिकांचो पराक्रम आयकून आमचीं हड्डीं फुलून येतालीं.

स्वताच्या संरक्षणा खातीर केल्ली हत्या शिक्षेक पात्र जायना. झुजामळार दुस्मान मुखार आसतना ताची हत्या... हे हत्येक सर्वसामान्य मान्यताय आसा. ते खातीर आपल्याचेर आक्रमण करतल्याची हत्या ही दरेका देशाच्या नैतीक मापदंडांत तोखणायेक पात्र थरता. मात व्यक्तीगत कारणाक लागून कोणाचीय हत्या करप हाका समाजीक मान्यताय नासता. कायद्या प्रमाण तो गुन्यांव आसता.

व्यक्ती आनी समाज हांचें एकामेकां वांगडा एक नातें आसा. व्यक्तींतल्यान समाज घडटा हें जरी खरें आसलें तरीय व्यक्तीं आनी समाज हांच्यो एकामेकाविशीं अपेक्षा खेरीत आसात. एक व्यक्ती आपल्यो स्वताच्यो सगळ्यो गरजो भागोवंक शकना. तातूंतल्यान समाजाचें म्हत्व वाडत वता. समाजां व्यक्तीचेर अनेक निर्बंध, अनेक बंधनां आसतात. निर्बंध मोडटल्याक ख्यास्त फावो जाता. नेम पाळटल्याक सुरक्षीतताय मेळटा.

हांवें म्हज्या जोडीदाराक निवडलो हाचो अर्थ ताचे विचार, ताचीं मतां म्हाका लागू जायनात. अशें जरी खरें आसलें तरीय आपल्या जोडीदारा वांगडा कशे तरेन रावप, ताचे वांगडा संवसार कसो करप, कसो सांबाळप हीं आयुश्यांतलीं व्हड बंधनां! म्हज्या जोडीदाराक वायट वागणूक दिवपाचो जावं ताचो छळ करपाचो म्हाका कसलोच हक्क ना. कायदो हो सगळ्यांत व्हडलो निर्बंध. कायद्याचे फास्केंत रावन

वावरप ही व्हडली समाजीक गरज.

लिओ टॉलस्टॉयान म्हणलां, सुखी कुटुंबां हीं थोडेभितर एक सारकीं आसतात. दरेका दुखी कुटुंबाच्या दुख्खाची तरा मात वेगवेगळीं आसता. तांच्या दुख्खाची तरा वेगळी, गंभीरताय वेगळी... दुख्ख सोंसपाची तरा वेगळी. कोणाक जाय तें मेळना हाचें दुख्ख कोणाक जाय तें मेळून लेगीत भोगूंक मेळना हाचें दुख्ख, कोणाक प्रीय व्यक्तीच्या वियोगाचें दुख्ख, कोणाक विस्वासघाताचे दुख्ख... वियोगाचें दुःख विस्वासघाताचे दुख्ख पराभवाचें दुःख, दुबळेपणाचें दुख्ख. एकाद्र्या रुखार हजारांनी लाखांनी पानां आसून लेगीत प्रत्येक पानाचें रुप, ताचो आकार वेगळो आसता तशी दुख्खाचीं तरेकवार रुपां!

हीं तरेकवार दुख्खां मनीस विंगड विंगड तरांनी सोंसता. कांय जाण वांट्याक आयलां तें दुख्ख सोशीत फुडली वाट चलतात. ल्हान-व्हड दुख्खाची वर्जी ओडीत नव्या उजवाडाची वाट पळयतात. दुख्ख पचोवन, नवे उमेदीन नव्या खिणा सामकार वचपाचें बळगें सगळ्याच जाणां लागीं खंय आसता? मागीर तीं दुख्खांत निर्शेतात, गळसणटात. लोकांक उलोवपाक तो एक विशय जाता. तिखट-मीठ लावन एका-दुसऱ्याक सांगपाक तांकां मजा येता. आनी तातूंतल्यान एक कथा, कादंबरी, सिनेमा घडून येता.

000



लोकवेद

(लेख)

अशोक नेने

श्री महालक्ष्मी व्रत : एक आढावो

अश्विन शुद्ध सप्तमी. हे दिवसा महालक्ष्मी व्रत मोठ्या हौसेनं कोकणस्थ ब्राह्मणात करसत. हो कार्यक्रम म्हणजे बायलांचा व्रत. खास करनी नवीन लग्न झालेली सौवाष्ण (सुहासिनी) हे व्रत किमान पाच वर्षां पर्यन्त करसे. वास्तविक हे व्रत 5, 8, किंवा 16 वर्षापर्यंत करेचा ससे. आजकाल धकाधकीचे जीवनात नवीन लग्न झालेल्यो सौवाष्णी पांच वर्षाचाच व्रत करणा पसन्त करसत. जुने काळात हेच व्रत आठ किंवा सोळा वर्षां पर्यन्त मना पाष्णीं करीत सल्यो.

महालक्ष्मीचा व्रत करेचा ठरले नंतर, पूर्वतयारी खूपच

अशोक नेने : निबंदकार. सत्तरी वाठारांतल्या सामाजिक आनी सांस्कृतिक जिणेचेर चित्पावनी भाशेंत खाशेलेपणान लेखन. 'कोंकणी दिवाळी अंक', 'भांगरभूंय,' 'शारदियेची चंद्रकला' ह्या नेमाळ्यांतल्यान लेखन प्रसिध्द. *'खडतर जिणां'* हें ललीत निबंदांचे पुस्तक प्रकाशीत. संपर्कः कडतरी, सोनाळ, सत्तरी-गोंय , मो. 9423811778.

ससे. हे व्रत प्रत्येक घरात हत नाय. जे घरात नवीन लग्नकार्य जाला से ते घरात करेच हवा असा नाय. इछा प्रमाण कोणी तरी आपले घरात करसत. कोणी तरी म्हणजे जे घरात नवीन लग्न कार्य जाला से तेच घरात करसत. इतर सोयरे पाहन्नणे किंवा शेजारच्यो सौवाष्णीं मिळोनि एकी कडा हे व्रत करसत. पिढ्यान पिढ्यो चालत आयलेले हे व्रत मनोभावे आज पर्यंत अखंडीत से. आनंदानं, पूर्ण भावनांन, मन लावणी, अणी पूर्ण श्रद्धा थेवनीच हे व्रत करणांऱ्यो सौवाष्णीं आजही सत. सौभाग्य अखंडीत उरेवा होच हे व्रताचो हेतू ससे.

हो हेतू साध्य करणे साठी आत्मशुद्धी, गृहशुद्धी आणि परीसरशुद्धी ही क्रमानुसार पहिली. म्हणी यजमान घरदार आणि आजूबाजूचो परिसर स्वच्छ करसे. घराचो केर वारो करनी घेसे. रंग रंगोटी पण करसत. जमिनी शेणांन सारवनीं रांगोळी घालेची प्रथा विसरत्नाय. तेच बरोबर दारातले खळेत माटोव घालसत. म्हेडी उभारनी, माडयाची आडी घालनी, वरती माड्याची कामटां घालनी आच्छादनाची तयारी करसत. माडाची आणि माड्याची चुट्टां घालनी आच्छादन करसत. ही सगळी तयारी कार्यक्रमाचे आधीच पंधरा दिवस उरकलेली ससे. हे सरते पावसाचे दिवस सले तरी परंपरा नुसार माटोव घालणां प्राप्तच ससे. तशीच घरातले मधले चौकात महालक्ष्मीचे पूजनाची जागा निश्चित ससे. त्याहा आरास करनी सुशोभीकरण करे यजमान विसरत नाय. महालक्ष्मीचे पुढा तऱ्हा तऱ्हा ची आरास करसत. जास्त करनी केळीचे गबेंची

सजयलेली महालक्ष्मीची मुर्ती

आरासच सर्वमान्य अशी ससे. ही सगळी पूर्वतयारी केले शिवाय हे व्रताची शोभा वाढत नाय.

सौभाग्य वृद्धी, जन्मजन्मांतरण, अखंडीत सौभाग्य, पुत्रपौत्र, धनधान्य, आयुरारोग्य हे सगळेची प्राप्ती होच संकल्प करनी महालक्ष्मी पूजन हे व्रताची सुरवात ससे. जो कोणी यजमान महालक्ष्मी पूजन करेचा ठरयसे तेला सगळ्या वशीऱ्यांची तयारी अणि व्यवस्था करेची ससे. आश्विन शुद्ध सप्तमीचे

दिवसा सकाळी न्हावनी सगळ्या वशिऱ्यानी नऊवारी कापड नेसनी पुजाला सुरुवात हसे. तेची पहिली अणीक खूपशी तयारी करेची ससे. अन्नपुर्णाची अणी गणपतीची मुर्ती, पुजा साहित्य, समई, निरांजनां, धुप दिप, वाती वस्त्र, आरत पंचारत, अशी नित्य पुजाची तयारी. ते शिवाय खास तयारी पण ससे. चार दुर्वांच्यो चुड्यो, सोळा तांदुळाची एक अश्यो चार पुड्यो. तांदुळाचे पिठा पाष्णी केलेल्यो काही वस्तू – लेणी, सौभाग्य अलंकार, पांच नग निरांजनाचे, सात नग भांडार, सोळा दिवे, सोळा मुठे, ही सगळी एका वशिऱ्या साठीची तयारी. अशी जितक्यो वशिऱ्यो तितके नग तयार करेवे लागसत. प्रत्येक वशिऱ्याला सोळा दिवेतिमुठे. किमान पांच वशिऱ्या सयवेच हव्यो. जास्ती म्हणजे पंचवीस पर्यंत ससत. जितक्यो वशिऱ्यो तितके दिवे मुठे. हे सगळे नग व सौभाग्यलंकार भांगरा सारखे दिसे हवे म्हणी पीठात हळद पावडर घालस, पीठ मळनी तयार केलेले अलंकार पिवळे धम्मक दिस्सत.

वशिऱ्यांना इतकी सगळी तयारी करनीच पुजाला बेसेवां लागसे. अनशीचे सुताचे तातू हातात बांधनी पुजाला बेसणा क्रमप्राप्त ससे. ते तातू ला पहिले वर्षांची एक गाठ. दुसरा वर्ष सएल जाले दोन गाठी. हे प्रमाण क्रम थेवेचो. सकाळी सगळेत पहिली तुळशीची पुजा. तुळशीतले चार गुंडे घेवनी तेंची पुजा करेची. प्रत्येक वशिऱ्याचे वेगळे वेगळे. ते गुंडे म्हणजे आराडे भराडे. मग ते आराडे भराडे हाडनी देवघरात तांब्येत थेव्वेचे. अन्नपुर्णा व गणपतीची मुर्ती स्थापन करनी तेंची षडोपशार पुजा करेची ससे. पहिलाच व्रत करणाऱ्या वशिऱ्यान जोडीने पुजाला बेससत. देवाला अभिषेक करनी, तां पाणी आराडे भराडे थेयलेले कलशात घालनी, वरतो खण झाकनी थेवेचो ससे. षडोपशार पूजा वेळा अलंकार पूजा करनी ते अलंकार देवीला वाहवेचे ससत. तेडला सवाष्णी देवाला सांगणा करसत. तुला घे पिठाचे माला दे सोन्याचे असा म्हणसत. तसाच अवैधव्य प्राप्ती साठी देवीला पांच अर्घ्य दान करसत. सुपारी, गन्धफुल, अक्षदा, नाणे, अशी पांच अर्घ्या देवीला दान करसत. पिठाचे केलेले भंडारे देवीला दान करसत. पिठाचे पांच निरांजनाची आरत देवीला दाखयसत. सोळा तांदळाची पुडी आणि एक दुर्वाची चुडी देवीला वाहासत. त्याचवेळा पांच घागरींनी फुंकर घालनी त्यो घागरी देवीचे पुढेत थेयसत. प्रत्येक वशिरी वैयक्तिक पानाचो नेवेद्य देवीला दाखयसत. दुर्वाची चुडी आणि सोळा तांदळाची पुडी देवीला अर्पण करे विसरत नाय. ब्राह्मणाला नारळ अणी दक्षणा दान देवनी नमस्कार करसत. हातातलो तातू सोडणी देवीचे पायेकडा थेयसत. आठवणीन ताच वाढलेला पान देवीचो प्रसाद म्हणी आपण जेयसत. जेयताना खास एक वैशिष्ठ ससे. जेयताना मूक भोजन करेचा ससे. कारण इतकाच की सदभावनेंन देवीची भक्ती पूर्ण हैवी. देवीचो प्रसाद जेयताना केंचोच वाईट विचार बोलणेत येव नये हो एकूच उद्देश.

तिनिसांजेला परत हातांत तंतू बांधनी घेवेचो. धुपारती करेच्यो. मधले वेळात मुखवटो खास माणूस येवनी करसे. तो पण

पिठाचोच करसत. मुखवटो पूर्ण हय पर्यन्त वशिऱ्यानी बघेचो नससे. कारण इतकाच की जर कोणी तेतली गर्भिणी सएल जाले त्याचे गर्भावर परिणाम हवं नये. केंचीही भग्न वस्तू बघितली तर स्त्रियांचे गर्भावर परिणाम हसे, असा तेडलाचा शास्त्र. म्हणी मुखवटो पूर्ण है पर्यन्त वशिऱ्याना तो बघे देत नाय. पहिलीचा शास्त्र विज्ञानाला धरनी सलां. मुखवटो पूर्ण जाले नंतर तो बेसवेचे पयली सांगाडेचे गळेत दुपारचो थोडीसो निर्माल्य, पत्री अणि अन्नपुर्णाची गणपतीची मुर्ती गळेत थेयसत. मग मुखवटो बेसयसत. मग महालक्ष्मीचो सांगाडो नऊवारी कापडान नेसयसत. सुवर्ण अलंकार घालसत. हिरवो चुडो हातात भरसत. इतकी तयारी जाले नंतर तिनिसांजेच्या पुजाला वशिऱ्यो बेससत.

सगळेत पहिली देवीची दृष्ट काढनी ओवाळकी करनी पुजाला सुरुवात हसे. हाताला तंतू बांधनीच पुजाला बेससत. पहिली यजमान जोडपां पूजा करसत. प्रत्येकडं सोळा तांदुळाची पुडी आणि दुर्वाची चुडी देवीला अर्पण करसत. मग वशिऱ्या पूजा जाले उपरांत धुपाचो धूर घागरी दुपयसत. मग प्रत्येक वशिऱ्यान प्रत्येक घागरीत पांच फुंकर घालनी, घागरी फुंकणे कार्यक्रमाला सुरवात हसे. तेचे आदी देवीची ओटी भरसत. मग सगळ्या सौवाष्णींची ओटी भरसत आणि खरे अर्थांन जागर सुरु हसे. जागर उखणी आणि फुगड्यानी कार्यक्रमाला रंगत येसे. सगळ्यो वशिऱ्यो आणि हौशी बायलां फुगड्यो घाले सुरवात करसत. तर दादले फुगड्यो बघे येसत. बघणारे ससत म्हणी फुगडी घालणारेंचो उत्साह वाढसे. फुगड्यांचे नव नवीन प्रकार सुरु हसत. सुरवातीची गोल फुगडी ससे. बरोबर गीत म्हणोनि घातलेल्या फुगड्याला ताल सूर मीळसे. तेचे नंतर झिम्मा फुगडी सुरु हसे. मग निसर फुगडी, दंड फुगडी, जातेची फुगडी, लाटणी फुगडी, सुपाची फुगडी, असे लरकार रंगत जासत. घागरींनी फुगडी तर अखंड रात्र चाळूच उरसे. जश्यो फुगडयो रंगत जास्त तसो कोणातरी एकटी वर भार येसे. देवीचो संचार अंगांत असे. टाळा देवीचा रूप मानूनी, काही जणी त्याला प्रस्न विचारसत. उत्तर खुणांनीच मिळत जासे. तेतच तेंच समाधान असे. अंगात अयलेलो भार डकां तास पर्यन्त उरसे. भार विसावले नंतर त्याची ओटी भरसत.

रात्री मात्र जेवण न करणेची प्रथा से. ते कारणानं सगळे येणारे जाणारे साठी फराळ करसत. फराळाला पोहे, उसळी आणि कढण असे आवडीचे पदार्थ करेची पद्दत से. उशिरा रात्री पर्यन्त लोकांची ये जा चालूच ससे. फुगड्यांचे खेळ अहोरात्र चालूच ससत. हे खेळ भ्रमह मुहूर्ता पर्यन्त चालू ठेवेचज प्रथासे.

ब्रम्ह मुहूर्तावेळा देवीला खिचडीचो नेवेद्य दाखयसत. दुर्वाची चुडी आणि सोळा तांदुळाची पुडी अर्पण करसत. हातातलो तंतू सोडनी देवीचे चरणावर अर्पण करसत. पहाटी ब्रम्ह मुहूर्तावर पंचोपचार पूजा करनी श्री महालक्ष्मी देवीचा विधिवत विसर्जन करसत. सगळेत शेवटी देवीचो मुखवटो आणि निर्माल्य वाहते पाण्यात विसर्जित करनी खरे अर्थानं श्री महालक्ष्मी व्रताची सांगता असे. 000

लोकवेद

(निबंध)

जस्मीता फेर्नांडीस

संस्कृताय आनी चालीरितींच्या संदर्भातलें मौखीक साहित्य

(केपेंच्या, आमोलें गांवच्या क्रिस्तांव गावडी समाजाच्या संदर्भांत)

प्रस्तावना :

संस्कृताय म्हणल्यार समाजाची जगपाची एक विशिश्ट अशी तरा. संस्कृतायेची आनी चालिरितींची पाळां-मुळां नासतना खंयचोय मानवी समाज घडूक शकना. दर एका समाजाची तांची खाशेली अशी संस्कृताय आनी चालिरिती आसता. मनीस जल्मतनाच, ते विशिश्ट संस्कृतायेच्या वा चालीरितीच्या प्रभावांत येता आनी तांच्या प्रभावांतूच ल्हानाचो व्हड जाता. एकाद्र्या समाजाचीं पाळां-मुळां जितकीं खोलांत आसतात, तितलीच ताची संस्कृताय आनी चालीरिती पोरणी आनी समृध्द आसता. क्रिस्तांव गावडी समाज हो गोंयचो एक आद्य समाज, देखूनच ह्या समाजाची संस्कृताय आनी चालिरिती खूब आदल्यो आनी गिरेस्त आसात.

संस्कृताय म्हणटात तेन्ना एक विशिश्ट संस्कारांनी भरिल्लें अशें पारंपारीक जीवन अभिप्रेत आसता. दो. जुवांव फेर्नांडीस आपल्या गोंयचो मूळ आवाज' ह्या पुस्तकांत सुरवातिकूच अशें म्हणटा : मांड गावडा समाजाची एक पवित्र सुवात. मागीर ती क्रिस्तांव गावड्याची जावं वा हिन्दू गावड्यांची जावं मांडार जावपी गावड्याचे लोकउत्सव देखीक- धालो, फुगडी, तोणयामेळ खेळप, हे गावडा समाजाचें खाशेलपण आसा आनी हे सगळे उत्सव, मांडार ह्या पवित्र जाग्यार जाताले आनी ह्या लोकउत्सवा निमतान

जस्मीता फेर्नांडीस : जल्मः 1994, युवालेखक. कविता आनी निबंद प्रसिध्द . गोंयच्या आदिवासी कुणबी समाजाची लोकसंस्कृती ह्या विशयाचेर खाशेलेपणान वावर. 2018 वर्सा, केंद्रीय साहित्य अकादेमीचें कोंकणी खातीर आशिल्लें प्रवास अनुदान प्राप्त. ते वरवीं केरळच्या लेखकांकडेन भेटगांठ. संपर्कः घर क्र. 2001/ 1, पार्टेबाळळी, व्हाया कुंकळी, केपें, गोंय-403705, मो. 8830235532, 8007564864, इमेलः iasmitafernandes@gmail.com.

वाड्या वयले लोक मांडार एकठांय जावन पळयताले.

क्रिस्तांव गावड्यांच्यो बायलो मांडार धालो, फुगड्योय खेळटना दिसताल्यो. केपेंच्या वाठारांतल्या सगळ्याच गांवांनी क्रिस्तांव गावडी समाजांतल्यो बायलो धालो खेळटना मेळनात. म्हजे म्हायती प्रमाण बाळ्ळी गांवांत गावडी बायलो धालो खेळनासल्यो. दादले मांडार खेळटना दिसताले. आमोलें गांवांत बायलो धालो खेळटना दिश्टी पडटाल्यो. तांचे भितर कितलेशेच धालांचे प्रकार बायलो खेळटना दिसतात. पोलोम, सोप्यार दातें, कांण्णार खेळ, मोरायलें बी. धालांनी खेळटना बायलो दोन ओळींनी एकामेकांच्या हातात हात घालून, एके ओळींतल्यो बायलो गितांचें एक कडवें म्हणून दुसरे ओळींतल्यो बायलो दुसऱ्या गिताचें कडवे म्हणून धालो खेळटालीं.

शेतांतलें पीक जावन तें घरांत हाडले म्हणटकूच, सैमाचे उपकार मानपाक बायलो रातच्यो मांडार धालो खेळटाल्यो. मांडार धालांनी खेळपाक सुरवात करचे पयलीं गांवच्या वाडकाराक एक रीत करची पडटाली, ती म्हणजे मांडार दिवली पेटोवप. उपरांत ती दिवली मदीं दवरून धालो घालपाक सुरवात करप असो नेम आसलो. धालांची सुरवात अशी जातालीः

एक ओळीच्यान – धालो रे धालो,
आंबो काडूं या रे धालो, आंबो काडूं या
दुसरे ओळीच्यान– आंबो काडल्यारी
पिकांच्यो राश्यो
आनी देवान बाड्यान रोशिला रे धालो

आमगेल्या मांणारी दोवोला दियो,
दियाको पांय तूं पोडाय गे

आनी आयच्यान धालो कोऱ्याय गे
आनी आयच्यान धालो कोऱ्याय गे.

दियाक पायो पोडाय गे
आनी आयच्यान धालो कोऱ्याय गे
आनी आयच्यान धालो कोऱ्याय गे.

आमगेल्या मांणारी दोवोला नालू
नाल्लाको पांय तूं पोडाय गे

आनी आयच्यान धालो कोऱ्याय गे
आनी आयच्यान धालो कोऱ्याय गे...

सैमाचो उपकार मानपाक धालांची सुरवात देवाक पांय पडून जाताली. 'दिवो', 'नाल्ल', हे देवाच्या नांवान धालांच्या मांडार दवरपाचें एके तरेचे प्रतीक, ताका पांय पडूनच धालो खेळपाक बायलो सुरवात करताल्यो.

धालांचो आनीक एक प्रकार मेळटा तो म्हणल्यार 'पालोम'. हो प्रकार मांडार दोनूय वटांनी ओळी करून रावन बायलो खेळटाल्यो. हातूंत गितांचो सूर आनी पांयांचो ताळ – मेळ वेगळो आसतालो.

एक ओळीच्यान –
येवूं पालोम कोणाचे (2)
मोज्या वाडकार्न बाये गो,

मोज्या वाडकार्न बायेचें.

एक ओळीच्यान-
वाडकार्न बाय बोसोला माणयेरी

गो पालोम दावता नाणयेरी,
गो पालोम दावता नाणयेरी...

आनीक एक धालो प्रकार म्हणल्यार 'सोप्यार दातें' . मांडार धालो खेळटना बायलो दोन वटांनी उब्यो रावन, दोनूय वटांनी पयलें कडवे म्हणून सवकास नाचताल्यो आनी उपरांत त्याच कडव्याचें गीत नेटान म्हणून नाचताल्यो.
सोप्यार दातें गूर गूर जाता,
बावोज देराचें रे धालो,

कास मोदें कास नेटोयला,
सुर्या पेदाचें रे धालो (2)

भावारताच्यो बायल्यो खुंच्यानी
त्यो गेल्यो (2)
खेळों नागोल्यो बाय खेळों नागोल्यो (2)

आडी गायलां वोल गो चोडवा दारा
लायला मोल (2)
भात गाला घरचें गो चोडवा जाय
तशें करचें (2)

आडी गायलां वोल गो चोडवा दारा
लायला मोल (2)
भात गाला घरचें गो चोडवा जाय तशें करचें
(2)

शेतां जोत बांदीलां गो वोळयेको
रांडला काणकोणकाराचे गातलां गोडये
को (2)

कोंबो गेला माळेयक रे कोंब्या बायलूयी
ताळयेर (2)
कोंब्या बा, बा रे कोंब्या शो शो शो शो
ऽऽऽ...

'कांण्णार खेळ' हो एक क्रिस्तांव गावड्यांचो धालोचोच एक प्रकार. पयलींच्या काळार भात वानांत घालून कांण्णाच्या आदारान भात काणप, फोव करप जातालें. हें कांणोण देड मिटरांचें, भिल्ल माडा पासून तयार केल्लें आसतालें. हेंच कांणोण एक बायल मोणकुट्यार आडवें घालून ताचेर धाडायताली. आनी तें जेन्ना एकामेकांचेर आपट्टालें तेन्ना कांणन हें भिल्लाचें आनी मोणकुटो शिशाचें आशिल्ल्यान ताका एक वेगळेच तरेचो टाक... टाक... असो ताल येतालो. गितांच्या आनी तालाच्या आदारान दोन बायलो नाचून हेर दोन- दोन बायलो दोनूय वटांन रावन गितांच्या तालार ताळ्यो पेटीत नाचताल्यो.
आटोंबा कुटोंबा काण्णार शो, काण्णार शो
काण्णार खेट ती कोणाली धूव कोणाली धूव

काण्णार खेट ती वाडकारा धूव वाडकारा
धूव (2)

गोट्याची गायतुरी गो बाय, गोट्याची गायतुरी
मामानी दिलोली गो बाय, मामानी दिलोली
नाच गे नासतोली गो बाय, नाच गे नासतोली
केश आसा भयणुली गो बाय, केश आसा बयणुली

आटोंबा कुटोंबा काण्णार शो, काण्णार शो
काण्णार खेट ती कोणाली धूव कोणाली धूव
काण्णार खेट ती पूनतांली धूव, पूनतांली धूव (2)

धालांचो आनीक एक प्रकार म्हणल्यार 'मोरायलें'. हो खेळटना बायलो वर्तूळ करून नाचत रावतात. त्या वर्तुळा भितर एक पारधी, एका मोराक धरपाचो यत्न करता. शेवटाक मोर ताचे तावडींत सांपडटा. हो खेळ नाचतना फुडलें गीत गायतातः

आरे मोर कूमेरी, पिलां सांडून आयलो घरा (2)
इगां मोर आशिल्लो सूपा पोंदा दांपील्लो
आयज मोराच्यो काळ्ळ्यो कात्यो, सोगली रात जोळ्ळ्यो वात्यो.
आज मोर जांबळीं, हागलो बामणा कांबळीं
आज मोर माणयेर, हागलो बामणा ताळयेर
आज मोर ओण्णार, हागलो बामणा फोण्णार
आज मोर पोटोलो, पोण्णा जाल्यार पादरी आड
आज मोराचें मांस रे, सोगल्या नोका वास रे
आपयो दूपयो चंदर सूडयो, आपयो दूपयो चंदर सूटयो
तारवोट्यान बावता मोर, मोळ्यान मोळ्यो (2)

हे सगळे धालांचे प्रकार क्रिस्तांव गावडी समाजा भितर आसले. धालांच्या मांडार बायलो उमेदीन खेळटना दिसताल्यो. आतांच्या काळार गांवचे मांड बंद जाल्यात आनी बायलो गांवांत धालो खेळटना दिसनात. पूण सर्तीच्या निमतान हे धालो खेळ खेळप जातात.

गांवचे मांड बंद पडले तेन्ना इंत्रुजाच्या वेळार गावड्यांचीं सगळीं गितां म्हणप इल्लीं-इल्लीं कमी जायत गेलीं. इंत्रुजा वेळार सगळीं वाजंत्रां वाजोवन घरां-घरांनी मेळ भोंवतालो तोवूय बंद जालो. मात आजूनय गांवांनी एका जाग्यार रावन धोल आनी तासो बडोवपाची रीत आसा. इंत्रुजा निमताम खेळतियात्र गांवा- गांवांनी जातात. आदलीं इंत्रुजाचीं कांतारां (गितां) अशीं आसतालीं...

मोटार गेलोल गो आवू उलोवचाको (2)
सावड्याक सोगल्याक जाय गो कोळोचाको
सोकाण कामताक जाय वोचोको.

कामा होबोर तू गा कोत कित्याको
पुलीस लेगीत दिनाय इग उलोवचाको
दिनाय ते झाडाक घाय घालुको

सोऱ्या ओळशीक तू इगा कोत कित्याको (2)
देरा आमगेल्या जाय काजार कोरुको
हो गांवचो नोक आमका हांसतलो.

मुज पासत हन्ननये फुगार जात कित्याको

(2)

आत आमी तिगाय एकठाय जान या, गोत वोचाको.

मोळ्याकोडे आराक जाय पावोको.

हीं गितां समाजीक विशया वयलीं. चड करून घर- संवसार, वावर-धंदो आदीं करतना जायती सतावणूक जाताली. पूण मनांतले उत्फर्के वा उमाळे उलोवन दाखोवंक मेळनाशिल्ले. आनी म्हणून हे सगळे विशय अशे तरेच्या इंत्रुजाच्या वा जागोराच्या कांतारांतल्यान वा गितांतल्यान मांडप जातालें. आतां हींच कांतारां वा गितां चाली-रिती भितर चिकटून रावल्यांत.

चालीरितींच्या संदर्भात आमी विचार केलो जाल्यार मानवी समाजांत ज्यो ज्यो चाली- रिती दिसतात त्यो फाटले पिळगे कडल्यानूच मुखा वयले पिळगे मेरेन पाविल्ल्यो आसात. ह्या चाली- रितींच्या संदर्भात, 'कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय' ह्या पुस्तकांत डॉ. तानाजी हळर्णकारान बरयिल्ल्या तांच्या एका लेखांत म्हणलां, मनीस गर्भात आसतनाचो गर्भादानाचो संस्कार धरून जल्माक आयले उप्रांतचे सटये बारशाचे संस्कार, उपरांत ताच्या मर्णाचे, वर्स स्राध्दाचे सगले फाटले पिळगे कडेन आमचे कडेन आयल्यात. त्याच लेखांत ते मुखार म्हणटात : काळा प्रमाण, वाठारा प्रमाण, समुहा प्रमाण संस्कारांनी बदल घडटा. ताका लागून संस्कृताय बदलता.

क्रिस्तांव गावड्यां मदी अनेक क्रिये वा घडणुके फाटल्यान चाली - रिती पाळपाच्यो रिती आशिल्ल्यो.... देखीक भुरगें जल्मल्यां उपरांत, काजारा आदी. आदीं गांवांत वोज (वैजीण) म्हूण आसताली. भुरग्यांचो जल्माचो पार्त करपाचें काम तीच करताली. तिका गांवांत खाशेलो मान आसतालो. भुरगें जल्माक आयले उपरांत स दिसां भुरग्यांची सटी करपाची एक रीत गावड्यां मदी आसताली. ही सटी भरपाचें काम घरच्यांचें आसतालें. पूण जल्माक आयिल्ल्या भुरग्यांच्या नशिबांत वायट आसा तें नपयत करपाची वोजीची जबाबदारी आसताली. सटये रातीच्या दुसऱ्या दिसा फाल्यांर दीस उजवाडचे पयलीं, घरांतलीं मनशां घरा भायर तिका नाल्ल-पोड वा पयशे दवरतालीं. ही नाल्ल- पोड तिणें दीस उजवाडचे पयली घेवन वचूंक जाय आसलें. म्हणल्यारूच भुरग्यांच्या नशिबांत जें वायट आसा तें घेवन वताली.... हातूतल्यान एक गीत वा कांतार तयार जालें. हें गीत घरचीं ते वोजेक फाल्यांर वयता आसतना म्हणटाली...

चामऱ्याल्या घरी..

जोत्याक लायल्यो होलयो

उलोली होली पोरतोन आडी

हाचो अर्थ असो की चामार जनावराची अशुध्द कात वाखकोर लावन ती कात शुध्द करता. म्हणल्यारूच वोज फांतोडेर भुरग्याचे वायट नशीब घेवन वता आनी परत येतना बरें नशीब घेवन येता असो समज आसा.

आदीं क्रिस्तांव गावडी समाजा भितर काजाराच्यो चाली- रिती खूब आसताल्यो. म्हणल्यार... काजारा आदीं, काजारा दिसा, काजारा उपरांत. काजाराची तयारी म्हयनो

भर आसताली जाल्यार काजार दोन दीस आसतालें. पयल्या दिसा व्हंकलेगेर काजार आनी दुसऱ्या दिसा न्हवऱ्यागेर आसतालें. न्हवऱ्यागेर काजार आसता तेन्ना 'ओर' (व्होंर) भितर काडप जातालें. म्हणल्यारूच व्हंकले - न्हवऱ्याक येवकार दिवप. तेन्ना येर्स (व्हेर्स) म्हणटाली.

न्हवऱ्यागेर वाटेन 1.

ओरू चोलोन येयला,
उबोच्य रावला कांपार,
उबोच्य रावला कांपार,
आयज पयले चेपें काडी नवऱ्या,
सोरगीं देवा बापा, आनी सोरगी देवा बापा.

व्हंकले वाटेन 2.

सोगले भांगार कोडोन
एकूच केला गुळो,
एकूच केला गुळो
आयज पोयली माराय उलो
आमगे, पोबरी सायबीणी को...

व्हंकले - न्हवऱ्याक येवकार दितना ओर भायर आनी येवकार दिवपाक माटवाच्या दारांत व्हंकले वटेनचो लोक एक वोळ करून आनी न्हवऱ्या वटेनचो लोक एक वोळ करून, हातांत वात्यो घेवन उबो रावतालो. बेळसांव दितना म्हणपाचें गीत म्हळ्यार...

बेळसांव दिवच्याक येयला रोवी वा,
आबूय ते व्हंकलेचो (2)

आयच्यानी ओळकीचो
नवऱ्या मांवय मूण रे तुजो
मांवान बेळसांव दिलां रोवी वा
दुडू ते मोडिचे (2)

आनी वावराचे जोडीचे
नवऱ्या मिजीर (मानून घेवप) कोनू घेवचे

बेळसांव दिवच्याक एयला रोवी वा,
आवोय ते व्होंकलेची (2)

आयच्यानी ओळकोची न्हवऱ्या मायी मूण रे तुजी
मांयन बेळसांव दिलां रोवी वा
दुडू ते मोडिचे (2)

आनी लाकडाचे जोडीची
नवऱ्या मिजीर (मानून घेवप) कोनू घेवचे.

आतांच्या जण एका समाजांत चाली रिती बदलत आसात. क्रिस्तांव गावडी समाजांतय , तांच्या चाली - रितीं मदी अशे साबार बदल जाल्ले आमकां पळोवपाक मेळटात. आतां बेळसांव दिवपाची रीत बदल्ल्या, ओर भितर काडटना येर्स आतां म्हणिनात पूण त्याच येर्सांची चाल घेवन नवीं गितां रोस काडटना म्हणप जातात.

क्रिस्तांव गावड्यां मदीं भुरग्यांक खेळयतना, न्हिदयतना बी गितां गायिल्लीं मेळटात. रडटल्या भुरग्यांक थांबोवपाक वा वग्गी करपाक गायिल्ल्या गिताची एक देखः

ओगे... राव गो बाये कुल्लो बाजिता.(2)
आब गेला, चिरे मारोको,

आवोय गेल्या, गोंडे नोडोको.
ओगे... राव गो बाये कुल्लो बाजिता.(2)

हें गीत व्हडली भयण आपल्या ल्हान भयणीक म्हणटा. ल्हान भयणीक रडपाचें थांबोवपा खातीर हें गीत आसा. आदल्या काळार आवय-बापूय कामाक वतना आपल्या ल्हान भुरग्यांची जाबाबदारी आपल्या व्हडल्या भुरग्यांच्या खांदार दितालीं. अशे तरेन खास करून व्हडली भयण आपल्या ल्हान भयण वा भावाचो सांबाळ करताली. जेन्ना ल्हान भाव -भयण रडटालीं तेन्ना असलीं गितां म्हणटालीं.

आदी क्रिस्तांव गावडी समाजांतल्या आवय- बापाय कडेन शिक्षण नासलें पूण तांणी आपल्या भुरग्यांक सरभोंवतणच्या गिन्यानाचें दायज दिल्लें. आज्या- आजये कडल्यान तर भुरग्याक जायतें गिन्यान मेळटालें. हें गिन्यान गितां -काणयांतल्यान तांकां मेळटालें. अशा गिताची एक देख म्हणल्यारः

तात बोबे भाजिता
मामा घोरा वोरया
मामान दिला तोवशें
खुंयच्या खांदार घेवचें
आंगडीक व्होयल्यार इकना
घोरा हाळ्यार पिकना....
आटेर बोसोन खावचें
तोंड पोशेन येवचे

आगो कुटुरा (शेवणे)
हन्नय वोयता ?
माडार वोयता
माडार कित्याको ?
वावळी खाडोको
वावळी कित्याको ?
घोंटेर बानोको
घोंटेर कित्याको ?
तांती घालोको
तांती कित्याको ?
पिल्लां काडोको
पिल्लां कित्याको ?
व्हडले मामाले..
धाकले मामालें...
शेत खावून घोरा येचाको.

उपरांत आनीक गीत म्हणल्यार, भुरग्यांक तापयतना वा बरी देख दितना गावपाचेः

आगो बाये रोजबाये
हाती दाणो, केद पोळे,
उदका वोयता, बांयकोडे
पोयशे मागोत मांयकोडे

म्हणी मारप, ओंपारी सांगप, वाक्यप्रचार उलोवप म्हणल्यारच ही आदल्या लोकांची उलोवपाची चाल रीत जावन आसली. केन्ना- केन्ना ह्यो म्हणी तांच्या गितांनी आमकां आयकुपाक मेळटात. आमोलें गांवच्या म्हणी -ओपारीच्यो कांय देखी :

- आळी पोड हालीपोड,
- आळश्याक आग हाता,
- ओपता तेशे पिकता,
- मोग आसल्यार उनउनीत वोडे घांटार पावतात

आमोलें गांवच्या हुमाण्यांच्यो कांय देखी :

- उप माकोड कांट्या इगोर्ज - (जाप- कणकी रान),
- स मुयन्या देखलें रान - (जाप-कणकी किल्ल स म्हयन्यांत येता),
- स मुयने सुके, स मुयने जिते - (जाप - पावस आनी गिमाचे दीस),
- उट उटोण गोबरा नोटा - (जाप- सकाळीं आयदनां घांसप),
- हुटल्यो भोर चोटल्यो - (जाप-मिरसांगो)

वाक्यप्रचाराच्यो देखीः

- आगा दियाय (वागा दियात)
- आगा हावोयाय (वागा खावोयात),
- दोरये माराय - (धांडावन घालात).

निश्कर्श

गोंयचो समाज वेगवेगळ्या जाती, जमाती आनी धर्मांनी वांटून गेल्लो आमकां पळोवपाक मेळटा. गोंयांतले मूळ आदिवासी समाज म्हणल्यार गावडी, कुणबी आनी वेळीप. ह्या समाजान आपल्या मौखीक परंपरेंतल्या साहित्याच्या आदारान पिळगे पिळगे सावन आपल्या पुर्वजाल्या दायजाचो आनी संस्कृतायेचो सांबाळ केला. मात तांची आयची नवी पिळगी हें दायज शिकून घेवपाक आनी आत्मसात करपाक उणी पडपाक लागल्या. हे फाटलें एक कारण म्हणल्यार आयची शिक्षण पद्दत. नवे पिळगेक ह्या सगळ्या पारंपारीक गजालीं खातीर वेळ ना. दुसरें म्हणल्यार तिका आपल्या समाजाची आनी दायजाची लज दिसपाक लागल्या. आनी हाका लागून ती आपल्या समाजा कडल्यान अलिप्त रावपाक सोदता. पूण गावडी समाजाचें हें भोव मोलादीक दायज काळभोंवडेंत ना जावन वच्चे आदीं नवे पिळगेन तें शिकून घेवपाची आनी आत्मसात करपाची अतिशय गरज आसा. नवी पिळगी ही जबाबदारी जेन्ना आपल्या भुजांचेर घेतली तेन्नाच गोंयचें भुंयेर नीज संस्कृताय तिगून उरतली.

संदर्भाखातीर आदारावळः

पुस्तकांः

1. संक. फेर्नांडीस, अँड जुवांव. 'गोंयचो मूळ आवाज', जेपीएल प्रकाशन, एप्रील, 2013.
2. संपा. वेरेंकार, श्याम आनी हेर, कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय', कोंकणी भाशा मंडळ, मार्च, 2003.

माहितीगार-(मुलाखत) :

1. फेर्नांडीस, इनासिना. पिराय 90, गांवः आमोलें, ता. 30 डिसेंबर 2018, वेळः सांजेच्या 4.00- 6.00.
2. फेर्नांडीस, फ्लोरिना. पिराय 85, गांवः आमोलें, ता. 01 जानेवारी 2019, वेळः सांजेच्या 3.00- 6.00.
3. रिबेलो, मिंगेलीना. पिराय 80, गांवः आमोलें, ता. 04 जानेवारी 2019, वेळः सांजेच्या 4.00-6.00.
4. फेर्नांडीस, इजाबेल. पिराय 72, गांवः आमोलें, ता. 05 जानेवारी 2019, वेळः सांजेच्या 3.00-6.00.

000

लोकवेद

(लोकनाट्य)

संकलन आनी शब्दांकन : डॉ. जयंती नायक

कुमारीचें रणमालें

(नाट्य अंश -1)

संकलन : ता. 21-11- 1991

सुत्रधार : (गायन)

म्हणया गणपती नमो सरस्पती,
म्हणया गणपती नमो सरस्पती

आदलें नमन करूं देवा आदिनाथा,
हो दुसरें नमन
दुसरें नमन करूं धतरे माये,
सरस्पती शारदा खेळी रंग माया
खेळती खेळ रे खेळी जोगीण नाथा
सरस्पती शारदा खेळी रंग माया

इसायें नमन करूं शिकय विद्या गुरू
हो इकइसायें नमन
इकइसायें नमन करूं सातय गायना,
सरस्पती शारदा खेळी रंग माया
खेळती खेळ रे खेळी जोगीण नाथा
सरस्पती शारदा खेळी रंग माया

सुत्रधार : (रामकथा सुरू)

(संवाद)

हें रे काय जालें? पांची पांडव जोतां बांदून काय रे शेत कोंसता.

डॉ. जयंती नायक : जल्म : 1962, सर्जनशील लेखक आनी लोकवेद संशोधक. कथा, कविता, नाटक, बालसाहित्य, अणकार, निबंध, लोकवेद अशा साहित्य प्रकारांनी लेखन. 40 पुस्तकां प्रकाशीत, साहित्याचो जायत्या हेर भारतीय भाशांनी तशेंच इंग्लीश भाशेंत अणकार. केंद्रीय साहित्य अकादेमी पुरस्कारान (2004) सन्मानीत. संपर्क : आमोणें, केपें, गोंय - 403 705, मो. : 9823575623

(गायन)
नागराचे अळये कुंमडोळी सांपडला,
नागराचे अळये कुंमडोळी सांपडला

कुंमडोळी भेटोवची बा कोणा राजाक,
कुंमडोळी भेटोवची बा कोणा राजाक

कुंमडोळी भेटोवची बा जनका राजाक,
कुंमडोळी भेटोवची बा जनका राजाक

(संवाद)
त्याच रे कुंमडोळीची कन्या जल्मली!

(गायन)
बरम्या अचुताची कन्या जल्मली,
बरम्या अचुताची कन्या जल्मली

जल्माक आली शिता गा सुंदरी,
जल्माक आली शिता गा सुंदरी

नेण्टेपणी शिता धुल्लार गा खेळता,
नेण्टेपणी शिता धुल्लार गा खेळता

(संवाद)
अशें धुल्लार खेळता आसतना धोणसू रे गावलें. कितें केलें शिते गे सुंदरेन ? अशें तटबंदी आंगणांत सवर्णाचे ताटी, तें धोणसू पुजलें. अशें माणकां –मोतयांची माळा लागली गातोंक. हेंच रे मानी कोण धोणसूं उखलीन त्येला वाहीन माळा!

(गायन)
नवस केला बा शिते सुंदरेन,
नवस केला बा शिते सुंदरेन

(संवाद)
शिते सुंदरेन नवस करता, काय केले बा आनका जनकान?

(गायन)
व्होवळीक पाठयला बा रयता कुळाक,
व्होवळीक पाठयला बा रयता कुळाक

रयत- कूळ येवचें जनका राज्यांत,
रयत- कूळ येवचें जनका राज्यांत

(संवाद)
अशें रयत कूळ येयलें जनकाच्या राज्यांत!

(गायन)
मळे-माटोव, माटोव जपयाले,
मळे-माटोव, माटोव जपयाले

म्हेडी घातल्यो बा काय बंदिल्यो वावुळ्यो,
म्हेडी घातल्यो बा काय बंदिल्यो वावुळ्यो

कन्या दिवची गा त्या खऱ्या मावुळ्याक,
कन्या दिवची गा त्या खऱ्या मावुळ्याक

बारा वर्सां बाप्पा करता परतिपाळ,
तेरा वर्सां बाप्पा मांडटा संयवर
(रामायण थीर जाता. माचयेर गणपतीचें सवंग नाचत येता आनी एका जाग्यार उबें जाता)

सुत्रधार : (गायन)

रंगी आला गणपती रे,
रंगी आला गणपती

गौरीन बाळ जल्मयिला,
गौरीन बाळ जल्मयिला

आमच्या रंगा पावला रे,
आमच्या रंगा पावला

चौदा विद्यांक साधन रे,
चौदा विद्यांक साधन

बाळा भौमान केला रे,
बाळा भौमान केला रे

बसके दिला म्हाणय रे

बसके दिला म्हाणय

(भट गायत येता)

भट : *येतो बिरामण, जातो बिरामण*
आमच्या रंगा पावली,
आमच्या रंगा पावली

सुत्रधार : अहो, रंगाला पावली पावली करता, तुमी कुणाचे कोण ?

भट : अहो, आम्हाला इचारतो की तुमी हे कुणाला इचारतो?

सुत्रधार : तुम्हाला इचारतो.

भट : आम्हाला इचारतो तर सांगतो, ऐका... मी काशी विश्वेश्वर कडून, विठोबा पंढरपूर कडून आलेला एक बिरामण आहे. मग

काय झाले ? बायकोला, मुलग्याला, गणपतीला घेईन मी असा आलो. तिथं सावड्ड्याला एका बर्शीत बसलो आनी एलियण म्हणटा तिथे उतरून इथे आलो. मग काय झाले? तिथं एका दुकानावर बसलो होतो...त्याने मला गुडगुडी दिली ती गुडगुडी मी भुर्र भुर्र करून वोडली अन् मला झांक लागली...तुमी तेला काय म्हणटात ?...

सुत्रधार : गुडगुडी..

भट : बरे. तर संध्याकाळी झोप लागली, इतक्यांत कोंब्याचो कों कों आवाज आला. तुमी काय म्हणतात त्याला?

सुत्रधार : कोंबडा.

भट : कोंबडा? आमी त्याला मुर्गा म्हणतो. तर मी जागा झालो आनी त्या झाडाखाली गेलो, तर काय बघतो, तर तिथं बायकू आहे, मुलगा आहे, पण गणपती नाही...मी त्याच्या मागाने आलो...आनी तो माग इथे आणून मला सोडला..तर तुमचे इथे काय आहे?

सुत्रधार : तुमच्या गणपतीचा माग काय आहे?

भट : आमच्या गणपतीचा माग? मोरो कुटा आनी मागनी कुटा...असा आमच्या गणपतीचा माग.

सुत्रधार : तुमचा गणपती इथे नाही.

भट : पण तो माग आमी इथे आणून सोडला होता. इथे रोंव रुंव ...रोवं रुंव करून आवाज ऐकूं येत आहे...

सुत्रधार : रोंव रूंव म्हणजे काय ? इथे आमच्या देवाचा उत्सव आहे.

भट : देवाचा उत्सव म्हणजे तुम्हाला भटजी

पाहिजे असेल...मी आलोच आहे..मी करतो देवाची पुजा...

सुत्रधार : पण तुम्हाला काय पाहिजे?

भट : तळय पाहिजे...तळय . मला आंगुळी करायला पाहिजे. सहा महिने झाले आंगुळी केल्यार.

सुत्रधार : (गायन)

तळय सोदिता भट नारायणा
पाहूं पाहूं बिरामणा...

भट : तळय मेळ्ळी, न्हाता हांव (न्हाल्याचें सवंग करता) काय तुमच्या मुलांनी इते घाण करून ठेवली. ही बघा मी आंगुळी केली.

सुत्रधार : (गायन)

आंगोळी करीता भट नारायणा
पाहूं पाहूं बिरामणा

सू...सू...सू... (आंगावेले जानवें म्हणजे व्हडली दोरी काडून उमळटा.) (प्रेक्षकांत हांसो पिकता.)

सुत्रधार : कितें रे सूं सूं करता... हुलको पडल्यात काय कितें रे?

भट : आमी त्याला काजवे म्हणतो... (सूं करून उलो मारिल्ल्याचें सवंग करता) आतां मी पुजा करतो.

सुत्रधार : (गायन)

आंगोळी करीता भट नारायणा
पाहूं पाहूं बिरामणा

मुलग्या, तिथून सामान हाड रे इल्लें पुजेचें. (मुलगो सामान घेवन येता, भुरगो अरवळपणा करता, भट सामान मांडटा)

मुलगो : काकाजी, आतां काय करायचे?

भट : ते फस्क काडा, पंचारत पेटवा आनी

देवाला लावा.

मुलगो : देवाला लावा?

भट : आरे, देवासमोर ठेवा.

मुलगो : असे, ठेवतो.

भट : आणखी उजवाती पेटवून देवाला लावा... म्हणजे देवासमोर ठेवा.

मुलगो : *आतां काय करायचे?*

भट : *आतां तुजी घंटा हालव.*

मुलगो : बरं मी घंटा हालवतो. (मुलगो घंटा वाजयता, भट आनी मुलगो दोगांय आरती म्हणतात. भट पुजा करता.)

सूखकर्ता दूखहर्ता वार्ता विघ्नाची,

सूख करता दुख हर्ता
वार्ता विघ्नाची
जय देवा जय देवा
जय रे तूं भटा
हुर्राक लागली रे
तुज्या वोठां भटा...

भट : अहो, आमची पुजा करून जाली, पण आमची दक्षणा ?

सुत्रधार : ही घे तुमची दक्षणा. (नाणें शेंवटून वडयता.)

भट : आरे, तुमी पावली दिली, आम्हाला चवली पाहिजे...

सुत्रधार : आतां चवली बी काय नायी, आतां तुमी जावे.

भट : असे म्हणता? बरं तर, जातो आपण.
(भट गायत वता)
जातो बिरामण, येतो बिरामण,

जातो बिरामण, येतो बिरामण...

सुत्रधार : (रामायण चालू)
(संवाद)
तेच रे काय केले जनका राजान ?

व्होवळीक पाठयला बा ते इंद्रा सोभेक,
व्होवळीक पाठयला बा ते इंद्रा सोभेक

(संवाद)
असे पत्रां पावता येळेक देव काय उठले.

(गायन)
चालोन येयले काय शिते संयवरा,
चालोन येयले काय शिते संयवरा,

(रामकथा थीर जाता, माचयेर शारदा नाचत येता)

सुत्रधार : (गायन)
आमच्या रंगा शारदा पावली गे
आमच्या रंगा शारदा पावली

शारदा खेळती इंद्रा सभे गे
शारदा खेळती इंद्रा सभे
(शारदा खेळून वता, रामकथा सुरू जाता)

इंद्रा सभा येयली शिते संयवराक
इंद्रा सभा येयली शिते संयवराक

(रामकथा थीर जाता आनी माचयेर भुताचें सवंग गायत, नाचत येता)

भूत : कूऽऽऽ
भूत आयलें बाबा भूत...
भूत म्हणा बाबा, भूत म्हणा,
भूत म्हणा बाबा, भूत म्हणा

काऱ्या मुळांत गेलेले रे सायबा,
काऱ्या मुळांत गेलेले रे

सुत्रधार : (गायन)
काऱ्या मुळांत गेलेले रे सायबा,
काऱ्या मुळांत गेलेले रे

भूत : दिणू म्हाजे नांव. हुऱ्याचो खूंट माल्ला रे सायबा,
हुऱ्याचो खूंट माल्ला.

सुत्रधार : (गायन)
हुऱ्याचो खूंट माल्लो खूंट माल्लो रे सायबा
हुऱ्याचो खूंट माल्ला.
(भूत वता. रामकथा चालू जाता)

सुत्रधार : (गायन)
उठा पळा शितें देव पावले दारी,
उठा पळा शितें देव पावले दारी

संयवराचे मानी सभेक पावले,
संयवराचे मानी सभेक पावले

माणकां - मोतयांची माळा गा जपयालो,
माणकां - मोतयांची माळा गा जपयालो

(रामकथा थीर जाता आनी माचयेर शेट येता))

शेट : (माचयेर येत) राती जाल्ली मडगांवां दिंडी...म्हागेलें तें कलवंत राती दिंडेक गेल्लें...आजून कशें आयलेंना. ये म्हागे कलवंता...(उलो मारता). म्हागे कलवंत कितकें बरें...सामकें गोरें गोरें पिट्ट तुमी नदर करशात हां तेका. मात्शे दोळें धांपूनच पळयात हां तेका. (कलवंताक) यो म्हुगो बेगीन...

(कलवंत माचयेर प्रवेश करता, दोगांय नाचतात।)

(गीत)
फुलगें कलवंत गो म्हागेलें,
फुलगें कलवंत गो म्हागेलें

काल पयर खंय गो गेलेलें,
मडगांवां दिंडेक गेलेंलें.

फुलगें कलवंत गो म्हागेलें,
फुलगें कलवंत गो म्हागेलें

काल पयर खंय गो गेलेलें,
फातर्प्यां जात्रेक गेलेलें

(दोगांय कांय वेळ माचयेर नाचतात आनी वतात.)
(रामकथा चालू जाता)

सुत्रधार : *कोण चुकलो आमचे भल्ले सभेक,*
कोण चुकलो आमचे भल्ले सभेक

चुकलो चुकलो आमचो गुरू नारायण
चुकलो चुकलो आमचो गुरू नारायण

आड खेळत्यान दावणे रे धांवडायल्या
आड खेळत्यान दावणे रे धांवडायल्या

दावणे नीब्ब चाले गुरू मठार
दावणे नीब्ब चाले गुरू मठार

(संवाद)
: ऊं आं म्हण लागले गुरू बाप्पा. हें म्हण लागले तुमकां बोलयलां, जनकाच्या राज्यांत, शितेच्या संयवरा. चला म्हण लागले तुमी फुडें, आपूण येतां फाटल्यान.

(गायन)

दावणे नीब्ब चाले जनका राज्यांत,
दावणे नीब्ब चाले जनका राज्यांत

(रामकथा थीर जाता आनी माचयेर गवळी, गवळण तांचीं दोन भुरग्यां येतात.)

गवळी : ये गांवकारा, ये गांवकारा... कितकी म्हण हाक मारायची तुमाला?

सुत्रधार : काय रे?

गवळी : चिरमुल्यांचो वास येतो.

सुत्रधार : हय. आज व्हडली दिवाळी न्हव ?

गवळी : गावकारा...

सुत्रधार : चिरमुल्या आण न्हव.

गवळी : दुदाची मडकी हाडली ना ?

सुत्रधार : व्हय, आणली की...

गवळण : ये गांवकान्नी... गावकान्नी...खंय गेली गे ? या पोरीला वाड न्हव..लई भूक लागली तिला.

सुत्रधार : (बायलेच्या आवाजांत) दुदाची मडकी हाडल्या?

गवळी : आणलीत की... (मडकी उगडल्यार भितर कांय नासता)

सुत्रधार : ये पोरा, दूद खाल्लंत...?

पोर : व्हय.

गवळी : आरं तेच्या...(मारूंक धांवता, इतक्यांत व्हडलो पोर येता)

पोर : (येत) आये ...बाबा...त्या शेरड्यांना वागांनी खाल्लं न्हवं, आनी तुमी येथं काय करतात?

गवळी : आ तेच्या...! येथे आज गांवकारांची दिवाळी हाय न्हवं?

पोर : आन मला तिथं कशाला पाठवून दिलंत? मला सांगायचे न्हवं?

गवळी : ये गुमान राव, मी जातू शेरड्यांना बगायला. (वता)

धाकलो : पोर आये...बाबा...

गवळण : काय भाकरी बी आसा...

व्हडलो पोर : भाकरी मी खाल्ली.

गवळण : आरे देवा, भाकरी बी खाल्ली?
आरे गांवकारा... मला थोडं पान द्या की.
मला लई भूक लागली सा.
मला पान द्या.

धाकलो पोर : आये...

सुत्रधार : फुगडी घालतो तर पान देतो.

गवळण : फुगडी घालतो.

व्हडलो पोर : आये, बाबा गेला म्हणून तूं पायजे ते करते!

गवळण : तूं गप्प बैस.

सुत्रधार : गोडसे देतो.

गवळण : गांवकारा..वाजीव वाजीव...
(पद म्हणत नाचता)
बारीक कांटा कणेरीचा. कणेरीचा
भांग भरला नारीचा, नारीचा...

व्हडलो पोर : (गवळण नाचप थांबयता). आये आये ...गांवकारानी तुम्हाला काय दिले नायी न्हवं?... मी आणतो हां... (वचून गोडशाचें आयदन घेवन येता आनी एकटोच खाता).
(गवळी वतात आनी माचयेर जांवय येता. हातींत एक व्हडली पोती आसा.)

जांवय : तुमकां खबर आसा? ..जांवय आयला, जांवय!

सुत्रधार : (गायन)

जांवय आयला बा जांवय आयला,
न्हिदलेलो आयला काय जागलेलो आयला...

जांवय : न्हिदलेलो येयलां हांव.

सुत्रधार : (गायन)

कायलींत घालूं काय भाकरी भाजूं,
कायलींत घालूं काय भाकरी भाजूं

जांवय : *भाकरे म्हणल्यार हांव सामको पिसो.*

सुत्रधाग : (गायन)

शेंदरी घालूं काय मांदरी घालूं,
शेंदरी घालूं काय मांदरी घालूं.

जांवय : शी... शी... म्हाका शेंदरी –मांदरी कांय नाका, म्हाका बरें कदेल जायें.

सुत्रधार : (गायन)

वांयगें तोडूं काय कोंबडे मोडूं,
वांयगें तोडूं काय कोंबडे मोडूं.

जांवय : (खुशाल जावन) कोंबडे मोडूं?... आरे मोडात, मोडात..कोंबडे म्हणल्यार म्हाका सामके चार दोळे!

सुत्रधार : (गायन)

खाशेलो येयलो जाल्यार कोंबडें मोडूं,
खाशेलो येयलो जाल्यार कोंबडें मोडूं.

जांवय : सामको खर्शेलो हांव. धांव धांवत येयलों. म्हाका पयलीं सांगपाचें न्हूं? तुमगे गांवांत अशी दिवाळी बी आसा म्हुणोन? बरो बर्शी बसोन येता आसलेलो, आतां चलोन येवचें पडलें. येयल्यार हिंगा बसोक शेंदरीय ना आनी मांदरीय ना. वांयगेंय ना आनी कोंबडेंय ना. हिंगा कोणूच ना. ती मांय खंय गेली... ये मांय

...मांय...ये मिवणे.. ये मिवण्या...शे.. मिवणेय येनात...कोणूच येनात. काय बऱ्यो हाये तेंकां वस्ती हाडलेल्यो.. (एक एक वस्त भायर काडून दाखयता) हो चुडीदार मिवणेक...ही साडी मायेक... हो बुशकोट मिवण्याक ... आतां कितें करूं...कोणूच येनात पळय भायर... वयतां तर हांव बाबडो परतो (सगळ्यो वस्ती परत पोतयेंत भरता आनी घेवन वता)

(रामकथा परत सुरू जाता)

सुत्रधार : (गायन)

गुरू निब्ब चाले अयोध्ये राज्यांत,
गुरू निब्ब चाले अयोध्ये राज्यांत.

(संवाद)

हे काय देखिला दसरथान? हे म्हणले गुरू नारायणा, आपल्यागेर यो. हे दसरथा म्हण लागलो, आपलीं कामां आसा मोठीं. सोड म्हण लागलो चिंता दसरंथा! तर तीं कामां म्हण लागलो आपल्यान करूं पावलीं. तर अश्यो तीन भाको तर घेतल्यो. असो हाता धल्लो, भितर व्हेलो. सांग म्हण लागलो तर कसलीं कामां. तर हे म्हण लागलो दसरथा, तुवें चले दिवचे पडले.

(गायन)

घात घडला बा तो मोठो जल्माचा,
घात घडला बा तो मोठो जल्माचा

(संवाद)

हे म्हण लागलो गुरू नारायणा, आमचे घरी चले जल्मले ना.

(गायन)

हे म्हण फटी दसरथा कोणा फटयता,

हे म्हण फटी दसरथा कोणा फटयता,

(संवाद)

हें म्हण काय रे केला दसरथान. हे सर्त-भर्त चले काडले संगा दिले.

(गायन)

गुरू चलता फुडे, चले फाटल्यान,
गुरू चलता फुडे, चले फाटल्यान
चलता पावले बा ते मयट्या मळार,
चलता पावले बा ते मयट्या मळार

(संवाद)

वा, चल्यांनो म्हुणों लागलो, तुमीच काय रे हांगा रावात. आपूण म्हण लागलो वाटोळ्यां तळ्यार न्हाता. एक दोन झाडां आड केलीं.

(गायन)

रुपां धरिलीं बा त्या उज्या वागरांचीं,
रुपां धरिलीं बा त्या उज्या वागरांचीं

(संवाद)

असे धेंकार धेंक तीन रे सोडले.

(गायन)

फाटले पावलेन चले रे पळ्ळ्यात,
फाटले पावलेन चले रे पळ्ळ्यात.

(संवाद)

असे मागील दारान घरांत रे घुसले. ते घर येयलां बापा दसरथाचें. तोच रे गुरू लागलो चल्यांचे मागून.

(गायन)

मागील दारांतल्यान चले घरांत गेला,
मागील दारांतल्यान चले घरांत गेला

(संवाद)

गुरू आपूण उठलो, फुडल्या दारांत गेलो. हे म्हण लागलो दसरथा, चले संगा

दिवचे पडले. आयक रे गुरू नारायणा म्हण लागलो, तुमकां संगार दिल्ले चले येयलेनात.

(गायन)

ह्यो म्हण लागलो फटी दसरथा कोणाक फटयता,

ह्यो म्हण लागलो फटी दसरथा कोणाक फटयता

(संवाद)

अशें म्हण लागलो, चले मागीलदारान घरांत तर सरल्यात. हे म्हण लागलो, सर्त-भर्त चले संगा नाका, राम-लक्षुमण जाये. हे म्हण लागलो गुरू नारायणा, आमचे कडेन राम चले जल्माक येयलेनात.

(गायन)

ह्यो म्हण लागलो फटी दसरथा कोणाक फटयता,

ह्यो म्हण लागलो फटी दसरथा कोणाक फटयता

(संवाद)

हो म्हण राम चलो जल्माक येयलो, साऱ्या पिथयीर माणकां-मोतयांचो पावस पडलो. हें म्हण लागलो फटी कोणाक फटयता. आं...म्हण लागलो, घात घडटलो, मोठो जल्माचो.

(गायन)

पत्र पाठयलें बा त्या मावुळे राज्याक,

पत्र पाठयलें बा त्या मावुळे राज्याक

(संवाद)

तेंच रे पत्र पावते येळेक, रामचंद्रान काय केले? पत्रां वाचून पळयलीं. हें रे म्हणलो

कितें घडलें बाप्पा दसरथाचें?...असो रे म्हण लागलो आमचो व्यर्थ रे जल्म जालो. अशीं सुर्या घातलीं लोटांगणां, तुळशी घातलीं परदशेणां.

(गायन)

माते केला बा काय रे नमस्कार,
माते केला बा काय रे नमस्कार

(नाटकीकरण)

(राम-लक्षुमण गीत-नृत्य करीत येता)

रामचंद्र रघुवीर जय जय
रामचंद्र रघुवीर जय जय
धीन तक धीन तक था।
धीन तक धीन तक था।

सुत्रधार : (संवाद)

राम-लक्षुमण अयोध्ये राज्याक असे काय पावले. बाप्पा दाये -उजये मांडयेर काय बसकार केला.

(गायन)

कितें तर घडले बाप्पा दसरथा,
कितें तर घडलें बाप्पा दसरथा

(संवाद)

हें म्हण लागलो बाप्पा कितें घडलें तें तर सांगा. तर म्हण लागलो, आयकया चल्यांनो, तुमकां म्हण लागलो मारलो बऱ्याक उलो. ह्या खातीर म्हण लागलो, चिंता करूं नाकात. ह्या गुरू नारायणा म्हण लागलो भास दिवन मोठी चिंता केली. ते पासत म्हण लागलो तुमकां संगा दिवचें पडलें. सोड म्हण लागलो बिशाद.

(गायन)

राम -लक्षुमणा संगा देयिला,
राम-लक्षुमणा संगा देयिला

गुरू चलता फुडें चले फाटल्यान,
गुरू चलता फुडें चले फाटल्यान
(संवाद)
चलता पावले मयट्या मळार. हे म्हण लागलो चल्यांनो तुमी हांगा रावात. आपूण वाटोळ्या तळ्यां न्हाता. एक -दोन झाडां आड केलीं.

(गायन)
रुपां धरलीं बा त्या उज्या वागरांचीं,
रुपां धरिलीं बा त्या उज्या वागरांचीं
(संवाद)
असे धेंकार धेंक तीन रे सोडले.
(गायन)
दावी दिमी मोडून बाण रे सोडिला,
दावी दिमी मोडून बाण रे सोडिला
घात करचे जाल्यार गुरू माये-बाप
घात करचे जाल्यार गुरू माये-बाप
(संवाद)
ऊं आं म्हण लागले गुरू माये-बापा, कितेंच रे केलें. आयकयात म्हण लागलो चल्यांनो. सर्त-भर्त चलें हाडले, पळोन रे गेले. तेच खातीर रे तुमची परिक्षा पळयतालो. कृपा करूंनी माये बाप्पा म्हण लागलो, चलतो पांय तो चलोंदी. वाटेचा रस्तो म्हुणोंक लागलो आतां केदी बी सोडी सारको ना. शाबास म्हुणों लागलो.
(गायन)

गुरू चलता फुडें, चले फाटल्यान,
गुरू चलता फुडें, चले फाटल्यान
चलता पावले बा ते तापश्यां मठार,
चलता पावले बा ते तापश्यां मठार

(संवाद)

ऊं आं म्हण लागले गुरू माये-बापा, हो तापश्यां मठार म्हण लागलो, धुल्ल कोणें फुंकला. वा..वा.. म्हण लागलो चल्यांनो. हे मयकावंत दैत, मयकावंतीचे जैतिवंत. तापश्यां मठा वयर होमाचे भंग करून ठेवला. बारा वर्सां, चोईस वर्सा जालीं. ऊं. आं. म्हण लागलो गुरू बाप्पा, हो म्हण लागलो, होम रक्षण केले बगर आमी केदी बी फुडें जायी सारके ना. शाबास म्हण लागलो चल्यांनो. तर एकटो म्हण लागलो रावा पाताळीच्या मार्गा, एकटो म्हण लागलो मयकावंतीच्या मार्गा. आनी दैत रे सोडशात, आपलो म्हण लागलो घात करून सोडशात. सोड म्हण लागलो बिशाद. तुमी आहे चक्राबळी, आमी आहे खेत्राबळी. कितें केलें रामा रघुनाथान? सगळें साईत जमयलें. रुमडाच्यो बडयो जमयल्यो. गायीचें तूप जमयलें. गुरू लागलो होम जपूंक. आनी लक्षुमणा ठेवलो पाताळीच्या मार्गार, आपूण रावलो मयकावंतीच्या मार्गार.

(गायन)

होमा धुकोट गेला मयकावंतीच्या राज्यां,
होमा धुकोट गेला मयकावंतीच्या राज्यां

मयकावंत दैत काय रे खुदळला,
मयकावंत दैत काय रे खुदळला,

धूम मारला बा त्या तापश्यां मठार
धूम मारला बा त्या तापश्यां मठार

चलता पावला बा त्या रामा मेंटार
चलता पावला बा त्या रामा मेंटार

(नाटकीकरण)
(खंकाळिल्लो मयकावंत दैत येता, राम ताची वाट आडायता)
(नृत्यगीत)
दैत खंकाळले बा दैत खंकाळले,
.....
धीन तक धीन तक था,
धीन तक धीन तक था,

मयकावंत : (धेंक घालीत) हे .... आमच्या वाटे उभा कोणाचा कोण पहा?

मयकावंत : आमी असे मयकावंत दैत आहेत का नाही.?

राम : पण दैता सांगतो श्रवण कर. गुरू माय बाप्पा आहेत चक्राबळी, आम्ही आहेत खेत्राबळी. पण दैत्या, आतां जाणून घे, वाटेचा रस्ता मी कधी बी सोडी सारखा नाही!

मयकावंत : काय?...काय... ? बारा बार चोईस वर्सां जालींत का नाहीं, ह्या तापश्यां मठार होमाचा भंग करून ठेवला आहे. आनी आतां तुमी मोठे शत्रू उत्पन्न झाले. पण जावूं काही हरकत नाही!

राम : बाप्पा दशरथाचे वंशी, माता कौसुलेचे पोटी जल्म घेतला असे आमी रामचंद्र आहेत का नाही, पण जावूं काही हरकत नाही!

(दोगांय मदीं गिताच्या तालार युध्द जाता)

या दैत्याची काय कथा
फोडीन पाताळ, भेदीन धरती
हाणूनी पाडीन या दैत्याला
(संवाद)
या पदाची तरी आठवण कर, पण जावूं
काही हरकत नाही!
(नृत्यगीत)
दावतो तुला दुश्टा हा रघुनाथ
दावतो तुला दुश्टा हा रघुनाथ
धीन तक धीन तक था,
धीन तक धीन तक था
(राम मयकावंत दैत वधता)

सुत्रधार : (गायन)
रामा दैत्याक विध्द रे पडिला,
रामा दैत्याक विध्द रे पडिला

दैत वधून राम जाला सावशीद,
दैत वधून राम जाला सावशीद

होमा धुकोट गेला पाताळखंड राज्यां
होमा धुकोट गेला पाताळखंड राज्यां

पाताळीचे दैत काय रे खुदळला,
पाताळीचे दैत काय रे खुदळला

धूम मारला बा त्या तापश्यां मठार,
धूम मारला बा त्या तापश्यां मठार

चलता पावला बा त्या लक्षुमणा मेंटार,
चलता पावला बा त्या लक्षुमणा मेंटार

पाता. दैत : (धेंक घालीत) हे ....! आमच्या वाटे उभा कोणाचा कोण पहा!

लक्षुमण : आपण कोण सांग पहा?

पाता. दैत : आमी असे पाताळीचे दैत आहेत का नाही?

लक्षुमण : बाप्पा दशरथाचे वंशी, माता कौसुलेचे पोटी जल्म घेतला असे आमी रामलक्षुमण आहेत का नाही. पण जावूं काही हरकत नाही.

पाता. दैत : काय... ?काय... ? बारा बारा चोईस वर्सां जालींत का नाहीं, ह्या तापश्यां मठार होमाचा भंग करून ठेवला आहे ?
आनी आतां तुला असा भस्म करीन. पण जावूं काही हरकत नाही!

लक्षुमण : पण दैता सांगतो श्रवण कर! गुरू माय बाप्पा आहेत चक्राबळी, आम्ही आहेत खेत्राबळी! पण दैत्या, सांगतो श्रवण कर ! हा, वाटेचा रस्ता मी कधी बी सोडी सारखा नाही. आनी तुज्या दैत्याचा कितू पराक्रम आहे तो बघितल्या शिवाय केदी बी राहणार नाही !
(दोगांय मदीं गिताच्या तालार युध्द जाता)

पाता. दैत : दैत राज्य सोडूंनी, पाताळ राज्य घडविले, इतका मोठा माझा पराक्रम करूनी ठेवला . पण या बंधवा लक्षुमणाला काय करावे? साता कडांनी वेडा धरूनी, या लक्षुमणाला धरूनी पाताळखंडी घेऊन गेलात तर आमचा पुण्य भाग जाला!

लक्षुमण : पण जावूं कार्हीं हरकत नाही!

सुत्रधार : (गायन)
सात रेवडींनी वेटाळून विद्धां रे धरिला,

सात रेवडींनी वेटाळून विद्धां रे धरिला

लक्षुमण घेतला काय रे उचलून,
लक्षुमण घेतला काय रे उचलून,

धरिला बा तो पाताळी मारग,
धरिला बा तो पाताळी मारग
शोक करिता बा लक्षुमण बाळ,
शोक करिता बा लक्षुमण बाळ,

सोक पडला बा त्या रामा कानी
सोक पडला बा त्या रामा कानी

धूम मारला बा काय त्या रघुनाथान
धूम मारला बा काय त्या रघुनाथान
(गायन थांबता, नाटकीकरण सुरू जाता)

लक्षुमण : ये म्हाज्या वडिल बंधवा ते...! पाताळीचे दैत येऊनी साता वटेनी वेडा घालुनी, जीव झाला खलास हो...!

राम : (येत) हे दैता सांगतो श्रवण कर! तुला जर जीव हवा, तर आल्या पावली परत जा!

पाता. दैत : जावूं काही हरकत नाहीं.
(रामा दैत्या युद्ध जाता. नृत्यगीत)
धीन तक धीन तक था,
धीन तक धीन तक था.

पाता. दैत : हे...रामचंद्रा सांगतो श्रवण कर!

राम : ही...!

पाता. दैत : आमच्या बंधवा जीवदान देतोस का नाही बऱ्या पासून ? नाहीतर तुला मारून टाकणार!

राम : ही...! असे का? ...तुज्या बंधवा मी कधी बी जीवदान दी सारखा नाही ! आनी ह्या दैत्याचा जीव काडला तो पाहिलात की नाही ?

पाता. दैत : पण जावूं काही हरकत नाही!

(नृत्यगीत)

एवढा रामा रे काय तूं दिसता,

शस्त्र ठेऊनी शरण ये मला.

या पदाची तरी आठवण ठेव. नाही तर आल्या पावली परत जा!

राम : दैत्या सांगतो श्रवण कर!

पाता. दैत : पण जावूं काही हरकत नाहीं! बघ तर माझा पराक्रम !

राम : तुला जीव हवा असेल तर परत जा, नाहीं तर तूं रणांत पडणार! पण जावूं काहीं हरकत नाहीं. (राम आनी पाताळीच्या दैत्याचें युध्द जाता.) पण दैत वधचे तर कशे वधचे? बाण सोडीन तर दैत्यांनी चारी कुशी असा रेवाडा घातला आहे, मदे लक्षुमण बंधव! ही...आतां काय करावे? धोणशाच्या कुंच्याने असा दैत वधावा!

(नृत्यगीत)

जिवावर दैत उदार जाला

जिवावर दैत उदार जाला

धीन तक धीन तक था,

धीन तक धीन तक था

(राम पाताळीचो दैत वधता

सुत्रधार : *असे धोणशा कुंच्यार दैत रे वधिला,*

असे धोणसा कुंच्यार दैत रे वधिला

दैत वधून राम सावशीद जाला

दैत वधून राम सावशीद जाला

चालोन येयला काय त्या तापश्यां मठार
चालोन येयला काय त्या तापश्यां मठार
(संवाद)

सुत्रधार : वा वा म्हण लागलो चल्यांनो, त्या पाताळीच्या मार्गा आनी त्या मयकावंतीच्या मार्गा कसलो गडगड चल्ला?

राम : कृपा गुरू बाप्पा, सांगतो श्रवण कर ! आमी दैत वधून सावशीद जालेत का नाही?

सुत्रधार : पूण तुमी वधले ? की आमी वधले? .

राम : गुरू माये बाप्पा सांगते श्रवण कर! आमी वधले नाही तर तुमीच वधले!

सुत्रधार : ऐका रे चल्यांनो, एक मार्ग आसा-देडा दिसाचो, एक मार्गा आसा देडा म्हयन्याचो, एक आसा देडा वर्साचो. आतां म्हण लागलो, खंयच्या मार्गान जावूं?

राम : गुरू माये बाप्पा सांगतो श्रवण कर! आमी अशे देडा दिसाच्या मार्गान जावूं!

सुत्रधार : देडा दिसाच्या रस्त्यांने, रावणाची भयणुली अशी ताटका आसा. कोळशे खावून विंगळे हागणार. इतला तिचा पराक्रम आसा.

राम : गुरू बाप्पा सांगतो श्रवण कर ! तुमी असता आमी कधी बी भिवूं शकणार नाही!

सुत्रधार : (गायन)

गुरू चाले फुडे बा चले फाटल्यान,
गुरू चाले फुडे बा चले फाटल्यान

चलता पावले बा ते ताटके मेंटार,

चलता पावले बा ते ताटके मेंटार

(ताटका येता)

(नृत्यगीत)

येतो बा येतो बा ताटका येता,

येतो बा येतो बा ताटका येता

धीन तक धीन तक धीन था,

धीन तक धीन तक धीन था

(संवाद)

ताटका : हे आमचे वाटे अशे कुणाचे कोण आहेत का नाही ?
सांग पहा.

राम : असे का?...आपण कोण आहेत सांग पहा.

ताटका : हा...हा...हा...(मोठ्यान हांसत) आमी अशे रावणाची भयणुली ताटका आहेत का नाही?

राम : ताटके सांगतो श्रवण कर!

ताटका : ही....!

राम : बाप्पा दसरथाचे वंशी, माते कौंसुलेचे पोटी जल्म घेतलात का नाही...आमी अशे राम-लक्षुमण आहेत का नाही?

ताटका : हे राम-लक्षुमणा सांगती श्रवण कर! तुमी कितक्या हेचे आहेत ते सत्व पाहिन तर!

राम : आमी तीन हेचे आहेत!

ताटका : तीन हेचे आहेत?... तर एक चला शेकादिला, एक चला पश्चिमेला आनी एक रावा लढाईला.

राम : ताटके सांगतो श्रवण कर! ...हे! .... आमी मेले तर तिगीय मरेन, राहिलेत तर तिगीय राहिन!

ताटका : असे का?

राम पण जावूं काहीं हरकत नाही!

ताटका : बारा बारा चोईस वर्सां झालींत की नाहीं?... ह्या ताटकेच्या मेटावयर येत्याक जावूं दिना, जात्याक येवूं दिना... इतका मोठा ह्या ताटकेचा पराक्रम आहेत का नाही?

राम : गुरू मायेबाप्पा आहे चक्राबळी, आमी आहे खेत्राबळी! चलतो पांय चलूं दे! वाटेचा रस्ता कधी बी सोडी सारका नाही आनी हे ताटकेचा जीव काडल्या शिवाय आमी केदी बी राहणार नाहीं!

ताटका : असे का ? ... तर पाहिन तुजा पराक्रम! कोळसे खावून इंगळे हागणार इतका ह्या ताटकेचा पराक्रम आहेत का नाही? ... हा...हा... हा...!

राम : ताटके सांगते श्रवण कर!... हे...!

(राम आनी ताटके मदीं युध्द पेट्टा, ह्या युध्दांत राम ताटकेचो वध करता)

(नृत्यगीत)

आला राम तो दंडुके वनी आला
ताटके मारूनी सावशीद जाला
धीन तक धीन तक धीन था
धीन तक धीन तक धीन था

सुत्रधार (गायन)

राम -ताटके विध्द रे पडलां,
राम -ताटके विध्द रे पडलां

राम-लक्षुमण दंडुकेच्या वना,
राम-लक्षुमण दंडुकेच्या वना

ताटका वधून राम जाला सावशीद,
ताटका वधून राम जाला सावशीद

000

मंथन

(निबंद)

सखाराम शेणवी बोरकार

कोंकणी विनोदी निबंद : सर्जन आनी मुल्यांकन

विनोद म्हणल्यार कितें? एक म्हान तत्वगिज्ञानी लेव रोस्टन म्हण्टा Humour is affectionate communication of insight आपले भितरले विचार मोयपासान सांगप. Henry W. Beecher म्हण्टा Good Humour makes all things tolerable बरो विनोद हो सगळ्या विशयांत सोशिकपणा दाखयता. हांव हें इतलेच खातीर बरयतां कारण आयज विनोदाच्या नांवान कितेंय खपोवंक लागल्यात.

साहित्या भितर विनोद हाताळप भोव कठीण. कित्याक तर हातूंत 'व्हांवपाची' खूब शक्यताय आसा. कोणाकूय दुखयनासतना 'रेशमी चिमटे' काडून समाजांतल्या विसंगतीचेर, वायट प्रवृत्तीचेर बोट दाखोवप आनी वेळ पडल्यार ताचेर बडी मारप हें खूब कठीण काम. हें करतना कमरे सकयले विनोद आपूण करिना मूं हाचें भान विनोदी लेखकाक पावला कणकणी दवरचें पडटा.

कोंकणी भाशेंतल्या विनोदाक एक इतिहास आसा. आमचो लोकवेद जशे परी धालो, मांडो, शिगम्याचीं-होळयेचीं गितां, लोक काणयो, म्हणी, उमाणी हातूंत पावला पावलाक आमकां विनोद मेळटा. पूण कोंकणी भाशेंतल्या लिखीत साहित्यांत विनोद ह्या साहित्य प्रकाराक व्हडलीशी परंपरा ना. शणै गोंयबाब ते आयचे आघाडीचे लेखक हांणी केन्ना ना केन्ना विनोदी लेखन केलां. कथा, लेख, कविता, नाटकां ह्या फॉर्मांतल्यान हें बरप लोकां मुखार आयलां. प्रसंगनिश्ठ विनोदाचे खूबशे नमुने कोंकणी कथांनी आनी नाटकांनी आमकां पळोवंक मेळटात. तरी आसतना कोंकणींतल्या बाकीच्या साहित्य प्रकारा कडेन

सखाराम शेणवी बोरकार: जल्म :1955. कवी, निबंदकार, समीक्षक. 'अश्रेक' आनी 'तूं' हे दोन कविता संग्रह प्रकाशीत. संपर्क : सी 25, सपना व्हेली, पाजीफोंड, मडगांव , गोंय - 403601, मो. 9923306751.

जशे परी कथा, कविता बी पळयत जाल्यार विनोद हो लेखन प्रकार कोंकणी भाशेंतल्या लिखीत साहित्यांत आडनदर जाल्लो आमकां दिश्टी पडटा.

म्हजो विशय निबंद हो जाल्ल्यान निबंद ह्या विनोदी विशया संबदांतच हांव हो म्हजो पेपर सिमीत दवरतां.

कोंकणी विनोदी निबंदातली सर्जनशिलता

विनोदाचो साहित्य प्रकार खंयचोय आसूं, विनोद हें दुधारी शस्त्र म्हण विनोदी लेखन करपी लेखकान ताचें भान दवरप गरजेचें. विनोद करतना आपूण कोणाच्याय व्यक्ती स्वातंत्र्याचेर बाधा हाडिना मूं हाचें भान दवरचें पडटा. आयच्या काळार तर चडूच. कारण आयज आमचे सरभोंवतणी समजून घेवपाचें वातावरण ना. विनोद ही तारेवयली कसरत करपा सारको प्रकार. आपल्या विनोदाचो दर्जो घसरचो ना हाची काळजी विनोदी लेखकान घेवची पडटा. ना जाल्यार कितें बरयता रे हो? हाका विनोदांतलो 'वि' तरी कळटा? अश्यो प्रतिक्रिया आमकां आयकूंक मेळटात. अशें बाकीच्या साहित्या बाबतींत घडना. ते खातीर विनोदी लेखकान सादूर आसप गरजेचें.

विनोदी लेखकान सामकें जागृत रावचें पडटा. बाकीच्या साहित्य प्रकारा भशेन विनोदी साहित्य न्हय. प्रत्येक उतर जोखून, मेजून, मापून वापरचें पडटा. थोडे लेखक विनोद निर्मणी करपाच्या हावेसान अशी कांय उतरां वापरतात ताचे खातीर खुद्द लेखकाचेरूच प्रस्न चिन्न उबें रावता.

विनोदी लेखक आपले कान दोळे सदांच उक्ते दवरता. खंयच्याय गंभीर प्रसंगांत लेगीत तो विनोद सोदता आनी जेन्ना तो बरयता तेन्ना गंभीर वातावरण लेगीत तो हांसयाळें करून उडयता.

विनोदी लेखक जावप हें कितलें कठीण काम हें सांगतना फ़ामाद मराठी विनोदी लेखक द.मा. मिरासदार एके कडेन म्हणटात : विनोदी लेखक पदवी ही हलकी सलकी नाही. ती मिळविण्यासाठी तपश्चर्या करावी लागते. निसर्गाचे मुळचे देणे लाभावे लागते. ह्या परिक्षेंत कॉपी करून पास होता येत नाही, स्वत:चे वेगळेपण सिध्द करावे लागते. स्वत:चे स्वतंत्र नाणे पाडावे लागते तरच ही पदवी मिळते.

उपहास (Sattire), परिहास (Gentle Humour), उपरोध (Sarcasm), कोटी (Wit), अतिशयोक्ती (Overstatement), उनोत्ती (Under statement), विडंबन (Parody) सत्यकथन आदी विनोदाचीं कांय साधनां आसात.

लेखक विनोदी निबंद बरोवन वता. तेन्ना तो आपूण विनोदाचें कसलें साधन वापरता ताचें घडये ताका गिन्यान नासता. पूण तो विनोद खंयचे चौकटींत बसता तें थारावपाचें काम अभ्यासकाचें वा समिक्षकाचें.

आदल्या कोंकणी विनोदी निबंदांत आमकां चडश्या प्रमाणांत व्यक्तीचित्रां मेळटात. हातूंत 'फ़िक्शन' आनी 'नॉन-फिक्शन' प्रकार आसात. (आतां हो

'ट्रेंड' खूबश्या प्रमाणांत उणो जाल्लो आमकां दिश्टी पडटा.) लेखक आपली बुद्धिमत्ता आनी सर्जनशिलताय वापरून ह्या व्यक्तीचित्रां वरवी निखळ आनंद दिवपाचो यत्न करता. त्या व्यक्तीचित्रांच्या सबाव विशेशांचें तो विनोदी शैलीन वर्णन करता. आनी हे खातीर ताका त्या मनशाच्या सबाव गुणांचें बारीकसाणेन निरिक्षण करचें पडटा. हें सगळें लेखक आमकां निखळ विनोदा वरवीं सांगता. जर व्यक्तीचित्रण 'फ़िक्शन' आसत तर तो आपणें कितें पळयलां, अणभवलां हाचो कल्पकतायेन उपेग करून तें व्यक्तीचित्रण आमच्या मुखार दवरता. असो विनोद आमकां दत्ताराम सुखठणकार, लुसियो रोड्रिक्स, निकूबाब धुमो, लक्ष्मी नारायण पारज आदीच्या व्यक्तीचित्रणांनी दिश्टी पडटा.

कोंकणी निबंदांनी आमकां दुसरो प्रकार मेळटा तो Satire वा त्रोसात्मक विनोद. जे व्यक्तीचेर लेखक बरयता ताच्या सभावांतले अवगूण, ताचो विक्षिप्त सभाव, ताचीं धोंगां-पोंगां विनोदी शैलीन सभेमाजार हाडून ताचेर बडी मारपाचें काम असल्या निबंदां वरवीं जाता. चडश्या समाजीक आनी राजकी मळांचेर आशिल्ल्या व्यक्तीचेर बडी मारपाक हाचो उपेग जाता. पूण हीं व्यक्तीचित्रां हयात आसतात तेन्ना असल्या विनोदाचो वायट परिणाम जावपाची चड शक्यताय आसता. कित्याक तर विनोदाचो मूळ हेतू हो कोणाक दुखोवपाचो नासता आनी त्या विनोदाची सगळ्यांनी मजा घेवपाची आसता. पूण अशें असल्या विनोदाचे बाबतींत घडना.

थोडे आपल्या विनोदी निबंदांनी अश्या कांय हयात व्यक्तींचो आसपाव करतात जांचीं वळख तो लेखक आनी घडये ताच्या वाठारांतल्या लोकांकच ताचीं धोंगां पोंगां खबर आसतात. पूण बाकीच्या सर्वसादारण वाचप्यांक ताचें कांयच सोयर सुतक नासता. अश्या वेळार सगळे वाचक ह्या विनोदाची मजा घेवंक शकनात.

तिसरो प्रकार मेळटा तो कोटी वा wit . हो चडसो शाब्दीक वा कल्पकतायेन केल्ली कोटी हाचेर आदारीत आसता. हातूंतल्यान विनोद निर्मणी जाता आनी वाचतल्याच्या तोंडार हांसो फुलता. पूण हें करतना वाचकाचे बौद्धीक क्षमतेचो अदमास घेवप सदांच बरें आसता नाजाल्यार असले विनोद वाचकांच्या माथ्यावयल्यान वचपाची शक्यताय आसता. शंकर भांडारी, प्रकाश थळी आनी डॉ. राजय पवार हांच्या निबंदांनी हाची झलक आमकां पळोवंक मेळटा. पूण बरपांत कोटींची भरस चड जाली जाल्यार रसभंग जावं येता. ते खातीर कोटयो वापरतना विनोदी लेखकान सादूरताय बाळगप गरजेचें.

कोंकणी विनोदी निबंदांनी आमकां चवथो प्रकार मेळटा तो म्हणल्यार अतिशयोकी वा Overstatement. खंयचीय गजाल आसा ताचे परस चडावत करुन सांगप, मोठी करून मांडप. असो जेन्ना प्रयत्न जाता तेन्ना विनोद घडटा. अ. ना. म्हांब्रो हांचे कांय निबंद आमकां हाची गवाय दितात. आयचो आघाडेचो विनोदी लेखक

कृमच्या निबंदांनी टायगर ह्या कुत्र्याच्या तोंडांत वा शेंवत्याल्या धाकल्याल्या तोंडांत आमकां 'फ़िलोसोफ़ीकल' संवाद आयकूंक मेळटात. अतिशयोक्तीचोच प्रकार हो.

विडंबन (Parody) हो विनोदी प्रकार कोंकणी विनोदी साहित्यांत आमकां उण्या प्रमाणांत मेळटा. डॉ. राजय पवार हांणी आपल्या 'गिरमीट' ह्या पुस्तकांत कांय फ़ामाद कवितांचें केल्लें विडंबन वा नवरसांचें केल्लें विडंबन आमकां वाचूंक मेळटा. अना म्हांब्रेच्या कांय निबंदानीय विडंबन आमकां मेळटा.

प्रसंगनिश्ठ विनोद (Circumstancial humour). हो खरेपणी विनोदाचो एक कठीण प्रकार. हातूंत लेखकाचे विनोदी बुद्दीचो आनी कल्पकतायेचो कस लागता. खंयचोय एक प्रसंग हुबेहूब वाचकां मुखार हाडप आनी तांतूत विनोद निर्मणी करप ही त्या लेखकाची कळाशी. ते खातीर साप्प थोडे हो विनोदी प्रकार केळयतात. असो प्रसंगनिश्ठ विनोद आमकां अना आनी कृमच्या लेखांनी पळोवंक मेळटा.

सत्यकथन: ह्या प्रकारांत एक सत्य घडणूक घेवन ताका मागीर विनोदी टिव्श्ट दिवप हाका सत्यकथन अशें म्हणटात. देखीक दत्ताराम सुखठणकार आपल्या 'माशेल' ह्या लेखांत बरयतात. जयहिंदाचे चळवळींत माशेलांतलें इश्कोल लासपा खातीर ह्या आनंदबाबानूच आमकां पेत्रोल दिल्लें. गोंय स्वतंत्र जातगीर कांय वर्सांनी अश्योच खबरी करतना हांवें आनंदबाबाक विचारलें आरे, आमी तें इश्कोल जाळिल्लें ती तारीख तुका खबर आसा? तें केन्ना रे? खंयच्या वर्सा रे? आनंद बाबान कांयच उलयनासता उठून एक पोरणी डायरी काडली आनी ती उक्ती करुन तांतलें एक पान ताणें म्हाका दाखयलें. हें पळय मरे हांवें बरोवन दवरलां माशेलांतले इश्कोल जाळण्यास श्री. दत्ताराम सुखठणकार यास एक लात पेत्रोल दिले. गुजरात श्री. वासुदेव धुपकर-5॥ रुपये. पुर्तुगेज घरा पावन बावन वर्सां जालीं आनी गोंयचेर बांदोडकाराचें राज्य चलतालें तरी म्हाका शेळो घाम सुटलो. हांवें आकांतून म्हणलें आनंदबाब, असल्यो गजाली म्हण बरोवन दवरप आसतात? ही डायरी मोंतेरोच्या हातांत पडिल्ली जाल्यार तूं, हांव आनी धुपकार तिगूय जाण मस्मीक अठ्ठावीस वर्साची देग्रेद घेवक पावतले आसले. हो जालो सत्यकथनांतलो विनोद. असोच विनोद आमकां कृमच्या निबंदांनी मेळटा.

विनोदाची सर्जनशिलताय हाचेर बरयतना फामाद विनोदी लेखक दत्ताराम सुखठणकार एके कडेन म्हण्टात, 'विनोद ही एक अप्रूप गजाल. ती सगळ्यांकच जमना. मुळांत विनोदी आंग आसचें पडटा. पूण तें आसलेंच म्हण मनीस विनोदी वाङमय निर्मुंक शकना. विनोदी वाङमय निर्माण जावपाक खूप कला लागतात. बरें विनोदी वाङमय थोडेंच निर्माण जाता. हाकाच लागून विनोदी बरोवपाची कला जांकां सादल्या ताणी बरयल्या बगर रावं नये. कोंकणी मनशाक मुळचेंच विनोदी आंग आसा ताका लागून कोंकणी मनशाच्या हातांतल्यान ऊंच

पांवड्याचें विनोदी साहित्य निर्माण जालें म्हण अजाप ना.

कोंकणी भाशेंत विनोदी साहित्य चड प्रमाणांत कित्याक निर्माण जालें ना ताची जाप ह्या तांच्या विधानांतल्यान आपसुकच मेळटा.

फ़ामाद विनोदी लेखक मार्क ट्वेन एके कडेन म्हणटा My works are like water. Great master's works are like wine. But everybody drinks water बरो आनी सहज समजुपा सारको विनोद सगळ्यांक आवडटा.

कोंकणी विनोदी निबंदाचें मुल्यांकन

कोंकणी विनोदी निबंदाच्या मळार डॉ. दत्ताराम सुखठणकार, निकुबाब धुमे, प्रा. लुसियु रोड्रिक्स, लक्ष्मणराव सरदेसाय, लक्ष्मिनारायण पारज, शंकर भांडारी, दिगंबर सिंगबाळ, पुरूषोत्तम सिंगबाळ, अरुण सिंगबाळ, प्रा. प्रकाश थळी, गजानन जोग, दिलीप बोरकार, दत्ता दामोदर नायक, नयना आडारकार, डॉ. राजय पवार, सुमेधा कामत देसाय, अपर्णा गारुडी, उदय गुडे, अतुल पंडित, कृ.म. सुखठणकार आदी हांणी विनोदी निबंद हो साहित्य प्रकार बेस बरो केळयला. विनोदाचे विंगड – विंगड प्रकार आपल्या निबंदानी बेस बरे रितीन आनी आपले तांकी प्रमाण हाताळ्ळ्यात.

ह्या सगळ्या लेखकांच्या निबंदाचें मुल्यमापन करप लेखाच्या चड विस्ताराच्या भंयान शक्य ना. हांव एक अभ्यासक आनी वाचक, समिक्षक न्हय हाची जाण म्हाका आसा.

दुसरें म्हणल्यार आयचो मापदंड घेवन ज्या काळार हे विनोदी लेख बरयले तांकां हो मापदंड लावन त्या निबंदाची मोलावणी वा मुल्याकंन करप चुकीचें थारतलें. कारण त्या काळार तांच्या निबंदाक वाचप्यांनी माथ्यार घेतिल्ले. ते गजालीची जाण दवरप गरजेचें.

ते खातीर हांव ह्या विनोदी निबंदाचें मुल्यमापन करपाक दोन विनोदी लेखकांचे निबंद घेतां जांणी चड करून फकत विनोदीच बरयलां आनी ते म्हणल्यार स. अ. ना. म्हांब्रो आनी आयचे कृ. म. सुखठणकार.

कोंकणी विनोदाच्या मळार लाबिल्ले हे दोन दिग्गज. ह्या दोगांय लेखकां मदलें सारकेपण म्हणल्यार अफ़ाट वाचन, दांडगी स्मरणशक्त, सगळ्यो गजाली बारकायेन पळोवपाची नदर, मनशाचे जिणेंतल्यो विसंगती वा विरोधाभास सोदपाची तांची फ़िशालकाय आनी हें सगळें खुसखुशीत शैलींत मांडपाची तांची कळाशी तोखणाय करपासारकी.

अनाचे लिखणेंत खंयच पाल्हाळ ना. ताचीं वाक्यां ल्हान–ल्हान, सामकीं सुटसुटीत, पूण खोल परिणाम सादपी. अनाची कोंकणी सामकी सोंपी, कोणाकूय समजता आसली. शाब्दीक विनोदाचेर (कोटी) अना केन्नाच भर दिना. ताच्या विनोदाची तरा नर्म विनोदी. खंयचोय प्रसंग उबो करून वा घडणूक दाखोवन तांतूतल्यान अचळय विनोद निर्माण करपाची तांची कळाशी आकांताची. ते भायर मनीस, ताचें वागप, वर्तप आनी तातूंतल्यान दिसून येवपी धोंगां पोंगां हांच्या चित्रणांतल्यानूय हो नर्म

विनोद घडून येता. तो अडेचो असो दिसना.

तांच्या बरपांन कोंकणी मातयेचो वास मारता. अनाचें चडशें जिवीत मुंबयच्या शारी वातावरणांत गेलें तरी पूण तांणी गोंयची नाळ सोडली ना. तांगेल्या लिखाणांतलीं पात्रांची नांवां पळयात. फटी, भिकूदाद, नानू, शेड्डो, चंपू, फोर्सुलो, जनू आदी सामकी गोंयच्या मातयेंतलीं नांवां. ते खातीर तीं आमकां आपलिंशीं दिसतात. आनी मुखेल म्हणजे बरोवपाचें सातत्य. जरी आपले जिणेच्या निमण्या काळार अनाची प्रकृती सांगात दिना आशिल्ल्यान तांचें बरप जरी उणें जालें तरी तांणी कोंकणी सरस्पतीक चार पुस्तकां ओंपलीं आनिकूय खूब लेख पुस्तक रुपांत येवपाचे उरल्यात.

अनाच्या लिखाणांक सरसकट 'अना -कथा' अशें नांव पडलां. तें लिखाण नर्मविनोदी लेख जावं येता व्यक्ती चित्रण जावं येता, निबंद वा कथा जावं येता. हाचें कारण म्हणल्यार अना एके थारावीक फ़ास्केंत रावन बरोवपी लेखक न्हय. ताणें आपल्या लिखाणांत शैली आनी अभिव्यक्तीचे वेगवेगळे प्रयोग केल्यात. अना हो फकत कोंकणी आनी भारतीय भाशांतलें साहित्य वाचिल्लो लेखक न्हय तर संवसारांतलें उंचेल्या पांवड्याचें साहित्य पचयिल्लो लेखक. तेच खातीर ताणे बरयिल्लें खंयचेंय उतर वा वाक्य उखलापें दिसना.

स. अनाबाबान चार विनोदी पुस्तकां कोंकणी सरस्पतीक ओंपलीं, तीं म्हणल्यार 'गोंयची अस्मिताय' (1978), 'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' (1985), 'कोंबो गेलो तारवार' (2007) आनी 'अनाल्यो अ-कथा'.

'गोंयची अस्मिताय' ह्या 1978 वर्सा उजवाडाक आयिल्ल्या ह्या पुस्तकांत वट्ट 20 विनोदी निबंद आमकां मेळटात.

हे सगळे निबंद गोंय आनी गोंयकार हाचे भोंवतणी आसात. हें निबंदाचें पुस्तक जरी 1978 वर्सा उजवाडाक आयलें तरी ते निबंद गोंय सुटके उप्रांत रोखडेच बरयिल्ले. तांगेलीं सुर्वेचीं बरपां 'गोंयची अस्मिताय' ह्या पुस्तकांत आयल्यांत. ह्या पुस्तकांतल्यान आदल्या गोंयांक फ़ाटीं काडून नवे परिस्थितीक फुडो करपी गोंय आनी गोंयकार आमकां दिसतात.

ते खातीर गोंयकाराचे जिणेचेर चड करून धवाड्या समाजाचेर पुर्तुगेज रहाणीमान, पुर्तुगेज भास हाचो जो पगडो आशिल्लो तो कांय प्रमाणांत शाबूत आसलो आनी स्वतंत्र जातकीर जी लोकशाय आयली ती कशे तरेन गोंयकारांनी आपणायली हाचें बेस बरें वर्णन ह्या पुस्तकांतल्या निबंदांनी मेळटा. एका काळार खूब गाजिल्लें हें पुस्तक पूण आयची पिळगी ते निबंद वाचतना तांचे कडेन घडये समरस जावंक शकची ना. आनी कांय वर्सांनी हे निबंद म्हणल्यार काणयो अशें ते पिळगेक दिसूंक शकता.

'पणजी आतां म्हातारी जाल्या' हें पुस्तक 1985 वर्सा उजवाडाक आयिल्लें. हातूंत 1969 ते 1981 वर्सांत बरयिल्ल्या 16 निबंदांचो आसपाव जाता. ह्या पुस्तकांत पणजेचें पोरणेपण दिसता म्हणल्यार आदल्या काळाची झलक तेच बरोबर नव्या

काळाची पावलटय अणभवूंक मेळटा. ह्या पुस्तकांत त्या काळावयल्या पणजेचें वर्णन आसाच, ते भायर 'विठूची चावी सांडली', 'तुकल्याची तकली तुकल्याक ना', 'भावोजी मेलो' हे निबंद वा जांकां आतां 'अना कथा' म्हण वळखतात त्यो आसात. आनी ह्यो 'अना कथा' म्हणल्यार कोंकणी विनोदाचो मैलाचो फ़ातर. ह्या अनाकथा उदेशीं जो कोंकणी विनोद खेबाडां करपा पुरतो मर्यादीत आसलो ताका अनाबाबान एका उंचेल्या पांवड्यार व्हेलो. विनोदाचो अभ्यास करपी फुडले पिळगेक ह्या अना कथांचो अभ्यास करचोच पडटलो.

'कोंबो गेलो तारवार' हें अनाचें तिसरें पुस्तक 2007 वर्सा उजवाडाक आयलें. हातूंत वट्ट 17 निबंद आसात. ह्या पुस्तकांत व्यक्तीचित्रणांचोय आसपाव आसा. ह्यावूय पुस्तकांत अनान आपल्या गोंय आनी गोंयकारपणांचें सुत्र खंयच सोडूंक ना. ह्या निबंदांनी अनाच्या विनोदाची कळाशी दिश्टी पडटा. ह्या पुस्तकांत अनाचो 'कथांची कथा' हो लेख आसपावला. ह्या निबंदां वरवीं अनाचें वाचन, सरभोंवतणी पळोवपाची सूक्ष्म नदर आनी सरभोंवतणची विसंगती आपले खुसखुशीत शैलींत सभेमाजार हाडपाचो तांचो हातखंडो आमकां दिसून येता.

'अनाल्यो अ-कथा' हें निबंदरुपी पुस्तक म्हणल्यार अनाची श्रेश्ठ विनोदी लेखक म्हण दाखोवपी पुस्तक. हातूंत एका लेखांत अनान आपले साहित्य यात्रे विशीं सांगलां आनी हातूंत 'रात थोडी सवंगां चड' ही अप्रतिम 'अना-कथा' वा विनोदी निबंद आसा.

ह्या सगळ्यांची मोलावणी करतकीर अनान कोंकणी विनोद कितल्या उंचेल्या पावंड्यार व्हेला तें कळटा.

अना अंतरले उप्रांत तांच्या विनोदाचेर बरयतना स. माधवी सरदेसाय 'अनाक आगीं ओंपतना...' ह्या 'जाग' म्हयनाळ्याच्या एप्रील 2013 ह्या अंकांत बरयतात अनाचो विनोद खरोच आगळो वेगळो. तो मनरिजवण करपी विनोद न्हय. ती आमची पारखणी. देखून तो आमकां किटकिटो हाडिना. अचळय आमचे मुखार हारसो धरता आनी ह्या हारश्यांतल्यान घडिल्ल्या आमगेल्या रुपाच्या दिश्टाव्यान आमच्या ओंठार एक मुमुरखेंच हांशें फांकता. खऱ्याची वळख मेळिल्ल्याची पावती कशें. अना एक नदर. आमकां पुरायेन वळखल्ली. आमचीं धोंगां पोंगां. आमचे भितरल्यो विसंगत्यो-सगलें सगलें तिका खबर आसा. तशीच, आमचें म्हत्वूय ती जाणां. अनाची विनोदी बरपां ह्या धोंगांपोंगांचेर, विसंगत्यांचेर बोट दवरतात.

कोंकणींतले फ़ामाद विनोदी लेखक अना गेले उप्रांत कोंकणी विनोदाच्या मळार एक निर्शेवणी आयिल्ली. पिरायेच्या उसरां पांवड्यार काय जायना, अनाचोच गांवभाव भौ. कृ. म. सुखठणकारान कोंकणी विनोदी साहित्याच्या मळार एक घणघणीत पावल घालें आनी फ़ाटलीं स- सात वर्सां तांचो तो वावर सातत्यान चालू आसा. भौ. कृ. म. सुखठणकारान कोंकणी विनोदी साहित्याक 'नवी संजीवनी' दिली म्हणल्यार अतिताय जावची ना.

कृमचें साहित्य हें आगळें वेगळें, ताची शैलीय बी आगळी वेगळी. कोंकणींत हे तरेच्या साहित्याचो प्रयोग हाचे आदीं जावंक ना. हें साहित्य मनरिजवणेचें साहित्य न्हय. कृम हो एक प्रगल्भ लेखक. जेन्ना हांव तांचे हे ललीत निबंद वाचतां, ताणें एकेक ज्वलंत विशय घेवन तयार केल्लो प्लॉट तोखेतां तेन्ना तातूंतलें गांभीर्य म्हाका जाणवत वता. हें सगळें आंखतना ताणें केल्लो कोंकणी मनशाच्या सभावगुणांचो, मानसिकतायेचो अभ्यास आनी निरीक्षण शक्ती हांकां हांव दाद दितां.

हांवें वयर म्हणलां तशें कृम बरयता तसलें साहित्य रचपाक भरपूर वाचन आनी निरीक्षणशक्त जाय पडटा आनी हें गांठवल जाय तेन्ना मुदयेर थीक कशें सोडोवचें पडटा. ताचो प्रत्यय आमकां तांच्या लेखांनी दिसून येता. आयज मेरेन तांचीं चार विनोदी निबंदाचीं पुस्तकां उजवाडाक आयल्यांत. 'चिमटे धुमके', 'धंयार धुमके', 'धुमक्यार धुमके' आनी 'धोंगां आनी पोंगां'. आनी तांच्या उजवाडाक आयिल्ले निबंद पुस्तक रुपान छापतलो जाल्यार आनीक धा-बारा पुस्तकां सहज जातलीं.

ह्या तांच्या 340-350 विनोदी निबंदांत आमकां कृमन कितें दिलें? कृमन आमकां आमच्या आशिकुशीच्या मनशांक पळोवपाची नदर दिली. प्रत्येक मनशाचो एक सभावगूण आसता. तो सभावगूण वळखुपाची तांणी आमकां तांक दिली. तेच खातिर तांच्या लेखांतलीं पात्रां जशे परी खुद्द लेखाचो नायक (बाबा), ताची घरकान्न, ताचीं तीन भुरगीं, ताची आवय, मेवणी नलू आनी तिचो घरकार, वावराडी शेंवतें, शेंवत्यालें चली, शेजारी परब, ताची बायल, तागेलें चली सुरेखा, सावळो, नागवेंकार, दत्ता, पसरकार बरड, फार्मासकार म्हांब्रो, भाडेकरू नेपाळीण, संध्या, रमा, टायगर, पाटील मास्तर, सेलीन टिचर, वितोर आदी कितलिंशींच पात्रां आमकां आपलिंशींच दिसतात. आमचे संवकळींतल्या आनी सरभोंवतणच्या मनशांतय हीं पात्रां आमकां दिसतात आनी तेच खातीर आमी तांचे कडेन समरस जातात.

खरेपणीं लेखक समाजाच्या अवगुणाचेर बोट दवरतना ह्या पात्रांचो पुरेपूर उपेग करता. हांगा लेखकूच ह्या पात्रांच्या माध्यमांतल्यान ह्या गजालींचेर आपली उलट सुलट प्रतिक्रिया दिता म्हणल्यार अतिताय जावची ना. जिविताचें तत्वगिन्यान तो आमकां आपल्या पात्रांच्या तोंडांतल्या संवादांतल्यान अचळय विस्कटावन सांगता.

सर्कशींतलो विदुशक जेन्ना विंगड विंगड खेळ करतना, कसरती करतना चुकिल्ले भशेन करून दाखयता. तेन्ना खरें तो त्या खेळांतल्या कुशल कारागिरांचीं खेबाडां उडयता पूण तो स्वता एक कुशल कलाकार आसता. तेच भशेन विनोदी लेखक जेन्ना जिणेंतली विसंगती हांसत-खेळत दाखोवंक लागता तेन्ना एके परीन ताका तातूंतले सुसंगतीची पुराय जाणविकाय आसता. हे बाबतींत तो बाकीच्या लेखकां परसूय एक पावल फुडें आसता. कृमचो हे श्रेणींत आसपाव जाता.

आपल्या विनोदी लेखांत लेखक गरज पडटा थंय सुभाशितां, संस्कृत श्लोक, शेरो-

शायरी, सिनेमांतलीं गितां, संवाद घालता आनी ते सामके authentic आसतात. ते खातीर अफाट वाचन आनी स्मरणशक्ती जाय पडटा आनी ती लेखका कडेन आसा हाची आमकां पावला कणकणीं जाणविकाय जाता. ह्या सगळ्या वरवीं लेखक आपल्या लेखांतल्या विनोदाक एका उंचेल्या पांवड्यार व्हरता.

म्हज्या हिसपान तांचे सगळे लेख म्हणल्यार एक Sugar coated pill. भायर विनोदाचें आवरण घाल्लें समाजांतलें, मनशा भितरले विसंगतीचेर केल्लें तें भाश्य. अशा वेळार म्हाका फामाद आयरीश लेखक आनी विचारवंत Oscar Wilde हांच्या एका सुभाशिताची याद जाता. तो म्हणटा if you want to tell people the truth, make them laugh, otherwise they'll kill you. इतलेंय करून हो लेखक कोणाकूच दुखयनासतना ल्हवूच तांकां चिमटे काडटा आनी आपली काश्टी मात तो सुकी दवरता. आमीय अंतर्मुख जातात. आमकां ताणें कोणाचें उडयलां, कित्याचेर बडी मारल्या तें कळटा आनी हेंच ह्या लेखकाचें येस जावन आसा.

कृमच्या 'चिमटे आनी धुमके' ह्या पुस्तकाचे प्रस्तावनेंत फामाद कोंकणी लेखक दिलीपबाब बोरकार म्हणटा : कृमच्या दरेका लेखांत, लेखांतल्या दरेका पानार, पाना वयल्या दरेका परिच्छेदांत, परिच्छेदांतल्या दरेका उतरांत ताणें कोणाची तरी उडयल्या हाची कल्पना येता. एक दोनूच अपुरबायेचे प्रसंग आसल्यार मोस्त्र म्हूण ते सांगूं येतात. पूण हांगा दरेक उतरच त्रोसां मारीत-मारीत वता. तेन्ना खंयच्या प्रसंगाच्या वर्णनाक हांसचें आनी खंयच्या प्रसंगान अंतर्मुख जावचें तेंच कळना. त्रोसां मारली, ताचेर कोणूय हांसलो म्हण साहित्य उजवें आसना. पूण अंतर्मुख जावन ताचेर विचार करूंक लायता, हांसतां - हांसतां मनांत तिडक हाडटा तें साहित्य मोलावप भोव कठीण.

कृम समाजांतलीं धोगां-पोंगां अचळय हेरता. मनीस सभावाच्यो बारीकसाणी तो दोळ्यांत तेल घालून तेळीत आसता आनी ह्या सगळ्या भांडवलाचो वापर तो आपल्या लिखाणांत करता. ते खातीर ताका फकत लेखांचेंच माध्यम लागना तर तो डायरी, रहस्यकथा, नाटकुलीं अशा विंगड -विंगड रुपांनी तुमकां केन्ना खातकुतल्यो करता, चिमटे काडटा, धुमके घालता, चाबकां मारता, सांसपिता. ताचें बरप वाचतकीर केन्ना पोट फुटसर हांसो येता, केन्ना मुमरख्यांनी हांसो येता तर केन्ना हय न्हयशें हांशें तोंडार खेळटा.

निमणें हो पेपर सोंपयतना म्हाका सांगन दिसता कीं विनोदी निबंदाची मोलावणी करतलो जाल्यार त्या लेखकान विनोदाचो पांवडो कितलो वयर हाडलो, वाचकांची अभिरुची कितली वाडयली आनी निखटी साहित्यांत भर घाली नासतना त्या विनोदान विनोदी साहित्यांतलो benchmark जावंक लेखकान आपली कळाशी कशी वापरली हाचेर निंबून आसता आनी आमच्या सुदैवान ह्या दोनूय विनोदी लेखकांनी कोंकणी विनोदाचो पांवडो खूब वयर व्हेला हातूंत दुबाव ना.

000

मंथन

(लेख)

डॉ. हनुमंत चोपडेकार

गोंयच्या कोंकणी-मराठी नाटकांतली मिथकसृश्टी

(गोंयकार नाटककारांनी बरयल्ल्या वेंचीक कोंकणी-मराठी नाट्यसंहितेंच्या संदर्भांत)

सारांश :

गोंयाक आनी पर्यायान कोंकण वाठाराक लोककला आनी नाट्यकला हांची एक समृध्द अशी परंपरा लाबिल्ली आसा. गोंयांत आधुनीक नाटकाच्या मळार व्हडा प्रमाणांत मराठी आनी कोंकणी नाटकां बरोवन सादर जातना दिश्टी पडटात. गोवा कला अकादेमीच्या कोंकणी-मराठी सर्तीनी ह्या दोनूय भासांतल्या नाटकांक सदांच उर्बा दिल्या. देखून गोंयांत मराठी आनी कोंकणींत जायत्या नाटककरांनी आपलें योगदान नवनवीन नाट्यसंहिता बरोवन सिद्ध केलां. जायते फावटीं गोंयकार हेर भासांतलीं नाटकां अणकारीत वा रूपांतरीत करून सादर करतात. तरीय पूण फाटल्या पन्नास साठ वर्सां मजगतीं गोंयकार नाट्यलेखकांनी भोव बऱ्यो नाट्यसंहिता एकंदर गोंयचे रंगमाचयेक दिल्ल्यो आसात. त्याच नाटकांतली मिथकीय संकल्पना सोदपाचो हो यत्न.

फ्रेंच समीक्षक 'हिप्पोलेत तेन' म्हणटात ते प्रमाण खंयचीय कलाकृती ही 'देश, काळ आनी परिस्थिती' हांचें अपत्य जावन आसता आनी त्याच प्रमाण तातूंत परिवर्तन जायत आसता. हे फाटभुंयेर प्रस्तूत प्रपत्रांत आधुनीक गोमंतकीय नाटकांत मिथकांचें स्वरूप कशें आसा हाचो अभ्यास करून ताची मोलावणी करपाचो हो प्रामाणीक

डॉ. हनुमंत चोपडेकार : जल्म : 1973, कवी, नाटककार, समीक्षक, बालसाहित्यकार. *'आतां केन्ना फांतोड जातली'*, हो कविता संग्रह आनी *'हम होंगे कामयाब'*, *'कैदी नंबर 001'*, *'हरी आमचो टेंपररी'*, *'दम दमा दम,'* *'कुंवाडी'* हीं नाटकाचीं पुस्तकां, तर *'अस्तुरी प्रतिमा'*, हें संशोधनात्मक प्रकाराचें आनी *'रायटर आनी फायटर - रवीन्द्र केळेकार'*, हें संपादीत पुस्तक प्रकाशीत. बालसाहित्याचीं पांच पुस्तकां प्रकाशीत. गोवा कोंकणी अकादेमीचो उत्कृश्ठ साहित्य पुरस्कार (2010, नाट्य विभाग) तशेंच हेर प्रतिश्ठेच्या साहित्य पुरस्कारांनी सन्मानीत. संपर्क : बी-1, श्रीराम पर्णकुटी, यशवंतनगर, तिस्क, फोंडें, गोंय - 403401. मो. 8805152539.

यत्न..

विशय केंद्रीत उतरां : नाट्यसृश्टी, मिथकसृश्टी, गोमंतकीय कोंकणी-मराठी नाटक, मिथक, मोलावणी

प्रस्तावना :

गोंयकारांचे नाट्यरसिकतायेक धरून गोंयांक 'नाट्यवेडा गोमंतक' ह्या शब्दान जाणकार संबोधतात. गोंयकारांचें नाटकाचें पिशें जगजाहीर आसा. आमच्या गोंयांत दर वर्सा गांवांगांवा कणकर्णी मेळून हजारांनी कोंकणी-मराठी नाटकां सादर जातात. आदल्या काळार चडशीं मराठी नाटकां गोंयांत सादर जातालीं. आतां ल्हवू ल्हवू मराठी नाटकांची सुवात उत्सवी स्वरूपाच्या कोंकणी नाटकांनी घेतिल्ली आसा. पूण प्रत्यक्षांत गोमंतकीय मराठी नाटकाची परंपरा व्हड. 1743 वर्सा, सांगलीक 'सीता स्वयंवर' ह्या नाटकाचो प्रयोग करपी विष्णुदास भावे हांकां मराठीतले आद्य नाटककार म्हणटात, पूण भावेंच्या सुमार 25 वर्सां आदीं गोंयांत उत्सवानिमतान 'दशावतारी नाटकांचे' प्रयोग जाताले; तशेच महाराष्ट्रांतले नाट्यकर्मी अण्णासाहेब किर्लोस्कर हांचे पयली कृष्णभट्ट बांदकार हे उत्तर गोंयांत डोंगरी ह्या गांवांत रामनवमी उत्सवाच्या निमित्तान संगीतप्रधान नाटकांचें लेखन आनी प्रयोग करताले हें नोंद घेवपा सारकें.

ते भायर 'रामनाथ दामोदर प्रासादिक नाटक मंडळी', 'श्री शांतादुर्गा प्रसाद कलंगुटकर गोवा संगीत नाटक मंडळ', 'गोवेकर स्त्री संगीत मंडळ', 'भावीण मंडळ', 'बांदिवडेकर संगीत मंडळ,' 'शारदा संगीत मंडळ', 'प्रभात संगीत मंडळ', 'मोहन संगीत मंडळ', सखाराम बर्वे हांचें 'प्रभात संगीत मंडळ', वळवईकर बंधूंची 'ललीतप्रभा संगीत मंडळ', 'बालनाट्य समाज', 'अप्सरा संगीत मंडळी', अश्यो विंगड विंगड नाट्य संस्था त्या काळांत गोंयत निर्माण जाल्ल्यो हाची गवाय इतिहास दिता.

जाल्यार 20 व्या शेंकड्याच्या पयल्या अर्दांत विश्वनाथ नाईक, सदाशिव बांदेकार, वसंत सावकार, डॉ. सावळो केणी, जयकृष्ण भाटीकर, कृष्णा मोये, श्रीपादराव नेवरेकार ह्या सारक्या नाट्य कलाकारांनी गोमंतकीय नाट्य रंगभूमीक एक नवेंच रुप दिवन ती उदरगतीक पावयल्ली आमकां दिसून येता. जाल्यार 20 व्या शेंकड्याच्या निमण्या दशकांत पु. शि. नार्वेकर, रमाकांत पायजी, गुरूदास नाटेकार, गोविंद नाईक, महाबळेश्वर रेडकार, लक्ष्मण पित्रे, उल्हास प्रभुदेसाई, विष्णू सुर्या वाघ, सोमनाथ नाईक, दिलीपकुमार नाईक, दासू शिरोडकार, ध्रूव कुडाळकार, मिलिंद म्हामल, विजयकुमार नाईक, प्रसाद लोलयेंकार, अजय नाईक, निलेश बुगडे, विनय मडगांवकर, कवींद्र फळदेसाई ह्या गोमंतकीय नाट्यलेखकांनी विंगड विंगड आशयविशयांचीं नाटकां बरोवन तीं रंगमंचार हाडलीं.

मराठीचे तुळेंनेंत कोंकणी नाटकाचो विचार केल्यार, गोय मुक्ती उपरांत कोंकणी नाटक आकार घेयत गेल्ल्याचें होलमता.

कोंकणी नाटकाक रुप धरपाची खरी संद गोवा कला अकादमी संचलीत स्पर्धात्मक रंगभूमीन दिली. हे राज्यस्तरीय सर्तीतल्यान असंख्य कोंकणी नाट्यसंस्था, कलाकार, दिग्दर्शक, नाट्यलेखक आनी नाट्यसमीक्षक फुडें आयले. तातूंत पुंडलीक नायक, दताराम कामत बांबोळकार, अनिरूध्द बीर, देविदास बाबय, दिलीप बोरकार, भरत नायक, विष्णू वाघ, डॉ. प्रकाश वजरीकार, ड़ॉ. जयंती नायक, मुकेश थळी, डॉ. राजय पवार, डॉ. हनुमंत चोपडेकार, महेश नायक आदी नाटककारांचो आसपाव जाता. नव्या नाट्यसंहितंचो विचार केलो जाल्यार तातूंन मराठीचे तुळेंत कोंकणी नाट्यसंहिता गुणात्मक आनी संख्यात्मक स्तरार वरचढ थारतात.

गोवा कला अकादमीच्या सर्तीक लागून स्पर्धात्मक रंगभूमी खातीर नाट्यलेखन करपी कोंकणी-मराठी लेखकांची संख्या समाधानकारक जावं लागली. कालांतरान गोयच्या नाट्य क्षेत्रांत सगळ्यांत व्हड गजाल पळोवंक मेळ्ळो ती म्हणल्यार मराठींतले लेखक कोंकणींत जाल्यार कोंकणींतले लेखक मराठींत दर्जेदार नाट्यसंहिता बरोवंक लागले. इतलेंच न्हय जाल्यार कांय गाजलेलीं कोंकणी नाटकां मराठींत तशेंच गोंयकार नाटककारांचीं मराठींतलीं गाजिल्लीं नाटकां कोंकणीत अणकारीत करून सादर जावंक लागल्यो. 1985 च्या कोंकणी-मराठी भाशीक संघर्शा उपरांतच्या काळांत नाट्यपिश्या गोमंतकीय रसिकांचो आनी कलावंतांचो हो दिलदारपणा एकंदर गोमंतकीय रंगसृश्टीक नवें रुप दिवन गेलो अशें म्हणचेंशें दिसता.

प्रस्तूत प्रपत्रांत वयर उल्लेख केल्ले गोमंतकीय नाट्यसृश्टींत दिसून येवपी मिथकसृश्टीचो सोद घेवपाचो यत्न केला. देखून सगळ्यांत पयलीं मिथक वा मिथकीय हे संकल्पनेचो परामर्श घेवप सोयीस्कर थारतलें.

मिथक : संकल्पना व स्वरूप –

Man is a social imal. मनीस हो समाजीक प्राणी आसा अशें म्हणतात. आपले जिणेचें आनी वट्ट अस्तित्वाचें आकलन तो बुद्धीच्या बळार करीत आयला. आपले बौद्धिक क्षमतेच्या बळार पुराय ब्रह्मांडांतल्या साबार गुपितांचो सोद घेवपाक तो आशेता. पूण सुदैवान जावं दुर्दैवान जगांतल्या ह्या अज्ञात गुपितांचो थाव ताका निखालस लागना. आदिम काळा साकून मनशाक दिसपी सैमीक चमत्कारांचें आनी मनांतल्या कितल्याश्याच दुबावांचें निरसन तो आयज मेरेन करूंक शकलो ना. जेन्ना जेन्ना ताच्या मुखार अमूर्त आनी अलौकीक शक्ती उब्यो रावल्यो तेन्ना तेन्ना ताणें वेगवगेळ्यो 'मिथककथा' वा कल्पीतकथा' उब्यो करून ताच्या आदाराचें आपल्या अदभूत अणभवांचें प्रकटीकरण करपाक सुरवात केली. देखून मनशाचें वैयक्तीक मन आनी सामुहिक मन सरभोंवतणच्या घुस्मटमारांतल्यान मेकळें जावंक पावलें. ना जाल्यार संवसारांतल्या विस्मितांक पळोवन तें भियेवन आनी घुसमटमारान मरपाचें.

'मिथ' हें उतर इंग्लिशींतल्या 'Myth' (मिथ) ह्या उतरा पासून तयार जालां. तें मुळांत 'मुथॉस' ह्या ग्रीक उतरा वयल्यान आयलां. उपरांतच्या काळांत ही संज्ञा 'कल्पितकथा', 'दिव्यकथा', 'पुराणकथा' अश्या नांवान रूढ जाल्ली आमकां पळोवंक मेळटा. (कल्पना नातू 2014). अतिमानवीय शक्तींच्यो, देवदेवतांच्यो, वीरपुरुशांच्यो, विलक्षण सैमीक घटकांच्यो आनी घटनाप्रसंगांच्यो कथा असोय ताचो अर्थ जाता.

रॉजर फॉवलर हो 'चिंतक मिथक' हे संज्ञेची व्याख्या अशी करता – Myths are stories of Gods or heroes which may be of a tabulous or superhuman nature, which may have institute a change in the working of Universe or in the condition of social life. (D. Pawar 2001)

मिथक देवदेवतांचे, वीरनायकांच्या दिव्य कथांचें, अद्‌भूत घटनाचक्राचें प्रतिबिंब मानलें तरीय तातूंत समाजीक जिवितांत बदल घडोवन हाडपाची तांक आसता, हो फॉवलर हांचो विचार नोंद घेवपा सारको. मॅलिनोवॉस्की ह्या ब्रिटीश मानववंशशास्त्रज्ञान 'मिथका'ची अतिशय समर्पक व्याख्या केल्या. तातूंत ते म्हणटात - People have to create such myths to relieve the tension brought on the inability to explain in physical terms why something happens. (कल्पना नातू 2014).. 'आपल्या सरभोंवतणी घडपी अलौकीक घटणुकांची कारणमिमांसा करपा खातीर मनशाच्या मनाचेर जो ताण निर्माण जाता तो ताण पयस करपाचें कार्य हीं मिथकां करतात' अशें मॅलिनोवॉस्की हांचें मत.

वयले चर्चेंतल्यान मिथकाची संकल्पना आनी स्वरूप स्पष्ट जाताच पूण ताच्याच सांगातान आयचे समाजीक परिस्थितींत लेगीत एकाद्री अमूर्त गजाल वा घटणूक स्पश्ट करपाची जाली जाल्यार ती घटणूक शब्दबद्ध करपी लेखक विविध मिथकांचो आदा घेवन तिची स्पश्टोक्ती दिवपाचो यत्न करता. नाट्यलेखक तातूंत फाटीं कसो आसतलो! प्रत्यक्षांत नाट्यलेखक वा हेर लेखक तरेकवार मिथकांचे प्रकार उपेगांत हाडून नवनवीन संकल्पना आपल्या साहित्यांत मांडटात. देखीक –



हे फाटभुंयेर गोमंतकीय कोंकणी-मराठी नाटकांतल्या मिथकांचो सोद घेवप हें समीक्षकां मुखार आसपी व्हड आव्हान आसा. विशयाची मर्यादा मतींत धरून प्रस्तूत प्रपत्रांत गोमंतकीय मराठी-कोंकणी नाट्यसंहितेंत अक्षरबद्ध जाल्ले मिथकसृश्टीचो नियाळ घेवपाचो हो यत्न. स्पश्ट सांगचें जाल्यार, विविध मिथकांचें नाट्यलेखनांत समर्पक उपयोजन करून नाट्यलेखनाची नाविन्यपूर्ण अशी मिथकीय परिभास निर्माण केल्ल्या कांय वेंचीक नाटककारांचे नाट्यसृश्टीचो विचार हांगा

केला. तातूंत सकयल दिल्ल्या नाटककारांचो आसपाव जाता.

पुंडलीक नायक हांच्या नाटकांतली मिथकसृश्टी :

गोमंतकीय नाट्य मळा वयलो संगीत नाट्य अकादमीचो पुरस्कार प्राप्त नाट्यलेखक पुंडलीक नायक हे गोंयांतले नामनेचे कोंकणी भाशेंतल्यान सेगीतपणान बरोवपी एक प्रतिभासंपन्न नाटककार. तांचीं नाटकां मराठी, इंग्रजी, हिन्दी, कन्नड भासांनी अणकारीत जाल्यात. गोंयचे लोकजिणेंतल्यो लोककथा, परीकथा, आख्यायिका हातूंतल्या मिथकांतल्यान नाट्यमय कथाबीज सोदून तांणे जायतीं खाशेलीं नाटकां रंगमाचयेर हाडल्यांत. देखीक – शबै शबै भोजनसमाज, चैतन्याक मठ ना, श्री विचित्राची जात्रा, दिव्या दिव्या दिपत्कार, राखण, शिरी रे शिरी अधांतरी, अंता घरा भगवंता, कांसुलो, प्रेमजागर, दिश्ट दौलत, चतुरंग, काळजाची काणी, ह्या निवडक नाटकांतल्यान पुंडलीक नायक हांणी गोंयच्या गांवगिऱ्या वाठारांतल्या मिथकांचें कलात्मक उपयोजन नाटकांत केल्लें आसा. देखीक – 'शबै शबै बहुजन समाज' ह्या नाटकांत शिगमोत्सवा सारक्या ग्रामीण भागांतल्या उत्सवांतल्यान राजकीय क्षेत्रांतले अपप्रवृत्तींचें उपहासात्मक शैलीन विडंबण केलां जाल्यार 'अंता घरा भगवंता' ह्या नाटकांत तथाकथीत दैवी शक्तीचो साक्षात्कार, 'दिव्या दिव्या दिपत्कार' ह्या नाटकांत जादूच्या चिरागांतल्यान प्रकट जावपी जीन आनी तातूंतल्यान निर्माण जावपी नाट्यमय घटणूक जाल्यार तांच्या 'प्रेमजागर' सारक्या नाटकात लोकनाट्यांतलो. अलौकीक स्वरूपांतले सृश्टीचो आयच्या युगांतलो अंतर्भाव दिसता.

श्री. पुंडलीक नायक हांचें गाजलेलें नाटक म्हणजे 'श्री विचित्राची जात्रा'. हें नाटक एके जात्रेचे फाटभुंयेर घडटा. वर्सांतल्यान एकदां जावपी जात्रेंत फेरीकार, बोमाडेकार, च्यायवाले, किरकोळ दुकानदार आनी हेर सगळीं ल्हान व्हड मनशां सांज जावचे पयलीं सगले विधी वेवसाय करून जात्रेच्या वाठारांतल्यान पळ काडटात ही जात्रेची महिमा. सुर्यास्ता उपरांत जर कोणूय मनीस त्या वाठारांत रावलो जाल्यार त्या मनशाचें फातरांत रुपांतर जाता अशी आख्यायिका नाटकाच्या केंद्रस्थानाक दवरून एक अफलातून नाटक पुंडलीक नायक हांणी आकाराक हाडलां. मनशां मदल्या शेणत वचपी मनीसपणाचो सोद ह्या नाटकाच्या निमतान ते घेतात.

ह्या नाट्य लेखकान गोमंतकीय नाट्य लेखनाचो दर्जो वाडयलाच पूण तेच बरोबर ग्रामीण जिणेंतल्या मिथकांक आधुनीक परिवेशांत प्रस्तूत करून जिणेतत्वांचो नवो अर्थ सोदपाचो यशस्वी यत्न केला.

विष्णू सुर्या वाघ हांच्या नाटकांतली मिथकसृश्टी :

'माझ्या मातीचे गायन' आनी 'तुका अभंग अभंग' हीं नामनेचे साहित्यीक आनी

नाटककार श्री. विष्णू सुर्या वाघ हांचींसंबंदीत विशयांक धरून आसपी नाटकां. 'तुका अभंग अभंग' हें बहुजन समाजाचें प्रतिनिधीत्व करपी संत तुकारामांच्या जीवनचरित्राचेर उजवाड घालपी एक अप्रतीम नाटक. म्हत्वाचें म्हणजे, आपले अभंगवाणींतल्यान समाजाचें उद्‌बोधन करपी, प्रसंगी कठोर आनी परखड मतां मांडपी संत तुकारामाचें व्यक्तीत्व, अन्यायाचो प्रतिकार करपी ते तशेंच लढवय्ये आसले. बुद्धीक न पटपी रूढी परंपरेचो, समाजांतले दांभिकतेचो ते नेटान विरोध करताले. तांणी बहुजन समाजाचे वटेन लढपी प्रतिभासंपन्न विचारवंत आनी नेतो हे भुमिकेंतल्यान तुकारामांचें व्यक्तीत्त्व उबें केलां. संत तुकाराम हे सदेह वैकुंठाक वचूंक नात जाल्यार ब्राह्मणांनी ताचो खून केला असो निश्कर्श हो लेखक नाटकांत काडटा. सवर्णांविरूद्ध बह्यान्नजन समाज अशें ह्या नाटकांतल्या संघर्शाचें स्वरूप आसा.

सोमनाथ नाईक
हांच्या नाटकांतली मिथकसृश्टी :

सोमनाथ नाईक हांणी तांच्या 'कोऽऽहम' ह्या नाटकांत महाभारतांतलो विशय मांडून पुराणकथेंतलो संदर्भ आयच्या काळाच्या संदर्भात मांडला. पुराणकथेच्या आशयाक नवो अर्थ दिवपाचो तांचो यत्न भोव तोखणायेचो जावन आसा. सोमनाथ नाईक लिखीत 'कोऽऽहम', 'अंतिम! अंतरिम!!', 'आर्यमा उवाच' हीं पुराणीक विशया वयलीं नाटकां ह्या कालखंडांत बरयल्ल्या नाटकां मदली भोव लक्षणीय. हे धतरेर जल्म घेवपी दर एक मनीस कोऽऽहम् म्हणजेच आपूण कोण हो प्रस्न घेवन जल्मा सावन मरणा मेरेन घुंवत आसता. जीण हें एक मिथकसूत्र घेवन महाभारतांतले ययातीची कन्या माधवी या ओजस्वी स्त्रीची काणी लेखकान कोऽऽहम् ह्या नाटकांतल्यान कथन केल्या. वेगवेगळ्या पुराणांत ज्यो कथा सांगल्यात त्यो फकत कथा नासून मानवी आदर्शांचीं जिवंत प्रतिकां आसात हाचो दिश्टावो 'कोऽऽहम' हें नाटक दिता.

हिंदींतले ज्येश्ठ लेखक भिष्म साहनी हांच्या 'माधवी' ह्या नाटकाच्या आदाराचेर सोमनाथ नाईक हांणी प्रस्तूत नाटक बरयलां. तांचें 'आर्यमा उवाच' हें नाटक लेगीत पुराणीक मिथकात्मक विशय घेवन येता. डॉ. तारा वनारसे हांचे 'श्यामिनी' हे कादंबरीचे प्रेरणेन तें रचलां.

दत्ताराम कामत बांबोळकार
हांच्या नाटकांतली मिथकसृश्टी :

दत्ताराम कामत बांबोळकार हे पुंडलीक नायका उप्रांतचे एक प्रथितयश अशे गोंयचे नामनेचे नाटककार. वेगवगेळ्या नाटकांतल्यान मानवीय संवेदनाक अतिशय सुक्ष्म पातळीचेर प्रकट करपी ते एक ज्येश्ठ नाटककार. तांणी पन्नासां परस चड कोंकणी-मराठी नाटकां रचल्यात. तातूंत मिथकीय कथाबिजांचो विचार केल्यार, 'संस्कार', 'डॅडी', 'सत्य माड्डिता माड्डिता', 'रंगयात्रीक', 'गे माये', 'शेणिल्लो गांव', 'रथोत्सव' ह्या नाटकांचो

आसपाव जाता. तांचें 'संस्कार' हें नाटक यू. आर. अनंतमुर्ती हांच्या 'संस्कार' हे ज्ञानपीठ पुरस्कार प्राप्त कन्नड कादंबरीचेर आदारीत आसा. प्रादेशीक स्तरा वयल्या सांस्कृतीक जीवनाचो आलेख तशेच लोकमनाची सैमीक आपत्तीच्या प्रसंगार जावपी अगतिकता तांच्या नाटकांत दिसून येता.

कोंकणी आनी मराठी अश्या दोनूय भासांनी ते समर्थपणान लेखन करतात. निवडक नाट्यकथा, सुचक संवाद, सक्षम व्यक्तिरेखा, उत्कंठावर्धक संघर्श आनी चिंतनशील शेवट ह्या नाट्य घटकांच्या आदाराचे तांणे समस्त गोमंतकीय नाट्य रसिकांक मंत्रमुग्ध करून सोडल्यात. तांच्या 'गे माये' ह्या नाटकांतल्यान भासा आनी संस्कृती प्रती स्थानीक पातळीचेर प्रचलीत आसपी लोकसंभ्रम तांणी मांडला. गोंयांत घडिल्ल्या कोंकणी-मराठी भाशीक संघर्शाक दोन भयणींच्या रूपान प्रकट जावपी मिथकांची फाटभूंय ह्या नाटकाक लाबल्या.

प्रसाद लोलयेंकार
हांच्या नाटकांतली मिथकसृश्टी :

प्रसाद लोलयेंकार हे गोंयचे कोंकणी आनी मराठी भाशेंतल्यान उत्कृश्ठ नाटकां बरोवपी एक प्रयोगशील नाटककार. वेवसायान प्रशासकीय अधिकारी आशिल्ले श्री. लोलयेंकार एक संवेदनशील कवी लेगीत आसात. तांचीं सगळींच नाटकां मिथक सदृश्य आसात. तातूंतल्या दोन नाटकांचो उल्लेख हांगा करचोशें दिसता. तीं म्हणजे एक : 'मेनकासुक्त' आनी दुसरें : 'कृष्णायन'.

'मेनकासुक्त' ह्या नाटकांत मेनका हे इंद्राच्या दरबारांतले अप्सरेच्या जीवनाचे विविध पैलू प्रकट करून एक स्त्री संवेदनेचो वेगळोच विशय मेनका ह्या मिथकाच्या माध्यमांतल्यान मांडपाचो यत्न तांणी केला. तशेंच तांच्या 'कृष्णायन' ह्या नाटकांत श्रीकृष्णाच्या जीवनांतलो विविध घटणुको-प्रसंग वेंचून मानवीय स्तरार श्रीकृष्णाची व्यक्तिरेख उबी करपाचो प्रयत्न जाला.

डॉ. प्रकाश वजरीकार
हांच्या नाटकांतली मिथकसृश्टी :

कोंकणी नाट्यक्षेत्रांत 'आनीक एक बुटो फुल्लो' हें एक क्रांतीकारी नाटक घेवन सगळ्यांत पयलीं जाणें आपल्या नाट्यलेखनाक प्रारंभ केलो ते नाटककार म्हणजे डॉ. प्रकाश वजरीकार. 'काणी तशी जुनीच पूण, तो एक दीस', 'आनीक एक प्रस्न पर्व', 'घट्टाण कोणाचें', 'साद अंतर्मनाचो', 'रायट टू वोट' अश्या जायत्या नाटकातल्यान तांणी आपली प्रतिभा सिद्ध केल्या.

आधुनीक युगाचो मूळधर्म थारिल्लो वास्तववाद, व्यक्तीवाद, स्त्रीवाद, मार्क्सवाद अशे विचारधारेंतल्यान तांचीं नाटकां संहितेचे आनी प्रयोगाचे नदरेन उजवीं थारल्यात. आयची समाजीक परिस्थिती आनी मनशाचे जिणेंतली असहायता अश्या भिन्न तोंकांचेर तांच्यो नाट्यसंहिता उब्यो

जाल्यात. तांच्यो विविधरंगी व्यक्तिरेखा प्रगट जातना मिथकांचें रुप धारण करतात. देखीक - 'काणी तशी जुनीच पूण' हे लोककथेचेर आदारीत नाट्यरचनेंत प्राचीन आनी अर्वाचीन अश्या दोनूय संदर्भांचो वास्तवीक सोद घेवपाचो यत्न तांणी केला. गोंयच्या सत्तरी, सांगें तशेंच महाराष्ट्रांतल्या दोडामार्ग आनी कर्नाटकांतल्या खानापुर ह्या वाठारांतल्या क्षत्रीय मराठा समाजाचो स्वाभिमान आनी स्त्रीसन्मान जागोवपी मध्यकालीन लोककथेचेर हें नाटक आदारीत आसा. 'रणमालें' ह्या लोकनाट्यांतल्या मिथकांचें अतिशय सुंदर उपयोजन हे कलाकृतीचे निर्मितींत जालां.

'आनीक एक प्रस्न पर्व', 'घट्टाण कोणाचें', हीं वजरीकारांचीं नाटकां गोंयांत घडलेल्या इतिहासीक स्थित्यंतराक मिथ्याचो साज चडोवन नव्या परिवेशान प्रस्तूत करतात. देखीक 1967 वर्साचो गोयची राजकीय अस्मिताय थारोवपी ओपिनियन पोल, फाटल्या दशकांतले वास्कोचें मंदार सुर्लकार खून प्रकरण, आदी.

डॉ. जयंती नायक

हांच्या नाटकांतली मिथकसृश्टी :

लोकवेद आनी लोकसाहित्यांतल्यान लोककथांचें उपयोजन करून डॉ. जयंती नायक हांणी गोमंतकीय नाट्य-रसिकांक अचंबीत करून सोडपी दोन नाट्यकृती कोंकणी रंगमंचाक दिल्यात. 'कुकमादेवीची दिपमाळ' हें तांचें पयलें नाटक. तातूंत परंपरेच्या आनी रितीरिवाजांच्या नांवार बळी पडिल्ल्या असंख्य अस्तुरेंचे जिणेचो समाजांतल्या तथाकथीत धर्मरक्षकांनी कसो खेळ मांडला हाची देख मेळटा. ह्या नाटकांतल्यान नश्ट्या चालीरितींनी अस्तुरीची जाल्ली शारिरीक आनी मानसीक विटंबणा तशेंच तिची भावनीक मुस्कटदाबी लेखिकेन भोव बरी अभिव्यक्त केल्या.

कुकमापुर गांवांतले कुकमादेवीचे दिपमाळेचो संदर्भ घेवन विशिश्ट समाजांतल्या अस्तुऱ्यांचेर जावपी अन्यायाचो प्रतिकार करपाचो संदेश ह्या नाटकांतल्यान मेळटा. 'बाबलो' ही एक प्रातिनिधीक स्वरुपाची व्यक्तिरेखा उबी करून लेखिकेन आपलो विद्रोह व्यक्त केला. बाबलो आपले भयणीन (शाली) अंधश्रध्देक आनी गांवांतल्या तथाकथीत सवर्णांच्या दबावाक बळी पडून कुकमादेवीचे दिपमाळेचो स्विकार करचो न्ही म्हण फुडाकार घेता. इतलेंच न्हय तर ते पासत तो शालीचे दोनूय पांय लेगीत मोडटा. लेखिकेचे समाजीक जाणिवेंतल्यान जल्मल्लो बाबालो हो तिचो मानसपुत्र जावन नाटकांत वावुरता. प्रस्तूत नाटकाचे रुद्रेश्वर पणजी हे संस्थे वतीन मुंबय, दिल्ली, त्रिपुरा अश्या शारांनी यशस्वी प्रयोग जाल्यात.

'काळमाया' हे मातृसत्ताक आदीमायेच्या अस्ताची काणी मांडपी एक स्त्रीप्रधान नाटक. डॉ. जयंती नायक हांचे नाट्यप्रतिभेचें एक उत्कृश्ठ उदाहरण म्हणजेच 'काळमाया'. ह्या नाटकांतल्यान लेखिकेन सुमार अडेज हजार वर्सां पयलींचे अनार्य संस्कृतीच्या एका समुदायाचे स्त्रीप्रधान समाजवेवस्थेची शोकांतिका मांडल्या. लग्नसंस्था प्रस्थापीत जावपा पयलींच्या काळांतलें प्रस्तूत कथानक नाट्यमय प्रसंगांनी गुंफलां. मातृसत्ताक समाजाच्या ह्या कथानकांत म्हालमाय ही

पुराय समुदायाची मुखेली. तिची एकसंघी सत्ता थंय चलता पूण तिची स्वताची जुवान आनी सोबीत धूव ते सत्तेक तिलांजली दिवपाक कारणीभूत थारता, अश्या आशयाची ही कथा. एकंदर मातृसत्ताक समाजवेवस्था पितृसत्ताक समाजवेवस्थेन परिवर्तीत जावपी संक्रमण युगाचें कथानक लेखिकेन हातूंत मांडलां. स्त्री जिविताचो मानववंशशास्त्रीय दिश्टीकोणांतल्यान दोन आंगांनी ह्या नाटकांत विचार केला. पयलो : सृजनशक्तीच्या सामर्थ्याचेर मातृसत्ताक समाजवेवस्थेचें उत्थान आनी पतन, दुसरो : वंश शुद्धता राखपाच्या प्रयत्नान मनशाचो अनादी काळापासून चलपी संघर्श.

प्रस्तूत प्रपत्राचो निश्कर्श :

नाटकांतली मिथकसृश्टीच्या संदर्भात सोफोक्लिक्स ह्या ग्रीक नाटककारा पासून ते शेक्सपियर्स, मोलिएर, विजय तेंडुलकर, बादल सरकार, चंद्रशेखर कंबार, पुंडलीक नायक ते वट्ट गिरीष कर्नाड मेरेन ल्हान व्हड सगळ्याच नाट्य लेखकांनी मिथकांचो कलात्मक उपेग केल्लो दिसून येता. संवसारीक स्तरार थॉमस हार्डी सारक्या लेखकानूय अशे प्रयोग केल्यात. गिरीष कर्नाड सारक्या भारतीय नाटककारान आपल्या नाट्यलेखनांत लोककथेंतल्या मिथकांचो नाट्यमय उपेग केल्लो दिसता जाका लागून तीं नाटकां अज्रंवर जावंक पावल्यांत. देखीक. 'हयवदन', 'नागमंडलम' हीं तांचीं संवसारभर गाजलेलीं नाटकां..

हे फाटभुंयेर गोमंतकीय नाटकांतले मिथकसृश्टीचो सखोल अभ्यास करून गोंयच्या कोंकणी-मराठी नाटकांत अभिव्यक्त मिथकांचो तशेंच तांच्या प्रकारांचो सकयल दिल्ले प्रमाण सोद घेतिल्लो आसा -

गोमंतकीय कोंकणी-मराठी नाटकांतली 'मिथकसृश्टी' : एक सोद

क्रमांक	नाटककार	नाटक	मिथकांचो प्रकार
1.	कृष्णभट बांदकार-	शुकरंभा संवाद, लोपमुद्रा, अहिल्योद्धार	वैदीक मिथक, पुराणीक मिथक
2.	पुंडलीक नायक	शबै शबै भौजनसमाज श्री विचित्राची जात्रा चैतन्याक मठ ना प्रेम जागर	इतिहासीक मिथक, धर्मीक मिथक जातीय मिथक, समाजीक मिथक

3.	विष्णू वाघ	कृष्णभयपान माझ्या मातीचे गायन तुका अभंग अभंग	वैदीक मिथक पुराणीक मिथक समाजीक मिथक.
4.	सोमनाथ नाईक	कोऽऽहम अंतिम! अंतरिम!! आर्यमा उवाच	पुराणीक मिथक वैदीक मिथक पुराणीक मिथक
5.	दत्ताराम कामत बांबोळकार	संस्कार रथोत्सव गे माये	समाजीक मिथक धर्मीक मिथक राजकीय मिथक
6.	अफसर हुनसेन	विश्वामित्र	पुराणीक मिथक
7.	डॉ. जयंती नायक	काळमाया कुकमादेवीची दिपमाळ	समाजीक मिथक धर्मीक मिथक
8.	डॉ. प्रकाश वजरीकार	आनीक एक बुटो फुल्लो काणी तशी जुनीच घट्टाण कोणाचें	राजकीय मिथक इतिहासीक मिथक समाजीक मिथक
9.	विजयकुमार नाईक	एकलव्य	पुराणीक मिथक
10.	प्रसाद लोलयेंकार	कृष्णायन मेनकासुक्त	पुराणीक मिथक

गोमंतकीय नाट्यसृश्टींत...

- जिणेच्या वास्तवाचो एक व्हड मिथकशील कॅनवॉस कोंकणी-मराठी नाटककारांनी उबो केला.
- आदीम मिथक, वैदीक मिथक, पुराणीक मिथक, इतिहासीक मिथक, जातीय मिथक, धर्मीक मिथक आनी लोककाणयांतलें पारंपारिक मिथक अशीं मिथकां गोमंतकीय कोंकणी-मराठी नाटकांतल्यान साकार जाल्यांत.
- पुराणांतल्या सशक्त अश्या कथाबिजांचो आदार घेवन समकालीन वास्तवा कडेन

संबंद जोडपाचो यत्न कोंकणी-मराठी नाटकांत जाला. देखीक -'अश्वत्थामा हतः' - विनय मडगांवकर.

- इतिहासीक आनी समाजीक मिथकांतल्यान व्यक्त जावपी कोंकणी-मराठी नाटकांतलो आशय समाधानकारक आसा. देखीक - 'जावळीचा राजेश्वर' - सत्यवान पालयेंकार
- एकंदर गोंयचे मराठी नाट्यसृश्टींत पुराणीक मिथकां चड प्रमाणांत जाल्यार कोंकणी नाट्यसृश्टींत लोककाणयांतलीं आनी लोकजिवनांतलीं मिथकां चड प्रमाणांत नाटककारांनी मांडल्यांत.

संदर्भ ग्रंथ :

1. आंगले, भिकू पै., मराठी रंगभूमी आणि गोमंतकाची देण, लक्ष्मी भि. पै. आंगले, मडगाव, 2008.
2. गोविलकर, लीला. भारतीय साहित्यविचार. 863 सदाशिव पेठ पुणे : स्नेहवर्धन प्रकाशन, 2003.
1. गुप्त, गणपतीचंद्र. भारतीय एवं पाश्चात्य काव्य-सिध्दान्त, इलाहाबाद : लोकभारती प्रकाशन, 1986.
2. वेरेंकार, श्याम. सरदेसाय, माधवी. म्हाळशी, कमलाकर. (संपादक) कोंकणी भास, साहित्य आनी संस्कृताय. मडगांव गोंय : कोंकणी भाशा मंडळ, 2003.
3. सरदेसाय, माधवी. जाग - दिवाळी - नातलां 2012. पाजीफोंड, मडगांव गोंय : जाग प्रकाशन, 2012.
4. नायक, जयंती. कुकमादेवीची दिपमाळ. आमोणें, केपें गोंय : राजाई प्रकाशन, 2009.
5. नायक, जयंती. काळमाया. आमोणें, केपें गोंय : राजाई प्रकाशन, 2014.
6. नायक, पुंडलीक. रंगपाट. वळवय गोंय : अपुरबाय प्रकाशन 1996.
7. नाडकर्णी एस्. एस्., कोमरपंत सोमनाथ (संपा.), गोमंतकीय मराठी वाङमयाचा इतिहास (खंड-2)', गोमंतक मराठी अकादमी प्रकाशन, पणजी, 2003
8. म्हामल, मिलिंद. गोमंतकीय ग्रंथकारांच्या मराठी ग्रंथांची ग्रंथसूची (आरंभ ते 2012), राजभाषा संचालनालय, गोवा सरकार, पणजी, 2014.
9. Bisariya, Subhash. William Shakespeare Anthony and Cleopatra. Karol Bhag, New Delhi : Rama Brothers India Pvt. Ltd., 2007.

000

मंथन

(लेख)

जॉन ए. पेर्मन्नूर

मंगळूरचे कोंकणी नाटक : एक विचार

कर्नाटक कोंकणी नाटकाचा चरित्रेंत मंगळुराक पयलें स्थान फावो जाता. कोस्मोपोलिटन सिटी जाल्ल्या मंगळुरांत राज्य भास कन्नड, प्रादेशीक भास तुळू आनी हाचा सांगाता कोंकणी अल्पसंख्याक भास जावन आपली आस्मिताय साहित्य कला आनी संसकृतिंत जिवाळ जावन उरल्या.

मंगळुरांत खंचायी भाशेचा नाटकाक मूळ जावनासल्लें नाटक कंपेनिचें कन्नड नाटक. आनी ह्या कंपेनी नाटकाचे मूळ काणी कन्नड जाल्यारी नाटकाचे कल्चर, शैली, अभिनय, सीनरी आनी रंग चमात्कार मराठी आनी पार्सी शैली जावनासल्ली. हाका कारण आसा.

1860-1980 चा आवदेंत महाराष्ट्र थावन कर्नाटकाक सांगलिकर नाटक मंडळी, ईचलकरंजी नाटक मंडळी, पार्सी विकटोरिया कंपेनी आनी पार्सी थियाट्रिकल कंपेनीन आपली बोंवडी केली. ह्या कंपेनी थावन प्रेरण जोडून गदग, धारवाड, बेळगाम, मैसूरू, मंड्य, बेंगळूर आनी बळ्ळारिंत थोडे नवे नाटक कंपेन्यो आरंभ जाल्यो.

1879 इस्वेंत मैसूर्चो महाराज जयमाचराजेंद्रन कर्नाटक नाटक सभा स्थापन केलें. आनी त्या कंपेनिंत त्या वेळार मराठी नाटक खेळतालें. 1881 उपरांत कन्नड नाटक खेळुंक आरंभ केले.

ह्या सर्व कंपेनिंनी पौरणीक नाटक, धार्मीक नाटक आनी सामाजीक नाटक खेळतालें.

हांव सांगुंक खुशी वर्ता की कर्नाटकाचा सर्व भाषेचा नाटकांक मूळ प्रेरण मराठी आनी पार्सी नाटक. एका हंता

जॉन ए पर्मन्नूर : जल्मः 1968, मंगळुरांतले नामनेचे नाटककार, दिग्दर्शक आनी नट. 11 कोंकणी , 5 तुळू आनी 14 कन्नड नाटकां प्रकाशीत. 'कलाकुटम हव्यासी, मंगळूर' ह्या 1999 वर्सा स्थापन जाल्ल्या नाटकाच्या पंगडाचे स्थापनकार आनी संचालक. 'रंग नेकेत्र - 2013' ह्या कर्नाटक कोंकणी साहित्य अकादेमीच्या जीवन गौरव पुरस्कारान सन्मानीत. संपर्क- मो. 09845210125, इमेलः johnpermannur915gmail.com

म्हणासर आमचे कोंकणी नाटक, कंपेनी नाटकाक अनुकरण करून आसल्ले म्हण्येत.

कर्नाटक रंगभूमिचा चरित्रेंत ह्या शिवराम कारंत श्रीरंग, बी. वी. कारंत, गिरीश कार्नाड, प्रसन्न, के. आर. सुब्बण्ण असले महान कलाकारांनी घालल्या बुन्यादे वयर कर्नाटकांत नवे नाटक या मोडर्न नाटक उदेले आनी आमचा कोंकणी कलाकारांनी ह्या नव्या शैलीक वेंगलें.

कोंकणी नाटकाक आनी कन्नड नाटकाक कितें संबंध म्हण हांव म्हजा मुकल्या उत्रांत तिळसितां.

कोंकणी नाटका विश्यांत उलंवचें तर,

1912 इस्वेंत इतिहास पुरूष बोळंतूर कृष्णप्रभून राजा चंद्रहास नाटक बरयलो आनी हो नाटक, कोंकणेचो पयलो नाटक म्हणोन इतिहासांत दाखल जालां. ह्या नाटकाची एक प्रती लंडन लैबरेरिंत आसा म्हण उल्लेख आसा.

थोड्या वर्सा उपरांत, 1926 इस्वेंत मंगळुर्चा जेप्पू फिर्गजेंत जेज्वीत मिशनरी पाद्रिंनी सां. जुजेचो नाटक संघ आरंभ केलो. ह्या संघाचा कलाकारांनी फेसता परबेक धार्मीक नाटक वर्साचा संभ्रमाक शेक्स्पियराचो इंगलीष नाटक, कोंकणी भाषांतर करून रोमन शैलीर आनी सांपरदायीक शैलीर खेळताले.

1948 इस्वेंत जेज्वीत याजक बाप जोर्ज अलबुकर्क पै बापान मंगळुर्चा बल्मठ रस्त्यार कोंकणी नाटक सभा नांवार एक संस्थो आरंभ करून नाटका द्वारीं धार्मीक साधन म्हळ्ळ्या धेयाचेर कोंकणी धार्मीक नाटक, सामाजीक नाटक आनी हास्य नाटक डोन बोसको होलांत सांपरदायीक शैलीर खेळताले.

ह्या होलाचा वेदिचेर बोंबयचे आनी गोंयचे कलाकारांनी जायते पावटीं नाटक प्रदर्शन केल्यात.

देवादीन एम. पी. डेसा, विजेपी सल्डान्हा, बाप जिएसटी रोड्रिकास, चापरा, जोस आल्वारीस, ए. टी. लोबो., गब्बू, रामानंद चूऱ्य, गुलवाडी शिवानंद भट, कुडपी वासुदेव शेणै हे महान मनीस मोडर्न आनी सांपरदायीक शैलीर मंगळुरांत कोंकणी नाटकांक भद्र बुन्याद घाल्या. ह्या बुन्यादे वयर बेनार कलाकुटाम, कला संपत रूपराग संस्थो, मांड सोभाणाचो मांड नाटकपंगड, साधना बळग, साधना मंगळूर आनी कलाकुटाम नाटक पंगड, तांचा पंगडा थावन उत्तीम सांपरदायीक नाटक उबी केल्यात.

हाचा उपरांत मंगळुर्चा रंगभूमिंत एक बदलावण जाता. सांपरदायीक नाटक या पडद्यांचा नाटकाक एक टर्निंग पॉयट मेळता.

1948 इस्वेंत मंगळूर थावन बोंबय पावल्लो दो. चापरा 1965 इस्वेंत बोंबय थावन मंगळुराक पाटीं येता. व्यक्तिगत जावन सांगताना या एका कलाकाराचा आनी नाटकिसताचा नद्रेन ताका पळेताना कोंकणी नाटक शेतांत तो पयल्या पंक्तेर दिसता.

चापरा मंगळुराक पाटीं येताना सांगाताच्च कोंकणी रंगभूमीक नवेंसांव हाडन आयलो खंडीत. एकाच्च उत्रान सांगचें तर पडद्यांचो

नाटक बंद पडलो. शिरिगुंडी सिमांव, भांगार मनीस, जोर्जी बुतेल, सुणें माजार हासता नाटकाचा यशस्वी प्रदर्शना उपरांत मंगळुर्चा नाटकांत बदलावण आयली. चार-पांच पडद्यांचा बदलाक एकच पडदो, एक सेट, 3-4 घंट्याचा आवदेचो नाटक 2 घंट्याक रावलो. गर्ज आसल्यार मात्र उज्वाड, साधरण वेस आनी न्हेसाण. एकाच्च उत्रान सांगचें तर, नाटक म्हळ्यार आडंबर नय, एक वासतव चित्रण म्हळ्ळ्या चिंत्पाचेर तामें कोंकी प्रेक्षकांक हाडन रावयलें.

दो. एं. पी. डेसान बरयिल्ल्या धार्मीक नाटकाचा काळार, ताचा या खंचायी कोंकणी नाटकाक संगीत नातल्लें. पडदो पडल्या वेळार दृश्यां मधें वाजांत्रांत खंचेयी एक पद खेळताले. नाटकाचा अभिनयाक संगीत गर्जेचे म्हळ्ळें चिंताप हाडल्लो नाटकिसत मा. डोलफी लोबो, डोलफी कास्सिया म्हळ्ळ्या लिखणे नांवांत फामाद जाल्लो नाटकिसत. डोलफीन 25 सामाजीक नाटक लिखल्यात. 1964 इस्वेंत प्रदर्शन जाल्ल्या ताचा 'खंयसर आसा बचावी'' नाटकाक पयलें पावटीं मंगळुरांत ताणें ब्याकग्राँड म्यूसीक आसा केलें. नाटकाचा ब्याकग्राँड म्यूसिकाक बेन्ना रुजायन दृश्य संगीत म्हण वोलायलें. बेन्ना रुजायन 5 धार्मीक नाटक लिखल्यात आनी खेळ्ळ्यात. आजकाल मंगळुरांत दृश्य, संगीत खेळनांत बदलाक ल्यापटोपाचेर सौंड टच्याक घाल्तात.

रमानंद चूऱ्य, कासरगोड चिन्ना ह्या महान मनशांनी कोंकणी रंगभूमीक ग्रेसत केलां.

कर्नाटकाचा मंगळुरांत कोंकणी नाटकाची ती एकेक (मेट) पावलां आनी काळ महत्वाची जावनासा. संक्षिप्त सांगचें तर-

1912 - कोंकणी नाटकाची सुर्वात - राजा चंद्रहास

1914 - राजा चंद्रहास नाटक प्रिंटेड कोपी जाली.

1926 - सां. जुजेचो नाटक संघ स्थापन, रोमन शैली आनी सांपरदायीक पडद्यांची नाटक प्रदर्शन.

1948 - कोंकणी नाटक सभा स्थापन, नाटका द्वारीं धार्मीक साधन.

1965 - चाफ्रा देकोस्ता मंगळुराक पावता. मोडर्न थियेटराचो आरंभ.

1948 - 1965 मध्ये आनी उपरांत - गब्बू, ए. टी. लोबो, खडाप, बाप जिएसटी रोड्रिगस, जोस आलवारीस, रमानंद चूऱ्य, गुलवाडी शिवानंद भट, कुडपी वासुदेव शेणै.

कोंकणी नाटकाचा इतिहासांत ह्या कलाकारांक, नाटकिसतांक मानाचो एक स्थान खंडीत आसा.

मंगळुरांतल्या सांपरदायीक कोंकणी नाटकां थावन रंगपरयोगाचा या मोडर्न नाटकाचा बदलावणेक चाफ्राचो नाटक सांगाताच्च कन्नड नाटकिसत आनी संघटन कारण जालो.

आयन अभिव्यक्त समुदाय नाटक पंगड उदेले. गिरीश कार्नाडाचो हयवदन, तोगलक, तसले प्रयोगात्मक नाटक प्रदर्शन

जाले. समुदाय पंगडा थावन राजकीय नाटक वेदीक आयले. हाचो परिणाम जावन दो. विलफी रेबिंबसान केडी बोना बी. ए. आनी दो. मीक म्याक्सान आगसटीन खंय आसा म्हल्ळे नाटक बरयले.

मंगळुचें उर्भेसत नाटकिसत वाल्ट डी' सोजा ओऽआंत आनी थोडे तर्नाटे के. वी. सुब्बण्णाचा नानासं ड्रामा स्कूलाक भर्ती जाले.

हाचा उपरांत मंगळुरांत पडद्यांचो नाटक म्हणजे संपरदायीक नाटक, आमर्चीं दायज तसली संगीत नाटक, विजेपी सलडान्हान बरयिल्लो चारित्रीक नाटक सर्दारांची सिनोल कोनशार उरलें.

आजकाल मंगळुरांत मोडर्न थियेटरा सांगाता, लैट आनी सौंड, रेकोर्डेड प्ले चाल्तेर आसा. ताचाकी एक मेट मुकार वचून ड्रामा आनी फिल्म एकाच्च वेदिचेर, एकच्च पावटी दाकवन ताका 2आ ठिटचिथी म्हणोन प्रदर्शन करून आसात.

मंगळुर्चा कोंकणी नाटक वेदिचेर तर्ने रगात आनी तेर्ने चिंताप व्हाळून आसा. कोंकणी भाशेंत, कन्नड, इंगलीश, फ्रेंच, जर्मनी नाटक खेळतात. मोडर्न थियेटरांत कोंकणी संसकृतेची अभाव दिसता. हऱ्येका भाषेक एक आस्मिताय आसा. पूण आधुनीक रंगमंचार कोंकण्णेची आस्मिताय कसली म्हण भोगाना.

हाचा मधे नेल्लू पेर्मन्नूरू नांवाचा एक कलाकारान हास्य नाटक तयार केलो, ताचा नाटकांत हास्य प्रमूख जावन काणी मेलो ड्रामा आसल्लो.

आधुनीक शैलिचा नाटकांत आनी धार्मीक नाटकांत मानेसत रिच्ची जोन पायस एक नांवाडदीक नांव.

मंगळूर शहर भायर आसल्ल्या गांवांनी, तांचा फेसता परबेचा वेळार कोंकणी नाटक खेळयतात या भायल्या नाटक पंगडाक आमंत्रीत करून नाटक केळतात.

बेंगळुरांत फेडरेशन आफ कोंकणी कथोलीक आसोयेशियन हांचा 30 युनिटां द्वारीं सामाजीक सेवे सांगाता अवकास करून कोंकणी नाटक खेळतात.

मैसूरांत कोंकण क्रिश्चियन आसोसियेशन आफ मैसूरू ह्या संस्थाद्वारीं कोंकणी नाटक प्रदर्शन कर्तात. 2018 इस्वेंत वल्ली वग्गाचो एक नाटक ''खांदी खुरीस'' यशस्वी थरान भोंवडी नाटक जावन मंगळुरांत आनी उडुपी जिल्ल्यांत खेळ्ळ्यात.

कुंदापुराचा सासतानांत श्री. आलवीन आंद्रादेन ताचा पतिणे सांगाता, तांचा इश्टांक सांगाता काणघेवन, पंगड बांदून नाटक खेळून आसात. ताणें एक कोंकणी नाटक आनी कन्नड भाषेंत 8 नाटक लिखल्यात.

असले कलाकार आमच्या कर्नाटकांत जायते आसात. हांवें म्हजी उत्रां संपंवचें पयलें परत एक पावटीं मांड सोभाण मंगळूर, विश्वकोंकणी केंद्र आनी एक महान शक्ती आनी व्यक्ती गोपालकृष्ण पै आनी ताचो कादंबरी आधारीत नाटक स्वपन सारस्वतग हात जोडता. 000

हांकां आमचीं आर्गां

एन. एन. आनन्दन

(केरळचे कोंकणी कवी आनी भाशा संघटक)

मर्ण : 29 जानेवारी 2018

डॉ. एल. सुनिताबाय

(केरळच्यो कोंकणी व्याकरणकार, समिक्षक आनी अनुवादक)

मर्ण : 25 नोव्हेंबर 2018

आनंदी कामत (मुंबै)

(मुंबयची कोंकणी कादंबरीकार आनी कथाकार)

मर्ण : 8 नोव्हेंबर 2018

गोवा कोंकणी अकादेमी

243, पाटो कॉलनी, पणजी-गोंय 403001

फोन नं. 0832-2437920/2437385/87 टेलीफॅक्स - 0832-2437920

E-mail : konkaniakademi@gmail.com